मंथन

माधवी सरदेसाय

मंथन

माधवी सरदेसाय

जाग प्रकाशन

MANTHAN

Collection of articles

जाग प्रकाशन क्र. ७२

© माधवी सरदेसाय

पयली उजवाडावणी (१००० प्रती):
मार्च २०१२

उजवाडावपी:
जयवंत भा. सरदेसाय
२०१ - बी, सालदॅल अपार्टमॅन्ट्स
रूअ द साउदादिश,
पाजीफोंड-मडगांव, गोंय-४०३ ६०१

अक्षर जुळणी/मांडणी :
जाग प्रकाशन

भायलें चित्र:
मिलन खानोलकार

छापपी:
इम्प्रेशन्स, बी-२, 'अक्षर आर्केड'
३३६० /४, गोंधळी गल्ली,
बेळगांव ह्व ५९० ००२

मोल: १५० रुपये

हें पुस्तक छापपाक गोंय सरकाराच्या कला आनी संस्कृती खात्याचे 'गोंयकार लेखकाक अर्थीक पालव' येवजणेचो लाव मेळ्ळा.

भौ. अशोक रामचंद्र केळकर हांकां भोवच आदरान

मांडावळ

गरजेचीं दोन उतरां .... सात

१. कोंकणीच्या तारवाक वाट दाखोवपी दीपस्थंभ ०१

२. सार्त्र, कुन्या, शणै गोंयबाब १०

३. काकासाहेब कालेलकर : गोंय आनी कोंकणी-मराठी संघर्श १८

४. नव्या गोंयाचो एक शिल्पकार ३७

५. कोंकणी चळवळीक रवीन्द्रबाबांलें योगदान ४६

६. एक भोंवडी, एक अर्थावणी ६८

७. गोंयच्च्या इतिहासांत राममनोहर लोहिया : कोंकणी साहित्याच्च्या जनेलांतल्यान ९०

८. कोंकणी नवलकाणयेंतलो बायल-मनशेचो आवाज १०२

९. मनोहररायांलीं बालगितां : कोंकणी साहित्याची घटमूट बुन्याद १११

१०. राजकारणाची भास, भाशेचें राजकारण १२२

११. कोश साहित्य आनी भाशेचें सशक्तीकरण १३०

१२. तेजिश्ट समाज घडोवपाची तांक आशिल्ली आपजीण १४१

१३. किराची काणी १५५

संदर्भ वळेरी १६६

निर्देश वळेरी १७६

गरजेचीं दोन उतरां

भास, साहित्य, अस्मिताय, शिक्षण, राजकारण, इतिहास, वसणूकवाद सारकेल्या विशयां कडेन जोडिल्ल्या, फाटल्या पांच-स वर्सांत उजवाडा आयिल्ल्या बरपांचें हें संकलन. (हाचेय आदलीं, पूण उपरांत परतून निवळावन/अदीक भर घालून उजवाडायल्लीं, एक-दोन बरपांय हातूंत मेळटलीं.) ह्या बरपांनी मों. सेबाश्तियांव रुदोल्फ दाल्गाद, एदवार्द जुजे ब्रुन द सौज, शणै गोंयबाब, काकासाहेब कालेलकर, शांताराम आमोणकार, रवीन्द्र केळेकार, ज्युआंव दा वैगा कौतीन्यु, मनोहरराय सरदेसाय, पुंडलीक नारायण नायक आसात, तशे ज्यां-पॉल सार्त्र, त्रिश्तांव ब्रागांझ कुन्या, महात्मा गांधी, राममनोहर लोहिया, रवीन्द्रनाथ ठाकूरूय आसात. हांकां सगळ्यांक एकठांय हाडपी म्हजी नदर, म्हजें इल्लेंशें संशोधनूय आसा. पुस्तका रुपान हीं बरपां वाचप्यांच्या हातांत दवरचे पयलीं तांचेर बारीक नदर मारल्या, आनी कांय बरपां गरज दिसल्या थंय निवळायल्यांत. हांतलीं दोन सोडलीं जाल्यार सगलीं बरपां खंयच्या न्हय खंयच्या निमित्तान तयार जाल्यांत. हीं 'निमित्तां' त्या त्या बरपांचे अखेरेक दिल्यांत. मुजरत सांगूंक जाय, ह्या बरपांचे विशय सगले म्हज्या जिवाभावाचे. देखुनूच त्या त्या निमित्तान तांचेर अभ्यास करपाची संद हांवें घेतल्या, आनी हाकाच लागून हें 'मंथन' घडून येवंक पावलां.

कांय निबंधांनी कांय संदर्भ परते परते आयल्यात. देखीक, तिसऱ्या गोमंतक मराठी साहित्य संमेलनाची खबर काकासाहेबां वयल्या लेखांत आयल्या तशी शांताराम आमोणकारां वयल्याय लेखांत आयल्या. पूण त्या त्या विशयाची गरज म्हुण्णूच ही पुनरावृत्ती जाल्या अशें दिसलां, आनी म्हूण ती निवळावपाचो यत्न करूंक ना.

पुस्तकाची मुद्रण-प्रत तयार करतना 'मॉडर्न लँग्वेज असोसिएशन' हे संस्थेच्या *MLA Handbook for Writers of Research Papers* ह्या पुस्तकाचे २००९ वर्सा उजवाडा आयिल्ले, सातवे, निवळायल्ले उजवाडावणेचो आदार घेतला. भासांच्या आनी साहित्याच्या अभ्यासाक ओंपिल्ली ही संस्था १८८३ वर्सा न्यू यॉर्क शारांत स्थापन जाल्ली. १९५१ वर्सा हे संस्थेन पयले खेपे "The MLA Style Sheet" उजवाडा हाडली. अभ्यासप्यांच्यो आनी जाणकारांच्यो सुचोवण्यो विचारांत घेवन हे 'स्टायल शिटीं'त बदल घडत गेले. संवसारांतले वेगळ्या वेगळ्या मळां वयले, भाशेच्या मळा वयले तर चडशे, संशोधक आयज *MLA Handbook* प्रमाण लेखून, ताका धरून आपणाल्या बरपांची मांडावळ करतात. ह्या समुदायांत भितर सरपांक कोंकणी संशोधकान अनमनपाची निखालूस गरज ना. संशोधनाचे रितींत अशें एकरुपीपण येता तेन्नाच ताचे शिस्तीक अदीक घटाय मेळटा, संशोधन अदीक जापसालदार आनी भरवंशाचेंय जावंक पावता. हाची आयज कोंकणीक खूब गरजूय आसा.

एक व्याकरणीक बारीकसाण - *भुरग्यान* (एकवचन), *भुरग्यांनी* (भोववचन) हीं कोंकणीचीं तिसरे विभक्तीचीं रुपां. मुखेलपणान उपचारीक शैलींत, व्यक्तींचो भोवमानान उल्लेख करतना, तिसरे विभक्तीच्या भोववचनी रुपाचो वापर करतात. देखीक, 'अशें *वालावलीकारान* म्हळें' भोवमानीक वापरांत 'अशें *वालावलीकारांनी* म्हळें' जाता. खूब जाणांक कोंकणींतले असले प्रयोग अडेचे दिसतात. पूण कोंकणीचे उपचारीक शैलींत जांची जीब आनी लेखणी घोळ्ळ्या तांकां असल्या प्रयोगांची आज संवकळ आसा, हे गजाली कडेन आडनदर करूंक जावचिना. म्हजे भितल्ल्या कोंकणीच्या 'नीज-उलोवप्या'क तिसरे विभक्तींतल्या नामांचो भोवमानीक वापर कांय कडेन मात अडेचो अडेचो दिसला. नामा वांगडा माना-भोवमानाचीं *बाब, साहेब, जी* सारकेलीं उतरां/कुसां जोडून येतात तेन्ना. ह्या intuitionक मान दिवन *शांतारामबाब, काकासाहेब, गांधीजी* सारकेल्या उतरांची *शांतारामबाबांनी, काकासाहेबांनी, गांधीजींनी* अशीं रुपां करूंक नात. ह्या उतरांतलीं *बाब, साहेब, जी*च तांकां भोवमानीक करतात, आनी देखून तिसरे

विभक्तीचें एकवचनी रुपूच हांगा भोवमानीक अर्थान चलोवं येता अशें दिशिल्ल्यान.

पुस्तक भौ. अशोक केळकर हांकां ओंपलां. १९८२-८४ मजगतीं पुण्याचे डॅक्कन कॉलेजींत एम्.ए. करतना केळकरां कडल्यान भासविज्ञानाची वळख जोडपाचें भाग्य म्हाका मेळ्ळें. अभ्यासक्रमाचो वांटो म्हूण आमकां 'असायनमँट' बरोवचे पडटाले तेन्ना तातूंत 'म्हजें अशें वेगळें कितें तरी' आसचें म्हूण हांवें सदां धडपडचें. आनी, हांवें 'म्हजें म्हूण' येवजून करून, भोव तकालस घेवन बरयल्ल्या वाक्यांचेच कुशीक ज्युस्त केळकरांनी कुरू करून शेरो मारचो - "You are not writing poetry, are you?!" ह्या शेऱ्याक लागून, सोद-वावर करतना कसले 'मोह' टाळूंक जाय ताचो होलम मेळत गेलो आनी म्हजी संशोधनाची भास मार्गार आयली... हें 'मंथन' केळकरांक म्हजी ल्हानशी गुरुदक्षणा.

पुस्तकाची मुद्रण-प्रत वाचून भौ. किरण बुडकुले हांणी कांय मोलादीक सुचोवण्यो केल्यो. तांचे काळजा सावन उपकार.

नांवा कडेन पावतकच म्हजें चडशे फावटीं अडटा. हाकाच लागून ह्या पुस्तकांतल्या कांय बरपांचीं नांवां चडूच लांब जाल्यांत... बरपां वेंचून पुस्तका रुपान गांथलीं तेन्ना नांव कितें दिवप, येवजलें ना. भौ. दामोदर मावजो म्हणूंक लागले, ''मंथन' बी अशें कितेंय दिवं येता...'' आनीक आनीक येवजूंक वचऽ नासतना 'मंथनू'च नांव 'सा' केलें! भाईंकूय 'देव बरें करूं'!

पुस्तकाक सोबऽ सारकें चित्र काडून दिल्ले खातीर म्हजी इश्टीण भौ. मिलन खानोलकार हिच्याय उपकारांत रावपांत म्हाका भोव खोस.

कला आनी संस्कृती संचालनालयान हें पुस्तक उजवाडा हाडूंक २५,००० रुपयांचें अनुदान दिलें. ताचेय उपकार.

आनी निमाणें,

उपकार, 'जाग' म्हयनाळ्याचेय. 'जागा'क लागुनूच हीं बरपां त्या त्या वेळार वाचप्यां मुखार येवंक पावलीं. असलें कितेंय बरोवन जाले उपरांत ताच्यो मर्यादा पयल्यो म्हजेच नदरेंत भरतात, आनी बरप आनीक थोडे दीस तशेंच दवरचें, तें आनीक निवळावचें, आनीक बरें करचें अशें दिसत रावता. 'जागा'न म्हाका ह्या मर्यादां सयत वाचप्यां मुखार वचूंक शिकयलें... आनी, हातूंतल्यान संशोधनाक गरजेची आशिल्ली विरक्ती हांव 'शिकलें'. 'जाग' म्हजे खातीर रवीन्द्रबाबांचो आशिर्वाद... *मंथन* उजवाडा हाडटना तांचो उगडास आयले बगर कसो रावत...?!

- माधवी सरदेसाय

१. कोंकणीच्या तारवाक वाट दाखोवपी दीपस्थंभ...

पोरण्या कोंकणी साहित्याच्या अभ्यासांत सतरावो शेंकडो भोव म्हत्वाचो लेखतात. बारीक पळेल्यार, हो शेंकडो येवरोपी मिशनरींच्या साहित्यीक कर्तुत्वाचो शेंकडो. ह्या काळांत येवरोपी मिशनरींक कोंकणी शिकूंक सोंपी जावची म्हूण कोंकणीचीं व्याकरणां तयार जाल्लीं, मुखेलपणान पोर्तुगेज भाशेंत. येवरोपी मिशनरींनीच तीं तयार केल्लीं. तेच प्रमाण, कोंकणीच्यो द्विभाशीक उतरावळी आनी कोशूय तयार जाल्ले. तेय येवरोपी मिशनरींनीच रचिल्ले. ख्रिस्ती धर्मीक शिकवणेचेर आधारिल्ल्या कितल्याश्या गद्य कोंकणी बरपांची निर्मणीय ह्याच काळांत जाल्ली. आमादोर द सांता आनांचें *फ्लॉस सांक्तोरुम* (१६०७), थॉमस स्टीफन्सांचें *दौत्रीना क्रिस्तां* (१६२२), आंतोनियु द साल्दान्यांचें *सांक्तु आंतोनीचीं अचर्यां* (१६५५), मिगेल द आल्मैदांचें *वनवाळ्यांचो मळो* (१६५८-५९), जुआंव द पेद्रोझांचें *देवाचीं येकांग्र बोळणीं* (१६६०), इनाझियु आर्कामोनींचें *सगल्या वरुसाचे वांजेल* (१६६७) हीं सतराव्या शेंकड्यांतलीं कांय म्हत्वाचीं कोंकणी बरपां. हांतलीं

कांय बरपां अणकारितूय आशिल्लीं.

सतराव्या शेंकड्यांत कोंकणी साहित्याक आयिल्लें हें पीक पळोवन कांय जाण ह्या काळाक 'कोंकणी साहित्याचें भांगराळें यूग' म्हणटात (देख म्हूण पळेयात Gomes ८८-८९).

पूण ह्या 'भांगराळ्या युगां'त थळाव्या कोंकणी मनशाचे लिखणेची आमकां कसलीच कुरू मेळना. देखून, ह्या काळांतलो थळावो कोंकणी मनीस घडये कोंकणी साहित्याचो फकत वाचपी - consumer - आशिल्लो, हें साहित्य बरोवपी - ताचो producer - येवरोपी पाद्री आशिल्लो अशें मानपाक आधार मेळटा.

सतराव्या शेंकड्याचे अखेरेक पोर्तुगेज राज्यकर्त्यांची कोंकणी कडेन पळोवपाची नदर बदल्ली आनी १६८४ वर्साच्या वायसरॉयाच्या फर्माना उपरांत कोंकणीचे उवेखणेचो काळ सुरू जालो.[१] पोरण्या कोंकणी साहित्याचो थाव घेवपाचो यत्न करतल्याच्या हाताक अठराव्या शेंकड्यांतूच न्हय, तर एकोणिसाव्या शेंकड्याचे अखेरे मेरेन कांयच लागना.

१८८९ वर्साच्या फेब्रुवारी म्हयन्यांत एदवार्द जुजे ब्रुन द सौज (१८३६-१९०५) हांणी पुण्या सावन रोमी लिपयेंतल्यान *उदेंतेचें साळक* हें नेमाळें काडलें, सुरवेक म्हयनाळें, मागीर पंद्राळें म्हूण.[२] हांगा सावन कोंकणी साहित्याचो नवो काळ सुरू जाता. थळाव्यांनी थळाव्यां खातीर बरयल्ल्या साहित्याचो काळ. (रोमी लिपयेक गोंयांत साडेचारशीं वर्सांची परंपरा आसा, अशें म्हणपी विधानां हालीं तेंपार आयकूंक, वाचूंक मेळूंक लागल्यांत. असलीं विधानां करपी १६८४ ते १८८९ हे मजगतच्या सुमार दोन शतमानांचो हिशोब कसो दितात काय?)

एदवार्द जुजे ब्रुन द सौज हांणी *क्रिस्तांव घराबो* म्हूण एक रॉमांसूय बरयल्ली (रोमींतल्यानूच). १९०५ वर्सा बरयल्ली पूण १९११ वर्सा उजवाडा आयिल्ली ही रॉमांस कोंकणींतली पयली वयली नवलकाणी अशें मानतात. ही नवलकाणी सुमार शंबर वर्सां फाटल्या गोंयच्या क्रिस्तांव समाजाचें दर्शन घडयता. ह्या समाजांत कोंकणीची स्थिती कितें आशिल्ली ताचीय सुलूस हे नवलकाणयेंत मेळटा. पाद्र विगाराच्या पात्रा वरवीं आवयभाशेचें म्हत्व वळखुपी त्या काळा वयल्या मनशाचे (बरोवप्याचे?) तळमळे आमचे मेरेन पावतात. ते भायर, सुमार चारशीं वर्सांचे फिरंग्यांचे राजवटीचो क्रिस्तांव समाजाचेर, ताचे भाशेचेर कितें परिणाम जाल्लो तेंय *क्रिस्तांव घराबो* दाखयता.

निकतोच क्रिस्तांव धर्म घेतिल्ल्या, मराठी भाशेंतलीं 'पुराणां' वाचपाची संवय

आशिल्ल्या गोंयकारांचे मागणेक लागुनूच सतराव्या शेंकड्यांत थॉमस स्टीफन्सांनी *ख्रिस्त पुराण* रचिल्लें.[३] पूण विसाव्या शेंकड्याचे सुरवेच्या गोंयकार क्रिस्तांवाक मराठी भाशेंतलें *ख्रिस्त पुराण* ग्रीक भाशेंतल्या बरपा परसूय परकी दिसतालें म्हणपाचें *क्रिस्तांव घराबो* वाचतना आमच्या लक्षांत येता. हे नवलकाणयेंतलें मुखेल पात्र जानी पाद्र विगाराक म्हणटा, ''हांवें खूंयशें वाचलां, जेजुइतांनीं . . . वेर्सांनी पवित्र पुस्तकावयली इस्तोर बरोवन छापल्या म्हूण, जिका म्हुणटात 'पुराण''' (५१) आनी पाद्र विगार जानीक सांगता, ''हय . . . तांणीं पुराणूय बरयलां आनी छापलां. पूण तें, माका दिसता, मराठे भाशेन आसा. कितेंय जावं, तें आमीं उलयतांव ते भाशेन कांय नूंय, आनी तें समजुंचे आदीं हांव ग्रेग भास सोमजोन'' (५१).

पाद्र विगाराक पोर्तुगेज भाशेच्या कोंकणी वयल्या सुमारा भायल्या प्रभावाची खंत आसा. तो जानीक सांगता, ''आमी सेंर्मांव सांगतांव तांतूं, भोव थोडे प्रेगादोर कुशीन करून, सुमार तिसरो वांटो तरीय फिरिंगी भाशेचीं उतरां आसात, आनी ग्रामातूय सुमार तेच भाशेची'' (४९). पूण ही जाणविकाय आसुनूय *क्रिस्तांव घराब्या*ची भास पोर्तुगेजीचो घसघशीत प्रभाव घेवन येता, व्याकरणाचेर तसो उतरावळीचेर. वांगडाच, ती संस्कृत भाशे पसून, तशीच तिच्या हेर भयण-भासां पसून, पयस गेल्लीय दिश्टी पडटा.

कोंकणीची सुदारणी करपा खातीर मराठी, गुजराती, हिंदुस्तानी ('मुसलमानी') सारकेल्या, तिका समकालीन आशिल्ल्या, भारतीय भासांची जाण आसप गरजेची ही जाणविकायूय हे नवलकाणयेंत पळोवंक मेळटा. मुंबय चाकरी करून आयिल्लो, मराठी भास जाणा जाल्लो दिअग रोच पाद्र विगाराक मेळटा तेन्ना पाद्र विगार ताका सांगता, ''. . . आमचे भाशेक लागता तसली आबेसी करून . . . दोतोर्न सारकी बरोवंक जाय. हें करच्याक म्हाका एक मुनीस व्हडे गरजेचो, जो मुंबय दुसऱ्यो इंदियेच्यो भासो उलयतात त्यो जाणो जालोलो, त्या भासांच्या उतरां पोरमोणें आमचे भाशेचीं उतरां सारकीं बरंवच्याक; कित्याक सगल्यांक कळीत आसा की त्यो सगल्यो भासो संस्कृत भाशेच्यो आयल्यात म्हूण'' (६९).

उपरांत दिअग रोचाच्या पालवान पाद्र विगार मराठी व्याकरणाची समजणी घेवन कोंकणीचें (*आमचे भाशेचें*) व्याकरण (*ग्रामात*) बरयता, संस्कृत आनी हेर भारतीय भासांच्या जाणकारांनी ह्यो भासो रोमींत कश्यो बरयल्यात तें जाणा जावन घेता, ते प्रमाण कोंकणी बरपाची शास्त्रीक रीत घडयता, आनी मराठी सयत हेर भारतीय भासांच्या कोशांचो आधार घेवन कोंकणी दोतोर्न निवळायता (पळेयात

क्रिस्तांव घराबो कापित्ल ७वो आनी ८वो).

कोंकणी गिरेस्त संस्कृत भाशेची धूव; मराठी, गुजराती, हिंदुस्तानीची भयण; तिका तिचें निजाचें व्याकरण आसा, निजाची उतरावळ आसा, पोर्तुगेज भाशेचो सुमारा भायर प्रभाव पडिल्ल्यान हें नीज लिपलां, ताचो थाव घेवंक जाय ही जाणविकाय एदवार्द जुजे ब्रुन द सौजांच्या वावरांत स्पश्ट दिश्टी पडटा. पूण घडये, *क्रिस्तांव घराबो* नवलकाणयेंतल्या पाद्र विगारा वरीच तांकांय संस्कृत आनी हेर भारतीय भासांचें गिन्यान नाशिल्लें, मराठी परस तांकां ग्रेग लागीं दिसताली, आनी हाका लागून तांगेल्या वावराक कांय मर्यादाय पडिल्ल्यो. *क्रिस्तांव घराबो* नवलकाणी बरोवप्याच्या ह्या भाशीक मर्यादांचीय वळख घडयता.

ही नवलकाणी वाचतना मों. सॅबाश्तियांव रुदोल्फ दाल्गादांच्या (१८५५-१९२२) वावराची फाटभुंयूय स्पश्ट जाता.

दाल्गाद ब्रुन द सौजां परस पिरायेन एकुणीस वर्सांनी ल्हान. एके नदरेन दोगूय समकालीन. देखून प्रस्न पडटा, तांकां एकामेकांच्या वावराची जाण आशिल्ली काय? *उर्देतेचे साळक* १८८९ वर्सा सुरू जालें. १८९४ मेरेन तें चल्लें. दाल्गादांनी तें केन्नाच पळोवंक नाशिल्लें काय? आनी, दाल्गादांचो कोंकणी-पोर्तुगेज कोश १८९३ वर्सा मुंबय उजवाडा आयिल्लो. ताची प्रत ब्रुन द सौजांच्या हातांत पडूंक नाशिल्ली काय?

दाल्गादांनी कोंकणीक (पोर्तुगेजीकूय) दोन कोश दिले. एक, वयर उल्लेख आयला तो, कोंकणी-पोर्तुगेज कोश (१८९३), आनी दुसरो, १९०५ वर्सा उजवाडा आयिल्लो पोर्तुगेज-कोंकणी कोश. दाल्गादांचे दोनूय कोश म्हळ्यार, आपणाल्या निजाच्या रुळां वयल्यान निसरून खंयचे खंय पाविल्ली कोंकणीची गाडी परतून ह्या रुळांचेर हाडपाचो तांचो यत्न. कोश तयार करतना तांणी कसल्यो कसल्यो थारावण्यो घेतिल्ल्यो तें दोनूय कोशांच्यो प्रस्तावना स्पश्ट करतात. पूण अदीक म्हत्वाचें, ह्यो प्रस्तावना कोंकणी कडेन पळोवपाची तांची नदर उकतायतात. वांगडाच, तांच्या काळार कोंकणीची स्थिती कशी आशिल्ली, ताचेरूय उजवाड घालतात.

सुमार तीस वर्सांचे पिरायेर दाल्गाद संस्कृत भास शिकूंक लागिल्ले. ही भास शिकतना कोंकणीची उतरावळ आनी व्याकरणीक बांदावळ संस्कृत भाशेचे उतरावळीक आनी व्याकरणीक बांदावळीक कितली लागीं आसा हाचेर तांचें लक्ष गेलें. सुरवेक तांकां दिसलें, ह्या सारकेपणाचेरूच एक ल्हानशी पटी बरोवप, ही पटी वाचतकच कोणाय जाणकाराक हे भाशेचो कोश तयार करपाची प्रेरणा

आनी दिका मेळची म्हूण. पूण उपरांत, असल्या मळांचेर उत्साह चडसो उणोच आसता हें पळोवन तांणीच ह्या वावराक हात घालो (पळेयात S. J. Borkar ९).

एकुणिसाव्या शेंकड्याचे अखेरेक कोंकणी सारकेले भाशेचो कोश तयार करप सोंपें काम नाशिल्लें. दाल्गाद सांगतात, आयचे घटकेक तरी कोंकणी जिबेरूच अदीक घोळिल्ली पळोवंक मेळटा. आयज आमच्या हातांत आसा ती तिची बरपावळ पोर्तुगेज राजवटींत तयार जाल्ली धर्मीक बरपावळ. ह्या पुर्विल्ल्या बरोवप्यांनी कोंकणी शिकून कोंकणींत बरपावळ निर्मिली, आनी कोंकणी खातीर तांणी रोमी लिपी घेतली. पूण कोंकणीच्या खाशेल्या नादांक धरून हे लिपयेंत कोंकणी बरोवपाचे नेम घडयले. हे रितींतूय कांय उणेपणां आशिल्लीं. पूण तिचे भितर एक वेवस्ता आशिल्ली. उपरांत रोमी लिपयेंतल्यान जीं बरपां उजवाडा आयलीं तीं मात कसलेच रितीक धरून नाशिल्लीं. *त* आनी *ट*, *त* आनी *थ* हे तरेचे भेदूय तीं दाखय नाशिल्लीं. हाका लागून हीं बरपां वाचतना घोळ जाता (पळेयात, आदलोच संदर्भ १०).

दाल्गाद मुखार बरयतात, ''हालीं रोमी बरपांच्यो कांय नव्यो घुस्पागोंदळाच्यो रिती कांय जाणांनी सोदून काडल्यात. तांकां पुरायेन शास्त्रशुद्‌ध म्हणूंक मेळचें ना तरी एके मर्यादे भितर तांचो वापर जाय सारको आसा'' (आदलोच संदर्भ, अणकारून).[४]

हे उपरांत दाल्गाद आपणाकूच विचारतात, कोंकणीक तिची आपणाली अशी लिपी केन्नाच नाशिल्ली काय? आनी जाप दितात, आशिल्लीय जाल्यार आयज तरी तिचे विशीं आमकां कांयच खबर ना. मागीर, कांय पोरणीं कोमुनिदादींची बरपां कन्नड लिपयेंत बरयल्लीं मेळटात हो ज्युझे जेर्सन दा कुन्यांच्या बरपांतलो संदर्भ घेवन ते म्हणटात, हाचीं कारणां स्पश्ट आसात - कन्नड लोकांली राज्यसत्ता, कन्नड लोकां वांगडा चलपी वेपार-उद्‌देग, आनी कन्नड लोकांलो शेजार. कन्नड लिपये भितर कोंकणीचे नाद बरे तरेन उकते करपाची तांक आसलीय जाल्यार ही लिपी द्रविडी कुळांतले भाशेची, कोंकणी आर्य कुळांतली, देखून हेर भयण-भासां वरी तिचीय लिपी देवनागरीच आसूंक जाय, देवनागरींत फावो थंय इल्ले बदल करचे पडले जाल्यारूय, अशी स्पश्ट भुमिका दाल्गाद घेतात (आदलोच संदर्भ).

दाल्गाद संस्कृत भाशेचे एक पंडीत आशिल्लेच. पूण म्हत्वाचें म्हळ्यार, तुलनात्मक वाङ्मयविद्येचे - Comparative Philology चे - परंपरेंतले ते एक जाणकार आशिल्ले. तांगेल्या दोनूय कोशांच्यो प्रस्तावना वाचतना हें

पावला कणकणीं जाणवता.

कोंकणी खातीर देवनागरी लिपीच योग्य ही दाल्गादांची भुमिका तुलनात्मक वाङ्मयविद्येचे बुन्यादीचेर उबी आसा. कोंकणी-पोर्तुगेज कोशांत कोंकणी उतरां ते पयलीं देवनागरी लिपयेंत दितात. पूण देवनागरीची वळख नाशिल्ल्याच्या सोंपेपणा खातीर उतराच्या देवनागरी रुपा उपरांत रोखडेंच ताचें रोमी लिपयेंत रूप दितात. खंयचे रोमी लिपयेंत? विल्यम जोन्ज हांणी संस्कृत भाशे खातीर तयार केल्ले रोमींत.

''उदेंते कडले भाशेक खंयचेच येवरोपी भाशेचें मार्गदर्शन फावना. कोंकणी तिचे खाशेले देवनागरी (वा देवनागरीचे धरतेचेर घडयल्ले 'कानारी') लिपयेंत बरोवंक जाय. तिचे खातीर रोमी लिपी घेवची पडलीच जाल्यार तिचे आवय [संस्कृत] खातीर आनी हेर थळाव्या भासां खातीर जी रोमी तयार केल्या, तीच तिणेंय आपणावंक जाय. हाका लागून आपणाल्या भाशे-कुळा कडेन आनी ह्या कुळांतल्या वांगड्यां कडेन कोंकणी नातें सांबाळूंक पावतली'' (आदलोच संदर्भ १३, अणकारून) अशें दाल्गाद स्पश्ट सांगतात.

मुंबय आपणाल्या खर्चान छापून उजवाडा हाडिल्ल्या कोंकणी-पोर्तुगेज कोशांत दाल्गाद कोंकणी खातीर देवनागरी लिपी आपणायतात. तांचो पोर्तुगेज-कोंकणी कोश पोर्तुगालाक उजवाडा आयिल्लो. पोर्तुगेज सरकाराच्या Marine and Overseas Ministryन तो उजवाडा हाडिल्लो. हातूंत पोर्तुगेज उतरांचो कोंकणी अर्थ फकत रोमी लिपयेंत दिल्लो मेळटा. क्रिस्तांवांक रोमी लिपी अदीक संवकळीची म्हूण ते ही थारावणी घेतात. (हे दोनूय कोश तयार करतना तांचे वापरुपी म्हूण दाल्गादांचे नदरे मुखार मुखेलपणान गोंयचे कोंकणी पाद्रीभाव आशिल्ले हें आमी विसरूंक फावना.) पूण विल्यम जोन्ज हांणी तयार केल्लीच रोमी बरपाची रीत आपणावन तिचें देवनागरी लिपये कडलें नातेंय ते स्पश्ट करतात.

लिपयेचो प्रस्न थाऱ्यार घालून जातकच दाल्गाद उतरांच्या प्रस्ना कडेन येतात.

एका व्हडल्या घराण्यांतले - संस्कृत आवयचे - धुवेक, तिका परकी जाल्ल्या, तिच्याच पुतांनी आयज भिकेक पावयल्या म्हूण दाल्गादांक दुःख जाता. कोंकणी उतरावळीचें सुमारा भायर पोर्तुगेजीकरण जाल्ल्यान तिची अवनत जाल्या, ती आडावपाची गरज आसा अशें तांकां दिसता. ते सांगतात, आर्य भाशे-कुळांतल्या चड्श्या सुसंस्कृत भासांक तांची मूळ उतरावळ संस्कृत भाशे कडल्यान दायजान मेळ्ळ्या, तशी दायजाच्या हकान कोंकणीकूय ती मेळ्ळ्या; ही कोणा कडल्यान

उश्णी घेतिल्ली वा भीक म्हूण मेळिल्ली उतरावळ न्हय. कोंकणीक तिचें मूळ, सभावीक रूप जोडून दितना आमकां वेवस्थीत आनी शास्त्रीक मार्ग आपणावचो पडटलो; एकएकल्याच्या मता प्रमाण, कोल्ला प्रमाण, मनाक मारता तशे बदल घडोवन हाडून चलचें ना, अशें ते बरयतात (आदलोच संदर्भ २३).

आपणाल्या दोनूय कोशांनी दाल्गाद कोंकणीक तिचें मूळ रूप जोडून दिवपाचो वावर करतात. कोंकणी-पोर्तुगेज कोशांत ते व्युत्पत्तीची नदर आपणायतात. व्युत्पत्ती कित्याक? ते सांगतात, निखटे विद्‌वत्ते खातीर न्हय, तर भाशेक जाग्यार घालपाचो होच एक विवेकपूर्ण आनी प्रभावी मार्ग, देखून (आदलोच संदर्भ). *गडो, गोडो, घडो* आनी *घोडो; आंगाचो* आनी *हांगाचो; बात* आनी *भात; आड* आनी *हाड; वड* आनी *व्हड/होड* ह्या उतरां मदलें वेगळेपण पारखुपाची नदर दाल्गाद व्युत्पत्तींतल्यान जोडटात (आदलोच संदर्भ ३५, ३५वी टीप).

कोंकणी भाशेची अवनत आडावप म्हळ्यार दाल्गादांचे नदरेन तिका जाता तितली संस्कृत मुळा सरीं व्हरप. देखून, *उदक* आनी *उदीक* ह्या एका उतराच्या दोन रुपांतलें, मूळ संस्कृत रुपाक लागीं आशिल्लें, *उदक* ते वेंचून काडटात आनी *उदीक* ताचें अशुद्‌ध रूप लेखतात. हेच भाशेन, *दार* आनी *दॅर* हांतलें *दार* ते घेतात, तें संस्कृत भाशेच्या *द्‌वार* उतराक लागीं आशिल्ल्यान. *अकमान* आनी *अपमान, शेगुण* आनी *सुगुण* हांतलीं *अकमान* आनी *शेगुण अपमान* आनी *सुगुणा*चीं भ्रश्ट रुपां अशें ते लेखतात. *असकत* आनी *सकत* हिंवूय, हेच भाशेन, मुळच्या *अशक्त* आनी *शक्ति* उतरांचीं अपभ्रंश रुपां अशें ते मानतात (आदलोच संदर्भ १५).

कोंकणीच्या निजाचो थाव घेतां घेतां दाल्गाद सोळाव्या आनी सतराव्या शेंकड्यांतल्या मिशनरींच्या बरपावळींतलें कोंकणी उतरांचें मोलादीक भांडार उस्तितात. मुखेलपणान, थॉमस स्टीफन्सांचें *ख्रिस्त पुराण,* आनी मिगेल द आल्मैदांचें *वनवाळ्याचो मळो,* हीं बरपां घेवन सोळाव्या-सतराव्या शेंकड्यांत गोंयांत घोळणुकेंत आशिल्ली कोंकणीची कितलीशी तद्‌भव उतरावळ, हे भाशेन, ते एकुणिसाव्या शेंकड्यांतल्या वाचप्याचे नदरेक हाडून दितात. ह्या बरपांनी क्रिस्तांव धर्मांतल्या संकल्पनां खातीर मेकळेपणान वापरिल्लीं कितलींशीं हिंदू ('ब्राह्मणी') धर्मांतलीं उतरां दाल्गादांक मेळटात. तींय ते कोशांत दितात (पळेयात आदलोच संदर्भ १६).

पोर्तुगेजींतल्यान कोंकणींत आयिल्लीं सगळींच उतरां दाल्गाद आपणाल्या कोंकणी-पोर्तुगेज कोशांत घेनात. ते सांगतात, जिबे वयले कोंकणींत उणींच म्हळ्यार

धावो वांटो उतरां पोर्तुगेज आसतात. हांतल्या सगळ्याच उतरांची कोंकणीक गरज ना. केन्ना केन्ना तीं उलोवप्याचें कोंकणी विशींचें अज्ञान दाखयतात, तर केन्ना असल्या उतरां खुस्तार नेट मारपाची ताची इत्सा दाखयतात. देखून, सगळींच उतरां कोशांत दिलीं जाल्यार कोश वापरतल्याक भाशेचें विकृत चित्र मेळूं येता. तेच भाशेन, पोर्तुगेजींतल्यान आयिल्लीं खंयचींच उतरां घेतलीं नात जाल्यारूय कोंकणींतली घोळणुकेंतली कितलीशी उतरावळ मुद्‌दाम भायरायल्ले वरी जाता. दाल्गाद हांगा मदली वाट आपणायतात. उदेंते कडल्या एका परस अदीक भासांनी घोळपी, कोंकणीच्या सभावांत पुरायेन भरसून गेल्लीं, आनी थळाव्या पर्यायी उतरां परस अदीक घोळणुकेंत आशिल्लीं उतरांच ते कोशांत घेतात (पळेयात आदलोच संदर्भ १५-१८).

दाल्गादांची कोंकणी विशींची नदर देशी भाशीक परंपरेचे बुन्यादीर घट उबी आशिल्ली. कोंकणीची उदरगत जातली जाल्यार ती हेर भारतीय भासां वांगडा वाडूंक जाय, आनी संस्कृत भाशे कडल्यान तिका पोसवण मेळत रावंक जाय; हीं दोनूय नातीं तुटलीं जाल्यार कोंकणी म्हुट्टेतली, तिचो विकास जावंक पावचो ना, हो विचार दाल्गादांनी दोनूय कोशांक बरयल्ल्या प्रस्तावनांतल्यान स्पश्टपणान उकतो जाता.

दाल्गाद साहित्यीक कोंकणी भाशेचे एक बुन्यादीचे फातर. शणै गोंयबाब, ज्योकीं आंतोन फेर्नांदीस ह्या कोंकणी म्हालगड्यांचे भाशेचेर दाल्गादांचो प्रभाव दाखोवं येता. हे उपरांतच्या पोर्तुगेज जाणा जाल्ल्या कोंकणी बरोवप्यांच्या पिळग्यांकूय दाल्गादांनी वाट दाखयल्या. इगर्जेंतले कोंकणी भाशेचेर, मुखेलपणान *रोमी मिसाला*चेर, दाल्गादांचो खूब प्रभाव दाखोवं येता.

एक मात -

कोंकणी विशींची दाल्गादांची नदर समजून घेवपाक कोशांक बरयल्ल्यो तांगेल्यो प्रस्तावनाच वाचून चलचें नां, कोशांतल्या उतरांच्या रानांतल्यान आमकां हेडचें पडटलें.

ह्या दोनूय कोशांच्या प्रस्तावनांचो सुरेशबाब बोरकार हांणी अणकार केला, आनी 'अस्मिताय प्रतिष्ठाना'न तो पुस्तका रुपान उजवाडा हाडला. अणकारप्यांक आनी उजवाडावपी संस्थेक परबीं. कोंकणीच्या विद्यार्थ्यां खातीर ह्या बरपांचो कोंकणी अणकारूय आतां उजवाडा येवचो.

उश्णी घेतिल्ली वा भीक म्हूण मेळिल्ली उतरावळ न्हय. कोंकणीक तिचें मूळ, सभावीक रूप जोडून दितना आमकां वेवस्थीत आनी शास्त्रीक मार्ग आपणावचो पडटलो; एकएकल्याच्या मता प्रमाण, कोल्ला प्रमाण, मनाक मारता तशे बदल घडोवन हाडून चलचें ना, अशें ते बरयतात (आदलोच संदर्भ २३).

आपणाल्या दोनूय कोशांनी दाल्गाद कोंकणीक तिचें मूळ रूप जोडून दिवपाचो वावर करतात. कोंकणी-पोर्तुगेज कोशांत ते व्युत्पत्तीची नदर आपणायतात. व्युत्पत्ती कित्याक? ते सांगतात, निखटे विद्‌वत्ते खातीर न्हय, तर भाशेक जाग्यार घालपाचो होच एक विवेकपूर्ण आनी प्रभावी मार्ग, देखून (आदलोच संदर्भ). *गडो, गोडो, घडो* आनी *घोडो; आंगाचो* आनी *हांगाचो; बात* आनी *भात; आड* आनी *हाड; वड* आनी *व्हड/होड* ह्या उतरां मदलें वेगळेपण पारखुपाची नदर दाल्गाद व्युत्पत्तींतल्यान जोडटात (आदलोच संदर्भ ३५, ३५वी टीप).

कोंकणी भाशेची अवनत आडावप म्हळ्यार दाल्गादांचे नदरेन तिका जाता तितली संस्कृत मुळा सरीं व्हरप. देखून, *उदक* आनी *उदीक* ह्या एका उतराच्या दोन रुपांतलें, मूळ संस्कृत रुपाक लागीं आशिल्लें, *उदक* ते वेंचून काडटात आनी *उदीक* ताचें अशुद्‌ध रूप लेखतात. हेच भाशेन, *दार* आनी *दॅर* हांतलें *दार* ते घेतात, तें संस्कृत भाशेच्या *द्‌वार* उतराक लागीं आशिल्ल्यान. *अकमान* आनी *अपमान, शेगुण* आनी *सुगुण* हांतलीं *अकमान* आनी *शेगुण अपमान* आनी *सुगुणा*चीं भ्रश्ट रुपां अशें ते लेखतात. *असकत* आनी *सकत* हिंवूय, हेच भाशेन, मुळच्या *अशक्त* आनी *शक्ति* उतरांचीं अपभ्रंश रुपां अशें ते मानतात (आदलोच संदर्भ १५).

कोंकणीच्या निजाचो थाव घेतां घेतां दाल्गाद सोळाव्या आनी सतराव्या शेंकड्यांतल्या मिशनरींच्या बरपावळींतलें कोंकणी उतरांचें मोलादीक भांडार उस्तितात. मुखेलपणान, थॉमस स्टीफन्सांचें *ख्रिस्त पुराण,* आनी मिगेल द आल्मैदांचें *वनवाळ्याचो मळो,* हीं बरपां घेवन सोळाव्या-सतराव्या शेंकड्यांत गोंयांत घोळणुकेंत आशिल्ली कोंकणीची कितलीशी तद्‌भव उतरावळ, हे भाशेन, ते एकुणिसाव्या शेंकड्यांतल्या वाचप्याचे नदरेक हाडून दितात. ह्या बरपांनी क्रिस्तांव धर्मांतल्या संकल्पनां खातीर मेकळेपणान वापरिल्लीं कितलींशीं हिंदू ('ब्राह्मणी') धर्मांतलीं उतरां दाल्गादांक मेळटात. तींय ते कोशांत दितात (पळेयात आदलोच संदर्भ १६).

पोर्तुगेजींतल्यान कोंकणींत आयिल्लीं सगळींच उतरां दाल्गाद आपणाल्या कोंकणी-पोर्तुगेज कोशांत घेनात. ते सांगतात, जिबे वयले कोंकणींत उणींच म्हळ्यार

धावो वांटो उतरां पोर्तुगेज आसतात. हांतल्या सगळ्याच उतरांची कोंकणीक गरज ना. केन्ना केन्ना तीं उलोवप्याचें कोंकणी विशींचें अज्ञान दाखयतात, तर केन्ना असल्या उतरां खुस्तार नेट मारपाची ताची इत्सा दाखयतात. देखून, सगळींच उतरां कोशांत दिलीं जाल्यार कोश वापरतल्याक भाशेचें विकृत चित्र मेळूं येता. तेच भाशेन, पोर्तुगेजींतल्यान आयिल्लीं खंयचींच उतरां घेतलीं नात जाल्यारूय कोंकणींतली घोळणुकेंतली कितलीशी उतरावळ मुद्दाम भायरायल्ले वरी जाता. दाल्गाद हांगा मदली वाट आपणायतात. उदेंते कडल्या एका परस अदीक भासांनी घोळपी, कोंकणीच्या सभावांत पुरायेन भरसून गेल्लीं, आनी थळाव्या पर्यायी उतरां परस अदीक घोळणुकेंत आशिल्लीं उतरांच ते कोशांत घेतात (पळेयात आदलोच संदर्भ १५-१८).

दाल्गादांची कोंकणी विशींची नदर देशी भाशीक परंपरेचे बुन्यादीर घट उबी आशिल्ली. कोंकणीची उदरगत जातली जाल्यार ती हेर भारतीय भासां वांगडा वाडूंक जाय, आनी संस्कृत भाशे कडल्यान तिका पोसवण मेळत रावंक जाय; हीं दोनूय नातीं तुटलीं जाल्यार कोंकणी म्हुट्टेतली, तिचो विकास जावंक पावचो ना, हो विचार दाल्गादांनी दोनूय कोशांक बरयल्ल्या प्रस्तांवनांतल्यान स्पश्टपणान उकतो जाता.

दाल्गाद साहित्यीक कोंकणी भाशेचे एक बुन्यादीचे फातर. शणै गोंयबाब, ज्योकीं आंतोन फेर्नांदीस ह्या कोंकणी म्हालगड्यांचे भाशेचेर दाल्गादांचो प्रभाव दाखोवं येता. हे उपरांतच्या पोर्तुगेज जाणा जाल्ल्या कोंकणी बरोवप्यांच्या पिळग्यांकूय दाल्गादांनी वाट दाखयल्या. इगर्जेंतले कोंकणी भाशेचेर, मुखेलपणान *रोमी मिसाला*चेर, दाल्गादांचो खूब प्रभाव दाखोवं येता.

एक मात -

कोंकणी विशींची दाल्गादांची नदर समजून घेवपाक कोशांक बरयल्ल्यो तांगेल्यो प्रस्तावनाच वाचून चलचें ना, कोशांतल्या उतरांच्या रानांतल्यान आमकां हेडचें पडटलें.

ह्या दोनूय कोशांच्या प्रस्तावनांचो सुरेशबाब बोरकार हांणी अणकार केला, आनी 'अस्मिताय प्रतिष्ठाना'न तो पुस्तका रुपान उजवाडा हाडला. अणकारप्यांक आनी उजवाडावपी संस्थेक परबीं. कोंकणीच्या विद्यार्थ्यां खातीर ह्या बरपांचो कोंकणी अणकारूय आतां उजवाडा येवचो.

टिपो :

१. ह्या काळाच्या कोंकणीच्या इतिहासाचे अदीक म्हायती खातीर पळेयात Cunha Rivara.

२. *उदेंतेचें साळक* हें खरें द्विभाशीक नेमाळें आशिल्लें. तें कोंकणी आनी पोर्तुगेज भासांतलो मजकूर उजवाडायतालें. "येवकार अध्यक्षांलें उलोवप" ह्या बरपाक शणै गोंयबाबान फ्रान्सिस जॉन मार्तीरिस आनी ज्योआकीं आंतोनिय फेर्नान्दिस हांणी तयार केल्ली कोंकणी नेमाळ्यांची काळपट्टी वळेरी जोडल्या. तातूंत ही म्हायती मेळटा.

३. हें पुराण रचपा फाटली स्टीफन्सांची ही प्रेरणा *ख्रिस्त पुराणाच्या* 'पयल्या पुराणा'च्या 'पयल्या अवस्वरां'तल्या कांय होंवयांनी स्पश्ट जाल्या.

४. हें बरयतना दाल्गादांच्या मनांत ब्रुन द सौजांची रोमी बरपाची रीत - तांगेलें Alphabeto Mariano - नाशिल्लें मूं?

६ ऑक्टोबर २००८ दिसा Dalgado on Konkani पुस्तकाच्या लोकार्पण सुवाळ्यांत केल्लें उलोवप.

(जाग, जानेवारी २००९)

२. सार्त्र, कुन्या, शणै गोंयबाब

खुब्ब पयलींची गजाल न्हय. धर्तरेर तेन्ना दोन अब्ज लोक रावताले : पन्नास कोटी मनीस, आनी देड अब्ज थळावे (नेटिव्ह्ज). मनशां कडेन **उतर** आशिल्लें, आनी हेरां कडेन ताचो वापर. दोनांय मजगतीं मध्यस्त कशे भाड्याचे ल्हान ल्हान राजा, जमीनदार आनी भांडवलदार - पुरायेन ढोंगी, पुरायेन फटकिरे. वसणुकांनी सत्य नागडें-उगडें उबें आसतालें, पूण मायभुंयेंतल्या नागरिकांक तें कपडे घालून अदीक मानवतालें. थळाव्यांक तांचो मोग करचो पडटालो. भुरगीं आवयचो करतात, तसो. येवरोपी elite थळावो elite तयार करतालो. जांचे कडल्यान उमेद बाळगूं येत असले तरणाटे वेंचून काडटालो; लोखणाचे, तापून तांबडे गुंज जाल्ले सळयेन दागतात तसो येवरोपी संस्कृतायेच्या तत्वांनी तांकां दागतालो; तांच्या तोंडांत व्हडल्या व्हडल्या उतरांचे, वाक्यांचे गुड्डे भरतालो; आनी थोडो काळ मायदेसांत दवरून, व्हायट वॉश करून, तांकां घरा धाडून दितालो. ह्या चलत्या भोंवत्या फटीं कडेन आपणाल्या भावांक सांगपा खातीर कांय

टिपो :

१. ह्या काळाच्या कोंकणीच्या इतिहासाचे अदीक म्हायती खातीर पळेयात Cunha Rivara.

२. *उदेंतेचें साळक* हें खरें द्विभाशीक नेमाळें आशिल्लें. तें कोंकणी आनी पोर्तुगेज भासांतलो मजकूर उजवाडायतालें. ''येवकार अध्यक्षांलें उलोवप'' ह्या बरपाक शणै गोंयबाबान फ्रान्सिस जॉन मार्तीरिस आनी ज्योआकीं आंतोनिय फेर्नान्दिस हांणी तयार केल्ली कोंकणी नेमाळ्यांची काळपट्टी वळेरी जोडल्या. तातूंत ही म्हायती मेळटा.

३. हें पुराण रचपा फाटली स्टीफन्सांची ही प्रेरणा *ख्रिस्त पुराणाच्या* 'पयल्या पुराणा'च्या 'पयल्या अवस्वरां'तल्या कांय होंवयांनी स्पश्ट जाल्या.

४. हें बरयतना दाल्गादांच्या मनांत ब्रुन द सौजांची रोमी बरपाची रीत - तांगेलें Alphabeto Mariano - नाशिल्लें मूं?

६ ऑक्टोबर २००८ दिसा Dalgado on Konkani पुस्तकाच्या लोकार्पण सुवाळ्यांत केल्लें उलोवप.

(जाग, जानेवारी २००९)

२. सार्त्र, कुन्या, शणै गोंयबाब

खुब्ब पयलींची गजाल न्हय. धर्तरेर तेन्ना दोन अब्ज लोक रावताले : पन्नास कोटी मनीस, आनी देड अब्ज थळावे (नेटिव्ह्ज). मनशां कडेन **उतर** आशिल्लें, आनी हेरां कडेन ताचो वापर. दोनांय मजगतीं मध्यस्त कशे भाड्याचे ल्हान ल्हान राजा, जमीनदार आनी भांडवलदार - पुरायेन ढोंगी, पुरायेन फटकिरे. वसणुकांनी सत्य नागडें-उगडें उबें आसतालें, पूण मायभुंयेंतल्या नागरिकांक तें कपडे घालून अदीक मानवतालें. थळाव्यांक तांचो मोग करचो पडटालो. भुरगीं आंवयचो करतात, तसो. येवरोपी elite थळावो elite तयार करतालो. जांचे कडल्यान उमेद बाळगूं येत असले तरणाटे वेंचून काडटालो; लोखणाचे, तापून तांबडे गुंज जाल्ले सळयेन दागतात तसो येवरोपी संस्कृतायेच्या तत्वांनी तांकां दागतालो; तांच्या तोंडांत व्हडल्या व्हडल्या उतरांचे, वाक्यांचे गुड्डे भरतालो; आनी थोडो काळ मायदेसांत दवरून, व्हायट वॉश करून, तांकां घरा धाडून दितालो. ह्या चलत्या भोंवत्या फटीं कडेन आपणाल्या भावांक सांगपा खातीर कांय

नासतालें. तांचे कडल्यान फकत पडसाद आयकूंक मेळटाले. पारीस, लंडन, आम्स्तरदामांतल्यान आमी उतरां उच्चारचीं - "Parthenon! Brotherhood!" आनी आफ्रिकेंत वा आशियेंत खंय तरी ओंठ उकते जावचे - "...thenon! ...therhood!" हें आशिल्लें भांगराचें यूग.

फ्रान्झ फॅनन हांच्या *The Wretched of the Earth* पुस्तकाक ज्यां-पॉल सार्त्र हांणी बरयल्ले प्रस्तावनेची ही सुरवात (७). वसणूकवाद म्हळ्यार कितें, ही कसली प्रक्रिया, तें ह्यो कांय थोड्योच वळी आमकां धड्डडीत दाखयतात.

वसणूकवादा आड संवसारभर चलिल्ली - 'थळाव्यां'नी चलयल्ली - चळवळ सार्त्रांक सस्त बसूंक दिना. आमी कोण? जाचो आमकां भोव अभिमान, तो आमचो 'मानवतावाद' कसले तरेचो - ते आत्मपरिक्षण करतात, आनी तांकां जण एकल्या येवरोपेवा भितर आपणाल्या फायद्या खातीर हेरांक वापरून घेवपी, हेरांची पिळणूक करपी, शोशक - exploiter - दिश्टी पडूंक लागता. वसणूकवादाक आमचें सगळ्यांचें हात-बोट लागलां, कित्याक, ताचो आमकां सगळ्यांक फायदो जाला, तांकां होलमता. देखून, वसणूकवादा आड चलिल्ली चळवळ म्हळ्यार जण एकल्या येवरोपेवा भितर खोल पाळां-मुळां रोमून आशिल्ल्या 'वसणूक करप्या'क - settlerक - हुमटावन भायर काडपाची चळवळ, तांकां दिसता.

वसणूकवादा विशींची ही जाणविकाय तांकां येवरोपी मानवतावादाचें खरेलें रूप दाखयता. ते म्हणटात, ''[आमचो मानवतावाद म्हळ्यार] निखट्या फटींची ideology, आमी केल्ले लूटमारेचें हें समर्थन. ह्या मानवतावादाचीं म्होंवाळ उतरां, ताचें संवेदनशीलतायेचें सवंग - आमी हेरांचेर केल्ल्यो आगळिको लिपोवंक काडिल्ली माण्णी ही एक'' (२१, अणकारून). ''. . . आमचो मानवतावाद वंश-दुस्वाशी मानवतावाद, कित्याक, गुलाम आनी राकेस निर्मिले बगर येवरोपेवाक केन्ना मनीस जावंक येवंक ना,'' ते बरयतात (२२, अणकारून).

कितली कडक समिक्षा ही वसणूकवादाची! 'आमी कितें केलां पळेयात,' वसणूक करप्याचे - settler चे - नदरेंतल्यान सार्त्र संवसाराक दाखयतात.

वसणूकवादाचे समिक्षेचें दुसरें तोंक पळोवपाक त्रिशतांव ब्रागांझ कुन्यांचें "The Denationalization of Goans" वाचचें. ह्या बरपांत थळाव्यांचे - natives चे - नदरेंतल्यान कुन्या संवसाराक सांगतात, 'वसणूकवादाक लागून आमी कशे जाल्यात पळेयात!'

एकाच रागांतल्यो दोन बंदिशी ह्यो.

> राष्ट्रीयत्वाची भावना वगडावन बशिल्लो - डीनॅशनलायझ जाल्लो - पुराय भारतांत गोंयकारा वरी कोण आसचोना. इल्लीय राष्ट्रीय भावना नाशिल्ल्यान, आनी लज दिसची अशे तरेन परकी पोर्तुगेज वा ब्रिटीश राजवटी सुवादीन जाल्ल्यान, गोंयकार, मुखेलपणान क्रिस्तांव गोंयकार, आपणाले खासा भुंयेर परकी जाला. जें जें देशा भायलें ताचें लाचार अनुकरण, संकरीत चाली-रिती आनी संवयो, सैमीक भोंवतणे कडेन मेळ जुळना असलें जिणें - गोंयकाराचे हे विचित्र चलणुकेक लागून ताच्या वंशाचे शुद्‌धतायेचो लेगीत दुबाव मारपाक लागता, शेजारच्या भारतीयां परस वंशान तो इल्लोय वेगळो नासलो तरी. (५९, अणकारून)

- कुन्या सरळ मुद्‌द्यार येतात.

भारताची स्वतंत्रतायेची चळवळ इतली मुखार पाविल्ली आसतना गोंयकार तिचे पसून असो 'अनवाळो' कसो उरला? गोंयकाराचे हे चलणुकेचें मूळ कितें? - कुन्या विचारतात, आनी जाप सोदूंक बसतात.

गोंयचेर चार शतमानां परस चड वसणूकवादी सत्तेचो अखंड शेक चल्ला, भारताचे हेर भाग उणो काळ वसणूकवादी राजवटी खाला उरल्यात - हें एक म्हत्वाचें कारण, तांकां दिसता. पूण, आमी चड काळ वसणूकवादी शेका खाला उरिल्ल्यानूच अशें जालें अशें आमकां म्हणूंक मेळचेंना, पोर्तुगेजांचे जुलमी आनी असहिश्णू राजवटीकूच डीनॅशनलायझेशनाचें अदीक श्रेय दिवचें पडटलें, ते सांगतात, आनी मुखार बरयतात :

> हेर वसणूकवादी सत्तांनी केलां तशें, सभ्यतायेच्या नांवा खाला पोर्तुगेजांनीय आमचें शोशण केलां, आमकां पिडापीड भोगयल्या. पूण हे भायर, मानसीक नदरेनूय आमकां गुलाम करपाच्यो माण्ण्यो आपणावन आमचे भितल्ली राष्ट्रीयत्वाची आनी नागरीकत्वाचीय भावना ना करून उडयल्या. दुसऱ्या खंयच्याच देशांत इतल्या प्रमाणांत अशें जाल्लें पळोवंक मेळना . . . . [आनी], आपणाले हे अवनतीची गोंयकारांक जाणविकायूय ना . (५९, अणकारून)

गोंयकारांचो हो काळखो इतिहास कुन्या उस्तूंक बसतात. हो इतिहास लोकां मुखार येवप गरजेचो, कित्याक, इतिहासाच्या नांवान शाळांतल्या पाठ्यपुस्तकांनी, दिसाळ्यांनी आनी हेर बरपावळींत तड्‌डकांचो, असत्याचो, विश्वास दवरूं नजऽ असल्या दंतकथांचोच प्रसार जाला, तांकां दिसता.

सुरवेकूच कुन्या घोळणुकेंत आशिल्ल्या गोंयच्या इतिहासांतल्या दोन

नासतालें. तांचे कडल्यान फकत पडसाद आयकूंक मेळटाले. पारीस, लंडन, आम्स्तरदामांतल्यान आमी उतरां उच्चारचीं - "Parthenon! Brotherhood!" आनी आफ्रिकेंत वा आशियेंत खंय तरी ओंठ उकते जावचे - "...thenon! ...therhood!" हें आशिल्लें भांगराचें यूग.

फ्रान्झ फॅनन हांच्या *The Wretched of the Earth* पुस्तकाक ज्यां-पॉल सार्त्र हांणी बरयल्ले प्रस्तावनेची ही सुरवात (७). वसणूकवाद म्हळ्यार कितें, ही कसली प्रक्रिया, तें ह्यो कांय थोडयोच वळी आमकां धड्डडीत दाखयतात.

वसणूकवादा आड संवसारभर चलिल्ली - 'थळाव्यां'नी चलयल्ली - चळवळ सार्त्रांक सस्त बसूंक दिना. आमी कोण? जाचो आमकां भोव अभिमान, तो आमचो 'मानवतावाद' कसले तरेचो - ते आत्मपरिक्षण करतात, आनी तांकां जण एकल्या येवरोपेवा भितर आपणाल्या फायद्या खातीर हेरांक वापरून घेवपी, हेरांची पिळणूक करपी, शोशक - exploiter - दिश्टी पडूंक लागता. वसणूकवादाक आमचें सगळ्यांचें हात-बोट लागलां, कित्याक, ताचो आमकां सगळ्यांक फायदो जाला, तांकां होलमता. देखून, वसणूकवादा आड चलिल्ली चळवळ म्हळ्यार जण एकल्या येवरोपेवा भितर खोल पाळां-मुळां रोमून आशिल्ल्या 'वसणूक करप्या'क - settlerक - हुमटावन भायर काडपाची चळवळ, तांकां दिसता.

वसणूकवादा विशींची ही जाणविकाय तांकां येवरोपी मानवतावादाचें खरेलें रूप दाखयता. ते म्हणटात, "[आमचो मानवतावाद म्हळ्यार] निखट्या फटींची ideology, आमी केल्ले लूटमारेचें हें समर्थन. ह्या मानवतावादाचीं म्होंवाळ उतरां, ताचें संवेदनशीलतायेचें सवंग - आमी हेरांचेर केल्ल्यो आगळिको लिपोवंक काडिल्ली माण्णी ही एक" (२१, अणकारून). ". . . आमचो मानवतावाद वंश-दुस्वाशी मानवतावाद, कित्याक, गुलाम आनी राकेस निर्मिले बगर येवरोपेवाक केन्ना मनीस जावंक येवंक ना," ते बरयतात (२२, अणकारून).

कितली कडक समिक्षा ही वसणूकवादाची! 'आमी कितें केलां पळेयात,' वसणूक करप्याचे - settler चे - नदरेंतल्यान सार्त्र संवसाराक दाखयतात.

वसणूकवादाचे समिक्षेचें दुसरें तोंक पळोवपाक त्रिशतांव ब्रागांझ कुन्यांचें "The Denationalization of Goans" वाचचें. ह्या बरपांत थळाव्यांचे - natives चे - नदरेंतल्यान कुन्या संवसाराक सांगतात, 'वसणूकवादाक लागून आमी कशे जाल्यात पळेयात!'

एकाच रागांतल्यो दोन बंदिशी ह्यो.

> राष्ट्रीयत्वाची भावना वगडावन बशिल्लो - डीनॅशनलायझ जाल्लो - पुराय भारतांत गोंयकारा वरी कोण आसचोना. इल्लीय राष्ट्रीय भावना नाशिल्ल्यान, आनी लज दिसची अशे तरेन परकी पोर्तुगेज वा ब्रिटीश राजवटी सुवादीन जाल्ल्यान, गोंयकार, मुखेलपणान क्रिस्तांव गोंयकार, आपणाले खासा भुंयेर परकी जाला. जें जें देशा भायलें ताचें लाचार अनुकरण, संकरीत चाली-रिती आनी संवयो, सैमीक भोंवतणे कडेन मेळ जुळना असलें जिणें - गोंयकाराचे हे विचित्र चलणुकेक लागून ताच्या वंशाचे शुद्धतायेचो लेगीत दुबाव मारपाक लागता, शेजारच्या भारतीयां परस वंशान तो इल्लोय वेगळो नासलो तरी. (५९, अणकारून)

- कुन्या सरळ मुद्द्यार येतात.

भारताची स्वतंत्रतायेची चळवळ इतली मुखार पाविल्ली आसतना गोंयकार तिचे पसून असो 'अनवाळो' कसो उरला? गोंयकाराचे हे चलणुकेचें मूळ कितें? - कुन्या विचारतात, आनी जाप सोदूंक बसतात.

गोंयचेर चार शतमानां परस चड वसणूकवादी सत्तेचो अखंड शेक चल्ला, भारताचे हेर भाग उणो काळ वसणूकवादी राजवटी खाला उरल्यात - हें एक म्हत्वाचें कारण, तांकां दिसता. पूण, आमी चड काळ वसणूकवादी शेका खाला उरिल्ल्यानूच अशें जालें अशें आमकां म्हणूंक मेळचेंना, पोर्तुगेजांचे जुलमी आनी असहिश्णू राजवटीकूच डीनॅशनलायझेशनाचें अदीक श्रेय दिवचें पडटलें, ते सांगतात, आनी मुखार बरयतात :

> हेर वसणूकवादी सत्तांनी केलां तशें, सभ्यतायेच्या नांवा खाला पोर्तुगेजांनीय आमचें शोशण केलां, आमकां पिडापीड भोगयल्या. पूण हे भायर, मानसीक नदरेनूय आमकां गुलाम करपाच्यो माण्ण्यो आपणावन आमचे भितल्ली राष्ट्रीयत्वाची आनी नागरीकत्वाचीय भावना ना करून उडयल्या. दुसऱ्या खंयच्याच देशांत इतल्या प्रमाणांत अशें जाल्लें पळोवंक मेळना . . . . [आनी], आपणाले हे अवनतीची गोंयकारांक जाणविकायूय ना . (५९, अणकारून)

गोंयकारांचो हो काळखो इतिहास कुन्या उस्तूंक बसतात. हो इतिहास लोकां मुखार येवप गरजेचो, कित्याक, इतिहासाच्या नांवान शाळांतल्या पाठ्यपुस्तकांनी, दिसाळ्यांनी आनी हेर बरपावळींत तड्डकांचो, असत्याचो, विश्वास दवरूं नजऽ असल्या दंतकथांचोच प्रसार जाला, तांकां दिसता.

सुरवेकूच कुन्या घोळणुकेंत आशिल्ल्या गोंयच्या इतिहासांतल्या दोन

'मिथकां'चेर - तड्डकांचेर - हात घालतात : १) आफोंसु द आल्बुकेर्काची 'सोंसणिकाय' - पोर्तुगेजांचें *आसिमिलासांव* आनी *आसोसियासांवा* चें धोरण, आनी २) अद्‌भूत चमत्कार करून सां फ्रांसिश्क शाव्हिएरान घडोवन हाडिल्लीं धर्मांतरां. खासा आल्बुकेर्काच्या आनी सां फ्रांसिश्काच्या पत्रांतलेच कुडके दिवन ह्यो दोनूय गजाली खऱ्यो नाशिल्ल्यो म्हणपाचें कुन्या दाखोवन दितात.

उपरांत गोंयकारांच्या डीनॅशनलायझेशनाचें एक एक आंग ते उकतें करून दाखयतात. चाली-रितींतलें डीनॅशनलायझेशन, संस्कृतायेच्या मळा वयलें डीनॅशनलायझेशन, डीनॅशनलायझेशनाचीं राजकी-अर्थीक आंगां - एक एक करून सगल्याचेर ते उजवाड घालतात, आनी निमाणें बरयतात, ''मानसीक गुलामपण, राजकी पारतंत्र्य, असभावीक चाली-रिती, सांस्कृतीक मंदाय आनी इबाड, चारित्र्याचो, व्यक्तिमत्वाचो उणाव, शारिरीक अवनत आनी अर्थीक नाश - हाचें सगल्याचें श्रेय आमच्या डीनॅशनलायझेशनाक दिवचें पडटलें'' (९५, अणकारून).

कितलें कडक परिक्षण!

सार्त्रा वरी कुन्याय एक एक कोडू सत सांगीत वतात -

''धर्माच्या नांवान पोर्तुगेजांनी हिंदूंक लुटले आनी क्रिस्तांवांक गुलाम केले. अन्याय करतल्यांक राखण दिवंक दोगांकूय धाकांत दवरले'' (७६, अणकारून).

''गोंयकारांक आपणाल्या अस्तंतीकरणाचो खूब अभिमान. हें अस्तंतीकरण म्हळ्यार वयलेचाराचें धोंग एक. खरो तो गोंयकारांच्या मानसीक गुलामपणाचोच एक पुरावो'' (७९, अणकारून).

''गोंयकार संस्कृतायेच्या मळारूय आपणाली राष्ट्रीयत्वाची भावना वगडावन बसला, इतलेंच म्हणून चलचेंना; तो सांस्कृतीक मळार पुरायेन खांकनवाळ जाला अशें आमकां म्हणचें पडटलें'' (८१, अणकारून).

''पोर्तुगेज प्रभावान पुस्तकी आनी पंडिती संस्कृतायेच्या सांच्यांतले विद्‌वान तयार केले. भारतीय चिंतन, साहित्य, तत्वगिन्यान, कला, संवसारीक संस्कृतायेक भारताचें योगदान - ह्या सगळ्या विशीं तांकां काळखांत दवरले. . . . हाका लागून अस्तंतेचे खंयचेय आनी कसलेय गजालीची तुस्त करपाची गोंयकारांक संवय जाल्या, तिची फकत वयलेचाराची वळख आसली जाल्यारूय; आनी अस्तंती सभ्यताय म्हळ्यारूच वैश्वीक संस्कृताय असो तांचो समज जाला'' (८८, अणकारून).

''येवरोपी समाज-जिणेच्यो चाली-रिती म्हळ्यारूच विकासाचीं लक्षणां असो फटीचो समज करून घेतिल्ल्यान गोंयकारां भितर न्यूनगंड आयला, आनी गोंयचो

समाज येवरोपाचें एक विकृत व्यंगचित्र कसो जावन पडला. खरेल्या विकासाक गरजेची आशिल्ली मौलीकताय आनी कल्पकताय तो वगडावन बसला'' (९२, अणकारून).

'आप जंयच्या सगलें भष्टें/ वंद्य परक्यांलेंच उष्टें''(बा. बोरकार, *सासाय* ४५) ... ''प्राणाक क्षय बुद्धीक भय'' (आदलोच संदर्भ) - कुन्यान गोंयकारांची पिडा पारखिल्ली. "The Denationalization of Goans" म्हळ्यार एके पिडेची एका कुशळ दोतोरान केल्ली पारखणी. ही पिडा पयस करपाचो उपायूय हो दोतोर सुचयता.

''आमची सुमारा भायर अवनत जाल्या हे गजालीची आमकां जाणविकाय जावंक जाय; हे अवनती फाटलीं कारणां आमी सोदून काडूंक जाय. तेन्नाच ही परिस्थिती निवळटली, आनी आमचे राष्ट्रीक कुडीक जाल्ली पिडा पयस करपाचो उपाय आमकां मेळटलो'' (९७-९८, अणकारून) इतलें सांगून कुन्या गोंयकारांक स्वतंत्रताय जोडपाच्या तेजिश्ट मार्गार चलपाचो उलो मारतात :

''. . . [ह्या वेळार] आमी आमच्या भारतीय भावां वांगडा रावंक जाय, साम्राज्यशाये आड चलिल्ल्या तांच्या झुजांत आमी वांटेकार जावंक जाय...'' (९८, अणकारून) ''. . . स्वतंत्रताय सर्गांतल्यान पडिल्ली भेटवण न्हय, दुसऱ्यांच्या यत्नांक लागून जाल्ली ती कृपाय न्हय'' (आदलोच संदर्भ, अणकारून) स्वतंत्रताय जोडपाक आमकां हात-पांय हालोवचे पडटले, आमचें गुलामपण, भिवकुरेपण फांफडून उडोवन झुजचें पडटलें, ते सांगतात.

गोंयकाराचे पिडेची आनीक एकल्यान अशीच कडक पारखणी केल्ली - शणै गोंयबाबान. "The Denationalization of Goans" वाचतना कितलेशेच कडेन हे पारखणेचो उगडास जाले बगर रावना.

> आज आमी सगळे तरेन खांकनवाळ जाल्यांत. . . . राजकरण, धर्मकारण आनी भासकारण हांतूंत आमी सुतकी जाल्यांत. आमी पेल्यान रावन, कोणाक आफडनासतना, हेर लोक कितें करतात तें मोन्यानी पळेतांत आनी तांगेल्या बंदेपणांत वावुरतांत. . . . आमगेलो जीव कसल्याच सात्वीक अुमाळ्यांनी फुरफुरना, निखट्या बंदेपणांतूच दीस काडूंक आमी जल्मा आयल्यांत आनी सासणांचीं सासणां आमकां अशेच तरेन वांचूंक जाय, अशी साप अुणाक आनी हीण भावना आमच्या मनाची जाल्या. (''ऐन वेळार'' १४४-४५)
>
> . . . आमचे भितर बुद्द आसं, विद्या आसं, बळगें आसं, दुडू आसं

'मिथकां'चेर - तड्डकांचेर - हात घालतात : १) आफोंसु द आल्बुकेर्काची 'सोंसणिकाय' - पोर्तुगेजांचें *आसिमिलासांव* आनी *आसोसियासांवा* चें धोरण, आनी २) अद्‌भूत चमत्कार करून सां फ्रांसिश्क शाव्हिएरान घडोवन हाडिल्लीं धर्मांतरां. खासा आल्बुकेर्काच्या आनी सां फ्रांसिश्काच्या पत्रांतलेच कुडके दिवन ह्यो दोनूय गजाली खऱ्यो नाशिल्ल्यो म्हणपाचें कुन्या दाखोवन दितात.

उपरांत गोंयकारांच्या डीनॅशनलायझेशनाचें एक एक आंग ते उकतें करून दाखयतात. चाली-रितींतलें डीनॅशनलायझेशन, संस्कृतायेच्या मळा वयलें डीनॅशनलायझेशन, डीनॅशनलायझेशनाचीं राजकी-अर्थीक आंगां - एक एक करून सगल्याचेर ते उजवाड घालतात, आनी निमाणें बरयतात, ''मानसीक गुलामपण, राजकी पारतंत्र्य, असभावीक चाली-रिती, सांस्कृतीक मंदाय आनी इबाड, चारित्र्याचो, व्यक्तिमत्वाचो उणाव, शारिरीक अवनत आनी अर्थीक नाश - हाचें सगल्याचें श्रेय आमच्या डीनॅशनलायझेशनाक दिवचें पडटलें'' (९५, अणकारून).

कितलें कडक परिक्षण!

सार्त्रा वरी कुन्याय एक एक कोडू सत सांगीत वतात -

''धर्माच्या नांवान पोर्तुगेजांनी हिंदूंक लुटले आनी क्रिस्तांवांक गुलाम केले. अन्याय करतल्यांक राखण दिवंक दोगांकूय धाकांत दवरले'' (७६, अणकारून).

''गोंयकारांक आपणाल्या अस्तंतीकरणाचो खूब अभिमान. हें अस्तंतीकरण म्हळ्यार वयलेचाराचें धोंग एक. खरो तो गोंयकारांच्या मानसीक गुलामपणाचोच एक पुरावो'' (७९, अणकारून).

''गोंयकार संस्कृतायेच्या मळारूय आपणाली राष्ट्रीयत्वाची भावना वगडावन बसला, इतलेंच म्हणून चलचेंना; तो सांस्कृतीक मळार पुरायेन खांकनवाळ जाला अशें आमकां म्हणचें पडटलें'' (८१, अणकारून).

''पोर्तुगेज प्रभावान पुस्तकी आनी पंडिती संस्कृतायेच्या सांच्यांतले विद्‌वान तयार केले. भारतीय चिंतन, साहित्य, तत्वगिन्यान, कला, संवसारीक संस्कृतायेक भारताचें योगदान - ह्या सगळ्या विशीं तांकां काळखांत दवरले. . . . हाका लागून अस्तंतेचे खंयचेय आनी कसलेय गजालीची तुस्त करपाची गोंयकारांक संवय जाल्या, तिची फकत वयलेचाराची वळख आसली जाल्यारूय; आनी अस्तंती सभ्यताय म्हळ्यारूच वैश्वीक संस्कृताय असो तांचो समज जाला'' (८८, अणकारून).

''येवरोपी समाज-जिणेच्यो चाली-रिती म्हळ्यारूच विकासाचीं लक्षणां असो फटीचो समज करून घेतिल्ल्यान गोंयकारां भितर न्यूनगंड आयला, आनी गोंयचो

समाज येवरोपाचें एक विकृत व्यंगचित्र कसो जावन पडला. खरेल्या विकासाक गरजेची आशिल्ली मौलीकताय आनी कल्पकताय तो वगडावन बसला'' (९२, अणकारून).

'आप जंयच्या सगलें भष्टें/ वंद्य परक्यांलेंच उष्टें''(बा. बोरकार, *सासाय* ४५) ... ''प्राणाक क्षय बुद्धीक भय'' (आदलोच संदर्भ) - कुन्यान गोंयकारांची पिडा पारखिल्ली. "The Denationalization of Goans" म्हळ्यार एके पिडेची एका कुशळ दोतोरान केल्ली पारखणी. ही पिडा पयस करपाचो उपायूय हो दोतोर सुचयता.

''आमची सुमारा भायर अवनत जाल्या हे गजालीची आमकां जाणविकाय जावंक जाय; हे अवनती फाटलीं कारणां आमी सोदून काडूंक जाय. तेन्नाच ही परिस्थिती निवळटली, आनी आमचे राष्ट्रीक कुडीक जाल्ली पिडा पयस करपाचो उपाय आमकां मेळटलो'' (९७-९८, अणकारून) इतलें सांगून कुन्या गोंयकारांक स्वतंत्रताय जोडपाच्या तेजिश्ट मार्गार चलपाचो उलो मारतात :

''. . . [ह्या वेळार] आमी आमच्या भारतीय भावां वांगडा रावंक जाय, साम्राज्यशाये आड चलिल्ल्या तांच्या झुजांत आमी वांटेकार जावंक जाय...'' (९८, अणकारून) ''. . . स्वतंत्रताय सर्गांतल्यान पडिल्ली भेटवण न्हय, दुसऱ्यांच्या यत्नांक लागून जाल्ली ती कृपाय न्हय'' (आदलोच संदर्भ, अणकारून) स्वतंत्रताय जोडपाक आमकां हात-पांय हालोवचे पडटले, आमचें गुलामपण, भिवकुरेपण फांफडून उडोवन झुजचें पडटलें, ते सांगतात.

गोंयकाराचे पिडेची आनीक एकल्यान अशीच कडक पारखणी केल्ली - शणै गोंयबाबान. "The Denationalization of Goans" वाचतना कितलेशेच कडेन हे पारखणेचो उगडास जाले बगर रावना.

> आज आमी सगळे तरेन खांकनवाळ जाल्यांत. . . . राजकरण, धर्मकारण आनी भासकारण हांतूंत आमी सुतकी जाल्यांत. आमी पेल्यान रावन, कोणाक आफडनासतना, हेर लोक कितें करतात तें मोन्यानी पळेतांत आनी तांगेल्या बंदेपणांत वावुरतांत. . . . आमगेलो जीव कसल्याच सात्वीक अुमाळ्यांनी फुरफुरना, निखट्या बंदेपणांतूच दीस काडूंक आमी जल्मा आयल्यांत आनी सासणांचीं सासणां आमकां अशेच तरेन वांचूंक जाय, अशी साप अुणाक आनी हीण भावना आमच्या मनाची जाल्या. (''ऐन वेळार'' १४४-४५)
>
> . . . आमचे भितर बुद्द आसं, विद्या आसं, बळगें आसं, दुडू आसं

आनी ह्याखातीर कोणाकूय अभिमान दिसूंक फावो. परंत इतलेंय जावन, धर्मांत, भाशेंत, समाजांत आनी राजकर्णांत आमकां धनीपण ना. आमी आमच्या खाशेल्या घरांत देडा दिसाच्या परक्याभाशेन चलतांत. आमी बंदेपणान वावुरतांत. आमचो आत्मविस्वास सामकोच उबला. दुसऱ्याचे दिवटेतळा आमी आमचे बुद्दिचो उजवाड घालतांत. ती दिवटी नासत जाल्यार आमची तेजवंत बुद्द काळोखांत पट्टा. अशें कित्याक जावचें? आमी केन्नाच्यान इतले बाबंत जाल्यों? आमचे चंड पुर्विल्ले जाणटेलेय अशेच आसले? ते धनीपणान वावुरताले कि बंदेपणान वावुरताले? आमची बंदेपणाची भावना जांवक मूळ कितें? पर्थून आमच्यान धनीपण जोडुं येत कि ना? . . . *(पुण्यात्मो राम कामती १२२)*

''गोविंद नारायणशणै मडगांवकार'' (१९२२) ह्या मराठी लेखांत ते बरयतातः

आयज हिमालया सावन कुमारी मेरेनचो पुराय हिंदुस्तान देशाच्या अभिमानान उचंबळीत जावन आयला. परक्यांच्या बांदपासांतल्यान केन्ना काय सुटन अशें ताका जालां. . . . देशाच्या वयल्याच न्हय, तर सकल्ल्या थरांतलेय लोक स्वतंत्रतायेचे ओडीन होमखणांत उडी घेत आसात! आमी मात सामके तटस्थ . . . दोन हातांच्या बोटांचेर मेजपा इतलेय आमचे लोक ह्या पवित्र झुजांत मेळपाचे नात. उरफाटें, स्वातंत्र्यदेव गांधी म्हात्म्याचीं फकाणां मारपांत व्हडपण मानपी कांय प्राणी आमचे मजगतीं आसात. हाचे वयल्यान, **पुराय हिंदुस्तानांत खरेले देशाभिमान नाशिल्ले मनीस आमीच**. . . . आमचेर कोणाचीय राजवट आसूं, दोन वेळचें जेवण पोटाक मेळ्ळें म्हणटकच जालें, इतलेंच आमचें राजकारण! इतलोच आमचो हावेस! (१२७, अणकारून)

ते मुखार बरयतात -

इल्लोसो [मुये वरी] जीव लेगीत आपणाक चिड्डीतल्याक चाबपाचो यत्न करता. पूण आमी मनीस सोंशीक. आमी आमचेर जुलूम करतल्यांक पांय पडटात आनी तांचे गुलाम जातात. आमची परमपुज्य बह्मभूंय गोंय पोर्तुगेजांनी घेवन आयज **सा-डे-चा-र-शीं वर्सां जालीं!** केदो व्हडलो काळ हो! युगूच म्हणूं येत असो. येवजितां तेन्ना हड्ड्यांत खपखपपाक लागता. मनाक लज लज दिसता. संवसाराचे फाटीर इतलीं वर्सां परके सत्ते खाला चिड्डल्लो दुसरो खंयचोच देस आसचोना.

> कित्याक जावचें अशें? हाडामांसांत रिगिल्ली आमची देशाभिमानशून्यता, हीच हाची जाप. (१२८, अणकारून).

शणै गोंयबाबांल्या विचारांत भाशीक अस्मितायेची सुवात मुखेल. धनीपण, स्वाभिमान, देशाचो अभिमान, हें सगलें भाशीक अस्मितायेच्या मार्गान ते जागयतात.

कुन्यांचो विचार राजकी अस्मितायेचे बुन्यादीचेर उबो आसा. हे अस्मितायेक जाग हाडून जिविताच्या भाशीक, सामाजीक, सांस्कृतीक, आर्थीक मळां कडेन जोडिल्लो एक एक मानसीक पास तोडून उडोवंक ते गोंयकारांक उलो मारतात.

दोगांयची समिक्षा ते ज्या वर्गांतल्यान आयल्यात थंय सावन सुरू जाता. क्रिस्तांव समाजाचें एकूय उणें कुन्या लिपोवन दवरिनात. ते ह्या समाजाची कडक विसकटावणी करतात. "The Denationalization of Goans" वाचतना खंयच्याय हिंदूक सुरवेक दिसूं येता, 'हें आमचेर न्हय, 'तांचे'र बरयलां. डीनॅशनलायझ्ड ते, आमी न्हय.' पूण कुन्या स्पश्ट सांगतात, ". . . निखटो धर्म बदल्लो म्हूण राष्ट्रीय भावनेक बादा आयली अशें म्हणूंक मेळचेंना. . . . क्रिस्तांवांचीच न्हय, हिंदूंचीय नैतीक अवनत जाल्या" (७६, अणकारून). राष्ट्रीयत्वाची भावना वगडावन बशिल्ल्या गोंयकाराच्या तांगेल्या चित्रांत हिंदूय आसाच आसा पोर्तुगेज वसणूकवादान तयार केल्ल्या सरकारी येंप्रेगादाचें - bureaucratचें - तांगेलें वर्णन मुजरत वाचचें (८८-८९).

शणै गोंयबाबूय अशेच गोंयकार हिंदूची, मुखेलपणान बामणाची, मानसीकता पयलीं उस्तितात. पूण तांगेल्या 'बाबत गोंयकारा'च्या ह्या चित्रांत क्रिस्तांव आसाच आसा (हाची देख म्हूण पळेयात, *आबे फारीय* ४९०-९१; "गोविंद नारायणशणै मडगांवकार" १२८-३१).

शणै गोंयबाबान केल्ली कोंकणी मनशाची विसकटावणी वाचतना, आयची संवेदनशीलता आशिल्ल्या कोणाय तरणाट्याक दिसूंक फावो, कित्याक हें इतलें 'बामण'... 'बामण'...? म्हाकाय सुरवेक दिसतालें अशें. पूण आयज दिसता, 'म्हाका अशें दिसता'/'म्हाका अशें दिसना', 'हांव अमकें मानतां'/'हांव अमकें मानिना', हे तरेचीं निखटीं 'मतां' मांडपा पसून कुशीक सरून समाजशास्त्रीय विचाराचो, ह्या मळा वयल्या संशोधनाचो आधार घेवन, तेच प्रमाण, त्या काळाचो इतिहासीक संदर्भ घेवन ही गजाल समजून घेवंक जाय. शणै गोंयबाबांली समिक्षा 'हिंदू बामणा' सावन सुरू जाता. पूण ते 'हिंदू बामणा' सरींच थारनात. "आमी गावड्यांक पंडीत करुंया आनी सगळेच पंडीत जावंया. आमी सगळे जाण

आनी ह्याखातीर कोणाकूय अभिमान दिसूंक फावो. परंत इतलेंय जावन, धर्मांत, भाशेंत, समाजांत आनी राजकर्णांत आमकां धनीपण ना. आमी आमच्या खाशेल्या घरांत देडा दिसाच्या परक्याभाशेन चलतांत. आमी बंदेपणान वावुरतांत. आमचो आत्मविस्वास सामकोच उबला. दुसऱ्याचे दिवटेतळा आमी आमचे बुद्‌दिचो उजवाड घालतांत. ती दिवटी नासत जाल्यार आमची तेजवंत बुद्‌द काळोखांत पट्टा. अशें कित्याक जावचें? आमी केन्नाच्यान इतले बाबंत जाल्यों? आमचे चंड पुर्विल्ले जाणटेलेय अशेच आसले? ते धनीपणान वावुरताले कि बंदेपणान वावुरताले? आमची बंदेपणाची भावना जांवक मूळ कितें? पर्थून आमच्यान धनीपण जोडुं येत कि ना? . . . *(पुण्यात्मो राम कामती* १२२)

''गोविंद नारायणशणै मडगांवकार'' (१९२२) ह्या मराठी लेखांत ते बरयतात:

आयज हिमालया सावन कुमारी मेरेनचो पुराय हिंदुस्तान देशाच्या अभिमानान उचंबळीत जावन आयला. परक्यांच्या बांदपासांतल्यान केन्ना काय सुटन अशें ताका जालां. . . . देशाच्या वयल्याच न्हय, तर सकल्ल्या थरांतलेय लोक स्वतंत्रतायेचे ओडीन होमखणांत उडी घेत आसात! आमी मात सामके तटस्थ . . . दोन हातांच्या बोटांचेर मेजपा इतलेय आमचे लोक ह्या पवित्र झुजांत मेळपाचे नात. उरफाटें, स्वातंत्र्यदेव गांधी म्हात्म्याचीं फकाणां मारपांत व्हडपण मानपी कांय प्राणी आमचे मजगतीं आसात. हाचे वयल्यान, **पुराय हिंदुस्तानांत खरेले देशाभिमान नाशिल्ले मनीस आमीच**. . . . आमचेर कोणाचीय राजवट आसूं, दोन वेळचें जेवण पोटाक मेळ्ळें म्हणटकच जालें, इतलेंच आमचें राजकारण! इतलोच आमचो हावेस! (१२७, अणकारून)

ते मुखार बरयतात -

इल्लोसो [मुये वरी] जीव लेगीत आपणाक चिड्डीतल्याक चाबपाचो यत्न करता. पूण आमी मनीस सोंशीक. आमी आमचेर जुलूम करतल्यांक पांय पडटात आनी तांचे गुलाम जातात. आमची परमपुज्य बह्मभूंय गोंय पोर्तुगेजांनी घेवन आयज **सा-डे-चा-र-शीं वर्सां जालीं!** केदो व्हडलो काळ हो! युगूच म्हणूं येत असो. येवजितां तेन्ना हड्ड्यांत खपखपपाक लागता. मनाक लज लज दिसता. संवसाराचे फाटीर इतलीं वर्सां परके सत्ते खाला चिड्डल्लो दुसरो खंयचोच देस आसचोना.

कित्याक जावचें अशें? हाडामांसांत रिगिल्ली आमची देशाभिमानशून्यता, हीच हाची जाप. (१२८, अणकारून).

शणै गोंयबाबांल्या विचारांत भाशीक अस्मितायेची सुवात मुखेल. धनीपण, स्वाभिमान, देशाचो अभिमान, हें सगलें भाशीक अस्मितायेच्या मार्गान ते जागयतात.

कुन्यांचो विचार राजकी अस्मितायेचे बुन्यादीचेर उबो आसा. हे अस्मितायेक जाग हाडून जिविताच्या भाशीक, सामाजीक, सांस्कृतीक, आर्थीक मळां कडेन जोडिल्लो एक एक मानसीक पास तोडून उडोवंक ते गोंयकारांक उलो मारतात.

दोगांयची समिक्षा ते ज्या वर्गांतल्यान आयल्यात थंय सावन सुरू जाता. क्रिस्तांव समाजाचें एकूय उणें कुन्या लिपोवन दवरिनात. ते ह्या समाजाची कडक विसकटावणी करतात. "The Denationalization of Goans" वाचतना खंयच्याय हिंदूक सुरवेक दिसूं येता, 'हें आमचेर न्हय, 'तांचे'र बरयलां. डीनॅशनलायझ्ड ते, आमी न्हय.' पूण कुन्या स्पश्ट सांगतात, ". . . निखटो धर्म बदल्लो म्हूण राष्ट्रीय भावनेक बादा आयली अशें म्हणूंक मेळचेंना. . . . क्रिस्तांवांचीच न्हय, हिंदूंचीय नैतीक अवनत जाल्या" (७६, अणकारून). राष्ट्रीयत्वाची भावना वगडावन बशिल्ल्या गोंयकाराच्या तांगेल्या चित्रांत हिंदूय आसाच आसा पोर्तुगेज वसणूकवादान तयार केल्ल्या सरकारी येंप्रेगादाचें - bureaucratचें - तांगेलें वर्णन मुजरत वाचचें (८८-८९).

शणै गोंयबाबूय अशेच गोंयकार हिंदूची, मुखेलपणान बामणाची, मानसीकता पयलीं उस्तितात. पूण तांगेल्या 'बाबत गोंयकारा'च्या ह्या चित्रांत क्रिस्तांव आसाच आसा (हाची देख म्हूण पळेयात, *आबे फारीय* ४९०-९१; "गोविंद नारायणशणै मडगांवकार" १२८-३१).

शणै गोंयबाबान केल्ली कोंकणी मनशाची विसकटावणी वाचतना, आयची संवेदनशीलता आशिल्ल्या कोणाय तरणाट्याक दिसूंक फावो, कित्याक हें इतलें 'बामण'... 'बामण'...? म्हाकाय सुरवेक दिसतालें अशें. पूण आयज दिसता, 'म्हाका अशें दिसता'/'म्हाका अशें दिसना', 'हांव अमकें मानतां'/'हांव अमकें मानिना', हे तरेचीं निखटीं 'मतां' मांडपा पसून कुशीक सरून समाजशास्त्रीय विचाराचो, ह्या मळा वयल्या संशोधनाचो आधार घेवन, तेच प्रमाण, त्या काळाचो इतिहासीक संदर्भ घेवन ही गजाल समजून घेवंक जाय. शणै गोंयबाबांली समिक्षा 'हिंदू बामणा' सावन सुरू जाता. पूण ते 'हिंदू बामणा' सरींच थारनात. "आमी गावड्यांक पंडीत करुंया आनी सगळेच पंडीत जावंया. आमी सगळे जाण

कोंकणी भाशेचें पूर्ण स्वराज्य भोगुंया'' *(येवकार-अध्यक्षांलें उलोवप* ७१) हांगा मेरेन पावतात. कोंकणी मनशाक ते एका उजळ फुडाराचें सपन दितात, आनी ह्या सपनाक सांतेरी देवी आनी आंकवार मोरी - दोगांयचो प्रसाद मागतात (''ऐन वेळार'' १४६).

शणै गोंयबाब आनी कुन्या आमकां पुरायेन वळखल्ले. आमची पिडा तांणी पुरायेन पारखिल्ली आनी ती निवळावपाच्या वावराक तांणी आपणालें पुराय जिवीत ओंपिल्लें.

सार्त्र सांगतात, जण एकल्या येवरोपेवा भितर एक अन्याय करपी आसा. वसणूकवादा आड चलिल्ले चळवळीन ताच्या मुळाक हात घाला. चलात हुमटून उडोवया ताका...

शणै गोंयबाब आनी कुन्या म्हणटात, जण एकल्या गोंयकारा भितर (हातूंत गोंया भायर वसणूक करून आशिल्ले मुळचे गोंयकारूय आयले) एक लाचार, धनीपणाची, राष्ट्रीयत्वाची भावना नाशिल्लो अन्याय सोंसपी आसा. उठात, हुमटावन काडात ताका.

अजाप दिसता, अजून आमी ह्या म्हापुरसांक वळखूंक फाटीं-फुडें येतात. ''शणै गोंयबाब? राष्ट्रवाद जागोवपी मराठी भाशे विशींच दुस्वास पातळायलो ताणें गोंयकारां भितर...'' ''त्रिशतांव? कम्युनिस्ट तो... आमच्या देवाक मानी नाशिल्लो...''

आयकतां तेन्ना विचारीन दिसता, ''इतलेंच? आनीक कांयच खबर ना तुमकां हांचे विशीं?''

एक खेपे एकल्या गोंयकारान कुन्यां विशीं उलयतना म्हजे कडेन म्हणिल्लें, "I don't agree with the concept of denationalization... We are a multicultural society. We need to accomodate hybridization..."

त्या वेळार कितें उलोवचें, समजूंक नाशिल्लें. ओग्गी राविल्लें. आयज घडये विचारीन आशिल्लें, ''गिन्यानाच्या supermarket त वचून आपणाक सोयीची आशिल्ली संकल्पना वेंचून काडून सत्याचो सोद घेवं येत?''

त्रिशतांव ब्रागांझ द कुन्यांचे पन्नासावे पुण्यतिथी निमतान उजवाडायल्ल्या 'जागा'च्या खाशेल्या आंकाचें संपादकीय.

(*जाग*, सप्टेंबर २००८)

३. काकासाहेब कालेलकर : गोंय आनी कोंकणी-मराठी संघर्श

कोंकणी चळवळीक कांय ऋषितुल्य राष्ट्रसेवकांचो आशिर्वाद आनी उकतो तेंको मेळिल्लो. हांचे भितर मुखेलपणान आसले आचार्य काकासाहेब कालेलकर (१८८५-१९८१).

भारताचो भाशीक प्रस्न : नदर आनी वावर

भारताच्या भाशीक प्रस्ना विशीं काकासाहेबांची भुमिका अशी आशिल्ली -

भारतीय संस्कृतायेचो सर्वदेशी विकास वेगळ्या वेगळ्या थळाव्या भासां वरवींच जावं येता. पूण, आमचे कुडीचीं वेगळीं वेगळीं इंद्रियां एका मनाक लागून जशीं एकरूप, एकप्राण जाल्लीं आसतात तशीच आयच्या भारतांत एकराष्ट्रीयताय जागी जातली जाल्यार एक राष्ट्रीय भास भोव गरजेची. इंग्लीश आमच्या देशांत राष्ट्रीय भाशेची सुवात केन्ना घेवंक पावचिना. कित्याक, इंग्लीशीचीं पाळां-मुळां हे भुंयेंत नात. भास फकत विचारांच्या दिवपा-घेवपाचें साधन न्हय, ती प्रजेचे सांस्कृतीक

कोंकणी भाशेचें पूर्ण स्वराज्य भोगुंया'' *(येवकार-अध्यक्षांलें उलोवप* ७१) हांगा मेरेन पावतात. कोंकणी मनशाक ते एका उजळ फुडाराचें सपन दितात, आनी ह्या सपनाक सांतेरी देवी आनी आंकवार मोरी - दोगांयचो प्रसाद मागतात (''ऐन वेळार'' १४६).

शणै गोंयबाब आनी कुन्या आमकां पुरायेन वळखल्ले. आमची पिडा तांणी पुरायेन पारखिल्ली आनी ती निवळावपाच्या वावराक तांणी आपणालें पुराय जिवीत ओंपिल्लें.

सार्त्र सांगतात, जण एकल्या येवरोपेवा भितर एक अन्याय करपी आसा. वसणूकवादा आड चलिल्ले चळवळीन ताच्या मुळाक हात घाला. चलात हुमटून उडोवया ताका...

शणै गोंयबाब आनी कुन्या म्हणटात, जण एकल्या गोंयकारा भितर (हातूंत गोंया भायर वसणूक करून आशिल्ले मुळचे गोंयकारूय आयले) एक लाचार, धनीपणाची, राष्ट्रीयत्वाची भावना नाशिल्लो अन्याय सोंसपी आसा. उठात, हुमटावन काडात ताका.

अजाप दिसता, अजून आमी ह्या म्हापुरसांक वळखूंक फाटीं-फुडें येतात. ''शणै गोंयबाब? राष्ट्रवाद जागोवपी मराठी भाशे विशींच दुस्वास पातळायलो ताणें गोंयकारां भितर...'' ''त्रिशतांव? कम्युनिस्ट तो... आमच्या देवाक मानी नाशिल्लो...''

आयकतां तेन्ना विचारीन दिसता, ''इतलेंच? आनीक कांयच खबर ना तुमकां हांचे विशीं?''

एक खेपे एकल्या गोंयकारान कुन्यां विशीं उलयतना म्हजे कडेन म्हणिल्लें, "I don't agree with the concept of denationalization... We are a multicultural society. We need to accomodate hybridization..."

त्या वेळार कितें उलोवचें, समजूंक नाशिल्लें. ओग्गी राविल्लें. आयज घडये विचारीन आशिल्लें, ''गिन्यानाच्या supermarket त वचून आपणाक सोयीची आशिल्ली संकल्पना वेंचून काडून सत्याचो सोद घेवं येत?''

त्रिशतांव ब्रागांझ द कुन्यांचे पन्नासावे पुण्यतिथी निमतान उजवाडायल्ल्या 'जागा'च्या खाशेल्या आंकाचें संपादकीय.

(जाग, सप्टेंबर २००८)

३. काकासाहेब कालेलकर : गोंय आनी कोंकणी-मराठी संघर्श

कोंकणी चळवळीक कांय ऋषितुल्य राष्ट्रसेवकांचो आशिर्वाद आनी उकतो तेंको मेळिल्लो. हांचे भितर मुखेलपणान आसले आचार्य काकासाहेब कालेलकर (१८८५-१९८१).

भारताचो भाशीक प्रस्न : नदर आनी वावर

भारताच्या भाशीक प्रस्ना विशीं काकासाहेबांची भुमिका अशी आशिल्ली -

भारतीय संस्कृतायेचो सर्वदेशी विकास वेगळ्या वेगळ्या थळाव्या भासां वरवींच जावं येता. पूण, आमचे कुडीचीं वेगळीं वेगळीं इंद्रियां एका मनाक लागून जशीं एकरूप, एकप्राण जाल्लीं आसतात तशीच आयच्या भारतांत एकराष्ट्रीयताय जागी जातली जाल्यार एक राष्ट्रीय भास भोव गरजेची. इंग्लीश आमच्या देशांत राष्ट्रीय भाशेची सुवात केन्ना घेवंक पावचिना. कित्याक, इंग्लीशीचीं पाळां-मुळां हे भुंयेंत नात. भास फकत विचारांच्या दिवपा-घेवपाचें साधन न्हय, ती प्रजेचे सांस्कृतीक

अभिव्यक्तीचें माध्यमूय बी. हांगा इंग्लीश उणी पडटा. ते भायर, ही भास बरपाक्षरी आनी वाचूंक बरोवंक नकळ आशिल्ल्यां मदीं फूट तयार करता. ही फूट वाडत गेली जाल्यार आमचो समाज विघटीत जातलो. भारताची सार्वजनीक भास हिंदीच जावं येता. भारतीय समाजान हे भाशेक राष्ट्रभाशेची सुवात केऽन्ना दिवन उडयल्या (केलेकर, *काकासाहब कालेलकर* ४४४-४५).

काकासाहेबांची ही भुमिका गांधीजींच्या भाशाविचाराक धरुनूच आशिल्ली.

राष्ट्रभाशा हिंदीची व्याख्या गांधीजी अशे करताले -

"उत्तरेंतले हिंदू आनी मुसलमान उलयतात ती, आनी नागरी वा फारसी लिपयांनी बरयतात ती भास हिंदी. . . . ही हिंदी सामकी संस्कृतमय न्हय, तशी सुमारा भायर फारसी उतरांनीय भरिल्ली न्हय" (आदलोच संदर्भ ४४७, अणकारून).

हिंदी आनी उर्दू दोन वेगळ्यो भासो न्हय, एकेच भाशेच्यो ह्यो दोन अडेच्यो (कृत्रीम) साहित्यीक मोडी, सरसमान लोकांचे भाशे पसून पयस गेल्ल्यो, अशें गांधीजी सदां मानीत आयिल्ले (आदलोच संदर्भ ४४६).

हिंदीक गांधीजी मुखार 'हिंदुस्तानी' म्हणूंक लागिल्ले.

राष्ट्रभाशेच्या प्रचाराचें कार्य गांधीजीन काकासाहेबांच्या हातांत दिल्लें. ह्या प्रचारा निमतान काकासाहेब देशाच्या खांची कोनशांनी भोंविल्ले, आनी देशाच्या भाशीक प्रस्नाचें पुराय चित्र तांचे मुखार स्पश्ट जाल्लें. राजकी स्वराज्या वांगडा देशांत सांस्कृतीक स्वराज्यूय हाडचें आसल्यार चार दिकांनी वावर करचो पडटलो अशें तांचें मत्त जाल्लें -

१. देशांतल्या सगळ्या ल्हान-व्हड भासांचो पुरस्कार करप. स्वराज्यांत ते ते भाशेच्या वाटारांत ते ते भाशेंतल्यानूच प्रशासन चलतलें, आनी शिक्षणाचेंय मुखेल माध्यम हीच भास आसतली, तिका सगळे तरेची राखण मेळटली हाचो लोकांक विश्वास दिवप.

२. भारतांतल्या वेगळ्या वेगळ्या भाशीक-समाजांक सांगप - तुमच्यो भासो वेगळ्यो वेगळ्यो खऱ्यो, पूण भारतांत रावतल्या आमच्या सगळ्यांची संस्कृताय एक. वेगळ्यो वेगळ्यो थळाव्यो अस्मितायो हे एकेच संस्कृतायेचीं रुपां.

३. सगल्या भाशीक-समाजां मदलें असुरक्षीतपण पुरायेन ना करून तांकां निर्भय करून सांगप - आंतरप्रांतीय वेव्हाराक लागून आपल्या आपल्या भासां भायर आमकां आनीक एक भास आपणावची पडटली. हे भाशे वरवीं देश एकवटीत जावंक पावतलो. कोट्यांनी लोकांक समजूंक सोंपी जाता असली,

आनी भारतीय संस्कृताय व्यक्त करपाची तांक आशिल्ली भासूच असली आंतरप्रांतीय वेव्हाराची भास जावं येता. हिंदीकूच ही सुवात फावता.

४. सगळ्यो थळाव्यो भासो एकीमेकींक लागीं येवच्यो आनी तांचे भितर साहित्यीक दिवप-घेवप वाडीक लागचें म्हूण सगल्या भासांनी एक नागरी लिपी आपणावची हे दिकेन यत्न करप. एक फारसी लिपी सोडली जाल्यार सगल्यो भारतीय लिपयो एकाच मुळांतल्यान वयर सरल्यात. संस्कृत भाशेक लागून आमकां नागरी शिकची पडटाच. ही लिपी सगल्यांनी आपले आपले भाशे खातीर घेवची. हातूंतल्यान सगळ्यो थळाव्यो भारतीय भासो एकीमेकींक लागीं येतल्यो आनी भारताचें आंतरीक जिवीत अदीक घटमूट जातलें. हे घटकेक (ही १९३५तली गजाल) देशांतले ९०% प्रजेक वाचूंक-बरोवंक येना. तेन्ना, एक लिपी आपणावन तिका बरपाक्षरी कित्याक करची न्हय? (आदलोच संदर्भ ४५४-५५).

भाशीक स्वराज्याक सगल्यांत व्हडली आडखळ इंग्लीश भाशेची आसतली हें काकासाहेब वळखल्ले. ते बरयतात :

> स्वराज्य एक दीस येतलें हातूंत दुबाव ना. स्वराज्यांत शासन आमच्या हातांत येतलें पूण प्रशासन आज इंग्रजांचें राज्य चलयतात तांच्याच हातांत उरतलें. तांचें इंग्लीश भाशे बगर जायना. स्वराज्यांतूय ते देशाचो कारबार इंग्लीशींतल्यान चलयतले. सत्तेर येवपी आमचे फुडारी कितलेय राष्ट्रवादी आसले जाल्यारूय ह्या प्रशासकां बगर तांकां राज्य चलोवंक येवचेंना. तांकां पेल्यान काडपाची तांक वा इत्साय आमच्या फुडाऱ्यां भितर आसचिना. स्वराज्यांत इंग्लीश घडये अदीक बळिश्ट जातली. राज्य इंग्लीशींतल्यान चलतलें, म्हणटकच आपल्या भुरग्यांक सरकारी नोकऱ्यो मेळच्यो म्हूण आवय-बापूय तांकां इंग्लीशींतल्यान शिकोवंक सोदतलीं. इंग्लीश राजकारबाराची भास जाली जाल्यार ती देशाच्या रासवळ जिविताचीय भास जातली. तिची प्रतिश्ठा वाडटली. मागीर लोकूय म्हणूंक लागतलो, इंग्लीश अशी सगल्याक घोळटा जाल्यार तिका भारतीय भास कित्याक लेखची न्हय? (आदलोच संदर्भ ४५४, अणकारून)

हो सगलो संदर्भ मतींत घेवनूच काकासाहेबान आपणाली चार कलमी भाशीक कार्यावळ आंखिल्ली, आनी रोखडीच (१९३५ वर्सा) ती गांधीजीं मुखार दवरून तांची मान्यतायूय घेतिल्ली. हे दिकेन वावर करपाक ते देशभर भोंविल्ले. महाराष्ट्रांत बाळासाहेब खेर, शंकरराव देव, दत्तो वामन पोतदार, वामनराव जोशी, आसामांत

अभिव्यक्तीचें माध्यमूय बी. हांगा इंग्लीश उणी पडटा. ते भायर, ही भास बरपाक्षरी आनी वाचूंक बरोवंक नकळ आशिल्ल्यां मदीं फूट तयार करता. ही फूट वाडत गेली जाल्यार आमचो समाज विघटीत जातलो. भारताची सार्वजनीक भास हिंदीच जावं येता. भारतीय समाजान हे भाशेक राष्ट्रभाशेची सुवात केऽन्ना दिवन उडयल्या (केलेकर, *काकासाहब कालेलकर* ४४-४५).

काकासाहेबांची ही भुमिका गांधीजींच्या भाशाविचाराक धरुनूच आशिल्ली.

राष्ट्रभाशा हिंदीची व्याख्या गांधीजी अशे करताले -

''उत्तरेंतले हिंदू आनी मुसलमान उलयतात ती, आनी नागरी वा फारसी लिपयांनी बरयतात ती भास हिंदी. . . . ही हिंदी सामकी संस्कृतमय न्हय, तशी सुमारा भायर फारसी उतरांनीय भरिल्ली न्हय'' (आदलोच संदर्भ ४४७, अणकारून).

हिंदी आनी उर्दू दोन वेगळ्यो भासो न्हय, एकेच भाशेच्यो ह्यो दोन अडेच्यो (कृत्रीम) साहित्यीक मोडी, सरसमान लोकांचे भाशे पसून पयस गेल्ल्यो, अशें गांधीजी सदां मानीत आयिल्ले (आदलोच संदर्भ ४४६).

हिंदीक गांधीजी मुखार 'हिंदुस्तानी' म्हणूंक लागिल्ले.

राष्ट्रभाशेच्या प्रचाराचें कार्य गांधीजीन काकासाहेबांच्या हातांत दिल्लें. ह्या प्रचारा निमतान काकासाहेब देशाच्या खांची कोनशांनी भोंविल्ले, आनी देशाच्या भाशीक प्रस्नाचें पुराय चित्र तांचे मुखार स्पश्ट जाल्लें. राजकी स्वराज्या वांगडा देशांत सांस्कृतीक स्वराज्यूय हाडचें आसल्यार चार दिकांनी वावर करचो पडटलो अशें तांचें मत्त जाल्लें -

१. देशांतल्या सगळ्या ल्हान-व्हड भासांचो पुरस्कार करप. स्वराज्यांत ते ते भाशेच्या वाटारांत ते ते भाशेंतल्यानूच प्रशासन चलतलें, आनी शिक्षणाचेंय मुखेल माध्यम हीच भास आसतली, तिका सगळे तरेची राखण मेळटली हाचो लोकांक विश्वास दिवप.

२. भारतांतल्या वेगळ्या वेगळ्या भाशीक-समाजांक सांगप - तुमच्यो भासो वेगळ्यो वेगळ्यो खऱ्यो, पूण भारतांत रावतल्या आमच्या सगळ्यांची संस्कृताय एक. वेगळ्यो वेगळ्यो थळाव्यो अस्मितायो हे एकेच संस्कृतायेचीं रुपां.

३. सगल्या भाशीक-समाजां मदलें असुरक्षीतपण पुरायेन ना करून तांकां निर्भय करून सांगप - आंतरप्रांतीय वेव्हाराक लागून आपल्या आपल्या भासां भायर आमकां आनीक एक भास आपणावची पडटली. हे भाशे वरवीं देश एकवटीत जावंक पावतलो. कोट्यांनी लोकांक समजूंक सोंपी जाता असली,

आनी भारतीय संस्कृताय व्यक्त करपाची तांक आशिल्ली भासूच असली आंतरप्रांतीय वेव्हाराची भास जावं येता. हिंदीकूच ही सुवात फावता.

४. सगळ्यो थळाव्यो भासो एकीमेकींक लागीं येवच्यो आनी तांचे भितर साहित्यीक दिवप-घेवप वाडीक लागचें म्हूण सगल्या भासांनी एक नागरी लिपी आपणावची हे दिकेन यत्न करप. एक फारसी लिपी सोडली जाल्यार सगल्यो भारतीय लिपयो एकाच मुळांतल्यान वयर सरल्यात. संस्कृत भाशेक लागून आमकां नागरी शिकची पडटाच. ही लिपी सगल्यांनी आपले आपले भाशे खातीर घेवची. हातूंतल्यान सगळ्यो थळाव्यो भारतीय भासो एकीमेकींक लागीं येतल्यो आनी भारताचें आंतरीक जिवीत अदीक घटमूट जातलें. हे घटकेक (ही १९३५तली गजाल) देशांतले ९०% प्रजेक वाचूंक-बरोवंक येना. तेन्ना, एक लिपी आपणावन तिका बरपाक्षरी कित्याक करची न्हय? (आदलोच संदर्भ ४५४-५५).

भाशीक स्वराज्याक सगल्यांत व्हडली आडखळ इंग्लीश भाशेची आसतली हें काकासाहेब वळखल्ले. ते बरयतात :

> स्वराज्य एक दीस येतलें हातूंत दुबाव ना. स्वराज्यांत शासन आमच्या हातांत येतलें पूण प्रशासन आज इंग्रजांचें राज्य चलयतात तांच्याच हातांत उरतलें. तांचें इंग्लीश भाशे बगर जायना. स्वराज्यांतूय ते देशाचो कारबार इंग्लीशींतल्यान चलयतले. सत्तेर येवपी आमचे फुडारी कितलेय राष्ट्रवादी आसले जाल्यारूय ह्या प्रशासकां बगर तांकां राज्य चलोवंक येवचेंना. तांकां पेल्यान काडपाची तांक वा इत्साय आमच्या फुडाऱ्यां भितर आसचिना. स्वराज्यांत इंग्लीश घडये अदीक बळिश्ट जातली. राज्य इंग्लीशींतल्यान चलतलें, म्हणटकच आपल्या भुरग्यांक सरकारी नोकऱ्यो मेळच्यो म्हूण आवय-बापूय तांकां इंग्लीशींतल्यान शिकोवंक सोदतलीं. इंग्लीश राजकारबाराची भास जाली जाल्यार ती देशाच्या रासवळ जिविताचीय भास जातली. तिची प्रतिश्ठा वाडटली. मागीर लोकूय म्हणूंक लागतलो, इंग्लीश अशी सगल्याक घोळटा जाल्यार तिका भारतीय भास कित्याक लेखची न्हय? (आदलोच संदर्भ ४५४, अणकारून)

हो सगलो संदर्भ मतींत घेवनूच काकासाहेबान आपणाली चार कलमी भाशीक कार्यावळ आंखिल्ली, आनी रोखडीच (१९३५ वर्सा) ती गांधीजीं मुखार दवरून तांची मान्यतायूय घेतिल्ली. हे दिकेन वावर करपाक ते देशभर भोंविल्ले. महाराष्ट्रांत बाळासाहेब खेर, शंकरराव देव, दत्तो वामन पोतदार, वामनराव जोशी, आसामांत

गोपीनाथ बरदलै, उडिसांत गोपबंधु चौधरी, सिंधांत नारायण मलकानी, बंगालांत सुनीति कुमार चटर्जी आनी चित्तरंजन सेन सारकेल्या व्हडल्या व्हडल्या राष्ट्रीय फुडाऱ्यांक आनी जाणकारांक तांणी राष्ट्रभाशेच्या प्रचारकार्यांत आसपावन घेतिल्ले (आदलोच संदर्भ ४५६-५७).

सगल्या भासांनी नागरी लिपी आपणावंक जाय जाल्यार तिचे भितर कांय सुधारणा करप गरजेच्यो अशें काकासाहेबांक दिसतालें. टायपिंगाक, छापणावळीक ही लिपी सोंपी पडूंक जाय; ते भायर, राष्ट्रीय पांवड्यार सगळ्या मळांनी तिचो वापर जातलो जाल्यार नागरींत टॅलेग्राफीक कोड, शॉर्टहॅंड लेखन पद्दत तयार करूंक जाय अशेंय तांचें मत्त जाल्लें. हाचेर खूब अभ्यास करून, आनी गांधीजीं कडेन चर्चा करून काकासाहेबान 'हिंदी साहित्य संमेलना' मुखार आपणाल्यो लिपी सुधारणेच्यो सुचोवण्यो दवरल्यो. संमेलनान रोखडीच 'लिपी सुधार समिति' घडयली आनी काकासाहेबांकूच तिचे अध्यक्ष केले. वर्ध्याचे 'राष्ट्रभाषा प्रचार समिति'न काकासाहेबांची सुधारिल्ली नागरी आपणायली. गांधीजीन *हरिजन सेवक* ह्या आपणाल्या सप्तकी नेमाळ्या खातीर ही नागरी घेतली. इतलेंच न्हय, 'नवजीवन' प्रकाशन संस्थे वतीन उजवाडा येवपी तांचीं हिंदी पुस्तकांय हे नागरींत छापून येवंक लागलीं (अदीक म्हायती खातीर पळेयात, आदलोच संदर्भ ४५९-६३).

शणै गोंयबाबान हे सुधारिल्ले नागरीक उकतेपणान तेंको दिवंक नासलो तरी काकासाहेबान सुचयल्ल्यो कांय सुधारणा तांणीय आपणाल्या उपरांतच्या बरपांनी आपणायल्ल्यो पळोवंक मेळटात (देखीक, *इ, ई, उ, ऊ, ए, ऐ* बदला *अि, अी, अु, अू, अे, अै* बरोवपाची चाल). काकासाहेबांच्याच आशिर्वादान स्थापन जाल्ले 'गोमंत भारती' संस्थेच्या उजवाडावपांनी, आनी गोंय मेकळिके उपरांत 'कोंकणी भाशा मंडळा'न तयार केल्ल्या कोंकणी क्रमीक पुस्तकांनीय काकासाहेबान नागरींत सुचयल्ले कांय बदल आसपावन घेतिल्ले दिश्टी पडटात.

'भारतीय साहित्य एक, तें उकतें जाता वेगळ्या वेगळ्या भासांनी' हो विचारूय राष्ट्रनिर्माणाच्या वावराचो एक बाय-प्रॉडक्ट आशिल्लो. गुजराती साहित्यकार कन्हैयालाल मुंशी आनी हिंदी साहित्यकार मुंशी प्रेमचंद ह्या विचारान प्रभावीत जाल्ले, आनी १३ एप्रील १९३६ ह्या दिसा नागपूराक तांणी 'भारतीय साहित्य परिषदे'चें पयलें अधिवेशन घडोवन हाडिल्लें. महात्मा गांधी ह्या अधिवेशनाचे अध्यक्ष आशिल्ले, आनी काकासाहेब ताचे स्वागताध्यक्ष. सगळ्या भारतीय भासांक वांगडा घोळूंक एक माची मेळची आनी थळाव्या भासांचे माचये वयलो साहित्य-

विचार राष्ट्रीय पांवड्यार पावचो म्हूण ही 'परिषद' जल्मा आयिल्ली. तिचें दुसरें अधिवेशन १९३७ वर्सा मद्रासाक भरिल्लें. उपरांत रोखडेच मुंशी प्रेमचंद भायर पडले. कन्हैयालाल मुंशी काँग्रेसीच्या वावरांत घुसपून उरले, आनी 'परिषदे'चो वावर थंडावलो. पूण, 'वेगळ्या वेगळ्या थळाव्या भासांनी उकतें जावपी भारतीय साहित्य एक' हो विचार काकासाहेबान उखलून धरलो. ते सांगतात, हिंदीच्या प्रचारा खातीर जंय जंय पावलां, हो विचार आपणें लोकां मुखार दवरला. जवाहरलालांकूय भारतीय साहित्याची ही संकल्पना आवडिल्ली आनी पटिल्ली. स्वराज्या उपरांत जाल्ले 'साहित्य अकादेमी'चे स्थापणुकेच्या मुळाक होच विचार आशिल्लो (आदलोच संदर्भ ४५७-५९).

गोंय आनी कोंकणी-मराठी संघर्श

गोंया विशीं आनी कोंकणी विशीं काकासाहेबांच्या मनांत खूब आपलेपण आशिल्लें. तांचो कुळदेव मंगेश गोंयां आशिल्ल्यान गोंय आपणाली पवित्र भूंय अशें तांकां ल्हानपणा सावन दिसतालें. कालेलकर घराणें मुळचें सिंधुदुर्गांतल्या कालेली गांवचें. देखून कोंकणी एके परीन काकासाहेबांल्या जाणटेल्यांची भास आशिल्ली. चवदा वर्सांचे पिरायेचो भुरगो दत्तू आवय-बापाय वांगडा गोंयां मंगेशीं देवस्थानांत वचून राविल्लो तेन्ना गोंयचें सोबीत सैम आनी म्होंवाळ कोंकणी भास हांणी ताच्या काळजांत सुवात जोडिल्ली. आनी वांगडाच, प्रौढ विचार उकतावपा खातीर मराठींत कविता रचप, आनी फकाणां-टवाळां करपाक कोंकणींत कवनां करप ही 'वांटणी' पळोवन ताका वायटूय दिशिल्लें (कालेलकर ''गोमंतकीय सरस्वतीभक्तांस'' ९; ''त्यांचा झेंडा खालीं पडता कामा नये'' ११४).

मुखार देशसेवेचें व्रत घेतले उपरांत गोंयकारां कडेन आयिल्ल्या संबंदांतल्यान, आनी गोंयकारांचे मराठी बरपावळींतल्यान काकासाहेबांक गोंयची अदीक अदीक म्हायती मेळत गेली. दत्तात्रेय व्यंकटेश पै, यशवंतराव सरदेसाय, लक्ष्मणराव सरदेसाय, बाकीबाब बोरकार, दामोदर अच्युत कारे हांचे कडेन तांची बरी वळखूय जाली. (लक्ष्मणरावांच्या *ढासळलेले बुरुज* (१९४०) ह्या कथां झेल्याक आनी उपरांत बाकीबाबांल्या *दूधसागर* (१९४७) ह्या कवितां झेल्याक काकासाहेबान अनुक्रमान १९४० आनी १९४७ वर्सा प्रस्तावना बरयल्ल्यो.) १९०७ ते १९१४ हे मजगतीं काकासाहेबांचे पुण्यांतले इश्ट दत्तोपंत आपटे आनी हरिभाऊ फाटक दादा वैद्यांचे मदतीन फोंडेची 'आल्मैद कुलेज' चलयताले तीय तांणी थंय वचून

गोपीनाथ बरदलै, उडिसांत गोपबंधु चौधरी, सिंधांत नारायण मलकानी, बंगालांत सुनीति कुमार चटर्जी आनी चित्तरंजन सेन सारकेल्या व्हडल्या व्हडल्या राष्ट्रीय फुडाऱ्यांक आनी जाणकारांक तांणी राष्ट्रभाशेच्या प्रचारकार्यांत आसपावन घेतिल्ले (आदलोच संदर्भ ४५६-५७).

सगल्या भासांनी नागरी लिपी आपणावंक जाय जाल्यार तिचे भितर कांय सुधारणा करप गरजेच्यो अशें काकासाहेबांक दिसतालें. टायपिंगाक, छापणावळीक ही लिपी सोंपी पडूंक जाय; ते भायर, राष्ट्रीय पांवड्यार सगळ्या मळांनी तिचो वापर जातलो जाल्यार नागरींत टॅलेग्राफीक कोड, शॉर्टहॅंड लेखन पद्दत तयार करूंक जाय अशेंय तांचें मत्त जाल्लें. हाचेर खूब अभ्यास करून, आनी गांधीजीं कडेन चर्चा करून काकासाहेबान 'हिंदी साहित्य संमेलना' मुखार आपणाल्यो लिपी सुधारणेच्यो सुचोवण्यो दवरल्यो. संमेलनान रोखडीच 'लिपी सुधार समिति' घडयली आनी काकासाहेबांकूच तिचे अध्यक्ष केले. वर्ध्याचे 'राष्ट्रभाषा प्रचार समिति'न काकासाहेबांची सुधारिल्ली नागरी आपणायली. गांधीजीन *हरिजन सेवक* ह्या आपणाल्या सप्तकी नेमाळ्या खातीर ही नागरी घेतली. इतलेंच न्हय, 'नवजीवन' प्रकाशन संस्थे वतीन उजवाडा येवपी तांचीं हिंदी पुस्तकांय हे नागरींत छापून येवंक लागलीं (अदीक म्हायती खातीर पळेयात, आदलोच संदर्भ ४५९-६३).

शणै गोंयबाबान हे सुधारिल्ले नागरीक उकतेपणान तेंको दिवंक नासलो तरी काकासाहेबान सुचयल्ल्यो कांय सुधारणा तांणीय आपणाल्या उपरांतच्या बरपांनी आपणायल्ल्यो पळोवंक मेळटात (देखीक, *इ, ई, उ, ऊ, ए, ऐ* बदला *अि, अी, अु, अू, अे, अै* बरोवपाची चाल). काकासाहेबांच्याच आशिर्वादान स्थापन जाल्ले 'गोमंत भारती' संस्थेच्या उजवाडावपांनी, आनी गोंय मेकळिके उपरांत 'कोंकणी भाशा मंडळा'न तयार केल्ल्या कोंकणी क्रमीक पुस्तकांनीय काकासाहेबान नागरींत सुचयल्ले कांय बदल आसपावन घेतिल्ले दिश्टी पडटात.

'भारतीय साहित्य एक, तें उकतें जाता वेगळ्या वेगळ्या भासांनी' हो विचारूय राष्ट्रनिर्माणाच्या वावराचो एक बाय-प्रॉडक्ट आशिल्लो. गुजराती साहित्यकार कन्हैयालाल मुंशी आनी हिंदी साहित्यकार मुंशी प्रेमचंद ह्या विचारान प्रभावीत जाल्ले, आनी १३ एप्रील १९३६ ह्या दिसा नागपूराक तांणी 'भारतीय साहित्य परिषदे'चें पयलें अधिवेशन घडोवन हाडिल्लें. महात्मा गांधी ह्या अधिवेशनाचे अध्यक्ष आशिल्ले, आनी काकासाहेब ताचे स्वागताध्यक्ष. सगळ्या भारतीय भासांक वांगडा घोळूंक एक माची मेळची आनी थळाव्या भासांचे माचये वयलो साहित्य-

विचार राष्ट्रीय पांवड्यार पावचो म्हूण ही 'परिषद' जल्मा आयिल्ली. तिचें दुसरें अधिवेशन १९३७ वर्सा मद्रासाक भरिल्लें. उपरांत रोखडेच मुंशी प्रेमचंद भायर पडले. कन्हैयालाल मुंशी काँग्रेसीच्या वावरांत घुसपून उरले, आनी 'परिषदे'चो वावर थंडावलो. पूण, 'वेगळ्या वेगळ्या थळाव्या भासांनी उकतें जावपी भारतीय साहित्य एक' हो विचार काकासाहेबान उखलून धरलो. ते सांगतात, हिंदीच्या प्रचारा खातीर जंय जंय पावलां, हो विचार आपणें लोकां मुखार दवरला. जवाहरलालांकूय भारतीय साहित्याची ही संकल्पना आवडिल्ली आनी पटिल्ली. स्वराज्या उपरांत जाल्ले 'साहित्य अकादेमी'चे स्थापणुकेच्या मुळाक होच विचार आशिल्लो (आदलोच संदर्भ ४५७-५९).

गोंय आनी कोंकणी-मराठी संघर्श

गोंया विशीं आनी कोंकणी विशीं काकासाहेबांच्या मनांत खूब आपलेपण आशिल्लें. तांचो कुळदेव मंगेश गोंयां आशिल्ल्यान गोंय आपणाली पवित्र भूंय अशें तांकां ल्हानपणा सावन दिसतालें. कालेलकर घराणें मुळचें सिंधुदुर्गांतल्या कालेली गांवचें. देखून कोंकणी एके परीन काकासाहेबांल्या जाणटेल्यांची भास आशिल्ली. चवदा वर्सांचे पिरायेचो भुरगो दत्तू आवय-बापाय वांगडा गोंयां मंगेशीं देवस्थानांत वचून राविल्लो तेन्ना गोंयचें सोबीत सैम आनी म्होंवाळ कोंकणी भास हांणी ताच्या काळजांत सुवात जोडिल्ली. आनी वांगडाच, प्रौढ विचार उकतावपा खातीर मराठींत कविता रचप, आनी फकाणां-टवाळां करपाक कोंकणींत कवनां करप ही 'वांटणी' पळोवन ताका वायटूय दिशिल्लें (कालेलकर ''गोमंतकीय सरस्वतीभक्तांस'' ९; ''त्यांचा झेंडा खालीं पडता कामा नये'' ११४).

मुखार देशसेवेचें व्रत घेतले उपरांत गोंयकारां कडेन आयिल्ल्या संबंदांतल्यान, आनी गोंयकारांचे मराठी बरपावळींतल्यान काकासाहेबांक गोंयची अदीक अदीक म्हायती मेळत गेली. दत्तात्रेय व्यंकटेश पै, यशवंतराव सरदेसाय, लक्ष्मणराव सरदेसाय, बाकीबाब बोरकार, दामोदर अच्युत कारे हांचे कडेन तांची बरी वळखूय जाली. (लक्ष्मणरावांच्या *ढासळलेले बुरुज* (१९४०) ह्या कथां झेल्याक आनी उपरांत बाकीबाबांल्या *दूधसागर* (१९४७) ह्या कवितां झेल्याक काकासाहेबान अनुक्रमान १९४० आनी १९४७ वर्सा प्रस्तावना बरयल्ल्यो.) १९०७ ते १९१४ हे मजगतीं काकासाहेबांचे पुण्यांतले इश्ट दत्तोपंत आपटे आनी हरिभाऊ फाटक दादा वैद्यांचे मदतीन फोंडेची 'आल्मैद कुलेज' चलयताले तीय तांणी थंय वचून

पळेल्ली. ह्या सगळ्याक लागून गोंयचे राजकी-सांस्कृतीक परिस्थितीची तांकां बरी जाण आशिल्ली (''गोमंतकीय सरस्वतीभक्तांस'' १०).

गोंया कडल्या ह्या संबंदाक लागून जावंक जाय, १९४५ वर्सा मुंबय जाल्ल्या 'गोमंतक मराठी साहित्य संमेलना'च्या तिसऱ्या अधिवेशनाच्या अध्यक्षपदाची माळ तांच्या गळ्यांत पडिल्ली.

वयर बरयलां ते प्रमाण, भारताच्या भाशीक प्रस्ना संबंदान काकासाहेबांची स्पश्ट भुमिका आशिल्ली. १९३५ वर्सा सावन महात्मा गांधींचे मान्यतायेन ते तिचो प्रचारूय करीत आयिल्ले. हे भुमिकेक सोबऽ सारके विचारूच तांणी आपणाल्या अध्यक्षीय भाशणांत मांडिल्ले, आपूण मराठी भाशीक, आनी मराठी भुंयेर उलयतां हाची इल्लीय पर्वा करी नासतना. खरें म्हळ्यार, संमेलनाच्या अध्यक्षपदाचें आमंत्रण घेवन काकासाहेबां सरीं जे गेल्ले तांकां कोंकणी-मराठी समन्वयाची आपणाली भुमिका तांणी समजावन सांगिल्ली; ही भुमिका तुमकां मान्य आसा जाल्यारूच हांव हें अध्यक्षपद घेतां, ना जाल्यार म्हाका पयस रावप आवडटलें अशेंय स्पश्ट सांगिल्लें (कालेलकर, ''गोव्याचे भाषाकारण'' ६८).

काकासाहेबांचें तें अध्यक्षीय उलोवप उपरांत ''गोमंतकीय सरस्वतीभक्तांस'' ह्या माथाळ्या खाला *पुण्यभूमि गोमंतक* ह्या रवीन्द्र केळेकारांनी तयार केल्ल्या गोंय आनी कोंकणी विशींच्या काकासाहेबांच्या बरपांच्या संकलनांत उजवाडा आयलां. तातूंत ते सांगतात -

गोंयांत कितल्याश्या जातींचे हिंदू आसात तशे क्रिस्तांव आनी मुसलमानूय आसात. फकत कोंकणी वरवीं ह्या सगल्यां मजगतीं आंतरीक एकचार घडोवन हाडूं येता. मराठीक अदीक म्हत्व दिलें आनी कोंकणीक उणी लेखली, तिचे बरपावळीची वाड जावंक दिलिना, सरकार दरबारांत तिका सुवात जोडून दिलिना जाल्यार गोंयचे प्रजेच्या एकचाराचें एकलें-एकसुरें आंतरीक तत्व भंगतलें आनी प्रजा विस्कळीत जातली. गोंयांत पोर्तुगेज भाशेचें राज्य ना जावन थंय लोकभाशेचें राज्य येवंक जाय जाल्यार राजभाशेची सुवात कोंकणीकूच दिवची पडटली. आनी, तशी ती मेळची म्हूण मराठीचो पाखो घेतल्यांनीय कोंकणीच्या आधाराक धांवन वचूंक जाय (१४-१५).

इतलेंच न्हय -

कोंकणीक सगल्यांत लागींची भास मराठी. तिची कोंकणीन सामकी उवेखणी केली जाल्यार कोंकणी एक तर सुकून वतली वा विकृत जावन पड्टली, आनी मेकळ्या गोंयांत मराठीक तग धरून रावचें आसल्यार कोंकणीक मुखार काडुनूच

तिका आपणालो विकास साधचो पडटलो, अशें काकासाहेबान कोंकणी आनी मराठी दोनूय पंगडांतल्या लोकांक 'गोमंतक मराठी साहित्य संमेलना'चे माचये वयल्यान स्पश्ट सांगिल्लें (आदलोच संदर्भ १३-१४, १६).

रवीन्द्रबाब बरयतात :

> मराठी संमेलनाच्या खासा अध्यक्षांच्याच तोंडांतल्यान हे तरेचे विचार फुटिल्ले पळोवन मुखार बशिल्ले मराठीवादी पयलीं घुटमळ्यांत पडले. मागीर खुबले. संमेलनांत दोन पंगड पडले. एक अध्यक्षांचो. काकासायबांचो. दुसरो येवकार अध्यक्षांचो. दत्तात्रेय व्यंकटेश पैंचो. सगळे एकामेकांचेर तापपाक लागले. येवकार अध्यक्षांच्या पंगडान 'कोंकणी मराठीची बोली' म्हूण एक थाराव हाडलो. थारावा आड कोण उलयनासो पळोवन शान्तेबाब [आमोणकार] उलोवपाक उठलो. 'भावांनो आनी भयणींनो' इतलेंच म्हळ्ळां मात, मराठीवादी उसळ्ळे. 'हे कोंकणी संमेलन नाही, मराठी संमेलन आहे; मराठीतून बोला, नाही तर खाली बसा' म्हूण मोट्या मोट्यान आड्डूंक लागले. काकासायब अध्यक्ष. तांणी म्हळें, 'संमेलन मराठीचें खरें. पुणून तें कोंकणी विरोधी न्हय... हांव अध्यक्षाच्या अधिकारान ह्या भुरग्याक कोंकणींत उलोवंक दितलों.' काकासायबांचो तेंको मेळना फुडें शान्तेबाब सडसडीत उलोवपाक लागलो. 'सकल ओडून काडात रे ताका', म्हूण मराठीवादी कोंकणींत आड्डूंक लागले. कांण जाण 'मारात रे ताका' अशें म्हणून मारपाक धांवले. कदेलां उखल्लीं. शान्तेबाबाक उलोवप बंद करचें पडलें. तो वेदी वेलो देंवलो आनी 'वॉक आवट' करून गेलो.
>
> ताका 'वॉक आवट' करून गेल्लो पळेतकूच काकासायब उठले आनी तांणी म्हळें, 'म्हाका तुमी आपोवपाक आयिल्ले तेन्ना कोंकणी मराठी वादा वेलीं म्हजीं मतां हांवें स्पश्ट केल्लीं. आनी म्हळ्ळें, तुमकां म्हजीं हीं मत्तां मान्य आसलीं जाल्यारूच हांव येतां... आतां पळेतां, तुमी एक तर चुकून म्हाका हांगा घेवन आयल्यात वा हांव चुकून हांगा पावलां. अध्यक्षाच्या निर्णया आड संमेलन निर्णय घेता. संमेलनाक अध्यक्षाची गरज आसाशी दिसना. मागीर म्हाका तुमचेर हांव कित्याक लादूं? हांव तुमचो निरोप घेतां.' अशें म्हणून काकासायब शान्तेबाबा फाटोफाट 'वॉक आवट' करून गेले. (''एक भाग्यवंत द्रश्टो कोंकणी भक्त'' बारा)

संमेलनाची ही खबर सांगून रवीन्द्रबाब मुखार म्हणटात -

''कोंकणी चळवळीन त्या दिसा कूस परतिल्या. त्या दिसा मेरेन कोंकणी मोगी जे फकत कोंकणी मोगी वा कोंकणी बरोवपी - 'कोंकणी लवर्स' वा 'कोंकणी रायटर्स' - आशिल्ले ते हे जगा वेगळे घडणुके उपरांत कोंकणीचे झुजारी - 'कोंकणी फायटर्स' जाल्यात'' (आदलोच संदर्भ, तेरा).

तो वेळ मेरेन फकत नेमाळ्यांनी वा विद्‌वानां भितर चलपी कोंकणी-मराठी वाद तिसऱ्या 'गोमंतक मराठी साहित्य संमेलनां'त पयलेच खेपे उकताडा आयलो, आनी कोंकणी चळवळीक वाट मेकळी जाली अशें रवीन्द्रबाब खूब फावटीं म्हणटाले. ही वाट करून दिवपांत काकासाहैबांचो म्हत्वाचो वांटो आसा.

रवीन्द्रबाब सांगतात -

काकासाहेबांचे कोंकणी विशींचे भुमिकेक लागून मराठीच्या पंगडांतल्या लोकांनी तांचेर खूब टिका केली. पूण दुसरे वेटेन एक फायदोय जालो. मराठी सरस्पतीची अखंड सेवा करपी दोग गोंयकार साहित्यकार, बाकीबाब बोरकार आनी लक्ष्मणराव सरदेसाय कोंकणीच्या पंगडांत आयले. १८ जून १९४६ दिसा लोहियांनी गोंयांत नागरीक स्वातंत्र्याची चळवळ सुरू केली तेन्ना बाकीबाब आनी लक्ष्मणराव दोगूय हे चळवळींत पडले आनी एक दीस मुंबय पावले. बाकीबाबान मुंबयच्यान *आमचा गोमंतक* म्हूण एक पंद्रशी नेमाळें सुरू केलें आनी काकासाहेब तातूंत बरोवंक लागले (''संघर्श टाळण्याचा फसलेला एक प्रयत्न'' १४४).

हाचे फाटल्यान गांधीजींची प्रेरणा आनी आशिर्वाद आशिल्लो.

लोहियांक गोंयचे चळवळींतल्यान फाटल्यान ओडले उपरांत गोंयच्या प्रस्नांत लक्ष घालचें म्हूण गांधीजीन आपणाल्या दोगां सांगात्यांक सांगिल्लें - मुंबयचे काँग्रेस कमिटींतल्या सांगात्यांचे मदतीन गोंयकारांक एकवटान काम करपाची आनी एका आवाजान उलोवपाची राजनीत शिकोवची अशें तांणी वल्लभभाई पटेलांक सांगिल्लें, आनी काकासाहेबांक गोंयकारांचेर बारीक नदर दवरून तांकां फावो तें मार्गदर्शन करचें म्हूण सांगिल्लें (अदीक म्हायती खातीर पळेयात, केलेकर, *काकासाहेब कालेलकर* ५८०-८१). *आमचा गोमंतकां*त आनी हेर कडेन उजवाडा आयिल्लीं गोंयच्या सांस्कृतीक, राजकी प्रस्ना विशींची काकासाहेबांचीं वेंचीक बरपां *पुण्यभूमि गोमंतक* पुस्तकांत वाचूंक मेळटात. ती वाचतकच काकासाहेब गोंया विशीं कितले खोलायेन येवजिताले ताचो होलम मेळटा. भारतभर भोंवन भारताच्या भाशीक प्रस्नाचो सगळ्या वटांतल्यान अभ्यास केल्लो एक राष्ट्रपुरूस कोंकणी-मराठी संघर्शा कडेन कसो पळेतालो तेंय समजता.

समन्वयाचे साधक

''कोंकणी मराठी परस वेगळी, काय मराठी आनी कोंकणी एकेच भाशेचे दोन फांटे, ह्या प्रस्नाचेर भाशेशास्त्र्यांनी देडशें-दोनशीं वर्सां भासाभास करची. म्हाका ताचें कांय लागना'' (कालेलकर, ''शंका समाधान'' १४७, अणकारून), ''गोंयच्या लोकांची भास कोंकणी. तांचो विकास कोंकणी सोडल्यार दुसरे खंयचेच भाशे वरवीं बरे तरेन जावपाचो ना'' (आदलोच संदर्भ १५१, अणकारून), ही शुद्ध जिवननिश्ट आनी राष्ट्राच्या हिताची भुमिका घेवन काकासाहेब कोंकणी फाटल्यान घट उबे राविल्ले, आनी हेच भुमिकेक लागून महाराष्ट्राक ते आपणाले दुस्मान दिसूंक लागिल्ले.

१९४५ त 'गोमंतक मराठी साहित्य संमेलना'च्या अध्यक्षीय उलोवपांत दिल्लो तोच संदेश काकासाहेब १९५७त जाल्ले सवे 'कोंकणी परिशदे'च्या उद्घाटकाच्या उलोवपांतूय दितात - ''मराठीची उवेखणी करप समा जावचेंना, शक्यूय जावचेंना, आनी कोंकणीची उवेखणी करप परवडपाचें ना'' (''कोंकणी भक्तांनो'' १२०, अणकारून) अशें स्पश्टपणान सांगून ते मुखार म्हणटात, ''कोंकणी एक स्वतंत्र भास काय मराठीची ती बोली ह्या सुक्या वादांत आमी पडचें न्हय. कोंकणीक स्वतंत्रपणान आनी मानान जियेवपाचो हक आसूंक जाय, खरेलो म्हत्वाचो प्रस्न हो'' (आदलोच संदर्भ १२२, अणकारून).

मराठीचो आग्रो धरतल्यांक एके कडेन ते सांगतात -

''कोंकणीक हेंगाडी म्हणून हिणसावप आनी वयल्यान आमच्याच कुटुंबांतली ती अशें म्हणून तिचेर अधिकार सांगप ही विसंगत नीत महाराष्ट्रीयांनी सोडून दिवंक जाय'' (''गोव्याचें भाग्य'' ५०, अणकारून).

रवीन्द्रबाब सांगतात, ''समन्वय काकासाहेबांच्या जिविताचें ध्येय आशिल्लें'' (*काकासाहब कालेलकर* ५२६, अणकारून). कोंकणीची समन्वयकारी, समाजांत एकचार साधपाची तांक पारखिल्ल्यानूच कोंकणी-मराठी संघर्शांत ते कोंकणीच्या अर्दान राविल्ले, आनी गरज तेन्ना कोंकणी आनी मराठी, दोनूय पंगडांतल्या लोकांचे कानूय ते पिळटाले.

गोंयांत मराठी चलूंक जाय अशें मानतल्या महाराष्ट्री भावां मुखार काकासाहेबान भाशा-समन्वयाचें आगळें-वेगळें आव्हान दवरिल्लें -

तुमी कोंकणीक मराठीचीच एक बोली लेखतात मूं? जाल्यार ''. . . कोंकणीचो [तुमी] आपलेपणान अभ्यास करचो. कोंकणी प्रत्ययांक मराठी प्रत्ययांचीं पर्यायी रुपां लेखून तुमचे भाशेंत आसपावन घेवचे. कोंकणी ओपारी-म्हणींचो अभ्यास

करून तुमच्या बरपांत तांचो मेकळेपणान वापर करचो'' (''गोव्याचें भाग्य'' ५०, अणकारून).

ते मुखार बरयतात, ''. . . महाराष्ट्री लेखकांनी गोंयच्या समाजीक पुरुशार्थाचो मोगान पुरस्कार करचो, आनी मागिरूच गोंय महाराष्ट्राचो एक वांटो अशें म्हणचें. मुलुखगिरीचे दीस आतां उरूंक नात'' (५० अणकारून). पयलीं सेवेच्या मार्गान लोकांच्या काळजाचेर शेक चलयात. लोकांक तुमच्या काळजांत सुवात दियात. इतलें हें करतकीच कोंकणी आनी मराठीचें नातें कसलें ह्या प्रस्नाचेर तुमकां चर्चाच करची पडचिना'' (५१, अणकारून).

''मराठी विशीं गोंयाक आपलेपण आसा. मराठीन कोंकणीचे शब्दप्रयोग आपणायले. . . , कोंकणी प्रत्यय आनी क्रियापदां आपलीं केलीं जाल्यार मुखार केन्ना तरी मराठी आनी कोंकणी एकीमेकींत भरसून वतल्यो, आनी तें बरेंय बी. पूण कोंकणी ना जावची, आनी मराठीच गोंयांत चलची हें गोंयचे समाज-जिणेच्या बऱ्याचें न्हय आनी गोंयचो लोक तें केन्ना सोंसुनूय घेवचोना'' अशेंय ते महाराष्ट्राक स्पश्टपणान सांगतात (''गोव्याच्या आकांक्षा'' ५५, अणकारून).

कोंकणीच्या सेवकांकूय ते सांगतात, ''कोंकणी उलोवपी हिंदू, क्रिस्तांव, मुसलमान बी सगल्या तरांच्या लोकां मजगतीं समाजीक एकचार आनी राजकी अस्मिताय जागोवपाची आसल्यार ह्या सगल्या तरांच्या लोकांक एकठांय हाडूंक पावतली असली व्यापक, सर्वसमन्वयकारी आनी लवचीक कोंकणी भास नांगरून तयार करची पडटली'' (''तीस वर्षांत कोंकणी विद्यापीठ'' ७६, अणकारून).

भाशा-समन्वया वांगडा धर्म-समन्वय आनी संस्कृती-समन्वयाची देखूय काकासाहेब गोंयकारां मुखार दवरतात. ते विचारतात :

> प्रेमधर्मी . . . येशूच्या उपदेशाचेर आधारिल्ल्या धर्माची उवेखणी आमी कित्याक म्हूण करची? आमच्या देशांतल्या, आमच्याच हाडामांसाच्या लोकांनी आपणायल्ल्या ह्या धर्माक आमी परकी कसो लेखचो? . . . हिंदू आनी क्रिस्तांवांचे धर्मग्रंथ वेगळे आसतीत. पूण इतलेच खातीर ह्या दोन धर्मांचे समाज वेगळे काडपाची निखालूस गरज ना. शैव, शाक्त, वैष्णव हांचे भितर उपास्यभेद आसात. पूण म्हूण तांचे भितल्लो समाजीक एकवट भंगना. द्‌वैती आनी अद्‌वैती वा विशिश्ट अद्‌वैती हांचे भितर दर्शनभेद आसात. पूण म्हूण तांणी आपणाले वेगळे समाज स्थापन करूंक नात. वैष्णव धर्म वैदीक, आनी जैन धर्म वेदां भायलो, हो मुळावो भेद आसुनूय गुजरातांत हे धर्म मानपी एक समाज जावन

रावतात. तशेंच, हे मुखार, गोंयच्या हिंदूंक आनी क्रिस्तांवांक एक समाज जावन बरे बशेन रावंक कित्याक येवचें न्हय? (''गोव्याचें भाग्य'' ५१, अणकारून)

ते मुखार सांगतात, ''हिंदू संस्कृताय वेगळी आनी ख्रिस्ती संस्कृताय वेगळी अशें म्हणपाचे दीस आतां उरूंक नात. हिंदू, मुसलमानी, ख्रिस्ती बी सगळ्यो संस्कृतायो आपणांत आसपावन घेवपी हिंदुस्तानी संस्कृतायेचे दीस आतां उदेल्यात,'' आनी हाका जोडून ते रोखडेच म्हणटात, '''सागरे सर्वतीर्थानि' हो धर्मीक सिद्धांत दर्या देगेर रावतल्या लोकांक पटपाक वेळ नाका'' (आदलोच संदर्भ, अणकारून).

''हिंदू बांधवांना'' (१९४७) ह्या माथाळ्याच्या एका लेखांत ते हिंदूंक विचारतात, ''. . . आपल्या लोकांनी परक्यांचो धर्म आपणायलो जाल्यार आपल्यांक आमी परकी मानतलीं, काय परक्यांच्या धर्मा कडेन आपलेपणान पळेतलीं? खंयची नदर बरी?'' (८०,अणकारून). आनी मागीर सांगतात :

> परकी पोर्तुगेज आनी स्वदेशी क्रिस्तांव धर्माचे नदरेन एक आसले तरी ते एक राष्ट्र न्हय, एक समाज न्हय. आनी, स्वदेशी क्रिस्तांव आनी स्वदेशी हिंदू धर्माचे नदरेन वेगळे दिसले तरी ते एक समाज, एक राष्ट्र आसात आनी तशेच उरपाचे आसात हें आमी विसरूंक फावना. . . . धर्मान क्रिस्तांव आसले तरी ते व्यास, वाल्मीकि, कालिदास, भवभूति, हर्ष आनी अशोक हांचेच कुळयेंतले. हिंदुस्तान देश आमचो तितलोच तांचोय बी. ही वस्तुस्थिती वळखून आमी हिंदुस्तानांतल्या सगळ्या लोकांक, मागीर ते खंयच्याय धर्माचे आसूं, आपले म्हूण आपणावंक जाय. आयजवेर तांचे विशीं आमच्या मनांत आशिल्लो वेगळेचार आतां आमी काडून उडोवंक जाय. (८१, ८२, अणकारून)

ह्या लेखाचे निमाणे कडेन ते म्हणटात :

> क्रिस्तांवांनी कांय थोड्याच हिंदूंक बाटयले आसतले. आमी हिंदूंनी अनवाळें-भश्ट, ऊंच-उणाकभाव आनी आप-परभेद ह्या तीन उणेपणांक लागून हिंदू धर्मूच बाटयलो.
>
> हो व्हडल्यांतलो व्हडलो धर्मद्रोह पयस केले बगर, आनी आमचीं समाजीक पातकां धुवन काडले बगर हिंदू धर्म कसोच पवित्र जावपाचो ना, हिंदू समाजांत तेजस्विताय येवपाची ना, आनी हिंदुस्तानाक संवसाराची सेवा करूंक येवपाची ना. (८२, अणकारून)

१९४७ वर्साच बरयल्ल्या ''किरिस्तांव बंधूंना'' ह्या लेखांत ''तुमी तर पयलीं

सावन आमचेच आशिल्ले, आतां तुमचो धर्मूय आमचो जाला'' अशें क्रिस्तांवांक सांगून ते मुखार म्हणटात, ''आयजवेर तुमी चडशे राज्यकर्त्यां वांगडा रावले. तशी तुमकां संवय जाल्या. हे मुखार जनताच राज्यकर्ती जावपाची आसा. तिचे वांगडा रावप ही नितूच आतां तुमच्या हिताची'' (६२, अणकारून). एका काळार तुमच्या जिवितांत क्रांती घडोवन हाडून तुमी क्रिस्तांव धर्म आपणायलो, आतां आनीक एक खेपे अशीच क्रांती करून हिंदुस्तानांतले जनते कडेन एकरूप जावन वचात, आनी तुमची शक्त हिन्दुस्तानाक स्वतंत्र आनी एकरुपी करपांत खर्चियात, असो संदेश ह्या लेखाचे अखेरेक ते क्रिस्तांव भावांक दितात (६३).

वालावलीकारांची घुडी सकल पडची न्हय म्हूण...

पुण्यभूमि गोमंतक पुस्तकांत ''त्यांचा झेंडा खालीं पडतां कामा नये'' ह्या माथाळ्याचो काकासाहेबांचो शणै गोंयबाबांचेर बरयल्लो एक सुंदर लेख आसा. ह्या लेखांत ते बरयतात :

> कोंकणीची भक्तिभावान सेवा करपी वालावलीकार म्हाका आदरणीय दिसताले. पूण तातूंत [तांचे कोंकणी भक्तींत] ते मराठी विशींचो राग भरशितात हाचें म्हाका वायट दिसतालें. कोंकणी म्हज्या जाणटेल्यांची आवयभास खरी, पूण म्हजी आवयभास मराठी. तिचे विशीं कोणेंय अनादर उकतो करप म्हाका कशें आवडटलें? मराठीच्या अभिमानान कोंकणीची टवाळी करतल्यांक मराठीची मक्तेदारी कोणें दिवंक ना. पूण टवाळी करतल्यांचो विरोध करतना तांचे भाशेचीच अवहेलना करप म्हळ्यार एकाद्र्या वायट मनशाच्या रागान ताच्या आवयच्या नांवान वायट उतर काडिल्ले वरी. ते बावडे आवयची कितें चूक? म्हजी ही भुमिका वालावलीकारांक समजावन सांगपाक हांव तांकां मेळूंक सोदतालों. भक्तींची बसका दुस्वासाक लागून विखाळ जावची न्हय अशें हांव तांकां सांगूंक सोदतालों. (११५, अणकारून)

निमाणें एक दीस मुंबय काळबादेवीक जमनालालजींचे पेढयेर शणै गोंयबाब आनी काशीनाथबाब नायक काकासाहेबांक मेळ्ळे. काकासाहेबान तांचे मुखार आपले विचार मांडले, आनी कोंकणीक वयर काडपा खातीर कितें करूंक जाय ते विशीं इल्ली चर्चाय केली. काकासाहेब सांगतात, म्हाका दिशिल्लें, वालावलीकार म्हजे कडेन रागान उलयतले. पूण तशें कांय जालेंना.

एकेच भाशे विशीं खरेली एकेच तरेची भक्ती मनांत आशिल्ल्यान

वृत्तीभेद आसुनूय आमी लागीं आयले. . . . वतां वतां तांणी म्हाका म्हळें, तुमची ही भुमिका तुमी म्हाका बरोवन दिली जाल्यार ती छापपाची आमची तयारी आसा. म्हजी भुमिका म्हळ्यार वालावलीकारांचे कार्यपद्दतीचो निशेध आसुनूय म्हजें म्हणणें छापूंक ते तयार जाले ही उदारताय पळोवन म्हाका अजाप जालें. आनी तांचे विशीं म्हज्या मनांत आशिल्लो आदर आनिकूय वाडलो. (११६, अणकारून)

ते मुखार बरयतात :

. . . तांची [वालावलीकारांची] नीत हिंदू आनी क्रिस्तांवांक एकठांय हाडपी म्हणपाचें पळेलें तेन्ना म्हाका भरून आयलें. गोंयचे हिंदू आनी क्रिस्तांव एकेच कोंकणीचीं भुरगीं, धर्मभेद तांकां पेल्यान काडूंक पावचोना, ही तांची भुमिका सामकी नितळ. आनी, ती कोंकणीच्या मोगांतल्यान आयल्या हें पळोवन कोंकणीचे शक्तीचो म्हाका दिश्टावो जालो. त्याच खिणाक म्हजी खात्री जाली - गोंयचे स्वतंत्रतायेचो प्रस्न कोंकणी हे समान भाशेच्या बळग्याचेरूच सोडोवं येतलो. शांतादुर्गेच्या उपासकाक रोमन कॅथलिकांची मेरी समजुची आनी मानवची हें सभावीक. वालावलीकारांच्या मनांत धर्मसमन्वय उदेल्लो पळोवन म्हाका खूब खोस जाली.[१] (११६-१७, अणकारून)

शणै गोंयबाबां वयल्या लेखाचे निमाणे कडेन काकासाहेब बरयतात :

ते [वालावलीकार] भायर पडले म्हणपाचें कळ्ळें तेन्ना मनांत हो विचार आयलो - मनीसपणाच्या ह्या सेवकान हातांत घेतिल्ली कोंकणीची घुडी सकल पडूंक फावना. सकल पडचे पयलींच कोणें तरी ती उबारून धरून कोंकणीचे उदरगतीची यात्रा मुखार व्हरूंक जाय. ही घुडी हातांत घेतल्यान कोंकणी, मराठी आनी हिंदी हे भाशा-त्रिमुर्तीची वांगडाच उपासना करूंक जाय. ही उपासना निर्मळ आनी तेजस्वी जाली जाल्यार गोंयांत स्वतंत्रताये वांगडाच संस्कृती-समन्वयूय उदेतलो.

वालावलीकारांचो वावर फकत तगोवन दवरून भागचोना, तो वाडोवंक जाय, आनी कोंकणी वरवीं युगसंस्कृतायेचो उजवाड कोंकणांतल्या भोवजनां मेरेन पावोवंक जाय. ह्या वावरांत अपसमज जातले. जायते जाण मुद्दाम ते निर्माण करतले. पूण निर्वैरताये मुखार सगळे अपसमज आपशीं ना जावन वतात. हेच स्रद्धेन कोंकणी वरवीं सेवा करून समन्वय संस्कृतायेची स्थापणूक करूंक जाय. (११७,

अणकारून)

शणै गोंयबाबांलेच धाटणेन आनीक एके कडेन काकासाहेब बरयतात :

> कोंकणी संस्कृत कुटुंबांतली भास. . . . आमचे भाशेंत अमकी तांक ना, अमको विचार वा कल्पना आमकां कोंकणींत हाडूंक येना अशें म्हणपाची पाळी कोंकणी बरोवप्याचेर केन्ना येवचिना.
>
> . . . कोंकणीचे साहित्य शक्तींत कसलेंच दैन्य ना.
>
> . . . मराठी, गुजराती, कन्नड, तेलुगू ह्या भासां इतलीच कोंकणीय बी पोरणी. सामके वायट परिस्थितींतूय कोंकणीचे पूत तिका दसून रावल्यात. गोंयकारांची कोंकणी निष्ठा आकांताची.
>
> [पूण] अजाप दिसपा सारकी गजाल म्हळ्यार, कोंकणी उलोवपी लोकांनी कोंकणी सोडून हेर कितल्याश्या भासांची निष्ठेन सेवा केल्या, आनी ते ते भाशेंत नांव जोडलां. घरांत कोंकणी उलोवपी लोकांनी संस्कृत, मराठी, कन्नड, पोर्तुगेज, फ्रँच आनी इंग्लीश ह्या भासांतल्या साहित्यांत भर घालून कीर्त जोडल्या. (''गोव्याचें भाग्य'' ४७, ४८, अणकारून)

मुखार ते म्हणटात :

> विद्येच्या आनी हेर कितल्याश्या मळांचेर पराक्रम गाजोवपी गोंयकार फकत स्वतंत्रताय जोडूंक पावंक नाशिल्ल्यान आपणालो चेरो उजळ करूंक पावंक नात. तेच तरेन, कितल्याश्या भासांची सेवा करुनूय फकत आवयभाशेची उवेखणी केल्या हें पातक तांकां धुवन काडूंक येवंक ना. आवयची कितलीय उवेखणी केली म्हूण ती आपणाल्या पुतांक स्राप दिना खरी, पूण असल्या पुतांच्या जिवितांत केन्ना तेज येना. (४८, अणकारून)

कारवारचे कोंकणी कवी शां. वि. कामत हांकां बरयल्ल्या पत्रांतूय ते हेंच सांगतात - ''कोंकणी उलोवपी लोकांनी आयजवेर हेरांची सेवा करून आपलें पोट भरलें आनी बोल्सांय भरलीं. लोकां कडल्यान तुस्त-तोखणाय जोडली. पूण आवयचो आशिर्वाद मेळोवपाची इत्सा बाळगिली ना'' (''तीस वर्षांत कोंकणी विद्यापीठ'' ७५, अणकारून).

कोंकणी समाज जागरूकपणान, मान वयर काडून स्वाभिमानान जियतेलो आनी पुरुशार्थी जातलो जाल्यार कोंकणीच्याच पाळां-मुळांक उदक घालचें पडटलें अशें ह्या पत्रांत ते स्पश्टपणान सांगतात (७७).

जिवीत समृद्‌ध आशिल्ल्या कोंकणी लोकांचे आवयभाशेंत साहित्य कित्याक निर्माण जावंक पावलेंना हाची जाप सोदतना काकासाहेबांक दिसता :

> . . . आपल्यांची, मुखेलपणान सरसमान जनतेची, सेवा करपाची लागणूक विसरून हेरांली सेवा करपांत गुल्ल उरतात, आनी आपणाले सुवार्थ-साधनेंत समाधान मानतात ते लोक आपणाले भाशेची उवेखणी करतात. आपल्या लोकांची सेवा सोडून दितल्यांचें जिवीत कितलेंय फुडारिल्लें आसलें तरी तें एके तरेचें शापीत जिवीत आसता. हे लोक व्यक्ती म्हूण कितलेय मुखार पावूं, समाजीक नदरेन तांची शक्त शुन्यूच आसता. असल्या लोकांनी आयज मेरेन स्वामीनिष्ठा खूब दाखयल्या, आत्मनिष्ठा दाखोवंक ना.
>
> कोंकणी उलोवपी लोकांनी संस्कृत, मराठी, इंग्लीश, कन्नड, पोर्तुगेज, लातीन बी भासांची सेवा करून त्या त्या साहित्यांत नांवाजत्यो साहित्यकृती रचून प्रतिष्ठा जोडली. पूण आपले भाशेचें साहित्य समृद्‌ध करपाचें तांकां येवजलेंना. हाका लागून सगळे तरेची योग्यताय आसुनूय ते आपल्या तेजान चकचकले नात. दुसऱ्याच्या कार्याक हातभार लावपाचें स्रेय तांकां मेळ्ळें. शहाजीची जिवीतसिद्‌धी आनी शिवाजीची जिवीतसिद्‌धी हांतलें वेगळेपण हांगा लक्षांत आयले बगर रावना. (''कोंकणी भाषा आणि साहित्य'' १०३, अणकारून)

गोंयच्या सुटके झुजांत पडिल्ले तरणाटे रवीन्द्रबाब निर्शेल्ले अवस्थेंत एक दीस बाकीबाबांचे सुचोवणेन काकासाहेबां सरीं पावले (पळेयात, केळेकार, *पांथस्थ* १४१-४५), आनी कितलींशीं वर्सां तांचे सरीं उरले. ते आदीं रवीन्द्रबाबांक कोंकणी 'पटिल्ली' (पळेयात, केळेकार, ''एक भाग्यवंत'' सात-धा). पूण काकासाहेबांचे तालमींत कोंकणीचे सेवेची वाट तांचे मुखार स्पश्ट जाली, आनी कोंकणी तांच्या जिविताचें 'मिशन' जावंक पावली, अशें मानूंक खूब आधार आसा. रवीन्द्रबाब सांगताले, 'तुजो स्वधर्म कोंकणी, कोंकणी सोडून दुसरें कितेंय करूंक वचप म्हळ्यार तो व्यभिचार जातलो' अशें दोन तीन प्रसंगांचेर सांगून काकासाहेबानआपणाक ह्या मिशनाच्या मार्गा वेल्यान हालूंक दिवंक ना (संदर्भ : हे लेखिके कडेन केल्ल्या उलोवण्याचो).

चंद्रकांत केणींकूय कांय वर्सां काकासाहेबांचो सांगात आनी तांचे तालमीचो लाव मेळ्ळा. कोंकणी तांच्याय जिविताचें ध्येय जाल्या.

हे भाशेन, शणै गोंयबाबान उबारिल्ली कोंकणीची घुडी सकल पडची न्हय

म्हूण एका खरेल्या कोंकणी भक्ता वरी काकासाहेबूय मना पसून वावुरल्यात.

द्रश्टच्या राष्ट्रपुरसाचें भासकारण

काकासाहेब एक द्रश्टे राष्ट्रपुरूस आशिल्ले. तांचो भाशाविचार परिस्थितीक शरण वचपी तज्ञांचो भाशाविचार नाशिल्लो. तो परिस्थितींतल्यान वयर सरिल्लो, पूण राष्ट्राचें हीत दोळ्यां मुखार दवरून केल्लो आदर्शवादी भाशाविचार आशिल्लो.

ते बरयतात :

> हिंदुस्तानांतल्यो ल्हान-व्हड सगल्यो भासो जियेवच्यो, ज्यो भासो सामक्यो ल्हान आसात तांकां लेगीत मारी नासतना फुलूंक दिवन तांचे प्रवाह लागींचे नात्यांतले भाशेच्या प्रवाहांत व्हरून सोडचे अशें म्हजें लोकांच्या हिताचें भासकारण. भासकारणांतल्या उकत्या वा गुपीत साम्राज्यवादाचो हांव दुस्मान. दुबळो आनी अकर्मण्य असो साम्राज्यवादूय आमच्या लोकां भितर किल्लूंक दिवंक फावना अशें म्हाका दिसता. (''गोव्याचें भाषाकारण'' ६४, अणकारून)

भाशावार प्रांतरचनेच्या विचाराक काकासाहेबांचो तेंको आशिल्लो.

स्वराज्या आदीं आमच्या देशाचे विभागणेक सैमीक वा संस्कृतीक, कसलीच बसका नाशिल्ली. ब्रिटीशांनी निखटो राजकारबाराच्या सोंपेपणाचो विचार करून वेगळे वेगळे प्रांत घडयल्ले. ते आदीं वेगळ्या वेगळ्या राजांच्या आनी सम्राटांच्या हावेसांनी देशाक आपणाक जाय तशें रूप दिल्लें. स्वतंत्रतायेचे चळवळींत लोकां भितर जागृताय निर्माण जाल्ली तेन्ना देशांतल्यो वेगळ्यो वेगळ्यो भाशीक अस्मितायोय वयर सरिल्ल्यो, आनी स्वतंत्र भारतांत भासांक धरून प्रांत घडोवपाची मागणी जावंक लागिल्ली. गांधीजींचें हे मागणे कडेन लक्ष गेल्लें आनी तांणी तिका तेंकोय दिल्लो. हे भाशेन प्रांतांची रचणूक केली जाल्यार राष्ट्रीय जिवितांत थळाव्या भासांक तांची सभावीक सुवात मेळटली, आनी वांगडा धर्मभेद, वेवसायभेद सारकेलीं वेगळेपणांय उण्या म्हत्वाचीं जातलीं असो तांकां विश्वास दिसतालो (पळेयात केलेकर, *काकासाहब कालेलकर* ५८४).

काकासाहेब सांगतात :

> हिंदुस्तानाची भाशावार प्रांतरचना करपाचो विचार गांधीजीन देशा मुखार मांडलो, आनी म्हजे सारकेल्या कितल्याश्या लोकांनी तो आपणायलो तेन्ना हिंदुस्तानाचीं धा-पंदरा 'राज्यां' करपाचो विचार नाशिल्लो. आनी, हिंदुस्तानांत भासां प्रमाण वेगळ्यो वेगळ्यो संस्कृतायो आसात अशेंय

> कोणाक मना पसून दिसनाशिल्लें. भासांक धरून **प्रांत** करपा फाटलो हेत एकूच आशिल्लो - स्वराज्यांत लोकांचे संवकळीचे भाशेंतल्यान थळावो राजकारबार चलचो, आनी लोकांक तांचे भाशेंतल्यान शिक्षण मेळचें. . . . भाशावार प्रांतरचना म्हाका मान्य आसली तरी वेगळ्यो वेगळ्यो भासो उलोवपी लोक एकाच प्रांतांत रावचे न्हय वा एक भास उलोवपी सगळ्या लोकांचें एकूच राज्य जावचें असो म्हजो केन्ना आग्रो नाशिल्लो, आजूय ना. ("सागरी प्रांत काय आहे?" १६९, अणकारून)

ते म्हणटाले, महाराष्ट्राचे तीन सभावीक विभाग आसात - देश, विदर्भ आनी कोंकण. तशेच गुजराताचेय तीन विभाग आसात - कच्छ, सौराष्ट्र आनी गुजरात. महाराष्ट्र तीन प्रांतांनी वांटून घालचें, आनी ह्या प्रांतांचो राजकारबार मराठींतल्यान चलचो. गुजराताचेय अशेच तीन प्रांत करचे, आनी तांचो राजकारबार गुजरातींतल्यान चलचो. मुंबय, कोलकाता, दिल्ली, मद्रास, कानपुर, अहमदाबाद हांचीं 'नगरराज्यां' करचीं. देशाचे ल्हान ल्हान चाळीस-पन्नास प्रांत घडोवचे आनी आठ आठ धा धा प्रांतांचें एक 'अधिराज्य' करचें. ल्हान प्रांतांच्या हावेसांक शीम पडटली आनी प्रांत ल्हान आशिल्ल्यान राज्यकर्त्यांचो लोकां कडेन प्रत्यक्ष संबंदूय उरतलो (पळेयात केलेकर, *काकासाहब कालेलकर* ५८५).

काकासाहेबान जवाहरलाल नेहरू मुखार आपणाली ही येवजण दवरिल्ली, पूण तिचेर विचार जालो ना (अदीक म्हायती खातीर पळेयात आदलोच संदर्भ ५८२-८७).

पंचभाशीक (गुजराती, मराठी, कोंकणी, कन्नड आनी तुळू) सागरी प्रांताची संकल्पनाय काकासाहेबान राज्यकर्त्यां मुखार दवरिल्ली. खंबायत ते मंगळूर वा नीट कालिकत मेरेनच्या दर्यादिगे वेल्या लोकांचें जिवीत एकजिनसी जालां, ह्या दर्यादिगे वेल्या वाटाराचो एक प्रांत करचो, आनी इंग्लंड वा जपानान दर्यावर्दी राष्ट्रां म्हूण नांव जोडलां तशीच भारताचे दर्यादिगे वेली प्रजा दर्यावर्दी प्रजा म्हूण मुखार येवची अशें काकासाहेबांक दिसतालें. आफ्रिकेचे दक्षिणे कडलें केप टावन ते ऑस्ट्रेलियेचे दक्षिणे कडलें फ्री मँटल ह्या दोन तोंकां मदलो सगलो हिन्दी म्हालसागर आनी ताची सगली दर्यादिग ह्या सागरी प्रांतांतल्या लोकांच्या पुरुशार्थाचें मळ अशें ते मानताले ("सागरी प्रांत" १७०-७१). काकासाहेबांच्या ह्याय विचाराची राज्यकर्त्यांनी फावो तशी दखल घेतलिना.

आमच्या राष्ट्राचें 'सामुद्री मानस' आटून गेलां, काकासाहेब म्हणटाले. सैमान येदी व्हडली दर्यादिग दिल्ली आसतना दर्यादिगे वेल्या लोकांनी दर्याचें आमंत्रण

उमेदीन मानून घेवंक ना हाची तांकां खंत जाताली. आमगेल्या पुर्वजांनी समुद्रयात्रा निशिद्ध मानली, आयजूय आमी तांचेच सांगणेक पाळो दिवन चलिल्ले वरी चलतात, ते म्हणटाले (पळेयात, केळेकर, *ज्ञाननिधीच्या सान्निध्यांत* १५१-५२).

मेकळ्या गोंयाचो 'संयुक्त महाराष्ट्रां'त आसपाव करून घेवपाचो एक यत्न ग.त्र्यं. माडखोलकर हांणी काकासाहेबांक वांगडा घेवन केल्लो. कोंकणीक एक स्वतंत्र भास म्हूण मान्यताय दिली, आनी गोंयाक ताचें वेगळपण सांबाळूंक मेळटलें हें उतर दिवन लोकांचो विश्वास जोडलो जाल्यार गोंय 'संयुक्त महाराष्ट्रां'त आसपावन घेवपाक व्हडलेंशें कठीण जावपाचें ना अशें माडखोलकरांक दिसतालें. ह्या यत्ना विशीं रवीन्द्रबाबान दाखल्यां सयत विस्तारान बरयलां (पळेयात "संघर्ष टाळण्याचा फसलेला एक प्रयत्न"). कोंकणी-मराठी संघर्शाच्या इतिहासाचीं हीं म्हत्वाचीं पानां. आपणालो हो प्रस्ताव घेवन माडखोलकर काकासाहेबांक मेळूंक गेले तेन्ना काकासाहेबान तांकां सांगलें :

> हांव गोंयचो फुडारी न्हय. म्हज्या उतराक मान दिवपी म्हजे कांय गोंयकार इश्ट आसात. ते कोंकणीच्या पंगडांतले. महाराष्ट्रान गोंया विशीं फावो तीं पावलां उबारलीं जाल्यार तांकां समजावन सांगपाचो हांव यत्न करून पळेन. पूण फाटल्या कांय वर्सां सावन मराठी फुडाऱ्यांनी तांकां इतले दुखयल्यात की 'महाराष्ट्रान फावो तशीं आश्वासनां दिल्यार तुमी विलिनीकरणाक विरोध करचो न्हय' अशें हांवें तांकां सांगलें जाल्यार ते म्हजें आयकतले हाचें म्हाका खरेपण ना. हांव तांकां समजावन सांगतलों. पूण समजावनूय तांणी मान्य केलें ना जाल्यार मात हांव तांचेच वेटेन रावतलों, तुमचे न्हय, हें पयलींच स्पश्ट करतां. (आदलोच संदर्भ १४९, अणकारून)

गांधीजींच्या दोगां अनुयायांचो गोंया कडेन खूब लागींचो संबंध आयिल्लो - चारशें छत्तीस वर्सांचे पोर्तुगेज सत्तेक आव्हान दिवन लोकांच्या काळजांत स्वतंत्रतायेची जोत पेटोवपी राममनोहर लोहियांचो, आनी स्वराज्यांत कोंकणी लोकभाशे वरवीं धनीपणाचे भावना आशिल्लो कोंकणी समाज बांदून येवचो म्हूण वावुरपी आचार्य काकासाहेब कालेलकरांचो. गोंय ह्या दोगांयच्या रिणांत सदांच उरतलें.

काकासाहेबांची एकशें पंचविसावी जयंती १ डिसेंबर २०१० ह्या दिसा देशान मनयल्या. समेस्त कोंकणी समाजाचे वतीन तांकां आमचीं नमळायेचीं

आर्गां.

टीपः

१. काकासाहेबांक मानवल्ले शणै गोंयबाबांचे हे विचार ''ऐन वेळार'' ह्या, ३१ ऑक्टोबर १९४५ दिसा बरयल्ल्या, शणै गोंयबाबांल्या निमाण्या बरपांत उकते जाल्यात. ह्या बरपाचो पोट-माथाळो शणै गोंयबाबान '''गोमन्तक मराठी साहित्य संमेलना'चे तिसरे बसकेचे अध्यक्ष आचार्य काकासायब कालेलकार हांगेल्या उलोवपांतलो आपरोस'' असो दिला खरो, पूण काकासाहेबांचें मूळ उलोवप वाचले उपरांत हें बरप तांच्या उलोवपाचो आपरोस (सार) न्हय, तर तांच्या उलोवपाचेर दिल्ली शणै गोंयबाबांली ती मेकळी आनी मौलीक प्रतिक्रिया म्हणपाचें कोणाय वाचप्याच्या लक्षांत येवं येता. नाजाल्यार काकासाहेबांचें उलोवप पस्तीस पानांचें आनी शणै गोंयबाबांनी काडिल्लो ताचो 'आपरोस' त्रेप्पन पानांचो अशें कशें जावं येत?

काकासाहेब कालेलकरांचे एकशें पंचविसावे जयंती निमतान 'जागां'त उजवाडा हाडिल्लो खाशेलो लेख

(*जाग,* दिवाळी-नातलां २०१०)

४. नव्या गोंयाचो एक शिल्पकार

१९४०-४१ तली गजाल आसूंक जाय...

ना. सी. फडके गोंयांत आयिल्ले. पणजेच्या कांय 'प्रतिशठीत नागरिकां'नी म्हालक्षिमी देवळाच्या मंटपांत तांचें उलोवप दवरिल्लें. आपणाल्या उलोवपांत फडकेंनी म्हळें, ''गोंयची पुराय खबर एकेच वळी भितर सांगूं येता - *पेग, पीग* आनी *प्रॉस्टिट्युशन*; म्हळ्यार, तीन *पी* (P)...''

आयकून कितल्याश्या आयकुप्यांक जाळ पडले. कांय जाण खुबळ्ळे, ''केदो अपमान हो गोंयकारांचो! आमी तो मोन्यांनी कशेच सोंसून घेवपाचे नात...'' तांणी म्हळें. पूण थंयचे थंयच निशेध करतले म्हळ्यार ना. सी. फडकें मुखार मराठी कोण उलयतलो! ते गोंयकारांचे मराठीक हांसले जाल्यार...!

हे सभेंत एकलो तरणाटो आसलो - शांताराम आमोणकार (१९२३ -२००८). ताका सभेंतल्या एका-दोगांनी म्हळें, आमी करतलेच निशेध. ओगी रावचे नात... पूण एक दोन दीस वतले. निशेधाचें उलोवप पयलीं बरोवन काडचें पडटलें.

सारके मराठींत...

शांतारामबाब बरयतात, "उपरान्त निशेधाची सभा बी कांयच जाली ना, सगळ्यांनी मोन्यांनी हो अपमान गिळ्ळो..." (*उगडासांचे कोठये-कुडींत* २०).

हे घडणुकेन शांतारामबाबांक एक जाणविकाय करून दिली, गोंयकारांक भासूच ना, जिबूच ना, म्हणपाची. काकूळट दिसली तांकां गोंयकारांची.

१९४० वर्सा दादा वैद्यांल्या *स्वयंसेवक* नेमाळ्याच्या आंकांतल्यान शांतारामबाबांक कोंकणी-मराठी वादाची खबर वाचूंक मेळिल्ली. अ. का. प्रियोळकार, रघुनाथ तळवडकार बी सांगताले, मराठीच गोंयची भास, कोंकणी म्हणटात ती भासूच न्हय... जाल्यार, वामन रघुनाथ वर्दे वालावलीकार तांकां जाप दिताले, कांय इतिहासीक कारणांक लागून कोंकणी फाटीं उरली म्हूण मराठी आमची भास जायना; मुंबय ते मंगळूर मेरेनचे कोंकणपट्टेची निजाची भास कोंकणीच.

*स्वयंसेवका*च्याच आंकांनी वालवलीकारांनी बरयल्ल्यो तीन काणयो शांतारामबाबांक वाचूंक मेळ्ळ्यो - "म्हजी बा खैं गेली?", "वासशणैली पोपाय" आनी "बाबुमामालो पणस". ते बरयतात, "कोंकणी पयलेच खेपे वाचतालों देखून आडखळत आडखळत हांवें त्यो वाचून काडल्यो. मराठी, पुर्तुगेज, इंग्लेज भासांतल्यो कितल्योश्यो काणयो हांवें वाचिल्ल्यो. पूण ह्या कोंकणी काणयांनी एके वेगळेच तरेची संवेदना जागयली. मन उचंबळीत जालें" (आदलोच संदर्भ १७).

शांतारामबाबांक आपणाले काळजाचे - निजाचे - भाशेचो होलम मेळिल्लो.

उपरांत ते मुळावे शाळेंत शिक्षक जावपाचो दोन वर्सांचो कोर्स करूंक पणजे गेले. थंय 'आवयभास' म्हळ्यार कितें, आवयभाशेचें शिक्षणांत म्हत्व कितें तें तांकां समजलें, आनी कोंकणीच कित्याक हेंय सारकें बरें पटलें. 'धनीपणाची भावना' आनी कोंकणी हांचेंय नातें तांकां होलमल्लें.

रामचंद्र शंकर नायक 'इश्कॉल नॉर्मालां'त प्रोफसोर आशिल्ले. तांणी कोंकणींत *चवथिचो चंद्र* (१९३५) बरयल्लें खरें, पूण कोंकणीचीं फकाणां मारपाचे नदरेन तें बरयल्लें; कोंकणी बोलयां भितर आशिल्ल्या जाती-धर्मांच्या, वाटारांच्या वेगळेपणाक लागून एकल्याची कोंकणी दुसऱ्याक कशी समजना, आनी हाका लागून अर्थाचो अनर्थ कसो जाता, तें दाखोवंक बरयल्लें. शांतारामबाबान तांचे कडेन भाशेच्या प्रस्नांचेर चर्चा करची. कोंकणी वरवींच कोंकणी मनशाचो खरेलो विकास साधूं येतलो ही गजाल शांतारामबाबांक पटिल्ली. फाटीं पडिल्ले

कोंकणीक फुडें हाडप सोंपें न्हयच, पूण कोंकणीच्या पुतांनी तें मनार घेतलें जाल्यार कित्याक घडून येवचें ना?! असलो, सगल्या द्रश्ट्यां भितर आसता तसलो, विश्वास तांच्याय काळजांत मूळ धरूंक लागिल्लो.

शांतारामबाब लिसेवार शिकताले तेन्ना सात-आठ विद्यार्थ्यांनी एक अभ्यासमंडळ घडयल्लें. हातूंत शांतारामबाबूय आशिल्ले. आठवड्याक एक खेपे जमप, आनी एकल्यान कोर्णेय खंयच्याय एका विशयाचेर अभ्यास करून उलोवप अशें थरिल्लें. खंयचे भाशेंत? खंयचेय - पोर्तुगेज, इंग्लीश, हिंदी, मराठी - खंयचेय. ''आनी कोंकणी?'' शांतारामबाबान विचारलें. कोंकणींतल्यान म्हूण अभ्यासपूर्ण उलोवप करूं येता?! पिशेपणां...! अभ्यासमंडळाच्या वांगड्यांक दिसलें. शांतारामबाब झगडले. ''तुमकां कोंकणी नाका जाल्यार म्हाका अभ्यासमंडळूच नाका,'' तांणी म्हळें. पांडुरंग भांगीय अभ्यास मंडळाचे वांगडी आशिल्ले. ''म्हाकाय पट्टा तुजें म्हणणें,'' बसके उपरांत भायर सरले तेन्ना तांणी शांतारामबाबांक म्हळें. आनी, शांतारामबाबांचे जिद्दीक लागून अभ्यासमंडळांत कोंकणीक सुवात मेळ्ळी. एक ल्हानशें जैत. पूण उण्या म्हत्वाचें निखालूस न्हय (आदलोच संदर्भ २०-२२).

उपरांत, रवीन्द्र केळेकारांच्या उतरांनी, शांतारामबाब ''आपणाक लागलां तें कोंकणीचें 'पिशें' दुसऱ्यांक लावपाचें'' काम पोटतिडकीन करीत रावले (''एक भाग्यवंत द्रश्टो कोंकणी भक्त'' सात). पांडुरंग भांगी, वामन सरदेसाय, शांतारामबाबांच्या प्रभावांत येवन 'कोंकणीचे' जाले. रवीन्द्रबाबांकूय तांगेल्या जिवितांचें 'मिशन' शांतारामबाबानूच दाखोवन दिलें अशें ते (रवीन्द्रबाब) सांगतात. 'कोंकणी म्हाका पटल्या, पूण फाटीं पडिल्ली ही भास तिच्या भयण-भासांच्या पांवड्याची केन्ना जावंक पावतली?' ह्या रवीन्द्रबाबांल्या प्रस्नाक शांतारामबाबान जाप दिल्ली, ''लागतीत शें दोनशीं वर्सां... आयच्यान वावराक लागुंया, एक दीस उणो जातलो'' (आदलोच संदर्भ, आठ). कोंकणी चळवळीच्या म्हालगड्या येरेकारां मदल्या ह्याच आत्मविश्वासाक लागून कोंकणी एका फुडलीं एक जैतां हातासूंक पावल्या.

शांतारामबाबांक चित्रकलेची भुरगेपणा सावन ओड आशिल्ली. तांकां चित्रकार जावपाचें आशिल्लें, चित्रकलेच्या विशयांतलेंच शिक्षण घेवपाचें आशिल्लें. सोळा-सतरा वर्सांचे पिरायेर भोमा सावन ते पांयांनी म्हाड्डोळा वताले, आनी बोरकार म्हूण एका चित्रकारा कडल्यान चित्रकलेचें शिक्षण घेताले.

लिसेवाचें शिक्षण जाले उपरांत तांणी मुंबय वचपाचें थारायलें. चित्रकलेचेंच

शिक्षण घेवपाक. घरचे परिस्थितीक लागून नोकरी करुनूच शिक्षण घेवप अशेंय थारावचें पडलें. १९४४ वर्साच्या मार्चांत ते मुंबय पावले. नोकरी मेळटकच 'जे. जे. स्कूल अव्ह आर्ट'च्या डिप्लॉमा कोर्सांत 'ॲक्स्टर्नल स्टूडंट' म्हूण नांव घालें.

शांतारामबाब रावताले गिरगांव, बनाम हॉल लेनींत, तांगेल्या धाकल्या भावान भाड्याक घेतिल्ले कुडींत. हेच लेनींत फुटपाथ सोंपताली थंय काशीनाथ श्रीधर नायकांचो 'गोमन्तक छापखानो' आसलो.

शांतारामबाब बरयतात, "ध्याना मनांत नासतना मुंबय हांव पावंक जाय आशिल्लों थंयच पाविल्लों" (*उगडासांचे कोठये-कुडींत* २५).

'गोमन्तक छापखान्या'कडलो संबंध शांतारामबाबांक शणै गोंयबाबां सरीं घेवन गेलो. मुखार, ते मुंबय आशिल्ले ते मेरेन थंय कोंकणीचो जो जो वावर चलतालो ताचे कडेन तांचो लागींचो संबंद आयलो. मुंबय रावपी गोंयकारांच्या घरा घरांनी भोंवन तांणी गोमन्तक छापखान्यांत पडून आशिल्लीं शणै गोंयबाबांलीं पुस्तकां खपयलीं. कोंकणीच्या वावरा खातीर शणै गोंयबाबान 'कोंकणी भाशा मंडळ' संस्था घडयल्ली. ती दोनूच वर्सांनी बंद पडिल्ली. फ्रान्सिस मार्तीरिसांच्या पालवान शांतारामबाबान ती परती जिवी केली. तिका नवे वांगडी जोडून दिले.

१९४५त मुंबय ब्लॅव्हाट्स्की लॉजांत 'गोमंतक मराठी साहित्य संमेलना'चें तिसरें अधिवेशन भरिल्लें. ह्या अधिवेशनांत 'गोंयकारांची भास मराठी, कोंकणी तिची बोली' म्हूण कोणें तरी एक थाराव मांडलो. एक एकलो गोंयकार मराठी-भक्त थारावाच्या अर्दान पोटतिडकीन उलोवंक लागलो. काशीनाथबाब नायक, काशीनाथबाब लाड, बाकीबाब बोरकार - सगले आयकुप्यां मदीं बशिल्ले. पूण थारावाक विरोध कोणें करप? कसो? कोणाक सुचऽ नाशिल्लें. संमेलनाचे अध्यक्ष आशिल्ले काकासाहेब कालेलकर. तरणाटे शांतारामबाब उठले. तांणी थारायलें, थारावा आड कोणूच उलोवंक तयार ना जाल्यार हांव उलयतलों. कोंकणींतल्यानूच. आनी, आपणाक थारावाचेर पंदरा मिनटां कोंकणींतल्यान उलोवंक दिवचें म्हूण मागून तांणी अध्यक्षां कडेन एक चिटारो धाडून दिलो. अध्यक्षांचे मान्यतायेन ते संमेलनाचे माचयेर चडले. कोंकणींतल्यान उलोवंक लागले. कांय वेळान हॉलांत बोवाळ जावंक लागलो. आयकुपी खुबळिल्ले. कांय जाणांनी शांतारामबाबांचेर मोखून मारूंक कदेलांय उबारलीं. काकासाहेब उलोवंक उठले पूण तांकांय सभा आयकना जाली. शांतारामबाबांक उलोवप बंद करचें पडलें. ते माचये वयले देंवन हॉलांतल्यान भायर सरून गेले. उपरांत काकासाहेब उलयले - अध्यक्षांच्या निर्णया आड संमेलन निर्णय घेता हाचो अर्थ, संमेलनाक अध्यक्षाची गरज ना,

आनी तेय हॉलांतल्यान वॉक आवट करून गेले.

रवीन्द्रबाब बरयतात, ''कोंकणी चळवळीन त्या दिसा कूस परतिल्या. त्या दिसा मेरेन कोंकणी मोगी जे फकत कोंकणी मोगी वा कोंकणी बरोवपी -'कोंकणी लवर्स' वा 'कोंकणी रायटर्स'- आशिल्ले ते हे जगा वेगळे घडणुके उपरांत कोंकणीचे झुजारी -'कोंकणी फायटर्स' जाल्यात. . . . कोंकणी चळवळीक संघर्षाची दिका शान्तेबाबाच्या 'वॉक आवटा'न दिल्या'' (''एक भाग्यवंत'' तेरा).

नोकरी, चित्रकलेचो अभ्यास आनी कोंकणी - शांतारामबाब तिनूय गजाली निष्ठेन करताले. 'जे. जे. स्कूल अव्ह आर्टा'चो डिप्लोमा घेतले उपरांत तांणी 'आर्ट मास्टर' हो चित्रकलेचो शिक्षक जावपाक गरजेचो आशिल्लो कोर्स पुराय केलो. ह्या कोर्साक ते 'ग्रेटर बॉम्बें'त पयल्या वर्गांत पयले आयले.

मुंबय चित्रकलेचें शिक्षण घेतना शांतारामबाबांलो कितल्याश्या चित्रकारां कडेन संबंद आयला. विसाव्या शतमानांतलें चवथें दसक भारतीय चित्रकलेचे नदरेन खूब म्हत्वाचें लेखतात. ह्या काळांत मुंबयंत 'प्रोग्रेसिव्ह आर्टिस्ट्स् ग्रुपा'ची स्थापणूक जाल्ली. फ्रान्सीस न्यूटन सौज, सय्यद हैदर रझा, के. एच्. आरा, मकबूल फिदा हुसैन बी ह्या ग्रुपाचे वांगडी आशिल्ले. ह्या चित्रकारां कडेन शांतारामबाबांचो लागींचो संबंद आयिल्लो. पूण तांचे खरेले जिवाभावाचे इश्ट आशिल्ले भारतीय चित्रकलेक आगळे-वेगळे उंचायेर व्हरपी चित्रकार व्ही. एस्. गायतोंडे. (शणै गोंयबाबांलो भाचो ही गायतोंडेंची आनीक एक वळख.) गायतोंडे आनी शांतारामबाब बरोबर शिकताले. एक खेपे खंय गायतोंडे चित्रकलेचे परिक्षेक नापास जाले आनी शांतारामबाब बरे गूण घेवन पास जाले. रिझल्ट पळोवन शांतारामबाबान गायतोंडेंक म्हळें, ''म्हजें मत सांगूं? चित्रकला तुका बरी समजता, परिक्षेचें तंत्र हांव बरो जाणां...'' - शांतारामबाबान सांगिल्ली खबर.

गायतोंडें विशीं, तांगेले चित्रकले विशीं उलयतना शांतारामबाबांक केन्ना पुरो जाय नाशिल्लें. गायतोंडेंची चित्रकला सुरवेक कशी आशिल्ली, मुखार ती कशी बदलत गेली हे विशीं कितलोय वेळ उलोवपाची तांची तयारी आसताली. इंदिरा गांधी प्रधानमंत्री आसतना एक खेपे फ्रांसाच्या दौऱ्यार गेल्ल्यो आनी फ्रांसाच्या राष्ट्राध्यक्षान तांचे खातीर जेवण दवरिल्लें. जेवण दवरिल्लें त्या हॉलांत संवसारांतल्या नांवाजत्या चित्रकारांचीं कांय चित्रां आशिल्लीं. थंय एकल्याच भारतीय चित्रकाराचें चित्र आशिल्लें - व्ही. एस्. गायतोंडेंचें. इंदिरा गांधींक हें नांव नवें आशिल्लें. भारतांत परतले उपरांत तांणी आपणाल्या सेक्रेटरीक आपोवन सांगलें, ''म्हाका गायतोंडेंक मेळपाचें आसा...'' - हीय बी शांतारामबाबानूच सांगिल्ली खबर.

गायतोंडे विशीं उलयतना, तांचे चित्रकले विशीं नेमाळ्यांनी आयिल्ल्या लेखांचीं कात्रणां, तांगेल्या मुलाखतींचीं कात्रणां ते मुजरत दाखोवन म्हणटाले, "केदो व्हडलो चित्रकार! पूण सामको सादो मनीस..." गायतोंडेंनूय एके मुलाखतींत आपणालो लागींचो इश्ट म्हूण शांतारामबाबांचो उल्लेख केला.

चित्रकलेचें शिक्षण घेवन शांतारामबाब गोंयां परतले, शिक्षकाची नोकरी करपाचे इत्सेन. वांगडा कोंकणीचेंय काम करप, ह्या हावेसान. तांकां चित्रकलेच्या शिक्षकाचे नोकरेची अपेक्षा आशिल्ली, पूण नोकरी मेळ्ळी 'इश्कॉल तॅक्निकां'त, हस्तकलेच्या शिक्षकाची. शांतारामबाब निर्शेलेनात. नोकरी घेतली. आनी, आपणाल्या सभावा प्रमाण, निखटे हस्तकलेचे शिक्षक म्हूण वावुरले नात. कलेच्या वेगळ्या वेगळ्या मळांचीं क्षितिजां विद्यार्थ्यांक दाखयलीं. गोंया भायर वचून ह्या मळांचें शिक्षण घेवंक तांकां उर्बा दिली. पयश्यांची इल्लीय अपेक्षा धरी नासतना आपणाल्या खाजगी स्टुडियोंत आपोवन विद्यार्थ्यांक चित्रकलेचें शिक्षण दिलें.

स्वराज्य आयलें तेन्ना आदल्या 'लिसेवा'चें 'सरकारी उच्च माध्यमीक विद्यालय' जालें. शांतारामबाब थंयचे 'डिझायन टीचर' जाले. ही उच्च माध्यमीक विद्यालयाची परिक्षा बऱ्या गुणांनी पास जाल्यार गोंया भायल्या इंजीनियरींग कॉलेजांनी प्रवेश मेळूं येतालो. शांतारामबाब खूब स्रम घेवन भुरग्यां कडल्यान परिक्षेची तयारी करून घेताले. 'शिक्षण परवडना' अशें कोणेंय म्हळें जाल्यार भुरग्याची तांक पारखून ताचे खातीर शिश्यवृत्तीची वेवस्था करताले वा ताच्या शिक्षणाचो खर्च आपूण करताले. ते मुस्तींत वास्तूशिल्पशास्त्राच्या मळाची गोंयकारांक व्हडलीशी वळख नाशिल्ली. गोंया भायर वचून वास्तूशिल्पशास्त्री जातलो जाल्यार 'इंटरमीडियेट ग्रेड' परिक्षा दिवची पडटाली. शांतारामबाब भुरग्यां कडल्यान हे परिक्षेचीय तयारी करून घेवंक लागले, सांगपाची गरज ना, पयशांची आस्त धरी नासतना.

ज्या भुरग्यांक चित्रकलेची ओड आसा, पूण जीं कॉलेजांनी वचून शिक्षण घेवंक पावनात, जीं एस्. एस्. सीय जावंक नात, तांचे खातीर तांणी पणजेचे 'स्वामी विवेकानंद सोसायटीं'त चित्रकलेचे वर्ग सुरू केले. हे खातीर सुरवेक तांकां म्हयन्याक फकत शंबर रुपयांची मदत मेळटाली. १९७३ मेरेन सात वर्सां तांणी हो वर्ग चलयलो, उपरांत तो सोसायटीचे सुवादीन करून ते पेल्यान सरले. १९७३ वर्सा तांकां सोसायटीचे वतीन मानधन म्हूण २५० रुपया मेळटाले.

शांतारामबाब शिक्षकाची नोकरी करताले तेन्ना दर सुटयेंत आपल्या खर्चान मुंबय वचून येताले, कलेच्या मळार नवें कितें घडटा ताची जाण करून घेवंक.

सत्तावन अठ्ठावन वर्सांचे पिरायेर तांकां दिसलें, वडोदऱ्याच्या एम्. एस्. विद्यापीठाची एम्. ए. आर्ट ही पदवी घेवची. पगारा बगर सुटी घेवन ते वडोदऱ्याक गेलेय बी, पूण बलायकेक लागून स म्हयन्यांनी तांकां गोंयां परतुचें पडलें.

उपरांत, गोंयांत कलेचें महाविद्यालय जावचें हो ध्यास शांतारामबाबांक लागलो. हें महाविद्यालय कशें आसचें, थंय कसले कसले कोर्स शिकोवचे हाची सगळी आंखणी तांणी फुडाकार घेवन तयार केली, आनी तेन्नाचे मुखेलमंत्री आनी शिक्षणमंत्री भाऊसाहेब बांदोडकारां कडेन दिली. तेन्ना गोंयचीं कॉलेजां मुंबय विद्यापीठा कडेन जोडिल्लीं आशिल्लीं. देखून मुंबय विद्यापीठाची एक समिती गोंयां आयली, असले तरेच्या महाविद्यालयाक मान्यताय दिवं येत काय ना तें थारावपाक. ह्या मळार खासा मुंबयंत फकत डिप्लोमा कोर्सांची तजवीज आशिल्ली. म्हणटकच गोंयां डिग्री कोर्साक मान्यताय कशी दिवप? शांतारामबाब सांगताले, समितीचे वांगडी बरेच खांकुडले, फाटीं-फुडें आयले, पूण निमाणें तांकां मान्यताय दिवचीच पडली. बांदोडकारांनी शांतारामबाबांक सांगलें, ''कला महाविद्यालयाचो प्राचार्य म्हूण हांव तुमचेंच नांव सुचयतां...'' शांतारामबाबान म्हळें, ''नाका... म्हजे तकलेंत एक नांव आसा - लक्ष्मण पैंचें...'' लक्ष्मण पै रोखडेच गोंयां येवंक राजी जाले नात, पूण मुखार ते आयले. हे भाशेन, अस्तंत भारतांत वडोदऱ्या उपरांत गोंयां पुराय डिग्री कोर्स दिवपी कला महाविद्यालयाची स्थापणूक जाली.

आतां शांतारामबाबांक नवो हुस्को लागिल्लो, हे कॉलेजींतल्यान कलेची पदवी घेवन भायर सरपी भुरग्यांनी गोंयांत कितें करप? कांय कला शिक्षक जातलीं, कांय चित्रकार जातलीं. पूण हे भायर प्रॉडक्ट डिझायनींग, टॅक्स्टायल डिझायनींग हें सारकेलीं मळां आतां कलेच्या विद्यार्थ्यांक उकतीं जाल्यांत. गोंयचे विद्यार्थी हांगा फाटीं उरूंक फावनात. शांतारामबाबान आपणाल्या कांय विद्यार्थ्यांक अहमदाबादाचे 'नॅशनल इन्स्टिटयूट अव्ह डिझायन' हे संस्थेंत प्रॉडक्ट डिझायनींगचें शिक्षण घेवंक धाडले.

इतलेंच न्हय... गोंयच्या पारंपारीक कलाकारांक नव्या, आर्विल्ल्या, तंत्रांची जाण मेळची, गोंयांत एक 'इंडस्ट्रियल डिझायन सॅन्टर' जावचें अशें तांकां दिसलें, आनी तमीळनाडू, पाँडिचेरी आनी गुजरात ह्या राज्यांक भेट दिवन तांणी एक प्रोजेक्ट रिपोर्ट तयार करून आपूण निवृत्त जावचे पयलीं गोंय सरकाराक भेटयलो.

निवृत्ती उपरांत गोंय सरकाराचे वतीन शांतारामबाबांची दिल्लीचे 'ललित कला अकादेमी'चेर नेमणूक जाली. बसकांक दिल्लीक वचूंक येती-वती विमानाची तिकेट मेळटाली. शांतारामबाबांनी बसकांक वचचें, आनी येना फुडें सरकाराक

आपणालो अहवाल दिवचो. कलेच्या मळार कितें कितें करूं येता, कितें कितें करचें, तें सांगून. ह्या अहवालाची पोंच लेगीत तांकां मेळनासली, ते सांगताले. शांतारामबाब निमाणे वाजेले. म्हजे एकेय सुचोवणेची सरकार दखल घेवंक सोदिना जाल्यार कित्याक जाय म्हाका 'ललित कला अकादेमी'चें वांगडीपद सरकारा खुस्तार? - तांकां दिसलें, आनी तांणी आपणाल्या सभावाक धरून पदाचो राजिनामो दिलो.

शांतारामबाबां विशीं बरोवपा सारकें जायतें आसा...

एस्. के. बॅनर्जी गोंयचे राज्यपाल आशिल्ले तेन्ना गोंयांत एक आर्ट गॅलरी आसची अशें तांकां दिसलें. तांणी शांतारामबाबांक आपोवन आर्ट गॅलरी खातीर दोन लाख रुपयांची माण्णी करून, इंश्तितूत मिनेझीस ब्रागांझाचे वास्तूंत ही गॅलरी उबी करपाची जापसालदारकी तांचेर सोंपयली. शांतारामबाब उमेदीन कामाक लागले. फ्रान्सीस न्यूटन सौज, व्ही. एस्. गायतोंडे, लक्ष्मण पै हांचे कडल्यान गोंयचे गॅलरी खातीर तांगेलीं चित्रां फुकट घेवन आयले. मुंबयचे 'गॅलरी कॅमॉल्डां'तल्यान एक चित्र विकतें घेवन आयले तेन्ना गॅलरीचे मालक केकू गांधी हांणी तांकां पांच हजार रुपया कमिशन म्हूण दिवंक काडले. शांतारामबाबान म्हळें, "हे सरकाराचे पयशे. हांव कमिशन कसो घेवं? ते बदला, म्हाका गॅलरी खातिरूच आनीक एक चित्र दियात..."

शांतारामबाब गॅलरींतल्या चित्रांची आपणाल्या भुरग्यांची घेवची तशी जतनाय घेताले. एक खेपे अमेरिकेचे भारतांतले राजदूत गोहीन ही गॅलरी पळोवंक पावले. तांकां शांतारामबाबांची खूब तोखणाय दिसली. "चित्रांची तुमी खूब बरी जतनाय घेतल्या," तांणी तांकां म्हळें. "चित्रांची जतनाय घेवप हीय एक कला. ताचें शास्त्रूय आसा. तुमची तयारी आसा जाल्यार हांव तुमकां अमेरिकेक धाडून असलें प्रशिक्षण दिवपाची वेवस्था करतां." शांतारामबाबान तांकां जाप दिली, "म्हाका अमेरिकेक धाडचे परस कोणाय तरणाट्याक धाडात. गोंयाक ताचो चड उपेग जातलो..." गोहीन तांकां पळेतूच उरले.

शणै गोंयबाबांल्या जल्मशताब्दी वर्सा तांणी इंश्तितूत मिनेझीस ब्रागांझाचे गॅलरींत 'आर्ट फॉर लिव्हिंग' ह्या चित्रकलेच्या प्रदर्शनाचें आयोजन केल्लें. ह्या प्रदर्शनाचें खाशेलपण म्हळ्यार, तातूंत ल्हान भुरग्यांचीं चित्रांय फ्रेमी घालून दवरिल्लीं. "भुरग्यांक अमक्याचें चित्र काड म्हूण केन्ना सांगचें न्हय. तांच्या हातांत फकत रंग दिवचे आनी तीं कितें काडटात तें पळोवचें," ते सांगताले... हें प्रदर्शन तांणी ओंपिल्लें रामचंद्र शंकर नायकांक - आपणाल्या शिक्षकाक.

शांतारामबाबांक चित्रकलेचो भितल्ल्यान ओडो आशिल्लो. होच आपणालो स्वधर्म, आपणालो पिंड हें तांकां खबर आशिल्लें. पूण लेखणेचेरूय तांची तितलीच बरी पकड आशिल्ली. १४ ऑगस्ट १९४७ ह्या दिसा सुरवात केल्ली आनी कांय वर्सां बरयल्ली तांगेली दिसपटी वाचतना हाचो होलम मेळटा. ही दिसपटी संपादीत रुपान सद्या *जागा*त खिस्ती खिस्तींनी उजवाडा येता (दिवाळी-नातलां २००८ च्या आंका सावन). दिसपटयेंतली शणै गोंयबाबांले परंपरेंतली 'केळयल्ली' कोंकणी भास वाचतना, मनार घेतिल्लें जाल्यार शांतारामबाब एक बरे बरोवपी म्हुण्णूय नामना जोडूंक पावतले आसले, अशें दिसले बगर रावना.

शांतारामबाब गेले तेन्ना कितल्याश्या जाणांच्या तोंडांतल्यान आयकूंक मेळ्ळें - "असलो मनीस मेळप कठीण... आयुश्यभर आपले कडेन आशिल्लें सगळें दीत रावलो. कला, ज्ञान, आनंद, सगळें... कित्याचीच अपेक्षा धरी नासतना." एकल्यान म्हळें, "येदो व्हडलो चित्रकार... जलरंगांतलीं तांचीं चित्रां पळेल्लीं तुवें? तांणी काडिल्ल्यो पोर्ट्रेट्स पळेल्ल्यो? इतले गूण आसुनूय आपणाल्या चित्रांचें एक प्रदर्शन करचें अशें तांकां केन्ना कशें दिसलें ना काय? जाणटे पिरायेर तांच्या पुतांनी फुडाकार घेवन एक प्रदर्शन घडोवन हाडिल्ल्यान तांची कला लोकां मुखार येवंक पावली..." "शांतेबाब गेले? आरेरे... तांकांच लागून हांव वडोदऱ्याक वचून कलेचें शिक्षण घेवंक पावलें," तांच्या मर्णाची खबर कळटकच एकली तरणाटी चित्रकार उलयली. "म्हाकाय तांणीच घडयला. नाजाल्यार हांव बी.ए. करून सरकारी ऑफिसांत कारकून बी जातलों आशिल्लों," आनीक एका तरणाट्या चित्रकारान म्हळें...

शांतारामबाब निखटे ब्रश वावुडपी कलाकार नाशिल्ले, जिविताची कला साधिल्ले कलाकार आशिल्ले. नवें गोंय घडोवपाक जे लोक तळमळीन वावुरल्यात, गोंयचे रासवळ जिणेचो दर्जो वाडोवंक जांणी आपणाल्या व्यक्तिगत करियराची केन्ना पर्वा करूंक ना, तांच्यांत शांतारामबाबांचो आसपाव जाताच जाता. नव्या गोंयचो एक शिल्पकार हो.

भौ. शांताराम आमोणकारांच्या मर्णा उपरांत तांकां आर्गां ओंपूंक बरयल्लें 'जागा'चें खाशेलें संपादकीय. ह्या बरपांतली हे आदीं खंयच छापून येवंक नाशिल्ली म्हायती तांचो पूत, भौ. राजेन्द्र आमोणकार, हांचे कडल्यान मेळयल्या.

(*जाग*, मार्च-मे २००८)

८. कोंकणी चळवळीक रवीन्द्रबाबांलें योगदान

कों कणीक आज जी सुवात मेळ्ळ्या ती तिका धा जाणांच्या कर्तुत्वान मेळोवन दिल्या, रवीन्द्र केळेकार (१९२५-२०१०) सदां सांगताले.

कोंकणी चळवळ जैतवंत कित्याक जावंक पावली ताचीं कारणां सोदपाचो यत्न करतना रवीन्द्रबाब म्हणटात -

हातांत कितेंय धरचें जाल्यार हाताक पांच बोटां आसचीं पडटात. तशेंच, कसलेंय रासवळ कर्तुत्व करून दाखोवचें आसल्यार ताका पांच तरांचीं फाटबळां लागतात. पयलें फाटबळ कार्यकर्त्यांचें. कोंकणी चळवळीक शेंकड्यांनी कार्यकर्ते मेळ्ळे. कित्याक लागून? "...चळवळींत मुखार जे दिश्टी पडटाले तांचें रूप फुडाऱ्यांचें नाशिल्लें, कार्यकर्त्यांचें आशिल्लें" म्हूण (*आशिकुशीक* १९). दुसरें फाटबळ विचारांचें. शणै गोंयबाबांलें *कोंकणी भाशेचें जैत* ते खासा रवीन्द्रबाबांलें *भौ-भाशीक भारतांत भाशेचें समाजशास्त्र* मेरेनच्या बरपांनी कोंकणी चळवळीक वैचारीक तशी विज्ञानीक बसका दिल्ली. 'कोंकणी भास न्हय' म्हणटल्यांक ओगी बसोवपाचें बळगें हे अभ्यासपूर्ण

बसकेन दिल्लें. तिसरें फाटबळ 'वाट दाखोवप्यां'चें. केन्ना कितें करचें ही वाट दाखोवपी, आनी आपुणूय ते वाटे वयल्यान चलपी म्हालगडे कोंकणी चळवळींत आशिल्ले. चवथें फाटबळ सज्जनांचें. कोंकणी चळवळीक घरच्या सज्जनांचो तेंको आशिल्लोच. ते भायर, काकासाहेब कालेलकर, जवाहरलाल नेहरू, सुनीति कुमार चटर्जी सारकेले दिग्गजूय तिचे फाटल्यान घट्ट उबे राविल्ले. पांचवें फाटबळ लोकांचें. गोंय, कारवार, मंगळूर, कोची ह्या वाटारांनी शिंपडिल्ल्या कोंकणी समाजाचो कोंकणी चळवळीक तेंको आशिल्लो. ह्या पांच फाटबळांक लागुनूच कोंकणी एका फाटल्यान एक जैतां जोडत गेली अशें रवीन्द्रबाब मानताले (आदलोच संदर्भ १८-१९).

कोंकणी चळवळ ही मुदलांत कोंकणी मनशा भितल्ल्या धनीपणाक जाग हाडपी चळवळ, आमचो फुडार आमीच घडोवपाचो हो आत्मविश्वास आमच्यांत जागोवपी चळवळ; ही धनीपणाची भावना म्हळ्यारूच आमची अस्मिताय अशें आनीक एका बरपांत रवीन्द्रबाब सांगतात (आदलोच संदर्भ १५).

कोंकणी अस्मितायेक जाग हाडपी, कोंकणी मनशाक धनीपणान जियेवंक शिकोवपी हे चळवळीक रवीन्द्रबाबान आपणालें जिवीत ओंपलें. तिका सगल्या तरांचें फाटबळ जोडून दिवंक ते विसव घेनासतना, निमाणे मेरेन, वावुरले. हे चळवळीचेंच एक उपफळ म्हूण साहित्यकार रवीन्द्रबाब घडले. आनी, साहित्यकार रवीन्द्रबाबान आपणाल्या वैयक्तीक कर्तुत्वान, वैयक्तीक साधनेन गांठिल्ले उंचायेन कोंकणी अस्मितायेचे चळवळीक परतीय अदीक घटाय जोडून दिली.

कोंकणी चळवळीक रवीन्द्रबाबान दिल्ल्या योगदानाचो नियाळ घेवपाचो हो एक यत्न.

कोंकणीचो दिश्टावो आनी मिशनाची जाणवीक

तांच्या काळा वयल्या हिंदू गोंयकारां वरी रवीन्द्रबाबांची वाड मराठी परंपरेंत जाल्ली.

अडेज वर्सांचे पिरायेर आवय-बापाय वांगडा दीवाक गेल्लो रवीन्द्र चवदाव्या वर्साचो जायसर थंय उरला. गुजराती भुरग्यां मजगतीं वाडला. ताचें पयल्या चार वर्सांचें मुळावें शिक्षण गुजराती माध्यमांतल्यान जालां. उपरांत 'सेगुंद ग्राव' मेरेनचें पोर्तुगेज माध्यमांतलें शिक्षण एके सरकारी शाळेंत घेवन तो फुडल्या शिक्षणा खातीर गोंयां आयला. लिसेवाच्या पयल्या तीन वर्सांचें शिक्षण ताणें फोंडेचे आल्मैद कुलेजींत घेतलां. रवीन्द्रबाब सांगतात, ''भुरगेपण दीवाक गेल्ल्यान गोंयच्या

हिन्दू भुरग्यांक जात्रा-उत्सवांतल्यान, कथा-किर्तनांतल्यान, नाटकांतल्यान, भजनांतल्यान मेळटात ते संस्कार म्हाका मेळूंक नाशिल्ले. ते घेवपाचो हांवें ह्या तीन वर्सांत खूब यत्न केला'' (*पांथस्थ* १३). मराठी किशोर-साहित्य वाचून ताणें मराठी भाशेचें गिन्यान जोडलां, आनी ''तूं आतां गुजीर उरूंक ना, आमचे सारकोच महाराष्ट्रीय जाला'' हें सर्टिफिकेट शिक्षका कडल्यान जोडून आपणाले पिरायेच्या हेर हिंदू भुरग्यां वरी जावंक आंवडेवपी रवीन्द्र धादोसभरितूय जाला (आदलोच संदर्भ).

लिसेवाच्या तिसऱ्या वर्साची परिक्षा दिवन सुटयेंत एका गुजराती मनशा वांगडा दीवाक वतना भुरग्या रवीन्द्राक पयलेच खेपे आपले 'महाराष्ट्री' अस्मितायेचो प्रस्न पडला - हांव म्हजे म्हाका महाराष्ट्री लेखतां, पूण महाराष्ट्री जेवण म्हाका म्हजें दिसना; मराठी हांव म्हजी भास मानतां, पूण हांव उलयतां ती मराठी तिरायताक मराठीशी दिसना; म्हणटकच हांव खरो कोण? ह्या प्रस्नान तो भितल्ल्यान हाल्ला, आनी 'हांव कोंकणी' ही जाप ताच्या काळजांतल्यान वयर सरल्या (आदलोच संदर्भ १७).

दीवाक पावना फुडें रवीन्द्र बापायक विचारता, 'आमचे भाशेंत कोणेंच कांय बरोवंक ना?' 'वामनबाब वर्दे वालावलीकार म्हूण एकलो बरयता,' बापूय ताका जाप दिता, आनी उपरांत वालावलीकारांचें एक पुस्तक - *कोंकणी भाशेचें जैत* - मुंबयच्यान पुता खातीर मागोवन घेता. हें पुस्तक वाचून रवीन्द्र ''शें प्रतिशत 'कोंकणीवादी''' जाता (आदलोच संदर्भ).

सुटी सोंपून गोंयां परततना वाटेर मुंबय राविल्लो आसतना 'गोमंतक छापखान्यां'त वचून तो शणै गोंयबाबांलीं सगळीं पुस्तकां विकतीं घेता (आदलोच संदर्भ १८).

फुडल्या शिक्षणा खातीर रवीन्द्र पणजे रावंक वता आनी थंय ताची वळख ताचेच पिरायेच्या शांताराम आमोणकारा कडेन जाता. कोंकणीचो विचार पटिल्लो 'शांतो' रवीन्द्राकूय आपल्या पंगडांत ओडपाचो यत्न करता तेन्ना रवीन्द्र ताका सांगता, ''म्हाका कोंकणीचें म्हत्व समजावन सांगपाची इल्लीय गरज ना. 'जैत' हांवें वाचलां. तांतले सगळे मुद्दे म्हाका पटल्यात. एकाच प्रस्नाची जाप अजून मेळूंक ना. छळांक लागून जावं, उवेखणेक लागून जावं, वा आनीक खंयच्याय कारणाक लागून जावं, जी भास फाटीं पडल्या ती मराठी, गुजराती, हिन्दी सारकेल्या तिगेल्या भयण-भासांची फाट केन्ना धरूंक पावतली? कोंकणी भाशेंत साहित्य केन्ना तयार जातलें?'' (आदलोच संदर्भ १८).

आनी शांतो ताका जाप दिता, ''लागतीत शें दोनशें वर्सां . . . तिचें उणें पयस

करपाचो वावर आयच्यान सुरू करुंया, एक दीस उणो जातलो'' (आदलोच संदर्भ). रवीन्द्रबाब बरयतात, ''शान्त्याचे हे जापेन म्हाका म्हजें 'मिशन' दाखोवन दिलें. हांवें नित्शय केलो, जिवितांत आनीक कितेंय करूंक पावूं वा ना पावूं, हें एक काम तन मन प्राण ओंपून आयुश्यभर करीत रावतलों. जिवीत कोंकणीच्या वावराक ओंपतलों'' (आदलोच संदर्भ).

शांतेबाबांक रवीन्द्रबाब आपणाले ''दीक्षा-गुरू'' लेखताले (''एक भाग्यवंत द्रश्टो कोंकणी भक्त'' धा). तांणी दिल्ली जाप रवीन्द्रबाबांक इतली पटल्या की तीच ते मुखार दुसऱ्या 'दुबाव्यां'क दीत आयल्यात (पळेयात *आमची भास कोंकणीच : दुबाव आनी जापो* १३).

पणजे पावतकच शिकिल्ल्या सवरिल्ल्या गोंयांतल्या 'दोन गोंयां'ची रवीन्द्राक वळख जाता - एक, आपणाक पोर्तुगेज लेखपी क्रिस्तांव गोंय; दुसरें, आपणाक मराठी लेखपी हिंदू गोंय. मनांतल्या मनांत तो दोनूय गोंयांक सांगता - तुमी पोर्तुगेजूय न्हय, मराठीय न्हय. तुमी खरे कोंकणी. पूण हें तुमकां खबर ना. तुमचें दोगांयचें मानस एक. रुढींचे दास तुमी. रुढींच्या ह्या बंदेपणांतल्यान भायर आयले बगर तुमकां तुमची खरेली वळख कशीच घडपाची ना (पळेयात *पांथस्थ* १८-२३).

रवीन्द्रबाब बरयतात :

''वर्स सुरू जावपाक कोंकणीचो वावर कितलो गरजेचो हाची जाणवीक जाल्ली. आतां वर्स सोंपपा कडेन आयिल्लें तेन्ना कोंकणीचो वावर कितलो कठीण हाची जाणवीक जाल्ली'' (आदलोच संदर्भ २३).

कोंकणीचो विचार पुरायेन पटिल्लो आनी आपणाल्या 'मिशना'ची स्पश्ट जाण जाल्ली तेन्ना रवीन्द्रबाब पिरायेन फकत सोळा वर्सांचे आशिल्ले.

उपरांत जिवीतभर रवीन्द्रबाब कोंकणीच्या मळार एकमार्गीपणान म्हणटात तशे वावुरल्यात - कार्यकर्ते म्हूण, तशेच नवे नवे कार्यकर्ते जोडपी क्रियाशीळ फुडारी म्हूण. कोंकणी चळवळीची त्या त्या वेळार ती ती मोख घालून दिवन शणै गोंयबाबांनी पेटयल्ले दिवलेंतली वात सारून तेल ओतीत रावपी एक जागरूक मार्गदर्शक म्हूण. चळवळीची वैचारीक बसका घट करपी विचारवंत लेखक म्हूण. साहित्याक जिविताचें उपफळ लेखून 'व्हड मनिसूच व्हड साहित्यकार जावंक पावता' अशें मानपी जिवन-साधक साहित्यकार म्हूण. नव्या तरणाट्या बरोवप्यां मुखार असल्या साधक साहित्यकारांच्यो देखी दवरून कोंकणींतलें दैन्य पयस करूंक सतत वावुरपाची प्रेरणा दीत रावपी म्हालगडे म्हूण.

रवीन्द्रबाबांली भाशीक नदर

तेवीस-चोवीस वर्सांचे पिरायेर रवीन्द्रबाब वर्ध्याक काकासाहेब कालेलकरां सरीं रावंक गेले, ''तांच्या हाताखाला काम करून देशसेवेची तरा शिकून'' गोंया परतुपाच्या हेतान (आदलोच संदर्भ १६१). ताचे आदलीं चार वर्सां गोंयचे सुटके चळवळींत ते वावुरिल्ले. सशस्त्र क्रांतींत पडिल्ल्या एका पंगडा कडेन तांचो संबंद आयिल्लो, आनी रोखडोच ह्या मार्गा वयलो विश्वासूय उडिल्लो. अशा वेळार गांधींचे अहिंसेंत कितेंय वाट मेळूं येता काय पळोवंक ते वर्ध्याक गेल्ले (पळेयात ''चार दसकांची साहित्ययात्रा'' २१८; *पांथस्थ* १५४-६१). काकासाहेबांच्या रुपान देशाचो भाशीक प्रस्न पुरायेन समजल्लो एक मार्गदर्शक तांकां मेळिल्लो. ह्या 'जंगम विद्यापिठां'त सारिल्ल्या काळांत रवीन्द्रबाबांली भाशीक नदर स्पश्टपणान घडली अशें मानूंक खूब आधार आसा.

१९५३ च्या १५ ऑगस्टा सावन रवीन्द्रबाब वर्ध्या सावनूच कोंकणींतल्यान *मीर्ग* हें पंद्रशी नेमाळें काडूंक लागले. (तांची पिराय तेन्ना फकत अठ्ठावीस वर्सांची आशिल्ली.) हें नेमाळें सवाय-दोन वर्सां चल्लें. ''वालावलीकारान कोंकणीची पणटी पेटयल्ली. हे पणटेंतली जोत पालोवंक पावची न्हय म्हूण तातूंत तेल घालीत रावप हें हांवें म्हजें 'मिशन' मानलें आनी 'मीर्ग' सुरू केलें,'' रवीन्द्रबाब सांगतात (''उदयबाब'' १).

*मीर्गा*च्या पयल्याच आंकाच्या संपादकियांत ते बरयतात :

> मनीस जेन्ना भक्तीन आपणाले आवैभाशेची सेवा करतलो तेन्नाच ताचो आत्मो परमळटलो, आनी तेन्नाच तो दुसरे भासांची, आपले देशाची आनी संवसाराची खरेली सेवा करूंक पावतलो.
>
> हें सत्य कोंकणी अुलौपी लोकां मुखार दवरचेल्या हेतून आमी हें नेमाळें अुजवाडावंक फुडें सरल्यांत. (''लोकभासांचें मीर्ग लागलें'')

ह्या उद्देशा भायर *मीर्गा*चो आनीक एक मुळावो उद्देश आसलो - गांधी विचार, मुखेलपणान गांधीजींचें अहिंसक क्रांतिशास्त्र, पोर्तुगेज राजवटी खाला आशिल्ल्या, आनी तिचे पसून मेकळें जावंक आंवडेतल्या गोंयाक समजावन सांगपाचो. *मीर्गा*क कसले तरेचें लिखाण धाडचें तें स्पश्ट करतना ते बरयतात - ''गांधीजीन जी जीवन-दृष्टि आमकां दिली ते दृष्टि संबंदान कोंकणी अुलौपी भावां-भैणीं वांगडा सह-विचार - co-thinking - करचेल्या हेतून मीर्ग चलता. आज जो आमचे भोंवतणी काळोख पातळ्ळा तो हे सह-विचारान विरून आमकां कितेंय अुजवाड दिसतलो अशी आमची श्रद्धा आसा'' (''लिखाण'').

सुरवे सावन कोंकणीच्या प्रस्ना कडेन रवीन्द्रबाब समाजकारणाचे - समाज-हिताचे - आनी देखून, समाज घडोवप्याचे, नदरेंतल्यान पळेतात. कोंकणीची केसूय ते 'शुद्ध' भाशाशास्त्राचे व्याकरणीक नदरेंतल्यान न्हय तर समाजशास्त्राचे नदरेंतल्यान मांडटात. देखून, कोंकणी 'भास' काय मराठीची 'बोली', पोर्तुगेज येवचे पयलीं कोंकणींत साहित्य आशिल्लें काय नाशिल्लें, कोंकणाचेर कोंकणी भाशिकांनी राज्य केल्लें काय करूंक नाशिल्लें... सारकेले पंडितांचे आवडीचे प्रस्न ते अचळय काडून कुशीक दवरतात.

*मीर्गा*च्या एका आंकांत ते बरयतात :

> कोंकणी ही मराठीची भैण आसूं, आवय आसूं, धुव आसूं वो तांगेलें एकमेकांकडेन कांयच सोयरसुतक नासूं. हे प्रस्नाक एक शींव [शीम] आसा. ताजे भायर ताका व्हांवूक दिंव जायना. आमी कोंकणी जाय कित्याक म्हण्टात? कित्याक तर आमकां संवसारांतलें गिन्यान लोकांचे अंतस्कर्णा मेरेन पावौचें आसा. लोकांचे मनाचो स्वाभाविक विकास घडौचो आसा; तांचें व्यक्तित्व जास्त परजळित आनी परमळित करचें आसा आनी तांचे विचारांची आनी चिंतनांची अभिव्यक्ति सोंपी आनी अभिजात जांवक दिंवची आसा. जी भास दीस रात तांगेले मेंदूंत घोळटा तिजे वरवींच हें शक्य आसा. (''हे चांडाळ-चक्रांतल्यान भायर सरूंया'')

*मीर्गां*त आनीक एके कडेन ते सांगतात, ''कोंकणी चळवळ ही निखटी भाशेची चळवळ न्हंय. ती कोंकणी आत्म्याक पुरुषार्थी करपाची एक भौच प्रभावी चळवळ - एक सत्याग्रह-कशी आमी तिका लेखतांत. राजकी मळार जो सत्याग्रह चलता त्या सत्याग्रहापरस ह्या सत्याग्रहाचें मोल अिल्लेंय अुणें न्हंय'' (''कोंकणी लेखक संघ'').

शणै गोंयबाबांल्या वावराचें मुल्यांकन ते हेच भुमिकेन करतात. शणै गोंयबाबांल्या मर्णा उपरांत उजवाडा आयिल्ल्या तांच्या *वलिपत्तनाचो सोद* पुस्तकाक बरयल्ले प्रस्तावनेंत ते सांगतात :

> . . . स्वामी विवेकानंदान हिन्दुस्तानांत जे तरेचो वावर केलो त्याच तोलाचो वावर, पणून दुसरे तरेन, शणै गोंयबाबांनी कोंकणांत केलो. तांणी कोंकणी भाशेक, आमची जित्या कळिंवरा वरी जाल्ली आवतिकाय ना करपी आनी आमच्यांत प्राण फुंकपी संजीवनीच कशी लेखल्या. . . .
>
> गांधिजी जशे चरख्याक अहिंसकी समाजाचो सूर्य कसो लेखताले,

तशेच शणै गोंयबाब 'कोंकणी'क आमगेल्या सगळ्या अुदरगतिच्या वावराचो सूर्य कसो लेखताले. (''कोंकणीचो प्रस्न आनी शणै गोंयबाब'' २९३)

मीर्गां तल्या एका लेखांत रवीन्द्रबाब सांगतात, इंग्लीश, हिंदी, मराठी हांकां गोंयचे समाज-जिणेंत सुवात आसा. पूण हे सुवातेक एक मर्यादा आसा. इंग्लीश राष्ट्रभाशेची, देशी भासांची सुवात आडावन बसता तेन्ना तिका तिची सुवात दाखोवप देशकार्यूच जाता, आनी ह्या कार्या आड येता तो देशद्रोही जाता. राष्ट्रभाशा प्रादेशीक भासांचे वाडी आड येता तेन्ना तिच्या साम्राज्या आड झुजप देशकार्य जाता,आनी ह्या कार्या आड येवपी देशद्रोही जाता. होच न्याय गोंयांत मराठीकूय लागू जाता. गोंयकारांनी मराठीचो अभ्यास करचो, सेवाय करची. पूण गोंयकारांची आवयभास कोंकणी. ती ताच्या आत्म्याची भास. कोंकणीची सुवात मराठी घेवंक सोदता तेन्ना तिचें साम्राज्य तोडूंक वावरप ही गोंयकारांची लागणुकूच (''देवा, तांकां क्षमा कर...'').

'गोंयचेर म्हजो उपाट मोग पूण कोंकणी म्हाका नाका' म्हणटल्या गोंयकारांक ते मुखार सांगतात, '' 'हांव तुज्या शरिराचेर प्रेम करतां, तुजो आत्मो म्हाका नाका' अशें म्हणपी मनशाच्या प्रेमाचें मोल आनी ताची खोलाय जितली अुक्ती, तितलीच अुक्ती, 'हांव गोंयचेर प्रेम करतां, पुण कोंकणी म्हाका नाका' म्हणपी मनशाचे देशभक्तीची किंमत आनी तिची खोलाय. . . . कोंकणीचो विरोध करपी हो अेके नदरेन . . . देशद्रोहीच. देशद्रोहीच न्हंय, आत्मद्रोहीय बी'' (आदलोच संदर्भ).

धनीपणान चलपी नवो समाज, आनी नवी परंपरा घडोवपाच्या ध्यासान वावुरपी मनीस इतिहासा कडेन खंयचे नदरेन पळेता, ताका कितलो आनी कसो लेखता तेंय रवीन्द्रबाबांल्या बरपांतल्यान सुरवे सावन उकतें जालां. ''अितिहासाचो सोद आनी बोध'' म्हूण तांचो *मीर्गां* त एक सुंदर लेख आसा. तातूंत ते म्हणटात, पोर्तुगेज येवचे आदीं गोंयची पुस्तकी भास खंयची आसली ह्या प्रस्ना वयल्या वादांत आपणाक पडपाचें ना; ''अितिहासीक सोदांक अेक म्हत्व आसा हातूंत दुबाव ना. पुण . . . जे मेरेन आमची बुद्द जाग्यार आसा ते मेरेन आमी आज वो हे फुडें कशें चलचें, कितें करचें बी थारावपाक ह्या इतिहासीक सोदांची गरज ना . . . '' आमची अमकीच एक परंपरा आसा, हे मुखारूय आमी तेच परंपरेन चलूंक जाय अशें येवजुपाची तरा आमकां खंय मेरेन घेवन वचत तें दाखोवन दिवपाक ते आनीक एक इतिहासीक सोद दितात. केन्ना केन्ना गोंय कोणा

कोणाच्या शेका खाला आसलें तो तपशील दिवन बरयतात, ''हे भशेन सुमार देड हजार वर्सां आमी हाजे ना जाल्यार ताजे गुलाम म्हूण अुल्ले. अितिहासाची अेदीय व्हडली पाथावळ पळेत जाल्यार आमची परंपरा गुलामीची! हातूंतल्यान... स्वातंत्र्य ही आमची परंपराच न्हंय, सैम न्हंय, देखून आमी परतंत्रूच अुरूंक जाय असो बोध घेवं येत?'' (आदलोच संदर्भ, अवतरणांत दोन परिच्छेद जोडल्यात).

मुखार ते सांगतात :

> तांब्यापटे वो फातरपटे फुडें करून, मेल्ल्यांचीं थडीं अुस्तून . . . पोरण्या ग्रंथांचो पाखो दिवन कोंकणीचें म्हत्व कळपाचें ना. जेन्ना आमची बुद्द सादी आनी सरळ जातली . . . जेन्ना आमचो जिवंत मनशांकडेन संबंद येतलो, तांचो आत्मो केन्ना आनी कसो हांसता, केन्ना आनी कसो फुलता, परमळटा, मुरगुट्टा हाजो दिश्टावो जातलो तेन्नाच. . . सत्याचें दर्शन आमकां जातलें.
>
> आनी तेन्ना अितिहासीक सोदांपसून बोध कितें घेवंचो हाजोय विवेक जागतलो.

१५ ऑगस्ट १९५३ (*मीर्गा*चो पयलो आंक) ते ३१ जुलै २०१० (ज्ञानपीठ पुरस्कार वितरण सुवाळ्यांत केल्लें उलोवप : रवीन्द्रबाबांलें निमाणें बरप) हे मजगतच्या काळांत रवीन्द्रबाबान कोंकणीच्या प्रस्नाचेर कितलेंशें बरयलां, कोंकणींतल्यान तशें मराठींतल्यानूय. ह्या सगळ्या बरपांतल्यान, *मीर्गां*त स्पश्ट जाल्ली समाजकारणाची बसका आशिल्ली तांगेली भाशीक नदर उकती जाल्या - आमी कोंकणी, कोंकणी मनशाचो खरेलो विकास कोंकणी वरवींच जावं येता, कोंकणी समाजाक तेजवंत करपाची तांक कोंकणींतूच आसा. ह्या एकाच सत्याचो आग्रो तांचे लिखणेन सातत्यान धरला.

१९६९ वर्सा पणजे जाल्ल्या कोंकणी लेखक परिशदेच्या दुसऱ्या अधिवेशनाच्या अध्यक्षीय उलोवपांतूय हो आग्रो उकतो जाला. समाजाच्या एकचाराचें तत्व ताची भास, पूण इल्ल्याश्या, सात-आठ लाख लोकांच्या गोंयांत गोंयकारांच्यो तीन तीन आवयभासो, हे गजाली कडेन आयकुप्यांचें लक्ष ओडून ते म्हणटात :

> खंयचे भाशेक लागून गोंयच्या समाजांतले लोक एकामेकांक एका समाजाचे लेखतात? ह्या प्रस्नाची जाप जेन्ना ''मराठी, इंग्लीश, पुर्तुगेज, कोंकणी'' अशी मेळटा तेन्ना आमी समजून चलूंक जाय कि आमची समाजीक जीण विस्कळीत जाल्या. . . . खरी हुसक्याची गजाल ती ही कि आमकां हे विस्कळीत समाजीक जिणेची इतली संवय जाल्या कि ती

जीण आमकां रोगी दिसपा वांट्याची जशी आसूंक जाय तशीच दिसूंक लागल्या. (*कोंकणी भक्तांनो* - १३)

ते मुखार म्हणटात :

. . . भास हें जर एक समाजीक तत्व जाल्यार त्या तत्वाचें एक सांस्कृतिक मळ आसूंक जाय. उलोवपा भायर वाचप, बरोवप, शिकप, शिकोवप हें सगळें त्या मळार ते भाशेंत चलूंक जाय. ना जाल्यार, जितल्यो आवय-भासो तितल्यो सांस्कृतिक परंपरा आनी जितल्यो सांस्कृतिक परंपरा तितले समाज अशें जावन पडटलें. . . [मागीर] ह्या समाजांनीं एकामेकां पसून वेगळे रावप; वेगळे राविल्ल्यान एकामेकांची सारकी वळख नासप; वळख नाशिल्ल्यान आपलेपण नासप; आपलेपण नाशिल्ल्यान एका-मेकांविशीं मनांत दुबाव बाळगप हें सगळें चलत रावतलें. तेंय कशेंच चुकोवंक येवपाचें ना. . . .

गोंयच्या समाजाचे विस्कळीत पडिल्ले चिरे एकठांय करतले आनी त्या चिऱ्यांनीं फुडाराच्या नव्या गोंयचें मंदिर उबें करतले जाल्यार तांकां एका-मेकांकडेन घट्ट जोडपी एकूच समाजीक शिमीट आमचे कडेन आसा - तें म्हळ्यार, कोंकणी. कोंकणिचें हें समाज-शास्त्र जाका समजूंक ना ताच्या हातांत गोंयचें बरें-भलें केन्नाच जावपाचें ना. (आदलोच संदर्भ १४)

२००० वर्सा 'Goans' Organization in America' (GOA) हे संस्थेच्या संमेलनाक रवीन्द्रबाब मुखेल सोयरे म्हूण अमेरिकेक गेल्यात तेन्नाय तांकां हेंच जाणवलां - "गोंयकारां सारको कुडके कुडके जावन हजार कडेन शिंपडिल्लो विघटीत - disintegrated - समाज दुसरो खंयच पळोवंक मेळपाचो ना" ("अमेरिकेच्यान कितें घेवन आयलों?" ४७), आनी संमेलनाक जमिल्ल्या, 'ॲमिग्रंट कल्चरां'त वाडिल्ल्या अमेरिकी गोंयकारांक तांणी कोंकणीच्या 'शिमिटा'चें म्हत्व जाणोवन दिलां.

'समन्वयाचे साधक' म्हूण नामना जोडिल्ल्या काकासाहेब कालेलकरांचे तालमींत रवीन्द्रबाब घडल्यात. तांणी भाशा-समन्वयाचो सदां पुरस्कारूच केला. गोंयांत फकत हिंदू समाजा भितर मराठी चलता, ती क्रिस्तांव समाजांतूय चलूंक लागली जाल्यार तें ताच्याच बऱ्याचें आनी कोंकणीचोय ताका लागून फायदो जावं येता अशें तांणी मानलां. बाकीबाब बोरकार विनोबाजींच्या *गीता-प्रवचने* पुस्तकाचो कोंकणी अणकार करताले तेन्ना रवीन्द्रबाबान तांकां सांगलां - हे तरेचें एक स्वतंत्र

पुस्तक तुमी कोंकणीक दियात. विनोबांच्या मराठी पुस्तकाचो कोंकणी अणकार कित्याक करूंक जाय? खंयचेंय मराठी पुस्तक मूळ मराठींत वाचपा इतली मराठी खंयच्याय गोंयकाराक येवंकूच जाय ("सहयोग अशक्य करून टाकला आहे मराठीने" ११२, अणकारून).

पूण, गोंयकारांची भास कोंकणी. गोंयच्या हिंदू आनी क्रिस्तांव समाजांक एकठांय हाडपाची तांक फकत कोंकणींतूच आसा. गोंयांत कोंकणीक फावता ती सुवात कोंकणीकूच मेळूंक जाय, आनी म्हूण मराठीनूय यत्न करूंक जाय, तिका आधार करूंक जाय. कोंकणीक मेळ्ळां तें म्हाकाय दी अशें मराठी म्हणूंक लागली जाल्यार कोंकणी-मराठी सहयोग कसोच घडून येवंक पावचोना, मराठी वा कोंकणी हीच भुमिका घेवची पडटली अशें तांणी मानलां (आदलोच संदर्भ ११२-१६).

भारतांत न्हय ती सुवात आडावन बशिल्ले इंग्लीशी आडूय समाजकारणाचे भुमिकेनूच रवीन्द्रबाब तुटून पडल्यात.

स्वतंत्र भारताचो राजकारभार केंद्रांत हिन्दुस्तानी भाशेंत चलचो, आनी प्रांतांनी त्या त्या प्रांताचे भाशेंतल्यान, हें तत्व मान्य केल्ल्या आमच्या फुडाऱ्यांनी 'धोशी नाकात' हें निमित्य मुखार करून तुर्ताक राजकारभारांत इंग्लीशीचो वापर आसा तसोच चलुंदी, धा वर्सां उपरांत 'लँग्वेज कमिशन' नेमून परतो ह्या प्रस्नाचेर विचार करप असो निर्णय घेतलो. हे तरेची तडजोड केल्ल्यान भारतांत दिशीं दिशीं इंग्लीश घटूच जायत गेली हें सांगून ते म्हणटात, "अिंग्रजीक तिचे सुवाते वयली निखळावपाक आनी तिची सुवात देशी भासांक मेळपाक कितलीं वर्सां लागतलीं? धा मूं? तशें जाल्यार, धा वर्सां आयज सोंपलीं अशें धरात आनी फुडली आंखणी आयजूच करात" ("म्हालगड्यांची चूक").

साहित्य अकादेमीची 'महत्तर सदस्यता' आनी ज्ञानपीठ पुरस्कार घेतना केल्ल्या उलोवपांत देशी भासांतल्या साहित्यकारांनी इंग्लीशी आड विद्रोह करचो होच उलो रवीन्द्रबाबान दिल्लो. ह्या स्वतंत्र देशाचो राजकारभार इंग्लीशींतल्यान चलता. कायदे इंग्लीशींतल्यान तयार जातात. न्यायदान इंग्लीशींतल्यान जाता. व्हडल्यो व्हडल्यो नोकऱ्यो इंग्लीश शिकिल्ल्यांकूच मेळटात. इतलेंच न्हय, इंग्लीश आमकां 'स्टेटसूय' दिता. हे परिस्थितींत आवयभाशेची कितलीय तुस्त गायात, कोणाचेरूच तिचो प्रभाव पडपाचो ना. लोक दिशीं-माशीं इंग्रजाळिल्ले जायत वतले. देशी भासांतलें साहित्यूय फुलूंक पावचें ना. 'शिकिल्लो-सवरिल्लो' लोक तें वाचचोच ना, इंग्लीश साहित्यूच वाचतलो, आनी आपल्यो भासो सोडून दिवन 'आंतरराष्ट्रीय'

जावंक आंवडेतलो, शेकीं हुमटल्लोच उरतलो - 'बॉन्साय भारतीय' जातलो. देशाचें हें बॉन्सायीकरण आडावपाची दायकी देशी भासांतल्या साहित्यकारांची अशें रवीन्द्रबाब म्हणटात (''क्या हम देश बोन्साय लोगों का होने देंगे?''). रवीन्द्रबाबांले लिखणेन हे लागणुकेक पाळोय दिला (देख म्हूण पळेयात *घुस्पल्लें जानवें* २२४-५५; *भाषिक संघर्षाचे समाजशास्त्र* ५८-९०) कोंकणीची हकाची सुवात हातासूंक सोदपी मराठीचो केला तितलोच विरोध तिणें भारतीय भासांची सुवात आडावन बशिल्ले इंग्लीशीचो केला. ह्या विरोधाक नवो, आनी खऱ्या अर्थान स्वतंत्र, भारत घडोवंक भायर सरिल्ल्या गांधी-विचाराची बसका आसा.

भौ-भाशीक भारतांत भाशेचें समाजशास्त्र ह्या पुस्तकांत रवीन्द्रबाबांल्या लिखाणांत कुडक्या कुडक्यांनी पूण सातत्यान उकतें जाल्लें, पुराय देशाच्या संदर्भांत केल्लें भाशीक चिंतन आयलां. ताचो आपरोस, तांच्याच उतरांनी, असो काडूं येत (हो आपरोस काडटना मूळ बरपांतल्या परिच्छेदां कडेन आडनदर केल्या.) :

> हो देश सदांच भौ-भाशीक आशिल्लो आनी ह्या मुखारूय तो भौ-भाशीकूच उरतलो. . . . सगळ्या ल्हान-व्हड भाशांक हांगा जियेवपाचो आनी फुलपा-फळपाचो सारकोच हक दिवचो पडटलो. . . . ताकतिकेन आनी सारकें येवजिनासतना तयार केल्ले आमचे घटणेचे आठवे वळेरेंत जीवसाण आशिल्ल्या आनी 'मान्यताय दियात' म्हुण मागतल्या सगळ्या ल्हान भाशांचो एक दीस आमकां आसपाव करचोच पडटलो. आनी धरमाच्या मळार आमी जसो 'सगळ्या धरमांक सारको भौमान' दाखयला तसो भाशेच्या मळारूय 'सर्व-भाषा समभाव' आमी मानून घेवचो पडटलो. . . . राजकारभार थळावे भाशेंतल्यानूच चलोवचो पड्टलो. . . . सगळे कडेन शिकप माय-भाशेंतल्यानूच जातलें. पुणून सगळे कडेन लोकांक आपले माय-भाशे भायर एक वा दोन अदीक भासो शिकपाक प्रोत्साहन दिवचें पडटलें. . . . जे लोक आपलो वाटार सोडून . . . दुसरे कडेन वचून रावतात तांकां आपले विशेषगूण होगडाय नासतना 'थंयचे जावन रावात' म्हूण शिकोवचें पडटलें. तांकां थंयच्यो भासो शिकात आनी त्या भासांचीय सेवा करात म्हुण देख दिवची पडटली. . . . सगळे कडेन, त्या भायर, एक जोड-भास म्हुण हिन्दी वा हिन्दुस्तानी चलोवची पडटली. . . . हिन्दीन जी आयज पत होगडायल्या ती तिका परती जोडून दिवपाक हिन्दीचो प्रचार हिन्दीवाल्यांच्या हातांतलो काडून

हिन्दी-न्हय अश्या लोकांच्या हातांत दिवचो पडटलो. . . . ज्या हिन्दी-भाशीक मनशाक दक्षिणे कडली भास येना ताका केन्द्र सरकारांत नोकरी मेळची ना असोय एक नेम करचो पडटलो. इंग्लीश भाशेचो वापर राजकारभारांतलो रोखड्या रोखडो बंद करचो पडटलो. रासवळ मळा वयलीय तिका निखळावची पडटली आनी विश्वविद्यालयांतली एक 'सांगाती भास' म्हुण तिका सुवात राखून दवरची पडटली. सगळ्यांचे भायले वेगळेचार मानून घेवन सगळ्यांच्या भितल्ल्या एकचाराचें . . . जें एक 'मिशन' दोळ्यां मुखार दवरून आमचो देश भाशेच्या मळार सदां चलत आयिल्लो, त्याच मिशनाक धरून ह्या मुखावयली भाशीक येवजण आमकां आंखची पडटली. (६३-६५)

गांधी-काकासाहेब-लोहियांचो भाशा-विचार रवीन्द्रबाबान कसो पचयल्लो, आनी कोंकणीच्या प्रस्नाचो ते विचार करताले तेन्ना ताका पुराय देशाच्या भाशीक नियोजनाचो संदर्भ कसो आसतालो तें ह्या चिंतनांतल्यान उकतें जाता.

कोंकणी चळवळीचे मार्गदर्शक

खंयचीय चळवळ जैतवंत जातली जाल्यार कांय स्पश्ट मोखीं भोंवतणी लोकांक एकठांय हाडप, तांकां सतत क्रियाशीळ दवरप, आनी एक मोख साधले उपरांत 'इतल्यान भागूंक ना, आनिकूय मुखार वचपाचें आसा' सांगून फुडली वाट दाखोवप - हें खूब गरजेचें.

कोंकणी चळवळीच्या मळार रवीन्द्रबाबान निमाणे मेरेन हें मार्गदर्शकाचें काम केलां.

साहित्य अकादेमीची मान्यताय आनी संविधानाचे आठवे वळेरेंत कोंकणीचो आसपाव ह्यो दोन मोखी कोंकणी चळवळी मुखार दवरुपांत रवीन्द्रबाबांचो व्हड वांटो आसा.

१९५७ वर्सा मुंबयच्या कोंकणी भाशा मंडळान मुखार सरून घडोवन हाडिल्ल्या कोंकणी परिशदेच्या सव्या अधिवेशनांत साहित्य अकादेमीन कोंकणीक एक स्वतंत्र साहित्यीक भास म्हूण मान्यताय दिवची ह्या अर्थाचो एक थाराव पयलेच फावट रवीन्द्रबाबांनीच मांडिल्लो (पळेयात केळेकर, ''कोंकणीचे राजकारण'' ९८). हे विशीं लेखिके कडेन उलयतना रवीन्द्रबाबान एक खेपे सांगिल्लें - परिशदेंत हांवें हो थाराव मांडला म्हणपाचें हांवेंच काकासाहेबांक सांगिल्लें तेन्ना तांकां तो 'आगाऊपणा' दिशिल्लो. तांणी म्हाका तापोवनूय काडिल्लो. 'साहित्य

अकादेमीची मान्यताय कोंकणीक मेळटलीच. ती मागपूच. पूण पयलीं कोंकणींत त्या तोलामोलाचें साहित्य निर्माण जावंक जाय. ह्या वावराक पयलीं लागात,' अशें सांगिल्लें. पूण म्हजेर काकासाहेबां इतलोच लोहियांचो प्रभाव आसा. हिंदींत राजकारभाराची उतरावळ तयार जाले बगर तिका राजकारभारांत सुवात दिवप ना, हें धोरण लोहियांक केन्ना मान्य नाशिल्लें. ते म्हणटाले, पयलीं सुवात दियात; उतरावळ फाटल्यान आपशीं तयार जातली...

एका फाटल्यान एक जैत जोडीत कोंकणी आठवे वळेरेंत पावली तेन्ना, 'जैताच्या उन्मादांत आमकां वाट चुकूंक दिवं नाका... सस्थ बसुंकूय दिवं नाका' अशें कोंकणी माये कडेन मागून (''प्रार्थना'') तांणी कोंकणी कार्यकर्त्यां मुखार 'कोंकणीचें पंचशील' दवरलें, आठवे वळेरेंत कोंकणी पावली हाचो अर्थ, कोंकणीचे सगळे प्रस्न सुटले असो जायना, म्हूण तांकां शिटकावन. ही पांच कलमी कार्यावळ अशी आशिल्ली :

१ . . . गोंयांत कोंकणी सोडून दुसरे खंयचेच भाशेक ह्या [राजभाशेच्या] पाटार सुवात मेळूंक जायना.

२ . . . गोंयांत प्रशासनांत काम करतल्या सगळ्यांक . . . कोंकणी वाचूंक बरोवंक आनी अुलोवंक येवंक जाय, अशी सक्ती जावंक जाय. . . . सरकारी नोकऱ्यां खातिरूच न्हय, प्रायव्हेट कंपन्यांनी लेगीत नोकऱ्यो दिता आसतना कोंकणीच्या ज्ञानाची सक्ती करूंक जाय.

३ गोंयांत कितल्योय भासो चलूं, भाशेचे वाडी खातीर अकादेमी चलयता आसतना कोंकणीक 'अनेक भासां मदली अेक' ही वागणूक मेळूंक जायना.

४ . . . शिक्षण जण अेकल्याक तागेले आवय-भाशेंतल्यान मेळूंक जाय . . .

सगळेकडेन जशी प्रदेशीक भास एक सक्तिचो विशय म्हूण शिकयतात, तशें गोंयांत सगळ्या - मराठी, कन्नड, अिंग्रजी, अुर्दू शाळांनी कोंकणी हो एक सक्तीचो विशय म्हूण लागू करूंक जाय.

५ . . . गोंयांत कोणूय येवन रावं, ताणे संस्कृतीक नदरेन गोंयकार जावन रावंक जाय. ताणे 'कोंकणी' जावंक जाय.

जो कोंकणी जावचो ना . . . ताका 'भायलो' लेखपाचो अधिकार आमकां आसा आनी आमी तो अधिकार गाजोवंक जाय. (''कोंकणीचें

पंचशील'')

गोंयाक कोंकणी करपी ही कार्यावळ कोंकणी भक्तांच्या हातांत दिवन रवीन्द्रबाब सांगतात, ''हें जे मेरेन आमी सगळें घडोवन हाडिनात ते मेरेन आमचो वावर सोंपूंक ना, अशेंच मानून चलूंक जाय'' (आदलोच संदर्भ).

कोंकणी चळवळीच्या फुडाऱ्यांक कारवार, सिंधुदुर्ग जोडिल्ल्या 'संयुक्त गोंया'चे मोखीची विसराय पडल्या, आनी चळवळीक 'गोंयवादी' रूप आयलां अशें दिसलां तेन्नाय रवीन्द्रबाब पेटून उठल्यात, आनी तांणी स्पश्टपणान सांगलां, ''संयुक्त गोंय जालेंना जाल्यार कोंकणी लोक शेणटलो!'' १९९९ वर्सा कोंकणी परिशदेक साठ वर्सां भर जाल्लीं तेन्ना कारवारा घडोवन हाडिल्ल्या सुवाळ्यांत कोंकणी परिशदेचे हे मुळावे मोखीचो उगडास करून दिवन ते सांगतात :

> एक 'कोंकणी राज्य' म्हळ्यार 'गोंयचें राज्य' नाशिल्लें - गोंय फिरंग्यांच्या शेकांतल्यान मेकळें जातलें, तें शेजारच्या खंयच्याच राज्यांत विरगळ नासतना उरचें, ताका घटक राज्याचो पांवडो मेळचो, ह्या राज्याची राजभास कोंकणी जावची म्हूण परिशदेन चळवळ सुरू करूंक नाशिल्ली. कोंकणी चळवळ फकत गोंयकारांची नाशिल्ली. घेवं मागीर गोंयकारांनी हे चळवळींत चडांत चड वांटो, कोंकणी चळवळ कुडाळकारांची, वाडकारांची, गोंयकारांची, कारवारकारांची, मंगळूरकारांची, तशी कोचींतल्या कोंकणी लोकांचीय आशिल्ली. कोंकणी परिशदूय फकत गोंयकारांची नाशिल्ली. ह्या सगळ्यांची आशिल्ली. आनी - म्हत्वाचें - कोंकणी परिशद फकत 'साहित्य' परिशद नाशिल्ली. साहित्याचो हे परिशदेंत विचार जातालो तो फकत विघटीत कोंकणी लोकांक संघटीत करपाच्या वावरांतलो एक म्हत्वाचो वावर म्हूण.
>
> आमी खंय वचपाक भायर सरिल्ले, खंय पावन थांबले? (''संयुक्त गोंय जालेंना जाल्यार कोंकणी लोक शेणटलो!'' २-३)

वेगळ्या वेगळ्या सांस्कृतीक परंपरांनी वांटून गेल्ल्या कोंकणी भाशिकांक 'एक भास, एक लिपी, एक साहित्य' ह्या सुतांत गांथून तांचो 'एक समाज' घडोवप हेंय कोंकणी चळवळीचें आनीक एक मुळावें उद्‌दिश्ट आशिल्लें; 'संयुक्त गोंया'वरी तेंय साधपाचें उरलां होय उगडास रवीन्द्रबाबान संद मेळ्ळ्या तेन्ना करून दिला (पळेयात ''कोंकणी चळवळीचो आमी घात मारला'').

कोंकणी चळवळीचें मुल्यांकन करतना एके कडेन ते बरयतात - कोंकणी चळवळ मराठी परंपरेंत वाडिल्ल्या तरणाट्यांक तांचे आदले परंपरे वांगडा एक

नवी परंपरा निर्माण करूंक प्रेरीत करूंक पावल्या. रोमी आनी कन्नड परंपरांनी वाडिल्ल्या लोकांक ती हे दिकेन तितलीशी प्रेरीत करूंक पावंक ना. रोमी आनी कन्नड लिपयांच्यो वणटी अजून तश्श्यो आसात. ह्यो वणटी कोंकणी समाजाक 'एक भास, एक लिपी, एक साहित्य' ह्या सुतांत गांथूंक दिनात (''कोंकणीचे राजकारण'' १००-०१).

ते मुखार सांगतात, ह्यो वणटी खरेपणानशीं लिपयांच्यो न्हय. त्यो परंपरावादाच्यो, रुढीदास्यतेच्यो वणटी. ही रुढीदास्यता आसासर कोंकणीची चळवळ थांबपाची ना. कोंकणीचें आंदोलनपर्व अजून सोंपूंक ना (आदलोच संदर्भ).

आनीक एके कडेन, परंपरावादी कोंकणी भक्तांक ते कडक उतरांनी सांगतात, ''कोंकणी ही चलत आयिल्ल्यो परंपरा तिगोवन दवरपा खातीर वापरपाची धाल न्हय, पोरण्यो परंपरा मोडून नवी परंपरा निर्माण करपाक वापरपाची - दोशीं वशीन धार आशिल्ली - अेक तरसाद ती'' (''एक यक्ष-प्रस्न'' ८).

कोंकणी विशींचे लागणुकेन रवीन्द्रबाबांची लिखणी कोंकणीच्या विरोधकां आड चल्ल्या तितलीच, कोंकणीभक्तां भितर कसलेंय उणेपण दिश्टी पडलां तेन्ना तांकां सारकी वाट दाखोवपाची जापसालदारकी तिणें लावन घेतल्या. तांचे लिखणेचें हें एक म्हत्वाचें खाशेलेपण.

साहित्य निर्मप, पुस्तकां छापप, तांच्यो कांय प्रती सरकाराच्या गळ्याक बांदून खर्चिल्लो दुडू परतो आयिल्ल्याचें समाधान अणभवप - हे भाशेन अल्पसंतुश्ट जायत गेल्ल्या कोंकणी लेखकांक ते सांगतात - जर्मन कवी ग्योटे म्हणटालो, पुस्तक एक लाख लोकांनी तरी वाचुंकूच जाय, ना जाल्यार तें बरोवपांत अर्थ ना. कोंकणी पुस्तकांक एक लाख वाचपी नाका मेळूं, पंदरा हजार तरी मेळूं नाकात? ते कशे मेळटले? ''जण अेकल्या कोंकणी-भक्तान फकत पांच घरांची दायकी आपणाच्या आंगार घेवची.'' ह्या हिसपान, ''पंदरा हजार घरांनी पावपाक आमकां फकत तीन हजार कोंकणी-भक्त पुरो जातले'' अशें सांगून रवीन्द्रबाब विचारतात, ''अितले कोंकणी-भक्त गोंयांत नात व्हय?'' आनी मुखार म्हणटात, ''नात म्हळें जाल्यार प्रस्न अुपरासतलो - अितलीं वर्सां आमी कितें केलें? फकत पुस्तकांच बरयलीं?'' ह्या प्रस्नाची जापूय तेच दितात. म्हणटात, ''तीन हजार कोंकणी-भक्त गोंयांत आसात. अितलेंच की आमी तांकां अजून संघटीत करूंक पावूंक नात, तांकां कामाक लावंक पावूंक नात'' (''कोंकणीचें अिंफ्रास्ट्रक्चर'').

''हेंवूय काम कोंकणी-भक्तांचें'' ह्या संपादकियांत ते कोंकणीभक्तांक सांगतात, ''नायलोन ['६,६] च्या कारखान्या आड फकत केरींतले तरणाटे झुजतात हाची

आमकां लज दिसूंक जाय आनी आमी ह्या झुजांत भाशे खातीर वावुरलेले तितलेच पोडतिडकीन पडून वावरूंक जाय.'' आमी फकत भास आनी साहित्य घेवन बसून जावचें ना, हेर गजालीय लावन घेवच्यो पडटल्यो अशें सांगून ते मुखार बरयतात, ''गोंय मेकळें जालां त्या वेळार भारताच्या नकाशावयलें ताचें नांवनिशाण लेगीत पुसून उडोवपाक कांय आसुरी शक्ती मुखार सरिल्ल्यो. त्यावेळार कोंकणी-भक्तूच तांकां 'जाग्यार हाडपाक' हड्ड्याचें कोट करून झुजिल्ले. आयजूय त्योच आसुरी शक्ती 'विकासा'च्या नांवान दुसरे तरेन गोंय आनी गोंयकार हांकां ना करपाक भायर सरल्यात. हांकांय 'जाग्यार हाडपाचें' काम कोंकणी-भक्तांचें.''

कोंकणी चळवळीचे मार्गदर्शक म्हूण रवीन्द्रबाबान आनीक एक काम सातत्यान केलां. तें म्हळ्यार, कोंकणी चळवळीक नवे नवे कार्यकर्ते जोडून दिवपाचें.

वर्ध्याक वा दिल्लीक रावन कोंकणीचें काम सारकें जायऽ नाशिल्लें आनी पोर्तुगेज राजवटींत गोंयां रावन तें करूंक मेळऽ नाशिल्लें म्हूण रवीन्द्रबाब मुंबय वचून रावले, आनी मुंबय रावपी गोंयकारां मजगतीं कोंकणीची जाग हाडूंक, आनी तांचे भितर गांधी-विचाराचो प्रचार करूंक 'गोमंत भारती' ही संस्था तांणी सुरू केली. मुंबय रावपी गोंयकार विद्यार्थ्यां खातीर 'स्टडी सर्कलां' आनी शिबिरांय ते चलोवंक लागले. मुंबयंतल्या कॉलेजींतल्या 'कोंकणी मंडळां'च्या सेक्रेटरींच्यो मिटिंगोय ते मदीं मदीं घेताले (पळेयात ''उदयबाब'' १).

उपरांत, १९६० वर्सा, ते गोंयां परतले. गोंयचें तांचें घर कोंकणी कार्यकर्त्यांचें एक 'करमळेचें तळें' आशिल्लें.

तरणाटे पिळगेचो रवीन्द्रबाबां कडेन सतत संबंध आयला. तांणी तरणाट्यांक पांय भुंयेर घट दवरून पयस नदर मारूंक शिकयलां. रवीन्द्रबाबांच्या संपर्कांत आयिल्ल्या कांय जाणांनी हे विशीं बरयलांय बी (देख म्हूण पळेयात : दि. बोरकार, *श्रेयार्थी;* करमली ''पुनरुत्थान पर्वाच्या दिग्गजाक नमन!''; हे. नायक ''म्हजो रवीन्द्रबाब : एक ज्ञानभांडार''; गावडे ''कांय यादी रवीन्द्रबाबांले मठयेंतल्यो'').

कोंकणी चळवळ ही सारस्वतांची चळवळ, भोवजनसमाज शिकून सवरून वयर सरिल्लो सारस्वतांक नाका म्हूण तांणी ही चळवळ सुरू केल्या असो एक आरोप गोंय मुक्तीच्या सुरवेच्या काळांत कोंकणीभक्तांचेर खूब प्रमाणांत जातालो. तो पयस करपांत रवीन्द्रबाबांचो मोलाचो हातभार लागला हेंय मान्य करचेंच पडटलें (पळेयात ''मराठी चळवळीचा पायाच मुळी असत्याचा'' १०९-१०).

कोंकणीच्या मळार वावुरतना रवीन्द्रबाबान चळवळीच्या फुडारपणाची

जापसालदारकी आंगार घेतल्या, तेच भाशेन, चळवळींत नवें जापसालदार फुडारपण वयर सरिल्ल्याची खात्री जाल्या तेन्ना ताचें कर्तुत्व तोखणायेन पळोवन खुशालभरीत जावन चळवळीचे फुडारी म्हूण ते आपखोशयेन कुशीकूय सरल्यात (पळेयात "I repeat" ४). कोंकणी चळवळींतली तांची हिवूय भुमिका म्हत्वाची.

जिवनसाधक साहित्यकार

रवीन्द्रबाबांक एक 'reluctant writer' म्हणूं येत.

१९६९ वर्सा पणजे भरिल्ल्या 'अखील भारतीय कोंकणी परिशदे'च्या दुसऱ्या अधिवेशनाचे रवीन्द्रबाब अध्यक्ष आशिल्ले. आपणाल्या अध्यक्षीय उलोवपाचे सुरवेकूच ते म्हणटात, "बरोवप्यांचे परिशदेचो यजमान खासा बरोवपी आसूंक जाय. म्हाका तसो 'बरोवपी' म्हणुं येत काय कितें ह्या विशीं म्हज्या मनांत दुबाव आसात. . . . हांवें कोंकणींत सुमाराचें बरयलां. . . . पुणून तें सगळें बरयले बगर रावं नज जालें तेन्नाच आनी तितलेंच बरयलां" (*कोंकणी भक्तांनो* - १).

तरणेपणांत पावल दवरिल्लें तेन्ना देशांत ध्येयवादाचें वारें व्हांवतालें; तें आपणाकूय बादलें, आनी करियराची वाट सोडून आपणें "देसाचें बंदेपण, दैन्य आनी दळदीर" ना करपा खातीर वावुरपाचो मार्ग धरलो (आदलोच संदर्भ) अशें सांगून ते मुखार म्हणटात, "देस वयर कसो काडचो हाचो सोद लायत भोंवता आसतना म्हज्या हाताक कांय कस लागले. ह्या कसांक हांव आमची जीण घांसून पळोवंक लागलों. हातूंतल्यान फुडाराचें नवें हिन्दुस्तान आनी तांतूंतलें नवें गोंय म्हजे कल्पनेंत आकार घेवंक लागलें" (आदलोच संदर्भ). आपणाक घडिल्ले दिश्टावे दुसऱ्यांक घडोवन दितना आपणाल्या हातांतल्यान "थोडें-भोव बरप बरोवन जालें" अशें ते सांगतात (आदलोच संदर्भ २).

अर्द शतमाना वयर सातत्यान बरयत आयिल्लो हो लेखक आपणाक लेखक लेखी नाशिल्लो. तो म्हणटालो :

> . . . हांव कोंकणीचो 'रायटर' न्हय, हांव कोंकणीचो 'फायटर' . . . . हांव 'रायटर' जालां तो म्हज्यांतल्या ह्या 'फायटरा'क लागून. 'कोंकणीक तिची हकाची सुवात जोडून दिली म्हूण भागना, तिका साहित्याचे नदरेन तिच्या भयण-भासांचे पंगतीक व्हरून बसोवंक जाय. देखून, तिच्यांत जें ना तेंय तुवें तिका दिवंक जाय' हें म्हज्यांतल्या 'फायटरा'नूच म्हाका धोंगशीत सांगलां. ताचेच हे धोंगसणेक लागून हांव बरोवंक लागलां. ("फकत बरोवपी?" २-३)

“. . . झांकून झांकून गांवकार जातात तसो बरोवन बरोवन हांव साहित्यिक जालां. साहित्य म्हज्या जिविताचें मुखेल आंग न्हय. ताचो एक बाय-प्रॉडक्ट. ताचें एक उपफळ,” रवीन्द्रबाब सांगताले (“बरोवपाची प्रेरणा” ७).

रवीन्द्रबाबान जिविताची साधना केली - मनीस म्हूण व्हड जावपाचो हावेस तांणी बाळगिलो, आनी हे साधनेचेंच एक उपफळ म्हूण ते व्हड साहित्यकार जावंक पावले.

साहित्याच्या, साहित्यकारांच्या मुल्यांकनांतूय रवीन्द्रबाबांची हीच जिवन-साधकाची नदर उकती जाता. “. . . म्हजी नदर साहित्या परस साहित्यकारा कडेन चड वता,” ते सांगतात. “साहित्यीक हो मनीस ह्या नात्यान व्हड आसत जाल्यार तागेलें साहित्य ‘ल्हान’ आसूं, म्हाका तें आवडटा. साहित्यकार मनीस ह्या नात्यान ‘फूंच’ आसत जाल्यार, तागेलें साहित्य केदेंय व्हड आसूं, म्हाका तें दोळ्यां मुखार नाका जाता” (“कसलें साहित्य? कसले साहित्यकार?” १६२).

साहित्यकाराच्या मुल्यांकनांत रवीन्द्रबाब प्रतिभे परस प्रज्ञेक चड म्हत्व दितात. ‘कोंकणी विशींची तुमची भुमिका तुमी बदलूंक तयार आसात जाल्यार आमी तुमकां मराठी साहित्य संमेलनाचें अध्यक्षपद दितात,’ अशें तर्कतीर्थ लक्ष्मणशास्त्री जोशी हांणी बाकीबाबांक सुचयलें तेन्ना बाकीबाबान ही ‘लांच’ न्हयकारिल्ली पळोवन रवीन्द्रबाब प्रज्ञावंत बाकीबाबां मुखार नमळायेन बागवतात (“बाकीबाब” १०६) तितलेच, पु. ल. देशपांडे सारकेलो एक प्रतिभावंत साहित्यकार आपणाल्या वाचकवर्गाचें मनोरंजन करपाक एका प्रज्ञावंत व्यासंगी गांधीवादी आचार्याचीं फकाणां मारतात तेन्ना ते तिडकीन उसळून विचारतात, “ ‘खायात, पियात, मजा मारात’ हाचे पेले कडलें खंयचेंच उदात्त तत्व जांकां पेलना, पटना आनी समजय ना ताची देख ह्या देशांतल्या लोकां मुखार दवरप आनी ‘आदर्श’ लोक ते हे, आनी दांभीक ते दुसरे म्हूण तांकां सांगप हें ‘असामान्य प्रतिभें’त बसता जायत, सामान्य प्रज्ञेंत बसता व्हय?” (“परतून पु.ल.” २७४).

बरोवपी आनी वाचपी हांच्या संवादांतल्यान साहित्य फुलता, बरोवपी वाचप्या कडेन जे तरेचें नातें जोडटा ते तरेचें रूप ताच्या साहित्याक मेळटा अशें रवीन्द्रबाब मानताले (*कोंकणी भक्तांनो*- २-४). साहित्यकारांच्यो कांय तरा तांणी सांगल्यात (आदलोच संदर्भ):

१. ऊंच हावेसांची जीण जियेवपाची प्रेरणा दिवपी, ‘लोकगुरू’चें काम करपी रवीन्द्रनाथ, काकासाहेब, तॉलस्तॉय, रॉमां रॉलां, स्तॅफान त्स्वायग सारकेले साहित्यकार.

२. वाचप्यां कडेन एके तरेचे इश्टागतीचें नातें जोडिल्ले दॉस्तॉयवस्की, गॉर्की सारकेले साहित्यकार.

३. वाचप्यांक हांसोवपा-खेळोवपाचो हेत बाळगून तांची मन-रिजवण करपा खातीर बरोवपी साहित्यकार, आनी

४. वाचप्या भितल्ल्यो उणाक रुची जागोवन त्यो आपल्या बरपा वरवीं भागोवपी साहित्यकार.

पयले तरेच्या साहित्यकारां विशीं रवीन्द्रबाब बरयतात, ''मनीस-जातिचेर माया आसले बगर, मनशाच्या काळजाचेर स्रद्धा आसले बगर आनी खासा आपुण ऊंच हावेसांनी भारून गेले बगर असले तरेची बरपावळ बरोवंक येवपाची ना'' (आदलोच संदर्भ ३).

रवीन्द्रबाबान साहित्यकाराची पयली तरा वेंचिल्ली अशें मानूंक खूब वाव आसा. देखुनूच, म्हज्यांतलो साहित्यकार म्हज्या जिविताचो बाय-प्रॉडक्ट (''बरोवपाची प्रेरणा'' ७) अशें म्हणटां म्हणटां '' 'फकत साहित्यकार' केन्ना व्हड मनीस जावंक पावना. व्हड मनिसूच व्हड साहित्यकार जावंक पावता,'' आनी ''साहित्य सदांच जिविताचें उपफळ आसूंक जाय. कोंकणीक असलेच साहित्यकार जाय'' अशें ते म्हणूंक लागिल्ले (*आशिकुशीक* २८).

रवीन्द्रबाबांल्या बरपांत सातत्यान आनी स्पश्टपणान आवयभाशेचो एक भक्त दिश्टी पडटा तसोच एक देशभक्तूय दिसता. दोगांकूय एकामेकां पसून वेगळावंक येना. आवयभाशेचे आनी देशाचे सेवेचे तळमळीनूच तांचे भितल्ल्या साहित्यकाराक जागयला. ते सांगतात, ''साहित्यिक जावपाचें मनांत नाशिल्लें. साहित्यिकां विशीं मत्तूय व्हडलेंशें बरें नाशिल्लें. समाजूच बदलपाक मुखार सरिल्लों. समाज बदलपाचे प्रेरणेनूच राजकर्णांत पडिल्लों. पुणून समाज बदलूंक जाय म्हणटल्या म्हज्यांतल्या कार्यकर्त्यानूच म्हज्यांतल्या साहित्यिकाक जाग हाडली आनी आपूण ताचे कडेन एकरूप जालो'' (''बरोवपाची प्रेरणा'' ९-१०).

देखून रवीन्द्रबाबांली साहित्यीक कारकीर्द पत्रकारितेन सुरू जाल्या. एका 'स्वगतां'त ते सांगतात -

'तुमकां लोकांनी कोण म्हूण वळखल्लें आवडटलें आशिल्लें?' अशें म्हाका कोणेंय विचारिल्लें जाल्यार हांव अनमन नासतना जाप दितलों आशिल्लों, 'पत्रकार म्हूण...' मुळांत हांव एक पत्रकार. म्हजे भितल्लो जो लेखक आज लोकांक दिसता तो ह्या पत्रकारान जल्माक घाला (''नि:संशय मी एक पत्रकार आहे'').

ह्या पत्रकारानूच आमकां सांगलां, हांव कोंकणीचो 'रायटर' न्हय, हांव तिचो

'फायटर'. ह्या फायटरानूच कोंकणींत *मीर्ग, गोमंत भारती* (रोमी लिपयेंत), *जाग* हीं नेमाळीं चलयल्यांत; *राष्ट्रमत, नवप्रभा, सुनापरान्त* दिसाळ्यांनी प्रासंगीक विशयांचेर शेंकड्यांनी लेख बरयल्यात. गरज पडल्या तेन्ना कोंकणीची केस मांडपी *शाळेंत कोंकणी कित्याक, आमची भास कोंकणीच : दुबाव आनी जापो* सारकेल्यो पटयो तयार करून लोकांक कोंकणी पटयल्या. (ह्या पटयांचें मोल आशिल्लें - ''वाचात आनी वाचूंक दियात''.)

पत्रकाराक सोबऽ सारकीच रवीन्द्रबाबांली शैली. ''शैली सुंदर आसची हो हावेस मनांत केन्ना धरलो ना,'' ते बरयतात. ''ती स्पस्ट आसची, सादी आसची, कानाक गोड लागता अशी आसची, इतलोच हावेस बाळगिलो'' (''बरोवपाची साधना'' १९). अलंकारीक शैली तांकां मानवऽ नासली. ''म्हाका ती लिपस्टीक, रूज, पावडर लावन सुंदर म्हूण भासोवपी 'ॲनॅमिक' चलये सारकी दिसची,'' ते सांगतात आनी म्हणटात, ''शैली आरोग्यवान चलये सारकी दिसूंक जाय. शृंगार करी नासतना सुंदर दिसूंक जाय . . .'' (आदलोच संदर्भ). गांधी, काकासाहेब आनी विनोबांचे शैली कडेन रवीन्द्रबाबांचो ओडो आशिल्लो (आदलोच संदर्भ २०). ''गांधींचें गद्य सादें, सोंपें, नम्र, तितलेंच तेजिश्ट आशिल्लें,'' ते सांगतात (आदलोच संदर्भ २१).

आपूण कित्या खातीर बरयतां ह्या प्रस्नाची जाप सोदतना रवीन्द्रबाब सांगतात, ''दोन प्रेरणा म्हज्यांत काम करतात. एक, सृजनाची. दुसरी, एके तरेचे लागणुकेची'' (''कित्या खातीर बरयतां?'' १३-१४). आपूण, नवें जल्मा घालपाचे सृजनाचे उर्बेन बरयतां तसोच आपणाले भाशेंतलें उणें, तिची गरिबाय जाता तितली पयस करपा खातीर, तिची बुन्याद घट करपा खातीर बरयतां, अशें ते म्हणटात.

सृजनाचे उर्बेन बरयतना रवीन्द्रबाबांच्या हाताक तांचे आवडीचो दिसपटयेचो - ल्हान ल्हान निबंदांचो, चिंतनांचो - फॉर्म लागला (पळेयात ''चार दसकांची साहित्य यात्रा'' २२४) *वेळे वयल्यो घुलो, सांगाती, ओथांबे, आशिकुशीक* हीं पुस्तकां ह्या फॉर्मांत बसतात.

भाशेचें दैन्य पयस करपा खातीर बरयलां तेन्ना रवीन्द्रबाबान अणकार केल्यात, अनुसर्जन केलां, अर्थावण्यो बरयल्यात, आपणाले आवडीचे शास्त्रीय विशय सरसमान वाचप्यां खातीर हाताळ्ळ्यात. *भज गोविन्दम्, महाभारत - एक अनुसर्जन, तथागत, तीन पावलां प्रज्ञावादाचीं, ब्रह्मांडांतलें तांडव* ह्या पुस्तकां फाटली प्रेरणा ही अशें म्हणूं येता. ''बुद्‌दिच्यो सगळ्यो भुको भागोवपी साहित्य भाशेंत येवंक पावलें ना, जाल्यार सृजनात्मक साहित्य आमचें फकत मनोरंजनूच करतलें''

अशें तांकां दिसलां (''पूर्ण वेळ बरोवपी'' ४६), आनी कोंकणीच्या मळार अशें घडूंक पावचें न्हय म्हूण ते जीव ओतून वावुरल्यात. रवीन्द्रबाबां भितल्ल्या आवयभाशेच्या भक्ताचो एक आदर्श - कोणाचोच आधार नासतना एका हातान *मराठी ज्ञानकोश* रचून आपणाले आवयभाशेक गिन्यानाची भास म्हूण घटाय दिवपी श्रीधर व्यंकटेश केतकर (पळेयात ''फकत प्रेरणे खातीर'').

आनीक एके प्रेरणेन रवीन्द्रबाबान बरयलां - कोंकणी गद्याक कोंकणी रूप दिवपाचे प्रेरणेन. कोंकणी गद्याची 'आंतरीक लय' सोदून काडूंक जाय अशें तांकां दिसलां (''कित्या खातीर बरयतां'' १४). इतलेंच न्हय, तर ''. . . कोंकणी गद्याक कोंकणी रूप दिवपाचो यत्न आमी सारको केलो ना जाल्यार तें मराठी गद्याचें रूप घेवन मुखार वतलें'' हो भंयूय तांकां दिसला (''चार दसकांची साहित्ययात्रा'' २२५).

आपणाले चार दसकांचे साहित्ययात्रेचो नियाळ घेवन बरयल्ल्या ह्या निबंधाचे अखेरेक ते म्हणटात, ''. . . म्हजे कडेन म्हजे भाशेक जें कितें दिवपा सारकें आसा तें हांव जीव ओतून दीत रावलां. जें दितां तें आयचे वा फुडले पिळगेक अन्न म्हूण खावपाक उपकरा पडलें ना तरूय कोंकणी सरस्पतीच्या शेतांत बऱ्यांतलें बरें पीक काडपाक सारें म्हूण ताचो बऱ्यांतलो बरो उपेग जावं येता हे विशीं म्हाका इल्लोय दुबाव ना'' (आदलोच संदर्भ २२६).

हांव लेखक न्हय म्हणटल्या ह्या 'अनमनपी' लेखकान भारतीय लेखकाक मेळपी व्हडांतलो व्हड भोवमान - भारतीय ज्ञानपीठ पुरस्कार - जोडलो आनी ह्याय कसाक कोंकणी उणी ना हें सिद्ध केलें. साहित्याचे नदरेन समृद्ध आशिल्ल्या भारतीय भासांचे पंगतीक कोंकणीक मानान व्हरून बसयली.

कोंकणीचे साहित्यीक चळवळीक रवीन्द्रबाबान आनीक एके भाशेन आपणालें योगदान दिलां - नव्या बरोवप्यांक, वा कोंकणीक कितें तरी दिवंक भायर सरिल्ल्यांक, आधार दिवन, मार्गदर्शन करून; 'नवें कितें वाचलां? नवें कितें बरयलां?' सारकेले प्रस्न विचारून; दामोदरबाब मावजो हांणी एका लेखांत बरयलां ते भाशेन, कोंकणी बरोवप्यांक सतत 'चार्ज करपाचें' काम करून, गरज तेन्ना तांची फाट थापटून, घसघशीत उतरांनी तांची तुस्त करून... ''तुजी तुस्त इल्ली चड जाता. नवो बरोवपी मागीर गरजे भायर फुलता'' अशें एका इश्टान एक दीस तांकां म्हणिल्लें तेन्ना तांणी जाप दिल्ली, ''आज तिची गरज आसा... तुस्त जाताली तेन्ना हनुमानूय फुलतालो आनी मागीर सागर हुपपाचें बळगें ताचे भितर येतालें.''

रवीन्द्रबाब बरयतात :

संवसारांत कोणूच उरना. सगळेच वतात. साहित्याच्या मळार लेगीत व्हडले व्हडले लोक येवन 'गेल्यात'...

आपूण उरतलों म्हूण बेश्टें कोणें भ्रमांत रावचें न्हय. हांव रावूंक ना.

पुणून म्हजे संबंदान हांव एक जाणां, फाल्यां कोणूय कोंकणी बरपावळिचो इतिहास बरोवपाक बसलो जाल्यार 'हाणें आपणाल्या काळांत विचारांच्या मळार थोडें भोव योगदान दिल्लें' अशी एक वळ तो बरयले बगर रावचो ना. कोंकणी गद्याचे बुन्यादिचो एक फातर म्हूण म्हजो तो उल्लेख करतलो. साहित्याच्या इतिहासांत कोणाकूय इतलीच ही सुवात मेळप ही लेगीत भाग्याचीच एक गजाल. तातूंत, धरुंया, फुडले पिळगेंतल्या कोणेंय म्हजो हो उल्लेख वाचून जिज्ञासेन म्हजें एकाद-दुकलें पुस्तक वाचनालयांतलें हाडून वाचलें जाल्यार -

हांव म्हाका व्हडांतलो व्हड एक भाग्यवंत लेखतलों. (''फकत बरोवपी?'' ४,५)

साहित्यीक नदरेन रवीन्द्रबाबांचें मुल्यांकन काळूच करतलो. साहित्यांत ते कितले आनी खंयच्या रुपान उरतले हेंवूय काळूच थारायतलो. एक मात सांगूं येता -

रवीन्द्रबाबां वांगडा कोंकणी खातीर वावुरिल्ले, झुजिल्ले तांगेले सांगाती तांगेल्या वावराचें मुल्यांकन करतना तांकां शणै गोंयबाबांले पंगतीक बसयतात (देखी म्हूण पळेयात, करमली '''महामना:स्यात...'चो संदेश दिवपी''; पु. नायक ''रवीन्द्रबाबान रायटरांक फायटर केले''; हळर्णकार ''रवीन्द्र नांवाच्या एका विचाराची वळख'') शणै गोंयबाबां वरी, एक अक्षय प्रेरणा म्हूण (हीं उतरां रवीन्द्रबाबांलींच) कोंकणीभक्तांच्या काळजांत रवीन्द्रबाब सासणाचे उरतले.

११ आनी १२ फेब्रुवारी २०११ ह्या दिसांनी ''रायटर आनी फायटर : रवीन्द्र केळेकार'' ह्या विशयाचेर श्रीमती पार्वतीबाई चौगुले महाविद्यालयान घडोवन हाडिल्ल्या राष्ट्रीय परिसंवादांत मांडिल्लो पेपर.

(जाग, ऑगस्ट-सप्टेंबर २०११)

६. एक भोंवडी, एक अर्थावणी...

आगशी, आगासांय काय *अघनाशिनी?*

कांय जाण *आगशी* रावतात, कांय *आगासांय,* कांय *अघनाशिनी...* एकाच गोंयांत कितलींशीं गोंयां. एक गोंय दुसऱ्या गोंया पसून कितलेंशें वेगळें. ह्या गोंयांचे इतिहासूय वेगळे वेगळे. एकाचो इतिहास आल्बुकेर्कान गोंय घेतलें तेन्ना सावन सुरू जाता, दुसऱ्याचो परशुरामान दर्यांत बाण मारून भूंय तयार करून वसयली तेन्ना सावन आरंभ जाता, तिसऱ्याचो...

निकतेंच एक सुंदर पुस्तक वाचलां - *A Kind of Absence : Life in the Shadow of History* (१९९७). एका गोंयकारान, ज्युआंव दा वैगा कौतीन्यु हांणी, बरयल्लें.

इतिहास आसप म्हळ्यार कितें, बरोवपी विचारता, आनी जाप दिता - इतिहास आसप म्हळ्यार भूतकाळा कडेन संघर्श करून ताचो अर्थ सोदून काडप. आपूण कोण, आपली सुवात खंय, ताचो थाव घेवप. भूतकाळ वर्तमानकाळाचेर उजवाड

घालता, आनी वर्तमानकाळांतल्यानूच भविश्यकाळ जल्मा येता. भूतकाळाचो अर्थ लायतां लायतां आमी आमकांच घडयत वतात; आमी कोण, आमची सुवात खंय, तें आमकां स्पश्ट जायत वता.

दुसऱ्या उतरांनी,

आमी आमचे अस्मितायेचो सोद घेतात (४-७).

गोंयच्या इतिहासाचो, आपले अस्मितायेचो सोद घेतना बरोवपी आयज आमचे मदीं नाशिल्ल्या कांय जाणां कडेन संवाद साधता. गोंयचो पयलो-वयलो इतिहास बरोवपी फ्रँच मिशनरी, ब्रिटीश गझॅटियरा खातीर गोंयचो इतिहास बरोवपी ज्युझे निकोलांव दा फोंसेक, ज्युझे जॅर्सन दा कुन्या, पाद्री गाब्रिएल साल्दान्य, सॉक्रतीश दा कॉश्ता, पाद्री क्लावद साल्दान्य, पी.ए. पेरेग्रीनु दा कॉश्ता, अ. का. प्रियोळकार, बॅन्तु ग्रासियानु द सौझ... बरोवपी तांकां प्रस्न विचारत, प्रांजळपणान आपणाले दुबाव तांचे मुखार मांडटा.

"तुमी पोर्तुगेज... तुमचें रूप, तुमचो रंग पोर्तुगेजां बशेन नासत, पूण तुमच्या आत्म्यांत मनीसपणाची आनी वैश्वीकतेची भावना आसा ती इंफांत अँरीका कडल्यान तुमकां दायजान मेळ्ळ्या," गोंयकार तरणाट्यां मुखार केल्ल्या उलोवपांत अशें सांगपी सॉक्रतीश दा कॉश्ता हांकां तो याद करून दिता, "१४ ऑगस्ट १९४७ दिसा तुमी अशे उलयल्ले. पोर्तुगालच्या आल्जुबार्रोताच्या झुजाचो उगडास करपा खातीर तुमी त्या दिसा एकठांय जाल्ले. चवदाव्या शतमानांत भुरग्या पोर्तुगालाक स्पेन खावंक भायर सरिल्लें, आनी ह्या झुजान तो भंय पयस केल्लो... आनी, योगायोग म्हळ्यार, त्याच दिसा जवाहरलाल नेहरू स्वतंत्र भारताच्या जल्माची घोशणा करपाचे आशिल्ले. हो योगायोग तुमच्या लक्षांत आयिल्लो काय...?" (२४).

"आमी जें वगडायलां तें आतां परतें जोडूंक जाय. गोंयकार गोंयकार म्हळ्यार कितें? कोण हो गोंयकार? म्हाका तरी ह्या प्रस्नाची जाप मेळूंक ना. पोर्तुगेजांनी गोंय घेतलें म्हूण गोंयाक आमची निष्ठा ओंपप ही देशभक्ती न्हय. एके राजवटीची भक्ती ही . . . तुमी क्रिस्तांवांनी आतां तुमचीं आदलीं हिंदू नांवां घेवंक जाय. पोर्तुगेजांचो काळ सोंपलो" अशें सांगपी अ.का. प्रियोळकारांक बरोवपी विचारता, "गेल्लो वेळ असो जाय तेन्ना परतो हाडूं येता व्हय? कांयच घडूंक नाशिल्ले वरी सहजतायेन परते 'आशिल्ले तशे' जावं येता? इतिहास संस्कृताय घडयना व्हय? शेणिल्लो भूतकाळ परतून जोडपाचे आनीक मार्ग नात...?" (३०-३१).

[मेल्ल्यां कडल्या ह्या संवादांत दोग जाण म्हाका फाल्त जाले - शणै गोंयबाब आनी त्रिशतांव ब्रागांझ द कुन्या. शणै गोंयबाबांलीं बरपां कोंकणींत आनी देवनागरींत आशिल्ल्यान तीं बरोवपी वाचूंक पावलो ना जायत. पूण कुन्या कशे भायर उरले?]

हांव कोण? म्हजी वळख कितें? मारियु द सा-कार्नैरु ह्या पोर्तुगेज बरोवप्याचे कवितेच्या दोन वळींनी हो वळख घेवपाचो प्रवास सुरू जाता -

Eu não sou eu nem sou outro
sou qualquer coisa de intermedio. (३४)
हांव हांव न्हय, दुसरोय न्हय
हांव कोण तरी मदलो.

[म्हज्या मनांत मनोहरराय सरदेसायांले ''मदले आमी''चे पडसाद...]

मध्य प्रदेशांतल्या एका गांवांत एका पाद्री इश्टाक ताचे सेमिनरींत मेळूंक गेल्लो आसतना बरोवपी थंयचे पार्वती न्हंयचे तडीर पासयेक वता. न्हंय सुकल्या. बरोवपी न्हंयच्या पात्रांतल्या फातरांचेर बसता. तडीर विटो तयार करपाचें काम चल्लां. गाडवांचे फाटीर घालून चिकट माती हाडटात, सुक्या करडा वांगडा ती बरी मस्तून कालयतात, उपरांत ही तयार माती फॉर्मांनी घालून विटो घडयतात. ओल्यो विटो जमनीर मांडून दवरून सुकयतात. मागीर त्यो वेवस्थीत दाळून भाजून काडटात. ताज्ज्या भाजिल्ल्या विटांचो परमळ बरोवप्याक सुखायता. न्हंयच्या सुकिल्ल्या पात्रांतल्या फातरां खांचींतले ओलसाणींत किल्लून आयिल्ल्या तरेकवार बारीक वनस्पतींचेर बरोवप्याची नदर पडटा. तांकां इल्लीं इल्लींशीं फुलांय फुल्ल्यांत... उथळ उदकांत सुकणीं नुस्तें धरतात... सैमाच्या, संस्कृतायेच्या अनंत काळा कडेन नातें जोडपी असो हो देखाव (३५-३६).

पूण... "I don't feel connected"(३६).

मध्य प्रदेशांतले पार्वती न्हंयचे तडीर पयलेच फावट बरोवप्याक हे "disconnectedness"ची स्पश्ट जाणविकाय जाता, आनी तो ह्या शेणिल्ल्या नात्याच्या कारणाचो थाव घेवंक पळेता.

कित्याक जाता हें अशें?

हाची जाप भायर ना, म्हजेच भितर आसा...

वनस्पतींचीं, सुकण्यांचीं नांवां म्हाका येनात म्हूण आसत घडये... ह्या लोकांची भास म्हाका येना म्हूण म्हज्यान फकत तांकां हडकूं येता. संवादाक हांगा इल्लोय थारो ना.

परतून एक नवी सुरवात करूं येत व्हय? भुंये कडलें, लोकां कडलें तुटिल्लें नातें परतें जोडूं येत व्हय? (३६-३७).

न्हंयच्या पात्रांतल्या एका तळपाचेर इल्लोसो सोपो कसो बांदून काडला. ताका धवो चुनो काडला. ताचेर इल्लीशी घुमटी. घुमटेंत कांय ना. पूण तिचे म्हऱ्यांत एक पिंजरीन भरिल्लो ओबड-धोबड फातर. ताचेर रोजांच्यो माळो. म्हऱ्यांत कांय पणट्यो, नाल्लाचीं वळीं, लिंबू, उजवाती बी पुजेचें सामान. कितें हें? एका साधूची समाधी, पाद्री जाप दिता. कोण हो साधू? लोक ताचे सरीं केन्ना येतात? ताचे कडेन कितें मागतात? बरोवप्याच्या इश्टाक आनी सेमिनरींतल्या हेरांक कांय खबर ना. लोकांच्यो हो मुळाव्यो धर्मीक भावना, कुरवो समजून घेवप म्हत्वाचें न्हय व्हय? - बरोवप्याच्या मनांत प्रस्न. ह्या समजून घेवपांतल्यान सेमिनरींतल्या वांगड्यांक आपणालीच अदीक बरी वळख घडूं येता, ताका दिसता... देवूळ म्हळ्यार कितें, मशीद म्हळ्यार कितें, देवूळ कशें आसता, मशीद कशी आसता, हांव केन्नाच जाणून घेवंक पावलोंना. तांणी म्हाका सदां सादयलो आनी वांगडाच तांचे आनी म्हजे मजगतीं एक वळूय मारली. ही वळ हांव केन्ना हुपूंक पावलोंना, बरोवप्याक जाणविकाय जाता... न्हंयच्या पात्रांतली ती सुवात कसली, कोणाची, बरोवपी समजून घेवपाचो यत्न करता, आनी, एके परीन, परकेपणाची शीम हुपता (३७-३८). [इतलो वेळ *भायलो /वेगळो* आशिल्लो तो, मातसो सो *भितल्लो/सगळ्यां मदलो* जावपाचो यत्न करता.]

सकाळच्या मिसा वेळार एक बावतिज्माचो सुवाळो जाता. बरोवपी जाचे सरीं राविल्लो तो पाद्री हिंदींतल्यान सगळो सुवाळो चलयता. आदिवासींक, हरिजनांक कशें दिसता आसतलें काय असल्या वेळार, व्हडलीं व्हडलीं उतरां, व्हडलीं व्हडलीं आश्वासनां आयकतना... - बरोवप्याक प्रस्न पडटा. आनी, आमकां सगल्यांक एकाच वांगडा लातीन भाशेंतल्यान बावतिज्म दिल्लो तेन्ना कितें जालां आसतलें काय... होवूय प्रस्न.

नांव दवरप म्हळ्यार नातें जोडप (३८-३९).

भारतीय भूंय कुरवां चिन्नांनी उपाट भरल्या. हे भुंयेचे तुळेन अमेरिकी भूंय रिती रिती. [बरोवपी सध्या अमेरिकेंत रावता.] *कब्जो केल्ली* भूंय ही. हे भुंये वयले देव, तिचे भितल्लें परम चैतन्य, सगळ्यांक भायर धांवडावन घालून उबी जाल्ली "occupied country" ही. ही जिखिल्ली, मोनी भूंय लोकांक खरेपणानशीं आपली कशी दिसना, खरेपणानशीं ते तिचेर रावनात. येवरोप अशें न्हय. येवरोपाचेर निखट्यो धनयाच्या बचक्यांच्योच कुरवो नात. भूंय कसयत

कसयत पयस नदर मारीत जियेवपी पुर्विल्ल्या वसणुकांच्यो कुरवो थंय सगले कडेन दिश्टी पडटात. म्हाका सगल्यांत चड त्यो पोर्तुगालांत जाणवल्यो, पोर्तुगालाचे भाशेंत, तिचे नांवां दवरुपाचे आगळे-वेगळे तांकींत, बरोवपी सांगता. गांवांक, शारांक, वाटारांक दिल्ल्या नांवांनी न्हय, भुंयेच्या ल्हान ल्हान कुडक्यांक, दोंगुल्ल्यांक, वाटांक, वझऱ्यांक... भुंयेच्या इल्ल्या इल्ल्या तपशिलाक दिल्ल्या नांवांनी त्यो जाणवतात.

पोर्तुगाल म्हाका वेगळें कित्याक दिसता? संवसाराची पयली-वयली वळख म्हाका पोर्तुगालाचे भाशे वरवीं घडिल्ली म्हूण काय?... पोर्तुगेज लोकांची खरेली जल्मभूंय तांगेली भास. एका काळार ती म्हजीय भास आशिल्ली. आजुनूय उरल्या. वांगडा घेवन भोंवूं येता अशी ही जल्मभूंय. घरांत रावचो तसो हांव हे भाशेंत रावलां. ह्या घरांतलें सगळें म्हजे वळखीचें, तरी म्हजे पसून पयस, पेल्यान पेल्यान शें (४०-४१).

भारतभूंय आमकां परकी कशी जाली? हे आवयचें दूद पियेवपाचें आमी कशें सोडून दिलें? आमी दूद सोडचें म्हूण कोणें आमचे आवयच्या चिंवांक कोडू लावन दवरलें? ह्या प्रस्नांक कितल्योश्यो जापो मेळूं येतीत. पूण एक खरें, फकत ख्रिस्ती धर्मीक शिकवण घेतिल्ल्यान अशें जालें म्हणूं नजऽ. ही शिकवण दितल्यांनी आमकां वेगळो लोक, वेगळो देश केलो. आमच्या देवा-धर्मा भायर आशिल्ल्यांच्या विधी संस्कारांक पाळो दितकच कितें जाता ताचो धाक आमकां मिशनरींनी घालो, आनी आमी तो भंय घेवन जियेले. ह्या सगळ्या पसून पयसूच रावले. आमी हिंदू न्हय, इतलेंच न्हय, आमी हिंदू आसुंकूय फावना हे जाणविकायेन आमी चल्ले, आनी आमचेच भुंयेर परकी, अनाथ जावन पडले. इगर्ज आमची पालक जाली. इगर्जे भोंवतणीच आमी जियेवंक लागले. इगर्जे भायल्या समाजांत आमकां घोळूंक येना जालें...

निकतोच बावतिज्म घेतिल्ल्या मोतीलालाची नाळ हे भाशेन भोंवतणच्या समाजा पसून तुटिल्ली आसचिना. जे भुंयेर तो जल्मला तिचे वयल्या सगल्या कुरवां चिन्नांच्या सान्निध्यांत तो जियेतलो... (४२).

मुळां! संवसारांत सगलेच आपणालीं मुळां सोदतात. मुळां खऱ्यांनीच सोदून काडूं येतात? काय माया ही फकत? आमी भारतांत आमचीं मुळां सोदूंक जाय, लोक म्हणटात. मुळां म्हळ्यार कितें, आनी तीं खंय मेळूं येतात? धर्मांत, समाजीक चाली-रितींनी मेळूं येतात, लोक सांगतात. पूण हे भाशेन *फाटल्यान* वचूं येता? प्रियोळकारांली बुद्द घेवन आमी आमगेल्या जाणटेल्यांलीं नांवां घेतलीं जाल्यार

ज्या देवांनी ह्या नांवांक अर्थ दिल्लो तांकांय पुजप गरजेचें? *फाटल्यान* वचूं येता, आशिल्ली तशी परती सुरवात करूं येता अशें मानलेंना जाल्यार भारतांत आपलेपणान घोळूंक येना? भारत म्हळ्यार हिंदू भारत हेंच खरें? आनी हांव जाचे फाटल्यान लागलां तें सार्वत्रीक - universal - भारतीयत्व कितें, मृगजळ?

मुळां म्हळ्यार अणभव, उगडास. म्हजें भुरगेपण म्हजीं मुळां. मनशाचें भुरगेपण ताका घडयता... मुळां सोदतल्यान आपणालें भुरगेपण सांसपून, उस्तून पळोवंक जाय... (४३-४४).

आनी, हो उद्‌देश घेवन बरोवपी गोंयां वचूंक भायर सरता.

विमान मध्यानरातचें दिल्ली पावता.

कित्याक आयला तूं हांगा? कोणूच तुका रावना, तुका कोणाकूच मेळपाचेंय ना. हे भोंवडे फाटलो तुजो हेत कितें?

म्हजे कडेन जापो नात.

म्हजे भितल्ल्या आवाजान म्हाका भायर सर म्हूण सांगलां, हांव भायर सरलां.

दिल्लीचें रितें विमानतळ. म्हजेंच दिका नाशिल्लें मन ह्या हारशांत म्हाका स्पश्ट दिश्टी पडटा.

दिल्ली... मनशांचो दोळे दिपकावपी घुस्पागोंदळ...

नवाब वा संन्याश्या वरी चलप भारतांत कितलें सोंपें, सहज! भोंवतणी भौतीक नाजाल्यार आध्यात्मीक वणत उबारून तुजे भितर तूं सुरक्षीत. दुसरो सदां हे वणटी भायर. गांधीन तिसरी तरा सोदून काडिल्ली. भर हिंसेंत पांय घट्ट रोमून, हड्डें मुखार काडून थीर उबो आशिल्ल्या सत्याग्रह्याची... (४५-४६).

हॉटेलाच्या गिफ्ट शॉपांत गोंयचेर कांय पुस्तकां. तांतल्या बरपांनी गोंयची जायरात करपी सूर. अर्दी मर्दी म्हत्वाच्यो तारको वा नांवां... पोर्तुगेजांचो उल्लेख केले बगर, वा रियल इस्टेटीच्या, पर्यटनाच्या धंद्यांतल्या दलाला वरी, गोंय खपोवंक सोदी नासतना गोंयचेर बरोवपी कोणूच ना? गोंयच्या जिविताचें गुपीत जाणा आशिल्लो ताचो कोणूय मोगी? (४८-४९).

भारतांत हांव उखलिल्लो जीव घेवन भोंवतां... म्हजी गत जुदेवां वरी, जांचीं पाळां-मुळां आसात इस्राएल राष्ट्रांत, पूण जांकां हेर कडेन - इस्राएला भायर - रावप अदीक मानवता. ज्या भारता कडेन म्हजो जीव ओडटा तो एक काल्पनीक कुसवो. हो भारत म्हाका केन्ना मेळूंक ना. घडये मेळचोय ना...

(४९).

विमान गोंयचे भुंयेर देंवता. एका काळा वयल्या बोडक्या दोंगुल्ल्यांचेर नौदळाची वसणूक उबी जाल्या - नव्या गोंयाची एक कुरू.

सगळें बदल्लां, तरी आदले वरीच आसा काय दिसता. पोरणें घर अदीक पोरणें जालां,पूण ताची वळख शेणूंक ना. झाडांय जाणटीं जाल्यांत. कांय नवीं आयल्यांत. जांचे सावळेंत भुरगेपण सारिल्लें तांतलीं कांय उरूंय नात. मार्ग आदले वरीच सोबीत दिसता. पूण ताचें नांव पोर्तुगेजींत बरोवंक ना. कोंकणींत, मराठींत वा हिंदींतूय बरोवंक ना. इंग्लीशींत बरयलां. जायतें कितें बदल्लां हें दाखोवपी आनिकूय कुरवो... शाळेचे इमारतीक दुयेंतीची सया मारता... वर्गांतल्या वणटीं वयले सरदार, किल्ले, शिडांचीं तारवां, तांचे सोंडयेर जेजूचो खुरीस - कांय दिश्टी पडना. इतिहास फाटीं सरला आनी ताचे सुवातेर नकशे, शरीरशास्त्र, वनस्पतशास्त्र, नितळसाण आनी शेतकामताचे तकटे आयल्यात. आमकां खबर आशिल्लो इतिहास खंयच पळोवंक मेळना. हो आमचो इतिहास नाशिल्लो, पूण ह्याच इतिहासाच्या माटवांत आमी सगलीं घोळटालीं. आमचे कल्पनेच्या संवसारांतूय होच इतिहास भरिल्लो.

घरां आनी झाडांच न्हय, लोकूय जाणटे जाल्यात. वळखीचे भोव थोडे उरल्यात. एक पुराय पिळगीच सोंपल्या. आनी, हुंवाराची सुलूस दिवपी, घांट देंवन आयिल्ल्या लोकांचे बाजारांत जाणवपी नवे प्रवाह...

कितें करतां हांव हांगा?

घरा परतुपाची तीव्र इत्सा, वांगडा, घर म्हूण खरेंच कितें आसा व्हय, हो दुबाव - आयची सार्वत्रीक अवतिकाय जावये ही...

घर म्हळ्यार घोंटेर, जंयच्यान जिविताची सुरवात जाल्ली. ही परतुपाची सुवात व्हय? भूतकाळ सासणाचो ना जाला. आमचें भुरगेपणूच न्हय, आमचे संवकळीचो संवसारूय आतां दोळ्यां आड जाला. तो उरला फकत आमच्या काळजांत (४९-६०).

आनी, बरोवपी ह्या काळजांतल्या भुरगेपणांतल्या संवसारांत रिगता.

...तेन्ना जिवीत बरे बशेन चलतालें. थीर भुंयेर पांय आशिल्ले. फुडारूय सुरक्षीत दिसतालो. क्षितिजा मेरेन नदर मात पावऽ नाशिल्ली, आनी संवसाराचो कांटूय दिसऽ नाशिल्लो... आमी सुरक्षीत आशिल्लीं, पूण वंये भितर आशिल्लीं. 'हांगा' आनी 'आतां' हेंच आमचें जिवीत आशिल्लें.

इश्कोलांत पोर्तुगेज भाशे फाटल्यान म्हजो आवडटो विशय आसलो भूंयवर्णना. खंड आनी म्हासागर, मळां, पठार, दोंगुल्ल्यो, दोंगर, दर्ये, न्हंयो, तळीं... कल्पनेक खावड! चड ओडलायणीं चकचयाळ सपाट मळां - हांचे वेल्यान मनाक जाय तशें, जाय तितलें भोंवडाय... भूंयवर्णना वास्तवांतल्या संवसारा परस कल्पनेंतल्या संवसाराक अदीक लागीं... झाडांचीं, सुकण्यांचीं, वनस्पतींचीं नांवां... कोशांतल्या धाकटुल्या चित्रांच्या आधारान मोठ्या कश्टान तांची वळख करून घेतिल्ली... कितल्याश्या वर्सांनी, केंस धवे जावंक लागिल्ले तेन्ना, जिवितांतलें पयलें 'पॉपलर' झाड पळेल्लें...

आमगेल्या दिसपट्ट्या वेव्हाराची भासूच इश्कोलांतल्या शिक्षणाचें माध्यम आशिल्ली. पूण, ही भास जितलो जितलो हांव अदीक शिकतालों, वाचनांतल्यान तिची चड संवकळ जोडटालों, म्हजे भोंवतणे पसून हांव अदीक पयस पावतालों. अशे तरेन हांव दुसऱ्यांच्या घरांत रावंक लागलों - चडसो अस्वस्थ, अडचल्लो पावणो कसो. हे संवकळींतल्यान एक समांतर संवसार उबो जालो - वळखीचो, पूण काल्पनीक सत्यताय आशिल्लो; लागींचो, पूण खूब पयस आशिल्लो. एक दीस केन्नाय तरी तो होलमतलो म्हूण आतूरतायेन वाट पळोवप, प्रेमिकेक राविल्ले वरी... (५३-६१).

पांच शतमानांचो आमचो इतिहास... *गोंयकार* ("क्रिस्तांव") आनी *कोंकणे* वेगळे जाले तो हो काळ. कोंकण्यांचें जिवीत कोंकणांतल्या हेरांच्या जिविता कडेन जोडिल्लें उरलें, *गोंयकारां*क इतिहासान मुळा सावन बदल्ले. हेरांक तांचीं जीं मुळां कशीं दिसतात तांचे कडेन हांकां जुळोवन घेवंक येना. हो बदल कसो जालो, सोदून काडूंक जाय, समजून घेवंक जाय (६१).

आनी मागीर बरोवपी ह्या बदलाचो थाव घेवपाचो यत्न करता, क्रिस्तांवपणाच्या अणभवांतल्यान, क्रिस्तांवपणाच्या मुळाव्या तत्वाचो सोद घेत, *गोंयकार* कसो घडलो ताचो होलम घेत (६१-६८).

भूंय कांय बदलूंक ना : शेतां, माड, आंब्याचे रूख, दोंगुल्ली - सगलें तश्शें आसा. पळोवन दिसता, हांवूय बी तस्सो आसां - खूब वर्सां फाटीं हांगा भोंवतालो तोच भुरगो... दोंगुल्ली चडटना, शेतांतल्यान चलतना, घोणीच्या संथ उडपांतल्यान, किरकिऱ्याच्या पांखाट्याच्या वेगांतल्यान, तिनसांजच्या वेळा वयल्या कावळ्यांच्या कुलकुलाटांतल्यान भूतकाळ आशिल्लो तस्सो मुखार येवन उबो

रावता. हे भुंयेर म्हाका इश्टागतीची, आपलेपणाची हूनसाण जाणवता; इगर्जेच्या सांगातांत जाणवता तशी. पूण तरी, काळजांत एक विचित्र दूख - हाताक लागूंक नाशिल्ल्या अर्थाची. हे भुंयेचो संदेश म्हाका होलमल्लो, तिचें गुपीत म्हाका कळिल्लें जाल्यार हांव कोण तेंय म्हाका होलमतलें आशिल्लें.

भुंयेचो अर्थ मनशांतूच आसता जावंक जाय - म्हज्यांत, म्हजे इत्शेंत, म्हज्या उद्दिश्टांनी, उमाळ्या-उत्फर्क्यांनी, म्हज्या इतिहासांत... पूण हांवें खंयच्याच इतिहासांत वांटो घेवंक ना. म्हजें खंयचेंच उद्दिश्ट हांवें भुंयेंत रुजोवंक ना. तिचे खंयचेच प्रक्रियेंत हांव मेतेर जावंक ना. तिचे सरीं हांव अपेक्षेन उबो आशिल्लो गवाय कसो, चिंतनांनी गुल्ल. भूंय म्हजे कडेन उलयना, फकत ती म्हाका म्हजोच उगडास करून दिता.

झाडां, तळपां, दोंगुल्ली, दर्या - हातूंत थाकाय आसा, जाप ना. तांचो संवसार वेगळो. ह्या संवसाराचे नेम वेगळे... पयस पयसुल्ल्यान येवपी वारें झाडांक आफुडटा, पूण मुळां मातयेंत रोमून तीं घट्ट उबीं आसात. सुकणीं मळबांत उडपाचो आनंद घेतात. ओग्गी तूं इतलो हुसको करता, तीं म्हाका सांगतात. सगळें सोड आनी आमकां येवन मेळ; इतिहासाक सोडून यो. आमचे वरी. अशक्य न्हय हें.

खरेंच हें अशक्य न्हय? इतिहासा पसून पयस वचूं येता? भूंय, मळब, दर्या, सुकणीं ह्याच संवसारांत म्हज्यान समाधानान जियेवं येता...?

ना... म्हाका आनिकूय कितें तरी जाय. आमी फकत सैमीक संवसारांत जियेनात. भाशेन आमचे भोंवतणी विणिल्ल्या संवसारांत आमी जियेतात. हें आमचें विश्व, आमच्या उमाळ्या-उत्फर्क्यांचें, इत्सा-अपेक्षांचें विश्व (६८-७०).

"पुस्तकांनी आमची वाट लायली..." - जायत्या जाणां कडल्यान आयकत आयलां. म्हळ्यार?... येवजितां तेन्ना दिसता, पुस्तकांनी म्हाका भाशेची वळख घडयली, तिची तांक दाखयली. नांव दिवपाची, खोलायेंत वचपाची, उजवाडांत हाडपाची, निर्मुपाची तांक. हे तांकीचे जाणविकाये वांगडाच आनीक एक जाणविकाय - म्हाका म्हजी भास ना, देखून म्हजो संवसार काळखांतूच उरपाचो आसा, हे गजालीची. एके वेटेन म्हजो *खरेलो* अशीर संवसार, दुसरे वेटेन *कल्पनेंतलो* विस्तीर्ण संवसार. कल्पनेंतलो संवसार खरेल्या संवसाराची शक्यताय न्हय, तर अदमास घेवन होलमल्लो संवसार - पयस खंय तरी आदींच अस्तित्वांत आशिल्लो

संवसार.

मनशाचें अस्तित्व भाशेचेर निंबून आसता. आमच्या अणभवांक भासूच आकार दिता. संवसाराची आमची वळख भाशेंतूच रूप धरता. भाशे बगर आमकां पर्याय ना तसो भायल्या संवसाराकूय ना. नांव दिवपी आमच्या उतरांची ताकाय तितलीच गरज. ह्या नांवां बगर ताकाय अस्तित्व ना - म्हाका होलमल्लें एक सत (७०-७१).

[जी भास म्हजे जिबेर घोळटा ती *म्हज्या संवसारा* क नांव दिना. हाचो अर्थ, म्हज्या संवसाराक म्हजी (म्हजे भाशेची) गरज ना. तशी, ज्या संवसाराक म्हजे जिबे वयली भास नांव दिता, ताकाय म्हजी गरज ना. हांव हांगाय *भायलो,* थंयूय *भायलो* -a kind of absence न्हय हें?

- म्हजी अर्थावणी.]

... उलयन दिसता, पूण उलोवचें कशें? आसात तीं उतरां दुसऱ्याचीं...

ल्हानपणांत भाशेचे सुंदरकायेची वळख जोडपाक वाचिल्लीं पुस्तकां तेन्ना समजूंक नाशिल्लीं. आज समजतात. पूण ह्या पुस्तकांनी आमी खंय...? आमच्या जिविताच्या अंतरंगांत देंवन कोणेंच बरयलेंना. कोणेंच आमच्या भूतकाळाचो, आमच्या इतिहासाचो, थाव घेतलो ना... आजयेच्या आंगणांत बसून अदमास घेतिल्लो संवसार केन्ना उजवाडांत आयलोना... आमचे काणयेची सुरवात हेरांचे काणयेच्या वेरांनी.

हांव म्हजे खातिरूच एक प्रस्न जालां...

देखून, बरोवंक जाय... भितल्लो बोवाळ थारावन निमाणें शांतताय जोडपा खातीर, घडये, एक गीत वा हांसो मेळोवपा खातीर. बरोवंक जाय... ध्यान केल्ले वरी - मन रितें करून नवे जाणविकायेक सुवात करून दिल्ले वरी (७३-७६).

[*A Kind of Absence*ची आध्यात्मीक बसका म्हाका होलमता : Writing as meditation, not as pre-meditation. आनी रॉलाँ बार्थाच्या उतरांची याद : "Writing begins at the point where speech becomes *impossible*" ("Writers, Intellectuals, Teachers" 378).]

''मीस पोर्तुगेजींत जाता तेन्ना हांव अदीक कातॉल्क आसतां,'' बरोवप्याचो इश्ट ताका सांगता. ''इगर्जेची, जिविताची आनी धर्माची संकल्पना उकतावंक

थळावी भास उणी पडटा.''

''धर्मीक विधींनी आतां आदली गंभीरताय उरूंक ना... पोर्तुगेजींत जावपी मिसां वेगळींच आसतालीं. तांकां वेगळोच अर्थूय सो आसतालो,'' कोण कोण सांगतात (७७-७८).

गोंयचीं सांस्कृतीक, सामाजीक गणितां बदल्ल्यांत - आदलें गोंय पोर्तुगेजांनी तीन भोवसंख्य समाजां पसून सुरक्षीत दवरिल्लें - एक, हिंदू समाज. दोन, एका काळा वयलो गोंयचो चिड्डल्लो समाज. आनी तीन, गोंयचे गिरेस्तकायेचो फायदो घेवंक वाट पळेत राविल्लो घांटा पेल्यानचो लोक. आयज ह्या तिनांच्योय कुरवो गोंयचेर स्पश्ट जाणवतात.

क्रिस्तांव धर्मूय नवें रूप धरूंक लागला... एका काळार दर्यावेळेर थळावे नुस्तेकार मिनीन जेजूची मूर्त पुजताले. आयज तेच सुवातेर नव्या नुस्तेकारांनी हाडून दवरिल्ली वालंकिणी सायबिणीची मूर्त पळोवंक मेळटा.

सगळें बदल्लां... (७९-८२).

हे भुंये पसून, तिच्या सादां पसून, इतिहासान आमकां तोडल्यांत आसतलीं काय? आमगेल्या जाणटेल्यांचे थळावे देव - भुमिका, रवळनाथ, नागोबा... ग्रामदेव - सगळे सदां म्हजे भोंवतणी आशिल्ले. पूण ते म्हाका देव कशे केन्ना दिसले नात. देखुनूच ही भूंय म्हाका मोनी दिसना मूं? (८२-८४).

म्हजे जाणटेले घडये शिवभक्त आशिल्ले. भुरगेपणांत ह्या विचित्र देवा विशीं म्हज्या मनांत कितलो भंय आशिल्लो...!

शेंकड्यांचें अंतर हुपून जाणटेल्यांच्या संवसारांत रिगल्यार हे भुंयेचें गुपीत म्हाका होलमत व्हय? घडये ना, होलमुचें ना. आमचीं जाणटेलींय आमचे वरीच आशिल्लीं. जिवितांत बुडिल्लीं. तांचेच कडेन कितल्याश्या प्रस्नांच्यो जापो नाशिल्ल्यो.

हांव मातयेचो पवित्र वास - कृष्णान खंय तरी म्हळां. सुके भुंयेर पावसाची दडक झड्डून वता तेन्ना मातयेच्या वासान जीव भरून वता. म्हाका घडिल्ली ही कृष्णाची भेट न्हय मूं? गुलमोहराचो तांबडोगुंज भार; हळडुव्या, जांबळ्या फुलांचो मोहर - होवूय बी कृष्णूच न्हय मूं? आनी, गोंयच्या खाशेल्या वसंत रुतूची सुलूस - काजूच्या, आंब्याच्या नमळ रंगांच्या चंवरांच्या परमळांतल्यान नाकांत रिगपी... कृष्णाक हांव मेळ्ळां आनी म्हाका तें कळुंकूय ना काय? (८४-८७).

पूण, फकत रुतूं वरवींच भुंयेची इश्टागत जोडूं नजऽ. भूंय देश जावंक जाय.

भुंयेक देश करूंक देव वा इतिहास उणे पडटात आसत जाल्यारूय, ज्या हातांनी देशाक आकार रूप दिलें, शेतांनी बांद घाले, कावथे रोयले, तळीं बांदून किरकिऱ्यांक आनी साळकांक आपोवणें दिलें, ज्या पांयांनी वाटो घडयल्यो, तांच्यो कुरवो आनी यादी ताचे भितर आसूंक जाय.

हांव हांगा येतकच जी भूंय म्हाका मायेन तिच्या गोपांत घेता ती म्हज्या भुरगेपणांतली भूंय : देखीक, नाल्लांचो पाडो चलतालो तेन्ना हेर भुरग्यां वांगडा पिटकोळेच्या फुलांच्या आनी पिटकोळांच्या सोदाचे रुचीची जिबेर कुरू सोडिल्ली भूंय...

ह्या रानफुलांचीं, रानफळांचीं नांवां इंग्लीश भाशेच्या राज्यांत भितर सरूंक अनमनतात. नादांच्या आनी लिपयेच्या कुरवांच्या ह्या संवसारांत तांकां रीग ना. हे भाशेचो फुलां फळांचो संवसारूय वेगळो.

आमी ल्हवू आमचे भाशेंतल्यान कुशीक सरलीं. पूण आमच्या जिवितांत कितल्योश्यो गजाली अश्यो उरल्यो, जांचे खातीर आमी आपणायल्ले भाशेंत नांवां नाशिल्लीं. आमचें जिवीत अपारदर्शी जालें... हें आमचें दुःख. काण्णां, पिटकोळां, गुंज्यो, चुन्नां, हे सारकेलीं कितलींशीं नांवां उच्चारी नासतना आमी जियेलीं हें सत मान्य कशें करप? आमचे जिबेर घोळपी खंयचेय भाशेंत 'इटालिक्सां'ची गरज लागऽ नासतना ह्या उतरांक नागरिकत्व मेळूं नजऽ?... ते परस मोनेळ बरो. भारतीय तरा. अस्तंती (उतरां) संवसाराचो दुबावाचो उजवाड एके वेटेन, मोनेळाचो परिपूर्ण काळोख दुसरे वेटेन; जियेल्लो संवसार एके वेटेन, जिबेर उकतो जाल्लो संवसार दुसरे वेटेन; असीम एके वेटेन, स्पश्ट आंखिल्लें दुसरे वेटेन; अणभविल्लें एके वेटेन, उकतें केल्लें दुसरे वेटेन... (८७-८९).

ही भोंवडी हेर भोंवड्यां परस वेगळी आशिल्ली... तो आपणालें जिवीत पुंजावंक भायर सरिल्लो. वांगडा ताचो इतिहासूय (८९).

परततना तो लिज्बोआक थारलो. ताच्या तरणेपणांतल्या शाराचो सोद घेवंक... हांगाय बी तीच जाणविकाय - सगलें वळखीचें, तरी पयसुल्लें... हें म्हजें हकाचें शार न्हय.

कोण तरी ताका 'फादु' आयकूंक आल्फामा घेवन गेलो. मांड्याक आमी सदां फादाचे पंगतीक बसयत आयल्यांत. पूण दोनांय भितर कितलें वेगळेपण! मांड्यांत एके व्यक्तीचें दुःख वा एकसूरपणाची खंत. फादांत मनशाच्या अस्तित्वाच्या मुळाकूच आशिल्ल्या रासवळ दुःखाचो सुवाळो.

पोर्तुगालचो दर्यो आनी भारतांतलो - गोंयचो - दर्यो हातुंतूय वेगळेपण. पोर्तुगालांत दर्यो एक उलो, भायर सरपाचो, पयसुल्ल्याचो सोद घेवपाचो. भारतांत दर्यो निशिद्‌ध, भंयाचो. ह्या दोनूय दर्यां मदली शीम आमी गोंयकारांनी अदींमदीं सांसपून पळेली - परदेशांत राबितो केल्ल्या आमच्या भावांनी, आमच्या तारवट्यांनी. पूण हाचे फाटली प्रेरणा साहस आशिल्ली, काय गरज?

दोन वेगळ्या संवसारांनी जियेतात आमी. तुळाच करूं नजऽ.

पोर्तुगाल! फातिमा, साग्रश, रेश्तेल... तो सगल्याक भोंवता. भुरग्यांचे जिबे वयली नितळ-निवळ ओडलायणी पोर्तुगेज भास आयकता. एका काळार ही भास ताचें घर आशिल्ली... (९०-९२).

...केन्नाय तरी आमकां येवरोपाक सामकारा वचचें पडपाचेंच. पोर्तुगेजां कडल्यान ही वळख घडली तें बरेंच जालें म्हणपाचें. नाजाल्यार स्पॅनीश लोकांक पळे, थळाव्यांक तांणी सामके काबार करून उडयले. डच... तांणी राज्य केलें थंय थळाव्यांक धवे कातीच्या मनशा मुखार दिमी मारची पडटाली... ब्रिटीश आत्मसंतुश्ट, वंशदुस्वाशी, फकत आपणालो फायदो पळोवपी. फ्रेंच लोकांक तर आपणा भायर केन्ना पळोवंक आयलें ना. आमी सगले पिंगश्या केसांच्या, निळ्या दोळ्यांच्या गॉलांचे वंशज म्हूण तांणी आफ्रिकी भुरग्यांक शिकयल्लें...

पोर्तुगेजांनी असलें कांय केलेंना.

आमचें इतिहासाचें पुस्तक खंयच्याय काणयांच्या पुस्तका वरी आसलें. तांतल्या पात्रांचें आमचे कडेन नातें आसा अशें केन्ना कोणें म्हळें ना. आमचें नातें कोणा कडेन आसा तेंय आमकां सांगलें ना. हाका लागून, आमची सुवात खंय तें कळप कठीण जालें. जेजूची सुवात खंयची तेंय समजप कठीण जालें. पूण जेजू वेगळो आशिल्लो... आमी कुडक्या कुडक्यांच्या अनिश्चीत संवसारांत जियेवंक लागलीं. ह्या कुडक्यांच्यो कपयो गांठावन आमी आमचें घर घडयल्लें. तें आमकां आमचें दिसूंक लागलें. हें घर कोंसळ्ळें तेन्ना आमच्या लक्षांत आयलें, आमचे खातीर दुसरो तयार संवसार ना.

हय, एका काळार पोर्तुगाल निकती जाग आयिल्ल्या येवरोपाचे दोळे आशिल्लें. संवसारीक वेपाराचो मार्ग पयलो पोर्तुगालानूच येवरोपाक दाखयल्लो. येवरोप सारकें जागें जालें तेन्ना पोर्तुगालाक ताणें कुशीक काडलें. पोर्तुगेजां परस अदीक येवरोपी, अदीक आर्विल्ले आशिल्ल्या डच आनी ब्रिटीशांनी आर्विल्ल्या युगाच्या इतिहासाचेर आपली चड प्रभावी कुरू सोडली. पूण ह्या युगाची बुन्याद पोर्तुगेजांनी घाली.

ह्या काळार भारताचें स्वरूप कितें आशिल्लें? अस्पश्ट शिमांचो देश कशी एक भूंय. सोंपून सोंपना अशें एक केस्तांव कशें... भायल्यांचे नदरेन - जंयच्यान मुसलमान सुमारा भायर संपत्त जोडटाले आनी क्रिस्तांवांची वान्सा जागयताले ती भूंय.

क्रिस्तांव आनी मसाले जोडपाच्या हेतान पोर्तुगेज हांगा पावले, आमचो एक बरोवपी सांगता. उदेंत आनी अस्तंतेचे हे गांठी-भेटींत आमी जल्मा आयले. म्हजे काणयेची ही सुरवात.

पोर्तुगेजांचे हे जिखे फाटल्यान दोन प्रेरणा आशिल्ल्यो. एक तांच्या इतिहासांतल्यान आयिल्ली - झुजाचो मोग, इस्लामाचो तिरस्कार, आनी कांय प्रमाणांत ह्याच झुजारी धर्मांतल्यान आयिल्ली, खोल स्रद्धा, धर्मनिष्ठा, राजनिष्ठा. दुसरी प्रेरणा आर्विल्ली म्हणूं येत अशी - दुसरे भुंयेर आशिल्ले संपत्तीची भूक, आनी हिका सैनिकी आनी वेपारी कुशळकायेची जोड.

हे उपरांत जें घडलें ताका येवरोपी संस्कृतायेचो विस्तार म्हणूं नजऽ. पूण हे काणये कडेन आमचो संबंद सगल्यांत पयलीं आयलो. सत्ता हातासपाची काणी. हे काणयेंत जिखिल्ल्यांचे कुडीचेर आनी तांचे संपत्तीचेर शेक गाजोवन जिखप्यांची इत्सा भागलिना, जिखिल्ल्यांच्या मनाकूय ते नवें रूप दिवंक भायर सरले, ताची शीम आंखूंक लागले.

ह्या वावराची बुन्याद पोर्तुगेजांनी घाली, घडये तांचे कडल्यान नकळटना ती पडली (९३-१००).

विद्यापिठाच्या आरोग्य केंद्रांत खूब वर्सां फाटीं जाल्ल्या एका संवादाची याद जाली.

"म्हजें कितें तरी घुसपलां. ह्या दुयेंसाक नांव दिवचेंच जाल्यार हांव ताका marginality म्हणीन..." हांवें सांगिल्लें.

"म्हळ्यार? Marginalityचो अर्थ...?"

सांगूंक कठीण... हांव कोणाचोच आनी खंयचोच न्हय, ही भावना. सतत एक अनिश्चीतताय - हांव आसूंक जाय आशिल्लों थंयच आसां मूं, दुसरे कडेन आसूंक फावऽ नाशिल्लों मूं? सगल्याक हांव एक आगंतूक, एक संधीसाधू कसो... ह्या देशांत येवप म्हूण हांवें थारावंक नाशिल्लें. पूण हांगा पावतकच एक एक निमित्त काडून हांगच्यान परतप हांव मुखार धुकलीत रावलों. हीं निमित्तां, हाची म्हाका सदां जाणविकाय आशिल्ली. तातूंतल्या फटकिरेपणाचो आज म्हाका

त्रास जाता... म्हज्यान घरा वचूं नजऽ. खरें म्हळ्यार, म्हाका घर ना... हांव जंय आसां थंयूय म्हज्यान रावं नजऽ, आनी जंयच्यान आयलां थंय परतूंय नजऽ...

हो म्हजो देश न्हय... ह्या देशाच्या मानसांत, ताच्या मुल्यांनी भितर सरूंक म्हाका त्रास जातात. ह्या देशाच्यो मोखी म्हज्यो मोखी न्हय. ताचे विनोद, खेळ, ताचीं मिथकां म्हाका समजनात. हांगच्या कांय गजालींचो म्हाका सामको भंय दिसता. पूण तरी, हांव हांगाच रावलां...

इतलीं वर्सां हांगा रावनूय अजून म्हाका हांव भायलो कसो दिसतां. लोक म्हाका भायलो लेखिनात, म्हाकाच तशें दिसता... हांव ज्या देशांतलो, थंयूय म्हाका अशेंच दिसता. म्हज्या देशांत हांव फकत भायल्या संवसारांत वावुरतां : भूंय, शारां आनी गांव, यादस्तिकां, दुकानां, गर्दी, भिकारी... ह्या भायल्या संवसारा कडेन सुसंगत असो मानसीक संवसार म्हजे भितर ना. हांगाय तशेंच. भाशेचीं उतरां फकत मूळ - सांकल्पनीक (denotative) - अर्थान वापरिल्ले वरी हें; उतरांचो त्या त्या समाजांत जल्मा आयिल्लो विस्तारीत - गुणव्यंजक (connotative) - अर्थ भायरायल्लो, खोलाय नाशिल्लो, यादी नाशिल्लो, तिसरें परिमाण नाशिल्लो संवसार.

सदांच कितें तरी फाल्त आशिल्ल्याची जाणविकाय. देखून absence, केन्ना केन्ना कॅपिटल A सयत (Absence). जें ना तें यत्नांनी मेळोवं येता अशेंय न्हय. म्हजे घडणेंतूच हें absence आसा. हांव तें समजून घेवंक सोदतां. म्हुण्णूच ही काणी. हे काणयेंतल्यान म्हजें म्हजे कडलें, लोकां कडलें, वस्तूं कडलें, संवसारा कडलें नातें स्पश्ट जावपाची आस्त... (१००-१०३).

आनी, ह्या कथनांत निमाणे कडेन येता गोंयच्या एका इतिहासाची, एके अस्मितायेची विसकटावणी, एके नदरेन अर्थावणीय -

मसाल्याच्या वेपारांतल्यान मुसलमानांक पुरायेन भायरावन वेपाराचीं सगलीं सुत्रां आपणाल्या हातांत घेवपाचें पोर्तुगेजांनी थारायलें. पोर्तुगेजांच्या ध्येय-धोरणां कडेन पुरायेन एकरूप जाल्लो देशी समाज निर्मुनूच हें सादूं येतलें अशें आल्बुकेर्काक दिसतालें. असो समाज घडोवंक ताणें तीन माण्ण्यो केल्यो -

१. मुसलमान दादल्यांक मारून उडोवन तांगेल्या गोऱ्या रंगाच्या बायलांक बावतिज्म दिवन तांचीं आपले वांगडा आयिल्ल्या आनी हे नवे भुंयेर रावंक तयार आशिल्ल्या देस-भावां कडेन लग्नां करून दिलीं.

२. जिखिल्ल्यांचें ख्रिस्तीकरण - हाका आल्बुकेर्काचें धोरण म्हणूंक येवचें

ना. इस्लाम असोच चलत आयिल्लो. पापसायबाचीय हीच इत्सा आशिल्ली, आनी राजाक ताणें तशी मेकळिकूय दिल्ली. जेजूची शिकवण पटोवन, वा मारून धपकावन, लोकांक ख्रिस्ती करूंक नाशिल्ले. ख्रिस्ती जावपा भायर लोकां मुखार दुसरो पर्यायूच दवरूंक नाशिल्लो.

३. पोर्तुगेजीकरण - हेंय इगर्जेच्या माध्यमांतल्यान चलतालें. ख्रिस्तीकरण जालें तितल्या वेगान पोर्तुगेजीकरण जावंक पावलेंना. मिशनरींच्यान थळावी जाती-वेवस्था कडसरावंक जालिना. हे वेवस्थेंत वयर आशिल्लेच पोर्तुगेज भास आनी संस्कृताय आपणावंक पावले.

कांय दसकां भितर नवो धर्म घेतिल्ल्या बामणां मदले, फकत बामणां मदले, कितलेशे जाण पाद्री जाले. नवे संस्कृतायेचे पसवणेक खांद मारपी थळाव्यां मदले ते पयले आशिल्ले. इगर्जेचे संस्कृतायेन स्थापन केल्ले वेवस्थे आड बंड करप्यां मदींय पाद्रीच पयले आशिल्ले. तांकां समानताय जाय आशिल्ली. नवे संस्कृताये कडल्यान घेतिल्लें एक तत्व म्हूण न्हय, तर आदल्या, पुर्वजांच्या व्यक्तिमत्वाच्या एका घटकाचो - जातीचो - हक म्हूण.

गोंयच्या इतिहासांत जातीची भुमिका विसरूंक जावचिना. हांगा जात आनी बंड हातांत हात घालून चलिल्लीं पळोवंक मेळटात. थळाव्या, वयले जातीच्या, लोकांनी सत्ता गाजोवपी येवरोपेवां आड बंड केलां, तशें चिड्डल्ल्या समाजान भाटकारां आड बंड केलां (१०४-०८).

क्रिस्तांव धर्म आपणायलोना जाल्यार भाटां-बेसां वतलीं म्हूण आमगेले जाणटेले क्रिस्तांव जाले काय...?

आमगेल्या ह्या इतिहासीक अणभवाचेर उजवाड घालपी बरपावळूच ना. सोल्दादांनी आनी मिशनरींनी बरयल्ले इतिहास वाचून आमगेल्या जाणटेल्यांच्या अंतरंगांत देंवपाची इत्सा जायना. त्या वेळार तांकां कितें जालां आसतलें? कितें येवजून ते निमाणे शरण आयले आसतले? मिशनरींच्या बरपांतल्यान हाचो थाव घेवंक येना (१०८-०९).

पोरणावळशास्त्राच्या संग्रहालयांत पाविल्ल्या कामाँयशाच्या पुतळ्या खाला ताचीं उतरां -Pátria pelo mundo em pedaços repartida - ''आमची मायभूंय संवसारभर पातळ्ळ्या. वेगळ्या वेगळ्या कुडक्यांनी''... ह्या 'कुडक्यां'तल्या लोकांक पोर्तुगाल पोर्तुगेज लेखतालें?

पोर्तुगेजांचो धर्म आनी संस्कृताय आपणायतल्यांक समान हक दिवचे अशें तांचें सुरवेचें धोरण आसलें. पूण समानतायेचें हें धोरण चड काळ तगलेंना.

आनी, गोंयच्या लोकांक पोर्तुगाला विशीं कितें दिसतालें? कांय जाणांक कांय काळ दिसलें, तांचे पयसुल्ले, मोगाचे मायभुंयेचोच हो एक कुडको. हेरांक असलें कांय दिसलेंना. ते आपणाले भुंयेर, आपणाल्या देशांत जियेताले. पोर्तुगेजां कडल्या संबंदाचो तांकां कांय त्रास जाय नाशिल्लो. आपणाले हक आनी वेगळेपण सुरक्षीत उरचें इतलेंच तांकां दिसतालें. राजकारणा पसून पयस आशिल्ल्या भोवसंख्यांकां खातीर पोर्तुगाल फकत एक वस्तुस्थिती आशिल्ली. पोर्तुगेज वतकच हांतल्या कांय जाणांनी म्हणचें, ''आमकां बरे करताले ते...'' घाटा पलतडचें वारें जांकां आफडूंक पाविल्लें तांकां पोर्तुगेजांची तिडक आशिल्ली... पोर्तुगेजां कडेन पळोवपाची आमची नदर एकूच केन्ना नाशिल्ली. निमाणें, भारतीय लश्करान पोर्तुगेजांक धांवडावन घाले आनी ते सुवातेर हयन्हयश्या ब्रिटीश अस्तित्वाची स्थापणूक केली.

आल्बुकेर्काचें सपन पुराय जालेंच ना. तरी पोर्तुगेज साम्राज्याच्या ह्या कुडक्या वयली पकड पोर्तुगालान सोडलिना. कांय तेंपान ताचीं सुत्रां शेजाऱ्यांच्या हातांत गेलीं. पोर्तुगेज भूतकाळाच्या सुखदिण्या उगडासांच्या गोपांत रिगले (१११-१५).

जाचें आमकां पुरायेन आकलन जालेंना, जें आमकां आत्मसात करूंक आयलेंना ताचें आमी अनुकरण केलें. लोक आनी विचार खूब पयसुल्ल्यान आमचे म्हऱ्यांत आयिल्ले. आमची नदर हें अंतर भेदूंक पावलिना. भोव थोडे ह्या धुक्यांत रिगून भायर येवंक पावले. तांच्या कुटुंबांचेर हाचो प्रभाव पडलो, पूण मायभुंयेचेर पडलोना. हांकां दुसऱ्या संवसारान आपणायले. ते आपणाक, आनी कांय भायलेय तांकां, गोंय लेखूंक लागले. जांचें पुरायेन पोर्तुगेजीकरण जाल्लें असो गोंयच्या समाजाचो एक पातळ थर म्हळ्यार गोंय अशें एक समीकरण तयार जालें. जाचें पोर्तुगेजीकरण जावंक नाशिल्लें तो क्रिस्तांव भौस पोटा खातीर ब्रिटीश भारतांत, आफ्रिकेक बी पावलो. पोटाची भास म्हूण हो गोंयकार इंग्लीश शिकलो, पूण ताणें आपलें गोंयकारपण सदां सांबाळ्ळें. गोंया भायर गेल्ल्या गोंयकारांतल्यान गोंयकारांची एक नवी पत मुखार आयली. आदले पतीच्या गोंयकारा परस हे पतीचो गोंयकार गोंयचो चड बरो प्रतिनिधी आशिल्लो.

१९६१ उपरांत पोर्तुगेज प्रशासना कडेन लागींचो संबंद आयिल्ले गोंयकार

पोर्तुगालाक गेले. थंय पावतकच जायत्या जाणांक होलमलें, फकत पोर्तुगेज नागरीकत्व आसा म्हूण मायभुंयेचेर आपशीं हक मेळना. ह्या नागरीकत्वाक लागून पोर्तुगेज समाज तांकां फकत सोंसून घेता, सोयऱ्यांक सोंसून घेवचे, ते भाशेन.

कांय गोंयकार अमेरिके सारकेल्या देशांनी पावले. जांचे फाटीर इतिहासाचें वजें ना, जे फकत फुडाराचेर नदर लावन आसात अशें तांकां दिशिल्लें, असल्या देशांनी. थंयूय 'melting pot'च्या मिथकाच्यो शिमो तांकां जाणवल्यो. कातीच्या रंगाक लागून हांगाय बी तांकां खंयच्या तरी अल्पसंख्यांकांचो वांटो जावन रावचें पडलें.

गोंयांत उरल्यात तांकां इंग्रजाळिल्ल्या हिंदू मध्यमवर्गियां वांगडा वावरप व्हडलेंशें कठीण दिसना. राजकी मळार मर्दी मर्दी धर्म तकली वयर काडटा, पूण ही परिस्थिती इल्ली इल्ली बदलतली अशी आस्त तांकां आसा. तांच्या कार्यक्षेत्राचोय विस्तार जाला (११५-१७).

१९५३तले कुंकळ्ळेचे घडणुके उपरांत पोर्तुगेजांनी आपणाल्या काबिजादीं वयली पकड घट केली. हट्टी, विद्रोही गांवांक निटायेर हाडले. तांचे कडली जमीन आपणाले ताबींत घेतली आनी गांवच्यो स्वायत्त संस्था चिड्डून उडयल्यो. ते आदींच देवळां भूंयभरवण केल्लीं, आनी देवांक घेवन तांचे बामण राखणदार गांव सोडून गेल्ले.

इतिहासाक फांटे फुटले. एके वटेन *गोंयकार* घडूंक लागलो, दुसऱ्या अर्दान कोंकणाचो वांटो आशिल्लो *कोंकणो* कुशीक कुशीक कसो जियेवंक लागलो. कसो जियेतालो काय हो कोंकणो? कितें करतालो काय? ताचे देव सगले शिमे भायर पाविल्ले... नवो धर्म घेतिल्ल्या तागेल्याच सोयऱ्यां इश्टां कडेन तो कसो चलतालो काय? हेय विशीं सामान्यतायेन कांय वाचूंक मेळना.

...इल्लें इल्लें करून गांवचें संघटण सदळ जाता. *गांवकारी* भंगता. *भाटकार* वयर सरूंक लागता. क्रिस्तांव सरकारी यंत्रणेचो वांटो जावंक लागता. हिंदू भारता पसून आपणाली वैचारीक आनी आध्यात्मीक भूक भागोवंक लागता. मुखार, भोंवतणचे कांय वाटारूय ह्या काबिजादींनी आसपावतात. परिणाम : प्रांताचो क्रिस्तांव रंग पातळ जाता.

शारां आनी पॅरीश हांचे भोंवतणी जिविताची नवी मांडावळ उबी जाता. शारां - सत्तेचीं नवीं केंद्रां. भोंवडेकारांल्या बरपांनी जांचो उल्लेख येता ते, चाल-चलणुकेन पोर्तुगेजां वरी जाल्ले थळावे कोण आशिल्ले काय? हे खंय

घोड्यांर बसून भोंवताले, पूण येवरोपेवांची सायबाजात्रा करताले; पोर्तुगेज तांकां कुशीक सरूक सांगताले, तरी खंय हे तांकां सलाम मारताले (११७-१९).

गांवगिऱ्या वाटारांनी पॅरिशा भोंवतणी गुंथिल्लें जिवीत. पॅरिशाच्यो आनी गांवकारीच्यो शिमो चडश्यो सारक्यो. गांवकारी स्वतंत्र, पूण राज्यसत्तेच्या नव्या मागण्यांक लागून इल्ली इल्ली प्रभावहीन जायत गेल्ली. पॅरीश - इगर्ज आनी पाद्र विगारान निर्मिल्ली नवी सुवात. हिंदू देवळाचो भट आनी पाद्र विगार हांच्या कार्यांतूय खूब वेगळेपण. पाद्र विगार मध्यस्त, मार्गदर्शक तसो शिक्षकूय. नव्या धर्मविचाराची, नव्या चाली-रितींची पसवण ताचे नदरे खाला चलता.

जातींच्या न्यायालयांचो प्रभाव ना जाला, पूण जातींच्या नेमांचो प्रभाव तस्सो आसा. जेवणा-खाणा वेले निर्बंध मात काडून उडयल्यात.

नवो भुगोल, नवी इकॉलजी. हिंदूंचें देवूळ वाटारांतल्या पुराय हिंदू समाजाची पवित्र सुवात न्हय. देवाक भक्तांनी भेटयल्लें तें घर. भक्तूय एका कुटुंबांतले वा अमकेच एके जातीचे. पॅरिशाची इगर्ज देवाच्या मनशांचें घर - देव आनी मनीस मेळपाची सुवात. मनशां भितर रगताचें वा दुसरें कसलेंय नातें आसपाची गरज ना. एक नवें नातें जोडपाचें आपोवणें इगर्जेन दिल्लें. पूण हें नवें नातें मूळ धरूंक पावलें व्हय?

इगर्जेच्या दिसपट्ट्या कार्यावळींचें खाशेलें वेवस्थापन. राखण्याचे बांसरेचो कळपांतल्या मेंढरांचेर आसचो तसो भावार्त्यांचेर इगर्जेचे घांटीचो प्रभाव.

गोंयच्या रुपांतूय बदल : जळींमळीं धव्योफुल्ल इगर्जो आनी कपेलां... दोंगुल्ल्यांच्या तेंगश्यांचेर, रस्त्याच्या कुशींनी... भुंयेन बावतिज्म घेतिल्ले वरी.

एक नवी संस्कृताय मूळ धरूंक लागता. शुद्‌ध थळावी संस्कृताय. भूंय आनी तिची मालकी, इगर्जेचें गुपीत आनी घरची ओड हे फास्केंत बसोवं येत अशी. गोंया भायर वतना तुजे वांगडा कवळून घेवन व्हरूंक येना अशी संस्कृताय. एकुणिसाव्या शतमानांत हे संस्कृतायेक एक आगळेंच तेज, आगळीच सुंदरकाय... आमच्या जाणटेल्यांच्या काणयांक लागून ह्या रंगांनी आमचें भुरगेपणूय फुलिल्लें...

आमचें एकुणिसावें शतमान कॅलँडरा वयल्या एकुणिसाव्या शतमाना आदींच सुरू जाल्लें आनी विसाव्या शतमानांतूय पाविल्लें. अठराव्या शतमानाच्या मध्याक आयिल्लें मार्कीश द पोंबालाचें सरकार ते सालाझाराचे हुकूमशायेची स्थापणूक - ह्या काळांत गोंयचे संस्कृतायेची संकल्पना विकसीत जाली. पोर्तुगालाचे आनी भारताचेय संस्कृताये परस वेगळी आशिल्ली गोंयची संस्कृताय. गोंयच्या धुवां पुतांची निर्मणी. पात्रता आशिल्ल्या थळाव्यांक वेगळ्या वेगळ्या धर्मीक आनी हेर

पदांचेर मुजरत घेवपाच्या पोंबालाच्या धोरणान थळावी परिस्थिती व्हडलिशी बदल्ली ना, तरी ताका लागून थळाव्यां भितल्ल्या वयल्या वर्गांतल्या लोकांचे पडसाद रासवळ मळार जाणवूंक लागले. पीन्त, फारीय, १७८७तलो कूट, प्रतिनिधीक सरकाराचो थोडो-भोव अणभव, आनी मुखावेल्या शतमानांत केल्ली राजकी आनी साहित्यीक पत्रकारिता, हाका लागून तांचे भितर एक तरेची जागृताय आयली.

गोंयकारपणाची एके तरेची कल्पना तयार जाली. समिक्षकांचे नदरेन हो येवरोप-विरोधी देशीवाद आशिल्लो. पूण तातूंत पोर्तुगालाचे सत्तेचो विरोध नाशिल्लो. दुस्मानकाय आशिल्ली फकत आदल्या लश्करी वर्गाच्या वंशजां कडेन.

हे संस्कृतायेंत व्यंग नाशिल्लें अशेंय न्हय (११९-२२).

आजयेगेर म्हज्या कानार ह्यो सगल्यो गजाली पडटाल्यो. हो म्हजो संवसार आशिल्लो. होच संवसार म्हाका फाल्त जातालो (१२२).

नीजभुंयेक पयसावल्ल्याची भावना - sense of exile - आर्विल्ल्या युगाचो स्थायीभाव. गोंयकारांनी हो अणभव सगल्यांत पयलीं घेतला जावंक जाय. परक्या देशांनी रावतल्या गोंयकारांनीच न्हय, गोंय सोडून वचचे पयलींय कांय जाणांक हो अणभव आयला आसूं येता. पुरायेन जियेवपाची ओड, आनी वांगडाच, हे तरेन जियेवपाचे अशक्यतायेचे जाणविकायेचो अणभव... खंयचेच भुंयेंत आपणालीं मुळां नात हें दुःख, ही शेणिल्ल्याची भावना पोरणी काय नवी - हालींची? अमेरिकेक वा अमेरिके सारकेल्या हेर देशांनी येवन राविल्लो लोक सगलोच आमचे सारकोय न्हय...

गोंयकारूय सगले एकेच तरेचे न्हय. ज्या इतिहासान आमकां घडयल्यात ताणें वेगळ्या वेगळ्या पंगडांचेर वेगळे वेगळे तरेन प्रभाव घाला. घडये, फकत भुगोलीक आनी जीवशास्त्राच्या नदरांनीच आमी सगले एक (१२५-२६).

आमी मुळां बगर जियेवंक शिकूंक जाय. मुळां बदला आमकां क्षितिजां आसात. भारतीय भुंयेंत आमचीं मुळां नात. तशीं तीं आसूंय नजऽ. हे भुंये कडलो आमचो संबंद तुटला. भारत आमच्या क्षितिजाचें आर्क. इतिहासानूच आमकां इतले पयस पावयल्यात. ह्या इतिहासांत आमी आलायते पावणे कशे, वा ताचे बळी कशे. देखून आमची नदर हो इतिहास सुरू जावचे पयलींच्या भारताक

सोदता. ज्या भारता कडेन आमी नातें जोडूं येता ताची घडपाची प्रक्रिया अजून चालू आसा. फुडाराचो नवो भारत घडपाचे हे प्रक्रियेंत आमीय वांटेकार जावं येता... (१२६).

एक भोवच सुंदर पुस्तक हें. विशयाचे आनी काळजाचेय खोलायेंत देंवन प्रामाणीकपणान बरयल्लें. ध्यानमग्न जावन बरयल्ले वरी. ध्यानमग्न जावनूच वाचपा सारकें.

संथ व्हांवपी न्हंयचे गती वरी कथन. कथनांत केन्ना *हांव,* केन्ना *तूं,* केन्ना *तो.* हे *तूं, तो हांवू* च? - वाचप्याच्या मनांत प्रस्न, आनी जाप - आसुये, नासुयेय. आनी, एक सुलूस - हें निखटें निवेदन न्हय, हातूंत एक अखंड व्हांवपी कवितेची झर आसा, कवितेक सोबऽ सारकी प्रतिकां आनी प्रतिमांची भरींव भासूय आसा. भरींव भास, पूण सादें सरळ कथन. खंयच्याय वाचप्याक येवकार दिवपी. आत्मकथन, फॅक्ट, फिक्शन, सिद्धांत, निवेदन - सगल्याक आसपावन घेवपी एक अर्थावणी ही. हे अर्थावणेंत सोस्यूर मेळूं येता. बाख्तीन जाणवूं येता. फॅननूय दिसूं येता. हांकां आनी म्हाका वळख नाशिल्ल्या आनीक कोणा कोणाक पचयल्ल्या बरोवप्याचें लिखाण हें. देखून, न्हंयचे संथ गतीनूच, उचंबळ जायनासतना वाचपाचें.

ही बरोवप्याची काणी तशी गोंयचीय काणी. *आदीं* सावन सुरू करून *आतां* मेरेन सांगिल्ली न्हय, वा *आतां*च्यान सुरू करून *आदीं* सरीं पावयल्लीय न्हय. हे काणयेंत बरोवपी आनी गोंय एकामेकांत भरसल्यांत, तशीं *आदीं* आनी *आतां*य भरसल्यांत.

एकाच गोंयांत कितलींशीं गोंयां. तांतल्या एका गोंयाच्या अंतरंगांत हें पुस्तक देंवता आनी ताची घडण सांसपून पळेता. व्यक्ती म्हूण बरोवप्याक पडिल्ल्या कांय जापांचो हो सोद. सगल्यांत म्हत्वाची गजाल म्हळ्यार, ह्या सोदांत कोणाचेच विशीं आनी कित्याचेच विशीं इल्लीय कोडसाण ना. एके तरेच्या 'गाळपा' उपरांत आयिल्ले जाणविकायेचें निवेदन हें. हे जाणविकायेंत बरोवप्याक घडिल्लो भाशेचे तांकीचो सुंदर दिश्टावो. भास आनी अस्मिताय, भास आनी मुळां हांचें नातें, तेंय बी गोंयच्या संदर्भांत, समजून घेवंक आंवडेतल्यांनी हें पुस्तक वाचुंकूच जाय.

गोंयची अस्मिताय पुस्तकाचे सुरवेच्या उतरांनी अ. ना. म्हांबरो बरयतात, "शेंकड्यांनी वर्सां एकठांय रावनूय गोंयकार हिंदू आनी क्रिस्तांव एकामेकांक सारके वळखूंक पावल्यात अशें म्हाका दिसना" (६). *A Kind of*

Absence एक आपोवणें, क्रिस्तांव गोंयांतल्या एका गोंयाची एक वळख करून घेवपाक दिल्लें. पुस्तकाचो हात धरून ह्या गोंयांत घोळटना म्हज्या मनांत प्रस्न - ह्या गोंयाक मुळांची भूक जाणवता तशी दुसऱ्या खंयच्याच गोंयाक जाणवना काय? आनी, पुस्तकाचे अखेरेक, ''आमी मुळां बगर जियेवंक शिकूंक जाय'' हें वाचतना काळजांत दुकां म्हऱ्यांत पावोवपी एक अस्पश्ट दूख. वांगडा आनीक एक प्रस्न - ह्या गोंयाक म्हजो आनी *म्हज्या गोंया*चो कितेंय आदार जावं येत व्हय, एका इश्टाचो दुसऱ्याक आसता तसो?

(*जाग,* जून २०११)

७. गोंयच्या इतिहासांत राममनोहर लोहिया : कोंकणी साहित्याच्या जनेलांतल्यान

राममनोहर लोहियांचे पर्जळीत जिवीत-यात्रेंतलें (१९१०-१९६७) एक स्टेशन गोंय आशिल्लें. पूण गोंयच्या इतिहासांत लोहियांचें येवप एक आगळी-वेगळी घडणूक, एक तेजिश्ट पर्व आशिल्लें. रवीन्द्र केळकारांच्या उतरांनी, "[गोंयचे] सुटके आदल्या साडेचार शतमानांच्या काळांतलीं इतिहासाक कूस परतूंक लावपी दोनूच नांवां घेवं येतात तीं म्हळ्यार, एक आफोंसु द आल्बुकेर्काचें आनी दुसरें, डॉ. राम मनोहर लोहियांचें" ("पडमूर गोंयकार" ३). १५१०तल्या २५ नोव्हेंबराक आफोंसु द आल्बुकेर्कान गोंय घेतिल्लें, आनी चारशें छत्तीस वर्सां उपरांत, १९४६तल्या १८ जूनाक वसणूकवादी राजवटीच्या जुलमी कायद्या आड लोहियांनी पयलो खणखणीत आवाज उठयल्लो.

"डॉ. राममनोहर लोहियांच्या पावन उगडासाक भक्तिभावान" ओंपिल्ले *पांथस्थ* हे गोंयच्या सुटके-झुजाचे उगडास-भोंवडेंत रवीन्द्रबाब १९४६तलो हो १८ जून वाचप्यां मुखार धडधडीत उबो करतात, आनी सांगतात, "जे लोक

२५ नवेम्बर १५१० पसून, म्हळ्यार आल्बुकेर्कान गोंय घेतलां तेन्ना पसून आयज १८ जून १९४६च्या सकाळच्या आदेसा मेरेन फिंर्ग्यांक भियेत जियेल्ले ते त्या दिसा पांचां उपरांतच्या सांजच्या आदेसाक हड्डें मुखार काडून 'जयहिन्दा'च्यो मोट्या मोट्यान घोशणा दिवपाक लागिल्ले'' (६७). ते मुखार सांगतात, ''. . . ताका लागून गोंयचे सुटकेचे चळवळिकूच उपरांत जयहिन्दाची चळवळ हें नांव मेळ्ळां. 'जयहिन्दांत पडलो' असो एक नवो वाक्प्रचारूय कोंकणींत सुरू जाला. सरकार लेगीत स्वातंत्र्य-सैनिकांक 'जयहिन्दीश्त' म्हूण वळखुपाक लागलां'' (६८).

१९४६तल्या जूनांत लोहियांची निकतीच दोन वर्सांची बंदखणीची ख्यास्त भोगून सुटका जाल्ली, आनी ते ज्युलियांव मिनेझीस ह्या आपणाल्या इश्टा वांगडा कांय दीस सारपाक म्हूण गोंयांत आयिल्ले. १९३०च्या अदमासाक मिनेझीस आनी लोहिया जर्मनींत वांगडा शिकताले. लोहिया गोंयांत आसात, आनी असोळण्यां मिनेझीसांगेर रावल्यात, ही खबर *उ येराल्दां*त आयिल्ले एके ल्हानशे बातमे वयल्यान गोंयभर जाली आनी गोंयच्या खांची कोनशांतल्यान लोक १९४२तले क्रांतींतल्या ह्या हिरोक मेळपाक असोळण्यां मिनेझीसांगेर येवपाक लागले. तांचे कडेन उलयतां उलयतां, फाटल्या अठरा वर्सां सावन चलपी सालाझाराचे हुकूमशायी राजवटीन गोंयकारांचे मुळावे नागरी हकूय काडून घेतल्यात - बसका घेवपाची, संस्था काडपाची, बरपां उजवाडा हाडपाची - कित्याचीच तांकां मेकळीक ना; लग्नाची व्हों‌वळीक छापतले जाल्यारूय 'सेन्सुरा'ची लेखी मान्यताय मेळोवची पडटा, म्हणपाचें लोहियांक कळ्ळें. १० जूनाक लोहिया गोंयांत पाविल्ले. १२ जूना सावन तांकां लोक मेळूंक येवंक लागले. आनी दुसऱ्याच दिसा, म्हळ्यार १३ जूनाक, लोहियांनी गोंयकारांच्या नागरी हकां खातीर सत्याग्रह करपाची थारावणी घेतली, आनी गोंयकार तरणाट्यांक आनी फुडाऱ्यांक ते खाजगी बसकांनी मेळपाक लागले (पळेयात : र. केळेकार, *पांथस्थ* ६४-६७; Menezes 28-30).

रवीन्द्रबाब सांगतात :

> आमचे फुडारी राष्ट्रवादी आसले तरूय मुदलांतले वेव्हारवादीच आशिल्ले. धा-पांच येवजून, सगळो हिशोब करून मुखार वचूंक सोदपी आशिल्ले. सत्याग्रह थरला त्या दिसा, म्हळ्यार, अठरा जूना दिसा लेगीत 'तुमचो सत्याग्रह स म्हयने तरी मुखार धुकलात... तयारे खातीर आमकां स म्हयने तरी दियात' अशें सांगपाक कांय जाण तांचे सरीं आयल्यात. आनी 'तयारे खातीर तुमकां चारशें छत्तीस वर्सां मेळिल्लीं.'

अशी जाप दिवन लोहियांनी थारायल्ले प्रमाण अठरा जुनाक सांजचो सत्याग्रह केला. (*पांथस्थ* ६७)

ज्युलियांव मिनेझीस ह्या सत्याग्रहाची खबर अशे सांगतात :

> त्या दिसा सवाय-चारांक सुमार लोहिया आनी बरोवपी घोड्या गाडयेन मडगांवां पावले, नगरपालिके मुखार भरिल्ले जाहीर सभेंत उलोवपा खातीर . . . आमी देंवतात थंय आसात, आल्मिस्त्रादोर कापितांव मिरांद आमचे म्हऱ्यांत धांवत आयलो, आनी आमी देंवचें न्हय म्हूण आमचे कडेन मागूंक लागलो. ताचे कडेन लक्ष दिना आसतना . . . आमी लोक एकठांय जाल्लो थंय वचूंक लागले.
>
> तीन-चार गोंयकार लोहियांक हार घालूंक मुखार आयले. कितें करचें तें समजना जावन, उचंबळीत जाल्ल्या कापितांव मिरांदान कमराचें रिव्हॉल्व्हर काडलें आनी हातांत हार घेवन मुखार सरपी गोंयकारांचेर तें जोखलें. लोहियांनी इल्लोय कळाव करी नासतना कापितांव मिरांदाचो रिव्हॉल्व्हराचो हात धरलो. ताका थंड रावंक सांगून पेल्यान काडलो, आनी आल्मिस्त्रादोराचो आदेश मोडून ते भाशण करपाक मुखार सरले.
>
> तेन्नाच थंय पुलीस कमिशनर पावलो, आनी लोहियांक आनी म्हाका धरून घेवन गेलो. (31-32, अणकारून)

आपणालो उजवो हात वयर करून लोहिया "भाइयों और बहनों" इतलेंच म्हणूंक पाविल्ले (पळेयात र. केळेकार, *पांथस्थ* ६३). पूण हे निर्भय करणेचो गोंयकारांचेर आकांताचो प्रभाव पडलो. रवीन्द्रबाब सांगतात:

> फाटल्या चारशें छत्तीस वर्सांच्या काळांत गोंयकारांनी असलो मनीस पळोवंकूच नाशिल्लो. जायत्या मळां वयले व्हड मनीस तांणी पळेल्ले. व्हड विद्‌वान, व्हड संगीतकार, व्हड कवी, व्हड कलाकार, व्हड मुत्सद्‌दी पळेल्ले. पूण धीट मनीस केन्नाच पळोवंक नाशिल्लो. असो येता कितें, फोर्तुनातु मिरांदिचो हात बागयता कितें, एका पोरण्या, मस्त्या आडांग्या साम्राज्याक आह्‌वान दिता कितें, सपनांत लेगीत असलो कोण आसूं येता म्हणपाचो कोणाक अदमास नाशिल्लो. पयलेच फावट तांणी एक निर्भय मनीस पळेल्लो. (आदलोच संदर्भ)

रवीन्द्रबाब मुखार म्हणटात, "लोहियांत गोंयकारांक फकत लोहियाच न्हय, तर गांधी, जवाहरलाल, सुभाषबाबू, १८५७ पसून १९४२ मेरेनचे सगळे स्वातंत्र्यवीर, सगळे हुतात्मे" दिश्टी पडिल्ले (आदलोच संदर्भ ६४).

१९४६च्या जूनांत लोहिया गोंयांत विश्रांती - विसव - घेवपा खातीर आयिल्ले अशें सामान्यतायेन आमी वाचत, आयकत आयल्यांत. पूण रवीन्द्रबाब सांगतात, ही "खरी खबर न्हय. लोहियांच्या जिविताच्या कोशांत विश्रांती आनी निर्शेणी हीं दोन उतरां सोदुनूय मेळपाचीं नात" ("फिरंग्यां आड लोहियांचो सत्याग्रह काय गोंयच्या फुडाऱ्यां आड?" ३). ब्रिटीश भारत सोडून वतले जाल्यार आमकां आमची सुटके चळवळ अदीक खर करची पडटली, आनी ते खातीर कांय 'तळ' तयार करचे पडटले अशें लोहियांचें मत्त जाल्लें. नेपाळ, मणिपूर आनी गोंय अशे तीन तळ तांणी वेंचून काडिल्ले, आनी सुटके झुजाचो एक तळ म्हूण गोंयचो होलम घेवंक ते गोंयांत आयिल्ले अशें रवीन्द्रबाब के. एस्. कारंथ ह्या लोहियांच्या १९६४ ते ६७ ह्या काळांतल्या सेक्रेटरीन बरयल्ल्या *Aspects of a Socialist Mind* ह्या पुस्तकाच्या आधारान सांगतात (आदलोच संदर्भ). लोहियांक असोळण्यां मेळूंक आयिल्ले तांचे मजगतीं एक पत्रकार आशिल्लो; ताणें गोंयकारांत सत्याग्रह करपाचें धाडस ना, गोंयकार *पेज* अशें म्हळें आनी लोहियांनी ताका जाप दिली, 'लोक *पेज* (*निकम्मे*) आसनात, तांचे फुडारीच *निकम्मे* आसतात', आनी त्याच खिणाक सत्याग्रह करपाचो निर्णय घेतलो, हें सांगून रवीन्द्रबाब आपणाकूच विचारतात, "लोहियांचो सत्याग्रह फिरंग्यां आड आशिल्लो? काय, गोंयच्या लाचार, हिसपी सभावाच्या, भिजूड फुडाऱ्यां आड आशिल्लो?" (आदलोच संदर्भ; *पांथस्थ* ६५ य पळोवचें).

अठरा जूनाचे सभेंत लोहिया उलोवप करूंक पावले नात. पूण त्या दिसाचें भाशण तांणी बरोवन काडिल्लें, घडये पत्रकारांक दिवपा खातीर. तातूंत ते म्हणटात, "परकी राजवटीच्या सोंसूं नजऽ असल्या वज्यांत विचारां वयल्या आनी उलोवपा वयल्या नियंत्रणाची भर पडटा तेन्ना मनशाचो आत्मोच शेणून वचपाचो भंय आसता" ("Action in Goa" 3, अणकारून). ते मुखार सांगतात, "गोंयची म्हाका व्हडलीशी वळख ना. पूण इतलें मात हांव जाणां - जंय मनशाचो ताळो अंदला, ताच्या कर्तुपाक बेडयो पडल्यात, आनी भंयान ताचे घुस्मटमार जातात, थंय देवाचो आवाज आयकूंक येना" (आदलोच संदर्भ ४, अणकारून).

कितलींशीं काळजां ह्या उतरांनी पेटयलीं. लक्ष्मणराव सरदेसाय, बाकीबाब बोरकार सारकेले सरस्वतीचे उपासक दुर्गेक होरावंक लागले. १८ जून १९४६ मेरेन बाकीबाबांनी फकत मराठी कविता बरयल्ली. अठरा जूनान बाकीबाबांच्या काळजाक कोंकणीचो उमाळो हाडलो (पळेयात म. सरदेसाय, "होरावणी").

महात्मा गांधी आयलो रे

गोंयांत आमच्या पावलो रे
लोहियान हाडलो बावटो ताजो
मडगांव शारांत लायलो रे! (*कथा १८ जून १९४६ ची* १७)

- खोशयेन तांचे जिबेर उतरां फुटलीं. बाकीबाबांक, स्वतंत्रतायेची भूक लागिल्ल्या सगल्या गोंयकारांक, लोहियांत महात्मा गांधी दिश्टी पडले. घडये १८ जूना दिसाच बरयल्ली ''त्रिवार मंगलवार आजला त्रिवार मंगल वार / स्वातंत्र्याची सिंहगर्जना अतां इथे उठणार!'' (आदलोच संदर्भ ११) ही बाकीबाबांली कविता कोंकणीय रूप घेवन आयली -

पवित्र हो मंगळार! आयचो पवित्र हो मंगळार
आज गाजतलो धेंक शिंवाचो हांगाच ह्या म्हुर्तार! (*पांयजणां* ४२)

गोंयांक लागिल्ले स्वतंत्रतायेचे हुटहुटे बाकीबाबांनी ह्या काळार बरयल्ल्या कितल्याश्या कोंकणी कवितांतल्यान उकते जाले.

बयाभाव (काशीनाथ श्रीधर नायक) बाकीबाबां आदले पिळगेंतले. १९४६त (ऑक्टोबर म्हयन्यांत आसुये) उजवाडा आयिल्ल्या तांगेल्या *सड्यावेलीं फुलां* कवितां झेल्यांत १८ जूनाचे पडसाद हय-न्हयशे आयकूंक येतात. मुखेलपणान, ''सार्थक'' कवितेंत चितारिल्लो *''शिट्टक बुद्दीचो, लांब विचारांचो,/ घट्ट काळ्जाचो, अूंच हावेसाचो''* (३१) ''बाणकार'' (३२) लोहियाच आसुये अशें दिसले बगर रावना (पळेयात पवार १६). ह्या बाणकारान अजस्त्रांचो बाण तयार केलो. ''जाली तांडी पळोवंक ही! लोकाची / रांग लागली, जशि कांय ती मुयांची/. . . मागिर अुठलो तो घेवन चंद्रजोत,/ लावन सोडलो ताणें बाण अंत्राळांत . . . वैर गेलो अुजवाड-लोळ खर/ सर्ग दिसलो मनशांक धतरिर!'' (३१). हो ''दीस-रात खावन खोंटो, करित लेंग-लेंग/काट्टात दीस पिवन पेज, पांयांक मारुन वेंग/. . . वर्सां गेलीं शेंकड्यांनी पडुन खातोणांत / ना पर्वा ! . . .'' (''संव्हार!'' २६) ह्या आत्महीणपणाच्या, गुलामपणाच्या सड्यार फुलिल्लो अठरा जून!

राजय पवार म्हणटात, ''लोहियान [गोंयांत] फकत क्रांतीचीच सुरवात करूंक ना तर कोंकणी कवितेंत नकळटना क्रांती-कवितांची भर घाल्या'' (१५).

मेकळ्या गोंयांत अठरा जून हो दीस सरकारी पांवड्याचेर 'क्रांती दीस' म्हूण मनयतात. राष्ट्रवादी गोंयकारांच्या काळजांत हो दीस icon ची सुवात जोडूंक पावला.

फिरंग्यांच्या जुलमी शेकांतल्यान गोंय मेकळें जावचें म्हूण झुजिल्ले, बंदखण

ोगिल्ले नागेश करमली १९८८च्या जूनांत 'त्या' अठरा जूनाची याद काडीत ्हणटात -

अठरा जून, अठरा जून -
तुज्या म्हज्या
सगळ्यां आमच्या रगतांत
आसा अजून घट्ट रिगून
अठरा जून, अठरा जून ह्ल
खबरच काडल्यार
आजय येता
आंगार कांटो फुलूफुलून! ("अठरा जून")

हालींच बरयल्ले आनीक एके कवितेंत नागेशबाब परतेय तो "पुण्यवंत, स्फूर्तवंत, अजापवंत" उगडास जागयतात. ते सांगतात :

किण्ण रानांत,
ती पुता, एका शिंवाची
काळीज विदारपी
आकांताची गरड आसली!
असो उगडास त्या दिसाचो
मीर्गा धारेंत भिज-भिजूनय
खतखत्तालो! ("इतिहास : उगडासांचो" ४२)

१९४६च्या जूनांत जल्माक पसून येवंक नाशिल्ले बाळकृष्णजी कानोळकार २००८च्या जूनांत बरयल्ले "१८ जून" हे आपणाले कवितेंत "तुफानांतल्यान उजवाडाचें तारूं" घेवन येवपी "तेजाचो कोटी सुर्या" आनी "धीराचो म्हामेरू" उबो करून ताका आर्गां ओंपतात.

मेकळ्या गोंयांत कितल्याश्या अठरा जूनां उपरांत बरयल्ले "अठरा जून" हे कवितेंत मनोहरराय सरदेसाय गोंयकार भावाक विचारतात -

उदक लेगीत जाल्लें रगत
आनी रगत जाल्लें हून
भावा तुका याद आसा
अठरा जून? (७१)

हीय कविता सुरवेक 'त्या' अठरा जूनाची याद ताजी करता. "मंगळारचो आसलो दीस / पावस नेटान पडटालो / आंब्या-मुळांत कुणब्या पोर / कुडकुडत

रडटालो'' हें वर्णून कवी मुखार सांगता, ''लोखणाचो आयलो पुरूस / खंय साकून कोणाक खबर / ताज्या शिंवा उल्यान गेलीं / आमचीं भुजां शिंवशिंवून!'' (७१).

मनोहररायांची ''अठरा जून'' कविता फकत उगडासांचो अणभव अज्रंवर करपी रोमँटीक कविता न्हय. हे कवितेंत एक सपन अर्दकुटें उरिल्ल्याची खर खंत आसा.

त्या अठरा जूनाक ''पावस नेटान पडटालो; आंब्या-मुळांत कुणब्या पोर/ कुडकुडत रडटालो'' (७१), आनी आयजूय, कितल्याश्या अठरा जूनां उपरांत, 'आंब्या-मुळांत कुडकुडटा/ कुणब्याचो पोर अजून'' (७२) ही गजाल कवीक अस्वस्थ करता आनी तो म्हणटा, ''मळबाचो माटव मोडून / कुपां फोडून, गडगडून / . . . दडकेवरी लोटून, फुटून / येवं दी परत अठरा जून!'' (७२). *त्या* अठरा जूनाचे क्रांतीची मोख ''फिरंग्यालें मस्तें बंदेर'' (७१) आसली. नव्या, कवी आंवडेता त्या, अठरा जूनाचे क्रांतीची मोख, जो ना जावचो म्हूण लोहिया सदांच वावुरिल्ले तो, सामाजीक अन्याय.

मनोहररायांच्या मर्णा उपरांत, २००७ वर्सा; उजवाडा आयिल्ल्या *अठरा जून* ह्या माथाळ्याच्या कवितां झेल्यांत तांगेली ही ''अठरा जून'' कविता आयल्या. कवितां झेल्याक नांव मनोहररायांनीच दिल्लें.

मनोहररायांचो *गोंया तुज्या मोगाखातीर* हो कवितां झेलो १८ जून १९६१ दिसा, गोंय मेकळें जावचे कांय म्हयने आदीं, उजवाडा आयिल्लो. ताका लोहियांनीच इंग्लीशींत दोन उतरां बरयल्यांत. तांकां नांवूय दिलां "The 18th of June". तातूंत ते म्हणटात, ''त्या दिसाचो अर्थ पुरायेन होलमुपाक जी गंभीरताय जाय ती म्हजे भितर ना. ती आशिल्ली जाल्यार आमचे मदले कांय जाण मनशाच्या दैवाचे साधन कशे जाले ताचेर हांव बरयतलों आशिल्लों'' (पांच, अणकारून). हे प्रस्तावनेंत लोहियांचें कोंकणी भाशे विशींचें एक म्हत्वाचें निरिक्षण आयलां. ते म्हणटात, ''कोंकणी भारतांतली सगळ्यांत म्होंवाळ भास खरी. पूण कणखरपणाचो बळी दिवन कोंकणीन ही गोडसाण जोडल्या आसूंक जाय. इटालियन भाशे विशींय म्हाका सदां अशेंच दिसलां - येवरोपांतली सगळ्यांत म्होंवाळ भास ही. पूण लिबलिबीत - हाडां नाशिल्ली'' (पांच-स, अणकारून).

१८ जून १९४६चे घडणुके उपरांत पोर्तुगेज सरकारान लोहियांक आनी ज्युलियांव मिनेझीसांक रातचे पणजेच्या क्वार्तेलार व्हेले. दुसऱ्या दिसा सकाळीं लोहियांक कुळ्यां व्हरून गाडयेंत बसोवन बेळगांवां धाडून दिले. मिनेझीसांक

ांजचे सोडून दिले (र. केळेकार, *पांथस्थ* ६८-६९). तीन म्हयन्यांनी आपूण रतो गोंयांत येतलों आनी गोंयकारांचे चळवळींत वांटो घेतलों अशें सांगून लोहिया ाल्ले. तशे तीन म्हयने जातकच ते गोंयां येवपाक भायर सरले. मुंबय, पुणें, ांगली, मिरज, बेळगांव रावत रावत, भाशणां करीत २९ सप्टेंबराक ते गाडयेन ोंयचे शिमेर भितर सरले. पूण पोर्तुगेज सरकारान कुळें स्टेशनारूच पुलीस दवरिल्ले. ांणी लोहियांक कुळ्यांच देंवयले आनी दिवचलच्या मार्गान नीट आग्वादाचे ंदखणींत व्हरून दवरले (आदलोच संदर्भ ८९-९०). महात्मा गांधींचे इत्सेक लागून व्हायसरॉयान मध्यस्ती केले उपरांत, ८ ऑक्टोबराक मध्यान रातीं, पोर्तुगेज सरकारान लोहियांची बंदखणींतल्यान सुटका केली, आनी अनमोडचे वाटेन तांकां बेळगांवां धाडून दिले. इतलेंच न्हय तर तांच्या गोंय प्रवेशाचेर पांच वर्सांची बंदीय घाली (आदलोच संदर्भ ९२, ९३). बंदीचो हुकूम रोखड्या रोखडो मोडपाचें लोहियांच्या मनांत आशिल्लें. पूण ते पयलीं तांणी गोंयच्या सगळ्या फुडाऱ्यांक, कार्यकर्त्यांक आपणाक मेळूंक बेळगांवां आपयले. दोनशीं-एक गोंयकार बेळगांवां एकठांय जाले (आदलोच संदर्भ ९३; *Nayak* 37). हातूंत एकवीस वर्सां पिरायेचे रवीन्द्र केळेकारूय आशिल्ले. तेन्नाचे उगडास सांगतना रवीन्द्रबाब बरयतात :

> लोहियांक हांवें बारकायेन नियाळून पळेल्यात ते हांगां. ते उठ्ठात कशे, बसतात कशे, उलयतात कशे हें चार दीस एकासारकी नदर लावन पळेलां. कातीन सांवळे, मात्शे मोटवे, तकलेर साळिच्या कांट्यां भाशेन विद्रोहान उठिल्ले दाट केंस, भोंवयोय दाट. खादीचें धवें फुल्ल पुडवें, धवो फुल्ल सदरो, ताचेर एक रंगीत जाकीट. सदरो मात्सो सदळ, धोंपरां मेरेन लांब. दोळ्यांर दाट भिंगांचें वक्ल. हें तांगेलें भायलें रूप. ह्या भायल्या रुपांतूय तांगेलें भितरलें रूप उकतें जावन आयिल्लें दिश्टी पडटालें. सादो, निःस्पृह, धीट, लोखणाच्या काळजाचो हो मनीस आसूंक जाय म्हणपाचें पयलेच नदरेंत जाणवतालें. हांवें आयुष्यांत पयलोच व्हड मनीस लागिंच्यान पळेला तो हो. खंयच्याय अर्थान व्हड. विद्‌वत्तेन व्हड. कर्तुत्वान व्हड. शौर्यांत व्हड, विचारवंत म्हूण व्हड. जीनियस म्हणपा सारको. स्वाभिमानाक बादा येत अशें कितेंच केन्ना करचो ना. एक दिव्यत्व सोडीत जाल्यार केन्नाच कोणाच मुखार नमचो ना. खंयचेच कडेन कसलीच तात्वीक तडजोड करचो ना, हेवूय नदरेन व्हड. व्हडल्या व्हडल्यांक शिंगांर घेवपी हो मनीस ताचे परस

ल्हान अश्या आमचे सारकेल्यां मुखार आमचेय परस ल्हान जातालो हेंवूय नदरेंत भरलां. (*पांथस्थ* ९३-९४)

तेन्ना लोहिया फकत छत्तीस वर्सांचे आशिल्ले. रवीन्द्रबाब सांगतात, ''बेळगांवां एक सारक्यो चार दीस मिटिंगो चल्ल्यो. सकाळ सांजवेळ, दोन दोन तीन तीन वरां. . . . ते फकत 'एक्शन'चीच भास उलयताले. गोंयकार तेजिश्ट जावंक जाय, घट काळजाचे जावंक जाय. ते खातीर तुमी सत्याग्रह करूंक जाय, मार खावंक जाय, बंदखणी भरून काडूंक जाय ही एकूच गजाल ते भौन भौन सांगीत रावले'' (आदलोच संदर्भ ९४). कांय 'फायटींग कमिटी', तयार करच्यो आनी दर एके कमिटीन धा धा दिसांनी सत्याग्रह करचो अशें थरलें. तितले म्हणसर महात्मा गांधींचो एक तेलेग्राम लोहियांक मेळ्ळो - 'तुवें परत गोंयांत भितर सरूंक जाय. पुणून ते पयलीं म्हाका मेळून वच,' ह्या अर्थाचो. लोहिया गांधीजींक मेळूंक गेले, आनी ''गोंयचो प्रस्न जवाहरलालांच्या हातांत सोड आनी ताका तसो म्हाकाय निश्चिंत दवर. अशें गांधीजींनी लोहियां कडेन मागलें. आनी जवाहरलालजींच्या नांवान दांत-ओंठ चाबीत गांधीजींचे इत्सेक मान दिवन लोहियांनी गोंयचे चळवळींतलें आंग काडून घेतलें'' (आदलोच संदर्भ ९९).

हे वटेन धा धा दिसांच्या अंतरान तीन सत्याग्रह जाले. पयलो १८ ऑक्टोबराक जाल्लो, आनी सगळे सत्याग्रही बंदखणींत पाविल्ले (आदलोच संदर्भ ९७-९८). मार्गदर्शन करपाक लोहियाय नाशिल्ल्यान लोकांची उमेद न्हिवत गेली आनी गोंयची सुटके चळवळ थंडावली (पळेयात, आदलोच संदर्भ ९८-९९).

उपरांत सोळा वर्सांनी, १९ डिसेंबर १९६१ ह्या दिसा, जवाहरलाल नेहरूंनी लश्कर घालून गोंय मेकळें केलें.

रवीन्द्रबाब बरयतात, ''खरें म्हळ्यार सुटके उपरांतच्या पयल्या अठरा जुनाक आमी लोहियांक आपोवपाचे आनी तांगेलें दिव्य भव्य स्वागत करपाचें. अमेरिकेंत दिग्‌विजय करून आयले उपरांत देशान स्वामी विवेकानंदांचें केल्लें तशें'' (''पडमूर गोंयकार'' ३).

पूण ह्या १८ जूनाक गोंय लोहियांक विसरलें! आनाश्तास द आल्मैद लोहियांचे भक्त आनी तरणाटे इश्ट. तांच्या मनाक हें खूब खालें. फुडल्या १८ जूनाक लोहियांक गोंयां हाडपूच असो नित्शय तांणी केलो (आदलोच संदर्भ).

१९६३च्या १८ जूनाक लोहिया गोंयांत आयले तेन्ना मनोहररायांनी ह्या 'आग्वादाच्या शिंवा'क घसघशीत उतरांनी, काळजांतल्यान येवकार दिलो. ''आग्वादाच्या शिंवा तुवें / आमकां हाडली जाग'' ह्या उतरांनी सुरू जावपी ही

ांब कविता लोहियांच्या व्यक्तिमत्वाचें, तांचे समाजवादी निष्ठेचें सुंदर चित्र ऱ्हाडटा :

नकळ भीड, नकळ भंय/ आज हांगा, फाल्यां थंय
अन्याय जंय, जुलूम जंय / तूं रे थंय, तूं रे थंय.
सत्तेचो जंय तोंडको / दुबळे फाटीर तिडकता
कायद्याचो पांय जंय / रित्या पोटार खोंट मारता
गिरणीचें चक्र जंय / आपले दांत विचकिता
भाटकाराच्या पाटापोंदा / जंय मुंडकार चिड्डता;
जंय मनीस हुंड्केता / भुके-तानेन करपता
बंदेपणा काळखा-कुडींत / रात दीस अडचता
मायेखातीर आंवडेता / थंय रे तुजी नदर वेता
उदक जावन जीण दिता / हात तुजो शाल जावन
करंजल्ल्यांक ऊब दिता / लोखणाच्या पुरसा तूं
दुष्टांचें बळ मेजपाक / आपुण जावन
तुतयाचे घण सोसता! (*जायात जागे* ४८-४९)

कवी ह्या 'शिंवा'क याद करून दिता -

मोड कसो येवन तुवें/गुलामपणार माल्ली फूंक
सुस्तेल्ल्या इंगळ्यावेलो/धवो शेलो गेलो उबून (४९)

आनी,

आग्वादाच्या शिंवा तुवें/हाडली आमकां जाग
तुकाच भावा कळटले/ आमचे घाये-दाग! (५१)

अशें म्हणीत ताचे मुखार आपणालें दुःख उकतें करता -

अजून म्हज्या गोंयांत पळे/कितले जाण खर्शेतात
पावसाचे पांवळेपोंदा / कांबळे बगर पिंरगतात
कितले तोंडाक गुड्डो मारून / हड्ड्या भितर आड्डतात
कितलीं पोरां पिठा-उदक / दूद म्हणून भुरकितात.
नवे दुड्डू, नव्यो खाणी / नवो राजा, नवी राणी
आमची मात आदले भाशेन / एकसुरीच एकली काणी. (५१-५२)

दुसऱ्यांचीं घरां बांदून दितल्यांच्या पोरांच्या माथ्यार कोलवाचें पांखेंय आसचें न्हय आनी ''चोरून, मारून पैशे चारून / भांगराच्यो काशी धाडून / दुडवांच्यो राशी'' करतल्यांनी ''पोटा धोल धोलयत / उकत्या माथ्यान भोंव भोंवचें?''

(५२) कवी कळवळून विचारता. जावपाचें खरें अशें, कवीक दिसता -

दुडवांचें कुसकें सारें/सगले कडेन, सारके तरेन घालपाचें
कश्टाचें लोखणा-खोरें/सगळ्यांनी सारके तरेन ओडपाचें. (५३)

हें सपन लागीं हाडूंक कवी 'आग्वादाच्या शिंवा'कूच उलो मारता. म्हणटा -

आग्वादाच्या शिंवा तुवें/हाडली आमकां जाग
ह्याच हातान लाय रे आतां / फायची नवी आग. (५३)

१९६३ च्या १८ जूनाक लोहिया गोंयांत पाविल्ले तेन्ना राजकी गणितां बदलिल्लीं. 'दिल्लीश्वरा'चें आनी लोहियांचें नातें गोंयकार उद्देगपतींक/वेपाऱ्यांक खबर आशिल्लें. देखून, रवीन्द्रबाब सांगतात:

. . . लोहिया सारकेल्या गोंयच्या इतिहासांतल्या 'व्हडांतल्या व्हड' एका मनशाक आपणागेर व्हरपाक एकलोय मुखार आयलो ना. एकलोय तांकां आपणाले गाडयेंत घेवन भोंवलो ना. मडगांवां फातोर्ड्या वचपाचे वाटेर उजवे वाटेन एक बुरशें 'गेस्ट हाउस' आशिल्लें. थंय दवरल्यात आनी पणजे मार्केटा लागसारच्या 'इन्दिरा निवास' नांवाच्या एका किरकोळ हॉटेलांत दवरल्यात आनी टॅक्सिंनी तांकां घेवन आनाश्तास भोंवल्यात. (''पडमूर गोंयकार'' ४)

गोंयकारांची आथित्यशीलताय म्हणटात ती ही? - रवीन्द्रबाबांक प्रस्न पडटा आनी ते खंतीन म्हणटात, ''आमकां 'यशस्वी' सोयरे जाय. 'तेजस्वी' सोयरे उपकारनात'' (आदलोच संदर्भ).

लोहिया रवीन्द्रबाबांच्या बरपांत तशे उलोवपांत खूब कडेन आयल्यात. ''डॉ. लोहिया'' ह्या निबंधांत ते बरयतात, ''म्हाका खूब फावटीं दिसलां, विद्रोहाक मनशाचें रूप घेवचें-शें दिसलें आनी तो लोहियांचें रूप घेवन जल्माक आयलो'' (७२). ते मुखार म्हणटात, ''आमच्या राजकी, आर्थीक, सामाजीक जिवितांत जें जें कितें कुसकें पाडें नश्टें पळेलां तेन्ना तेन्ना लोहियाच म्हजे मुखार उबे रावल्यात. आनी हांवें मनांतल्या मनांत म्हळां, तांच्या सभावाचो लाखावो वांटो लेगीत तांच्या अनुयायांत उतरिल्लो जाल्यार हिन्दुस्तानाचें रुपूच बदलून वतलें आशिल्लें आनी तांच्याय जिविताचें भांगर जातलें आशिल्लें'' (आदलोच संदर्भ).

कांय वर्सां फाटीं नॅशनल बुक ट्रस्टान घडोवन हाडिल्ल्या एका सर्वभाशीक लेखकांच्या परिसंवादांत उलयतना रवीन्द्रबाबान म्हणिल्लें, समाजाचेर प्रभाव घालपाची साहित्यांत आकांताची तांक आसता. शरतचंद्र चटर्जींची *देवदास* कादंबरी उजवाडा आयले उपरांत कितलेशे देवदास तयार जाल्ले आपणें तरणेपणांत पळेल्ले

अशें सांगून तांणी मुखार म्हणिल्लें, ललीत साहित्य लोहियां सारकेलें व्यक्तिमत्व उबें करूंक पावलें जाल्यार समाज खंय पावं येता, येवजून पळेयात.

साहित्य अकादेमीची 'महत्तर सदस्यता' घेतनाय रवीन्द्रबाबांक लोहियांचो उगडास जाला. आमच्या देशांत इंग्लीशीन जी गरजे भायली सुवात जोडल्या तिचे कडेन आयुकप्यांचें लक्ष ओडून ते म्हणटात, "इंग्लीश भाशेन आमच्या देशांत कितलेशे बॉन्साय - म्हुट्टेल्ले - विद्वान, बुद्धिजिवी, लेखक, आनी आतां, वाचकूय निर्माण केल्यात. ते परिसंवाद बरे सोबयतात. ठोस कांय दिवंक पावनात" आनी मुखार विचारतात, "देश आमी असो बॉन्साय लोकांचो जावंक दितले?" ही परिस्थिती बदलुपाची तांक एकल्या भितर आशिल्ली, ते सांगतात, आनी लोहियांची याद काडटात ("क्या हम देश बोन्साय लोगों का होने देंगे...?" १४४, अणकारून).

सत्याचेर आकांताची निष्ठा आनी असत्याची, अन्यायाची आकांताची तिडक हे बुन्यादीचेर लोहियांचो समाजवादी विचार उबो आशिल्लो. पूण ह्या लोहियांची सरसमान गोंयकारांक वळख आसा अशें म्हणूंक येवचेंना. सरसमान राष्ट्रवादी गोंयकारांच्या काळजांत लोहियांनी सुवात जोडल्या ती *त्या* अठरा जूनाच्या रुपानूच. ह्या दैवताची आमी भक्तिभावान, पूण इल्ली पयसुल्ल्यानूच, पुजा करीत आयल्यांत. आमचे मदले भोव थोडे लोहियांच्या व्यक्तिमत्वाचो, तांच्या विचाराचो होलम घेवंक पावल्यात. हे भाशेन लोहियांक जे लागीं गेल्यात तांच्या व्यक्तित्वांत, तांचे नदरेंत लोहिया झिरपले बगर रावंक नात. कोंकणी साहित्य संवसारांत कांय कांय कडेन ह्याय लोहियांचो सोद घेवं येत.

राममनोहर लोहियांचे शताब्दी निमतान केंद्रीय साहित्य अकादेमीन १८ ते २० फेब्रुवारी २०१० ह्या दिसांनी दिल्लींत घडोवन हाडिल्ल्या राष्ट्रीय परिसंवादांत वाचिल्लो पेपर, अणकारून.

(*जाग,* जानेवारी-एप्रील २०१०)

८. कोंकणी नवलकाणयेंतलो बायल-मनशेचो आवाज

बायल-मनीस जल्मा सावन बायल-मनीस *आसना*, ती बायल-मनीस *जाता* - समाज तिका बायल-मनीस करता, सिमॉन द बोव्होआर म्हणटात (*The Second Sex* ९). बसचें कशें, चलचें कशें, न्हेसचें कशें, हांसचें कशें, उलोवचें कशें, ओगी कशें रावचें - बायल-मनशेक सगळें शिकचें पडटा. ह्या शिकपांतल्यानूच बायल-मनीस घडत वता. बायल-मनशेक तिचो आवाजूय समाजूच दिता आनी समाजूच तिका मोनीय करता. बायल-मनशेच्या आवाजाचे आनी मोनेळाचे हे 'खेळ' साहित्याच्या हारशांत पळोवंक मेळटात.

विशाळ आंवाठाचो आनी कितल्याश्या पोडांचें कथानक आशिल्लो कादंबरी वा नवलकाणी हो साहित्य-प्रकार महाकाव्या वरी भोव गिरेस्त (बुडकुले ५५). नवलकाणयेंत पात्रां - मनशां - कशीं घडटात तें पळोवंक मेळटा. तांची वाडूय अणभवूंक मेळटा. 'आवाजां'चे गिरेस्तकायेचो, तांच्या खेळाचो अणभवूय नवलकाणी सगळ्यांत बरी दिता. देखून, साहित्यांत बायल-मनशेचो आवाज (काय, बायल-मनशेचे

आवाज'?) सोदूंक वतना सगळ्यांत पयलीं नवलकाणयेंतूच तो सोदप समा जातलें अशें म्हणूं येता. ह्या बरपांत देवनागरी लिपयेंत उजवाडा आयिल्ल्या त्रेंचीक कोंकणी नवलकाणयांच्या आनी नवलिकांच्या अभ्यासाच्या आधारान बायल-मनशेच्या आवाजाचो थाव घेवपाचो यत्न केला.

कथेचे तुळेन देवनागरी लिपयेंतले नवलकाणयेचो इतिहास तसो मोटवोच. १९३० वर्साच्या अदमासाक येवरोपी कथा ('शॉर्ट स्टोरी') आनी भारतीय काणी हांचो संगम जावन भारतीय लघुकथेचो जल्म जालो (पु. नायक, प्रस्तावना VIII) अशें मानलें जाल्यार ह्याच अदमासाक कोंकणी लघुकथाय जल्मा आयली अशें धरूं येता. १९२८ वर्सा उजवाडा आयिल्ल्या शणै गोंयबाबांल्या *गोमन्तोपनिषत्*च्या पयल्या खंडांतले ''म्हजी बा खैं गेली'' हे काणयेंत आधुनीक कोंकणी कथेची पयली-वयली सुलूस मेळटा. ते उपरांत, १९३५ वर्सा जयवंत कुलकर्णी हांणी संपादीत केल्लो *वोवळां* हो चवदा कथाकारांच्या कथांचो झेलो उजवाडा आयलो. *वोवळां* तल्यो कथा तंत्राचे नदरेन आधुनीक आशिल्ल्यो. उपरांत कोंकणींत नवे नवे कथाकार नव्यो नव्यो जाणविकायो आनी संवेदना घेवन येत रावले, अजून येत आसात.

१९३३ वर्सा ''संवसार-बुट्टी'' ही एकूच लांबचे लांब 'काणी' घेवन शणै गोंयबाबांल्या *गोमन्तोपनिषता*चें दुसरें खंड उजवाडा आयलें. ''संवसार-बुट्टी''क 'सादी' काणी म्हणूं नजऽ तशी नवलकाणीय म्हणूं नजऽ. ह्या बरपांत कथनात्मक गद्याचे फास्केंतल्यान शणै गोंयबाबान आपणालें वैचारीक बरपूच वाचप्यां मुखार दवरलां. तरी, ''संवसार-बुट्टे''क एक कथानक आसा, आनी ह्या बरपाचें मुखेल वैचारीक आंग कथानकांतल्यान पेल्यान काडलें जाल्यारूय तातूंतल्यान त्या वेळा वयल्या गोंयच्या समाजाचें दर्शन घडटा. देखून, देवनागरी लिपयेंतल्या कोंकणी साहित्यांत नवलकाणयोच नाशिल्ल्यो त्या वेळा वयल्या ह्या बरपाचो उल्लेख हांगा मुजरत करीन दिसता. ''संवसार-बुट्टें''त बारा आत्म्यांचीं उलोवपां आयल्यांत. कांय आत्मे फकत वैचारीक भासाभास करतात जाल्यार कांय आपणाली आपजीण सांगतात. ह्या बारा आत्म्यां भितर एकूय 'स्त्रीलिंगी' आत्मो ना. बायल-मनीस ''संवसार-बुट्टें''त खंयच *उलयना*. दादल्यांच्या उलोवण्याचो *विशय* - 'तिसरो पुरूश'(!) - म्हूण मात ती खंय खंय येता. ह्या उल्लेखांचोय बारीक अभ्यास करून शणै गोंयबाबां वेळा वयले बायल-मनशेचें हय-न्हयशें चित्र उबें करूं येता.''संवसार-बुट्टें''त देव, देव-दूत, मनीस, आनी मोनजातीचें प्रतिनिधित्व करपी हुंदीरमाम मेळून सगळो दादल्यांचोच संवसार पळोवंक मेळटा.

पुंडलीक नायक हांगेली *अच्छेव* (१९७७) ही आधुनीक नवलकाणयेच्या तंत्रांत बसपी देवनागरी लिपयेंतली पयली-वयली कोंकणी नवलकाणी. *अच्छेवांत* गोंयच्या भौसांतले - कश्टी वर्गांतले, बरोवंक वाचूंक शिकूंक नाशिल्ले - बायल-मनशेचे आवाज आयकूंक मेळटात. हे नवलकाणये आदीं उजवाडा आयिल्ले *तुळशी* (१९७१) हे रवीन्द्र केळेकारांले नवलिकेंत धवाड्या, मदल्या वर्गांतले शिकिल्ले पूण घरगुती बायल-मनशेची आमकां वळख मेळटा. दामोदर मावज्यांली *कार्मेलीन* (१९८१) वाचप्यांक मदल्या वर्गांतले क्रिस्तांव बायल-मनशेच्या विश्वांत घेवन वता, जाल्यार महाबळेश्वर सैल हांगेली *काळी गंगा* (१९९६) गोंयच्या शेजारचे, काळी न्हंयचे तडी वयल्या शिद्दर गांवांतले शेतकामती समाजांतले बायल-मनशेची तांकां वळख घडयता.

समाज बदलता, थोडो भोव काळूय बदलता, पूण बायल-मनशेचीं दुःखां, तिचे हुस्के, तळमळे, प्रस्न, तिची गळसणी तशीच तेजिश्ट धिटाय हातूंत मुळावीं सारकेपणां दिश्टी पडटात. तेच वांगडा, बायल-मनशेचीं कांय आगळीं-वेगळीं व्यक्तित्वांय ह्या नवलकाणयांनी उबीं जाल्लीं आमकां पळोवंक मेळटात. ह्या निबंधांत मुखेलपणान *अच्छेव, कार्मेलीन* आनी *काळी गंगा* ह्यो नवलकाणयो हिसपांत घेतल्यात. हालींच्या काळांत हेमा नायक हांची *भोगदंड* (१९९७) आनी ज्योती कुंकळकार हांची *पाशाण कळी* (१९९८) ह्यो नवलकाणयो उजवाडा आयल्यात. बायल-मनशेचे लिखणेंतल्यान देंविल्ल्यो देवनागरींतल्यो ह्यो दोनूच नवलकाणयो. देखून बायल-मनशेचो आवाज सोदतना तांची उवेखणी करप समा दिसलेंना. पुरूशप्रधान समाजांतले बायल-मनशेचे अवतिकायेचो विशय घेवन १९७४त हेमाबायन "निर्बळा" ही नवलिका बरयल्ली. (ती १९९२ वर्सा उजवाडा आयिल्ली.) "निर्बळा", आनी "एके बायल-मनशेक एकली रावतली जाल्यार ह्या संवसारांत सुवातूच ना?" हो प्रस्न विचारपी रवीन्द्रबाबांली *तुळशी* (५७), ह्यो दोन नवलिकाय हिसपांत घेतल्यात.

रंभा - प्रेयसी, आनी *अंबा* - आवय, ह्यो भारतीय समाजान बायल-मनशेक दिल्ल्यो दोन मुखेल भुमिका. अंबेच्या रुपांतले बायल-मनशेक आमचो समाज 'देवी' मानून माथ्यारूय घेता तसो रंभेच्या रुपांतले बायल-मनशेक 'वापरुपाची वस्त' लेखून पांया मुळाय माड्डिता. देखून, सामान्यतायेन, मोगांत पडिल्ली चली मोग्याच्या भुरग्याची आवय जावपी 'घरकान्न' जावपाचीं सपनां पळेता. आग्नेल कार्मेलीनाक "I love you" म्हणटा. कार्मेलीनूय ताचो मोग करता. पूण तरी ताका "भिरांत दिसता". "तूं बिश्टोच हुस्को करूं नाका," आग्नेल ताका

ांगता. "हांव आतां शिकलां. . . . रोखडीच सिर्वीस मेळटली. मागीर आमी खडींच काजार जावंया..." तो म्हणटा. "खुरीस कर जिबेर!" कार्मेलीन ताका ांगता. आग्नेल खुरीस करता, आनी कार्मेलीनाली भिरांत खंयचे खंय उबून ाता. "सुदबूद विसरून" तें ताका वेंग मारता, आनी पुरायपणान आग्नेलाचें जाता *कार्मेलीन* ५०,५१).

'घरकान्न' न्हय जाल्यार 'प्रेयसी' - दादलो, बायल हांचे मदले हे दोनूच ंबंद समाज बरो वळखता. ह्या दोन संबंदां भायले 'इश्टागती'ची ताका वळख ा. देखून घडये समाजांत सामान्यतायेन दादल्या बायले मदीं 'सादी इश्टागत' ारकी मुळूय धरूंक पावना. धुवेक घेवन एकली रावपी विधवा तुळशीचो दोतोर ाता घोव न्हय, भाव न्हय, आनी पुतूय न्हय. म्हणटकच तो कोण आसतलो? ोवाची रिती सुवात भरून काडपी प्रियकर! समाज ह्या नात्या कडेन दुबावान पळेता. "ही आमचें आनी तुमचें नाक कातरतली, दुसरें कांय न्हय," जनाप्पा - तुळशीचो देर - तिच्या भावाक - आनंदाक - सांगता (*तुळशी* ११) . आनी निमाणें, निवेदिकेच्या तोंडांतल्यान तुळशींतली बायल-मनीस वाचप्यांक विचारता, "बायल-मनीस ही कितें फकत मादी? तिका दुसरें व्यक्तिमत्व ना?" (५७).

शिळाचें 'जूं'य समाज बायल-मनशेचेच मानेर दवरता. "अब्रू कंवचेच्या कांकणा भाशेन आसता. एकदां वाडवल्यार सांदूंक येयना. . . ." *अच्छेवां*तले मास्तराले काणयेंतलो राजा राज्यांतल्या बायलांक सांगता (९९). राजा दादल्यांक अब्रू राखपाची शिकवण दिना. "हांव तुमकां पोशिना तशे तुमीय म्हाका पोसूं नाकात. . . . जगप म्हटल्यार फकत वेंतभर पोटाची खळी भरप न्हू," हे तरेचें कितें तरी तो दादल्यांक सांगता (आदलोच संदर्भ). "नायकिणी . . . करच्यो पडटात. हो सगळो कुडिचो शीण आनी शिणिल्ल्यो कुडिच्यो वासना भागयतलो खंय? म्हणून म्हणटां हीं व्यसनां न्हू. ड्रायव्हरांच्यो गरजो," मिनाचे खणी वयलो एकलो ड्रायव्हर नानूक सांगता (१७३). 'बायल दादल्याची गरज' म्हूण सांगपाक, आनी फकत कुडीची गरज भागोवपा खातीर बायले कडेन संबंद दवरुपाक दादलो अनमनना. बायल मात आपणाल्या मोग्याक लेगीत कूड ओंपची जाल्यार हजार खेपे येवजिता, फाटीं-फुडें येता, भियेता. इश्टिणीच्या तोंडांतल्यान समाज तिका शिटकायता - "दादल्यांचेर चड पातयेवप न्ही. तांकां जाय तें मेळ्ळें किं ते मागीर कूस मारतात. तांकां हात भर पैस दवल्ल्यारच ते चड लाळ घोंट्टात" (*कार्मेलीन* ४४). सुमित्राय सुमनाक सांगता, "बायलांनी चड हुतहुतेपणां दाखयल्यार बायलो चड सवाय दिसतात पळयतल्याक. अस्तुरेची कूड म्हळ्यार धांपिल्ली मूठ" (*काळी*

गंगा १३९). ही मूठ उकती जातकच तिचें अप्रूप उरना. धांपिल्ली मुठूच सवाय लाखाची!

शिळाक बायल-मनीस आकांताचें म्हत्व दिता. ताचे खातीर ती जीव दिता, पिशी जाता... अठरा वर्सांचे पिरायेर विधवा जाल्ल्या शोभाच्या आंगार तिचो मांवूच हात घालता तेन्ना शोभा बांयंत वचून जीव दिता (*काळी गंगा* १८६). घोव घरांत नासतना देर जनाप्पा तुळशीचेर आगळीक करता तेन्ना तुळशी ती सोंसून ओगी रावता. ते विशीं घोवाक लेगीत सांगना. जनाप्पा घोवाक बापाय समान. ते भायर, "आपणाचेर आगळीक जावन आपली अब्रू, कोणेंय जावं ती, लुटल्या हें खंयच्या तोंडान सांगप" हें येवजून ती ओगी रावता *(तुळशी* २६), पूण सकाळीं फुडेंच उठून कुळारा वता, आनी परती त्या घरांत केन्ना पांय दवरिना. घोव भायर पडटकच जनाप्पा तिका घरा व्हरूंक येता. पूण चलयेक घेवन तुळशी बिराडार एकलीच रावता. दादल्यांची वांकडी नदर थंयूय तिची, धुवेची फाट सोडिना. जिविताक तुळशी धिटायेन तोंड दिता. पूण सगळ्या अप्सरणांतल्यान शिळाची राखण करतां करतां ती पिशी जाता - सगळो "संवसार तिका जनाप्पामय दिसूंक" लागता (७०).

तुळशी सारकेले शिकिल्ले सवरिल्ले, मदल्या वर्गांतले बायलेक शिळाची राखण करूंक तांकता, ते खातीर तिका पिशेपणाचें मोल दिवचें पडलें जाल्यारूय. पूण भौसांतले बायल-मनशेक शीळ परवडना. *अच्छेवर्तलीं* सगळीं मुखेल बायल-पात्रां पोटाक लागून शिळा कडेन तडजोड करतात. रुक्मीण बाबुशाक आपणाली कूड भोगूंक दिता. ह्या बाबुशाक लागुनूच मिनाच्या धंद्या वरवीं तांगेर पयसो घोळूंक लागिल्लो आसता. देवकेक घोवूच पयशांक लागून शिनळकी करूंक लायता. आनी, केंसर काम करता त्या मिनाच्या प्लॉटा वयलें चित्र पळेयात - "सगळीं कामेऱ्यां जमल्यांत... [. . .] माथ्यार हॅट घालून मास्तर कामेऱ्यांक एक एक काम फर्मायता. . . . कामेऱ्यां उबीं रावल्यार तो तिडकता. पूण ताजेकडेन उलोवंक गेल्यार, ताजीं फकाणां केल्यार मास्तर चळटा. . . . ताज्यो नदरो मागीर खंयचे खंय पावपाक लागता[त]. मागीर कायल भरताना सांबाळून ओणव घालचो पडटा. . . . मास्तराचें लक्ष कामार उरना. . . . मागीर कामेऱ्यांकय वाज येता. कितलीं म्हण सांबाळटलीं, सांवरतलीं. . . . मागीर कोणांक कांय दिसना. दिसल्यारूय कोण लागून घेना . . . " (११६-१७). असले सुवातेर कामाक वतना शिळाचो हुस्को घरांत दवरुनूच भायर सरचें पडटा. कार्मेलीन भौसांतलें न्हय. पूण दळडिराक लागून ताका शिळाची उवेखणी करची पडटा. इजाबेलूय

ाका सांगता, "...कार्मेलीन, लज, रेस्पेत हो आमकां गरिबांक तांकना... आस्पती तोकांनी सांबाळपाच्यो वस्ती त्यो..." (*कार्मेलीन* १७१). "निसार म्हळ्यार आपणाली अधोगती... कळंक," कार्मेलीनाक दिसता (२). पूण दुसऱ्याच खिणाक ी आपणाक समजायता, "पात्रांव म्हुण सोंसपाचें. ना जाल्यार सांगूं येतालें" (३).

कार्मेलीन, रुक्मीण आपणालें शीळ राखूंक पावनात. पूण धुवांक तरी शिळवंत जीण दिवपाचो हावेस बाळगून तीं आपणालें नुकसान भरून काडूंक आंवडेतात. ". . . ही म्हगेली कूड कुस्कूट मोलाची - आग्नेलान लुटिल्ली, जुझेन पिसडायिल्ली, रुजारीन भश्टायिल्ली. आतां ही कूड झरोवप ह्या म्हगेल्या बेलिंदापसत. जे भोगणार म्हज्या वांट्याक आयले ते ताज्या वांट्याक येवंचे न्हय म्हुण. जें म्हाका मेळ्ळें ना तें ताका मेळोवन दिवपाखातीर . . ." कार्मेलीन येवजिता (१५८). ज्या बाबुशान आपणालें शीळ लुटिल्लें ताकाच धुवेचेंय शीळ लुटूंक गेल्लो पळोवन रुक्मीण चवताळटा. कडव्याची कांब काडून ती बाबुशाक येतिश्ट बडयता. "परतो हुंबरो चडशी जाल्यार फोणूच भरतां तुजो" म्हूण सांगून ती ताका घरा भायर काडटा (*अच्छेव* १४६). दादल्याक केन्ना विरोध करून नकळऽ आशिल्ले रुक्मीणीच्या आंगांत तेन्ना आकांताचें बळगें येता.

बायल-मनशेचे लिखणेंतल्यान देंविल्ल्या नवलकाणयांतल्या बायल-पात्रांचे मानेर मात हें शिळाचें जूं दिश्टी पडना. रोबीनाचो मोग करता आसतनाय जेमा लेजलीले सोयरिकेक फकत तो 'कुवेटकार घोव' म्हूण हयकार दिता. "...रोबीन म्हाका जाय. फकत इश्ट म्हूण जाय. ताणे भेटयिल्लें कुडिचें सुखय जाय पूण तो घोव म्हण नाका," जेमाक दिसता (*भोगदंड* ७४-७५). रोबीन आपणा वरीच दुडवांक पातिशेर म्हूण तें ताचे कडेन लग्न जावंक सोदिना. पूण, ". . . हांव काजार जालें तरी रोबीनाक सोडचेंना," अशेंय तें थारायता (७५). थारायल्लें जेमा करुनूय दाखयता. इतलेंच न्हय, लेजलीन धाडिल्ल्या दुडवांनी तें घर बांदता आनी तातूंत रोबीना वांगडा रावंक लागता. रोबीनाचें भुरगेंय तें पोटांत वाडयता. लेजली पुरायेन नागवता. *भोगदंडांत* लेजली आपणाल्या 'नशिबांत आसा तें *भोगता*'जाल्यार जेमा 'आपणाक जाय तें *मेळयता*'. कुडीचें सुखूय जेमा मेकळेपणान मागून घेता. ". . . रोबीन, आज तूं म्हाका खऱ्यांनीच जाय. . . . म्हजे उगडे कुडीक तुजे कुडिचो धग जाय . . ." तें ताका सांगता (१३२-३३).

'हाय सोसायटी'तल्या उथळ जिविताक उबगून, आपणाले सामके 'मॉडर्न' - फ्लर्ट - भयणी कडलें नातें तोडून अनुष्का गोंयांत येता, मावशेगेर रावता. थंय

मयूराच्या - मावशाच्याच - मोगांत तें पडटा. मयूर 'आदर्श घोव', 'आदर्श बापूय' आसता. ताचे कडल्यान तें कुडीचें सूख घेता. कशें? तें ताका बुचकिता, ताच्या माथ्याचे केंस हुमटून उडयता, ताच्या हड्ड्याचेर बुचके काडटा, ताचे ओंठ चाबडायता, ताका आरतो परतो मस्तिता, आनी निमाणें विचारता, "मयूर, खरें सांग, असलें सूख तुका केन्ना सीमावशेकडल्यान मेळ्ळां?" मयूर 'ना' म्हणटा तेन्ना ताका आपणाल्या जिविताचें सार्थक जाल्ले वरी दिसता. "एका पूर्ण पुरुशाक एक पूर्ण सूख दिवपाक हांव यशस्वी जाल्लें," तें सांगता (*पाशाण कळी* १४८). सीमावशेक दोगांय फटयतात. आनी निमाणें, कोणाक सांगी नासतना, पोटांत मयूराचें भुरगें घेवन अनुश्का कोलकाता मदर तेरेजाच्या आश्रमांत वता. "म्हज्या जिवितांत हांवें एक अपघात घडोवन हाडलो आनी ताची जापसालदारकी हांवें टाळूं ना..." अशें तें म्हणटा (१७५).

बायल-मनशेचे लिखणेंतल्यान घडिल्ल्यो ह्यो दोनूय नायिका आपणाले मर्जे प्रमाण चलतात. जेमा कोणाची पर्वा करिनासतना आपणाक जाय तशेंच वागता. जाल्यार अनुष्का आपणाले खोशयेन एक 'अपघात' घडोवन हाडटा आनी उपरांत हेरांची पर्वा करून, ह्या 'अपघाता'ची ख्यास्त भोगपाची तयारी दवरून, सगळ्यां मदल्यान उठून वता. कार्मेलीन, रुक्मीण वा मंजूळ, जीण तांकां जें भेटयता तें मोन्यांनी घेतात, जाल्यार जेमा आनी अनुष्का आपणाक जाय तें जिणे कडल्या मागून घेतात. हेमा नायकांचे "निर्बळा" नवलिकेंतलें सपना दादल्या-मनशांल्यो आगळिको सोंसून सोंसून निमाणें जीव दिता, जाल्यार तांगेले *भोगदंड* नवलकाणयेंतलें जेमा युगां युगां सावन दादल्यान बायलेचेर केल्ल्या अन्यायाचो दंड एका निर्बळ दादल्याक भोगयता! जेमा *दादलो* कशें जियेता, तें *भोगयता* जाल्यार लेजली *बायल* कसो जियेता, तो *भोगता.*

एकेच नवलकाणयेंत 'व्हांवपी' तशी खंबीरपणान उबी रावन 'आव्हान दिवपी', दोनूय तरांची, बायल-मनीस दाखोवं येता. *अच्छेवांत* एके वटेन घोव वाट चुकता म्हणपाचें दिश्टी पडटा आसुनूय मोन्यांनी ताचे फाटल्यान चलपी रुक्मीण, आनी दुसरे वटेन "शीळ होगडायचें पडल्यार खोश्येन जाय तेजेकडेन होगडायन पुण तूं सांगता तेजेकडेन न्हू" म्हूण घोवाक सांगून, ताका सोडून वचपी देवकीय मेळटा (*अच्छेव* १५५). पिरायेन तिचे परस कितलोसो ल्हान आशिल्ल्या नानूक ही देवकी आपणालें काळीज ओंपता. नानू मेल्ल्याची खबर ती आयकता तेन्ना लग्नाच्या घोवा हुजीर कळशार मनगटां आदळून हातांतलीं कांकणां फोडून उडोवन आनी माथ्या वेलो कुकूम पुसून उडोवन ती रांड जाता (*अच्छेव* १९४-९५).

*काळी गंगे*तूय, एके वटेन मुखार आयिल्लें भोगीत रावपी मंजूळ मेळटा जाल्यार दुसरे वटेन संवेदनशील पूण तितलेंच खंबीर सुमन मेळटा. पिशा बापायचेर - गणेशाचेर - बशिल्ल्या म्हारवाक धांवडावपाक घाडी ताका बडयांनी मारूंक लागता तेन्ना सुमनाच्यान तें पळोवं नजऽ जाता. तें घाडयाक आडायता. ''ह्या नश्ट्या पोरान आमच्या सात पिळग्यांच्या देवस्पणाची बकच्छाय केल्या. . . . हो म्हारू सासणाचो तुमकां खायत उरतलो'' अशें घाडी रागान म्हणटा तेन्ना जमिल्लो लोक भियेता; सुमन भियेना (१९६). आंकवार चेडवान धर्तरेक नांगर तोंपचो न्हय हीय मान्यताय पेल्यान उडोवन तें नांगर घेवन शेतांत देंवता (२४३). ''भियेवचें न्ही गोविंद हे फुडें. पयलीं भुरगेपणापसून आमी मेळटालीं तशेंच मेळत रावचें. लोकांक उलोवं दी जाय तशें. . . . तूं घरासरी यो. उलयत बस लोकाहुजीर,'' तें गोविंदाक सांगता (१६७). सुमन आनी गोविंद निमाणें कुडीनूय लागीं येतात. हें लागीं येवप 'चुकून' वा 'अपघाता'न घडून येना. सुमन जापसालदारकेन ती थारावणी घेता. तें गोविंदाक सांगता, ''कांयच अनमनूंक नाका गोविंद, तूं म्हजो मनान आपणायिल्लो घोव! म्हजी कूड तुका दिली ना जाल्यार म्हजें मन म्हाका जल्मभर खातलें. तुका ही कूड ओंपल्यार तिचें भांगर जातलें. ना तर कुसकुटा इतलेंय मोल तिका उरचें ना!'' (२७४).

देवकी आनी सुमन जिणेक धिटायेन तोंड दितात, जाल्यार जेमा आनी अनुष्का एके भाशेन लिपून जियेवन जिणे पसून पळून वतात.

बायल-मनशेचें घडप, तिची वाडूय नवलकाणयांतल्यान पळोवंक मेळटा. भुरगेपणांतूच आवय-बापूय मरून अनाथ जाल्ल्या कार्मेलीना भितर जाणट्यांची समजिकाय येता. जुआंवफिलीपाच्या रुपांत ताका आवय आनी बापूय, दोगांय मेळटात. पूण तोय कार्मेलीनाक 'सोंसपा'ची - त्यागाची - शिकवण दिता. सोंसपाची कला कार्मेलीन बेस बरी केळयता, आनी परिस्थितीक विरोध करी नासतना व्हांवत वता. आवय मरतकच णव वर्सांचें मंजूळ तीन म्हयन्यांच्या सुमनाची आवय जाता. सुमनाच्या भुरगेपणाची जतनाय घेतां घेतां मंजूळाचें भुरगेपण खंयचे खंय नाच जाता. मंजूळाचें लग्न जाता तेन्ना मात सुमन खरेंच जाणटें जाता. उपरांत ताचेर एकार एक जापसालदारक्यो येवन पडटात, आनी सुमनाचें जुवानपणूय खंयचे खंय शेणटा. मंजूळाक जिणेचो भार पेलना, तें मरता. बापूय गणेश पिसो जाता, आनी मुखार सारको जावन येता तेन्ना गोळ लावन जीव दिता. मंजूळाचो घोव आपणाल्या दोगां भुरग्यांचो भार सुमनाचेर घालून पळून वता. हें सगलें उणें म्हूण, जिणेच्या संघर्शांत जाचो सुमनाक सदां आधार मेळिल्लो तो गोविंद सुमनाच्या

आनी आपणाच्या लग्नाच्यो सगळ्यो वाटो बंद जाल्ल्यो पळोवन काळी न्हंयंत उडी घेवन जीव दिता. जिणेच्या रखरखांत सुमन ''आंकवार रांडाव'' (*काळी गंगा* २८०) जावन एकलें उरता. ताका पिशेंय जावंक मेळना, मरुंकूय मेळना.

सुमन कोंकणी नवलकाणयेंतलें एक आगळें वेगळें तांकीवंत आनी तेजवंत पात्र. *काळी गंगा* ह्या पात्राची घडण, ताची वाड दाखयता.

बायल-मनशेचे लिखणेंतल्यान दें‌विल्ल्या नवलकाणयां भितर मात अशें पात्राचें घडप, ताची वाड पळोवंक मेळना. जेमा आनी अनुष्का सुरवेक आशिल्लीं तशींच निमाणे मेरेन उरतात. मनस्वी वागपी ह्याच एका अर्थान ताका *मेकळीं* बायलां म्हणूं येता.

सोंपयतना -

देवनागरी लिपयेंतले कोंकणी बरपावळींत नवलकाणयो आंकड्यान उण्यो आसात खऱ्यो, पूण तांचे भितर बायल-मनशेंचें समर्थपणान चित्रण जालां अशें म्हळ्ळे बगर रावं नजऽ. नवलकाणयांतल्यान कानार पडपी बायल-मनशेचे तरेकवार आवाजूच ह्या समर्थ चित्रणाची गवाय दितात.

१३ फेब्रुवारी २००० ह्या दिसा 'कोंकणी साहित्यांतलो बायल-मनशेचो आवाज' ह्या विशयाचेर कर्नाटक कोंकणी साहित्य अकादमीन बेंगळूर शारांत घडोवन हाडिल्ल्या परिसंवादांत वाचिल्लो पेपर.

(*जाग,* दिवाळी २००१)

१. मनोहररायांलीं बालगितां : कोंकणी साहित्याची घटमूट बुन्याद

कोंकणी कवितेक मनोहरराय सरदेसायांनी दिल्ल्या योगदानाचो थाव घेतना तांणी भुरग्यां खातीर बरयल्लीं गितां आमकां कुशीक दवरूंक मेळचिंनात. मनोहररायांले 'प्रौढ' कविते इतलीच, केन्ना केन्ना, तिचे परस कूसभर चडूच, म्हाका तांगेली बाल कविता म्हत्वाची दिसता.

मनोहररायान भुरग्यांक दोनश्यां वयर गितां दिल्यांत. हीं गितां म्हळ्यार एक पुराय संवसार. भुरग्यांलो संवसार. बिलूबाय, बुकीमाम, हुंदीरमाम, माकड, वाग, कोंबलो, कावळो, चिमणी, मूय, पिसोळें, वळार, मेस्त, गंवडी, दोतोर, पसरकार, शिंपी, म्हातारी, आजो, बावलो, बावली, पावस, दर्यो... हांचो संवसार. ह्या संवसाराचो केंद्रबिंदू भुरगें.

कांय गितां भुरग्याचे आनी भोंवतणच्या मनशांचे तशे मोनजातींचे संवाद घेवन येतात. देखीक, भुरगें म्हातारेक विचारता, ''खंय गे वेता म्हातारे/ इतले फांतोडे?'' आनी म्हातारी ताका जाप दिता, ''बुकलो म्हजो पळून गेला/ शेजरा भितोडे'' (*गोड, गोड गीतां*-२९). ह्या गितांतले म्हातारेक

बुकल्याचो हुसको. हो हुसकोय भुरग्यांल्याच संवसारांतलो.

म्हातारी आनी भुरगो हांचे मदलो हो संवाद पळेयात (मनोहरायांल्या गितांनी लोकवेदाच्या काणयांनी आसता तशी म्हातारी आसा, म्हातारो ना) :

- गांवचे म्हातारे गे तूं/खंय गे गेलेली?
- म्हापशां गेलेलीं रे पुता/ फेस्ता गेलेलीं
- फेस्ता साकुनू गे तुवें/ कितें हाडिल्लें?
- फेस्ता साकुनू रे पुता/ चणे हाडिल्ले
- चणे हाडिल्ले गे ते/ कोणा वांटिल्ले?
- चणे हाडिल्ले रे ते/ भुरग्यां वांटिल्ले.
- चणे हाडिल्ले गे तुवें/ कित्या खाले ना ?
- दांतांक लागना रे पुता/ दांतांक लागना. *(गोड, गोड गीतां-३ २६)*

दांत नाशिल्ली ही म्हातारी गांवच्या (दांत आशिल्ल्या) भुरग्यांचे लक्तुबायेन फेस्ता सावन मुजरत चणे हाडटा, आनी कांय प्रमाणांत, ''दांत आसात पूण चणे नात, चणे आसात पूण दांत नात'' ही म्हणणी हांगा पोकी थारता.

मनोहररायांल्या गितांतलें भुरगें मनशां परस मोनजातीं कडेन अदीक उलयता. हे काय संवाद पळेयात :

१. - बिलूबाय, बिलूबाय/ कोणें खाली साय?
- म्हाका बाबा खबर ना/ हांव गेल्लें कुसमणां.

(*गोड, गोड गीतां*-१ ४)

२. - आरे, आरे कोल्या/ कोली खंय गेल्या?
- सांगतां तुज्या कानांत/ कोली गेल्या रानांत.

(*गोड, गोड गीतां*-२ ३)

३. - हुंदीर मामा हुंदीर मामा/ खंय रे आशिल्लो?
- बुकीबाब न्हिदला घरांत/ बिळांत बशिल्लों.

(आदलोच संदर्भ ३०)

४. - मुयेबाये, मुयेबाये/ खंय गे गेलेली?
- पसरकारान धाडल्या साकर/ हाडूंक गेलेलीं.

(*गोड, गोड गीतां*-३ ११)

भुरग्यांल्या प्रस्नांक हांगा मोनजाती भुरग्यांलेच भाशेंत जाप दितात. समिक्षकांचे भाशेंत, हें मानवीकरण. पूण केन्ना केन्ना, मोनजाती भुरग्यांल्या प्रस्नांक आपणाल्या 'भासां'नीय जाप दितात. ''खंय रे तुजो भाव?'' ह्या भुरग्याल्या प्रस्नाक हळडुवो ताल्ल बेबो ''डरांव! डरांव!'' म्हूण जाप दिता, तसो कोंबलो ''कों , कोंच, कों!'', कावळो ''काव! काव! काव!''', बुकलो ''म्यांव! म्यांव! म्यांव!'' म्हूण जाप दिता (वयलोच संदर्भ ४-७). हातूंतल्यान कवी भुरग्यांक मोनजातींच्या तरेकवार 'भासां'क, तांच्या वेगळेपणाक मान दिवंक अचळय शिकयता. वांगडा, कोंकणींत सांकेतीक रुपान थिरावल्या मोनजातींच्या भाशीक रुपांची तांकां वळख घडयता. अशी तुळा खंय करची न्हय. पूण तरी, सांगन दिसता, "Old Mc Donald had a farm" गितांतल्या 'फार्मा'त बंदिस्त आशिल्ल्या मोनजातींच्या "Bow Wow", "Quack Quack", "Moo Moo"... हे उलोवण्यांचे सुके वळेरे परस मनोहरायांल्या गितांतल्या शेता मेरे वेल्या बेब्याचें ''डरांव डरांव'', दुरगा वेल्या कोंब्याचें ''कों कोंच कों'', आंब्या ताळये वेल्या कावळ्याचें ''काव काव'', म्हऱ्यांत अळंग येवन बशिल्ल्या बुकल्याचें ''म्यांव म्यांव'' अदीक 'मेकळें' दिसता, आनी देखून तें सरळ भुरग्याच्या, तशेंच, भुरगेपण सांबाळूंक पाविल्ल्या जाण्ट्याच्याय काळजांत सुवात जोडूंक पावता.

मोनजातींच्या उलोवण्यां वरी, मनोहरायांल्या गितांनी भुरग्यांले भाशेंतलीं, बारीक पळेल्यार, जाणटेल्यांनी घडयल्ले भुरग्यांले भाशेंतलीं, *शितू, मेमें, भोबो, कुतू, पिपी, पोपो, ताता...* बी उतरां मेळटात.

कोण, कोणें, खंय, केन्ना, कित्याक, कशें - भुरग्यांले आवडीचीं उतरां. ह्या उतरां वरवींच भुरगीं आपणाली जिज्ञासा भागयत नवें नवें शिकत आसतात. मनोहररायांलीं कांय गितां म्हळ्यार भुरग्यांक पडिल्ले निखटे कांय प्रस्न. देखीक, हें गीत पळेयात -

> आगा, आगा, वागा/ पावलो कसो हांगा?
> व्हडलें तुजें रान/ पांदरो तुजो ल्हान.
> खंय रे तुजीं भुरगीं? / कित्याक असो वोगी, वागा
> कित्याक असो वोगी? (*गोड, गोड गीतां*- २ २९)

शिकोवपाचो आव हाडी नासतना पांजऱ्यांतल्या एकमुळ्या वागाच्या दुःखाची भुरग्याक वळख घडोवपी हें गीत.

भुरग्याक प्रस्न विचारूंक आवडटा तशें ओर्दी सोडुंकूय आवडटा. हीं गितां पळेयात -

१. ऊड, ऊड कावळ्या/ ऊड ,ऊड, ऊड,
बूड, बूड बांगड्या/ बूड, बूड, बूड,
धांव, धांव पाडका/ धांव, धांव, धांव,
बुकल्या आमगेर/ राव, राव, राव. (*गोड, गोड गीतां-१ ५*)

२. यो रे, यो रे कावळ्या/ काव, काव, काव,
आमच्या आंगणांत/ राव, राव, राव.
यो रे, यो रे माकडा/ हूप, हूप, हूप,
आमगेर तोरां/ खूब, खूब, खूब.
यो रे, यो रे हुंदरा/ चीं, चीं, चीं
सगलीं भुरगीं/ वळखीचीं. (आदलोच संदर्भ १०)

मनोहररायांल्या गितांचें सगळ्यांत ओडलायणें आंग म्हळ्यार तांतली नादमय भास. तांगेलीं चडशीं गितां बरपाक्षरी संवसारांत अजून भितर सरूंक नाशिल्ल्या भुरग्यां खातीर बरयल्लीं. नादमयतेक लागुनूच तीं असल्या भुरग्यांच्या काळजाचेर शेक गाजोवंक लागतात. नादमयता वेगळ्या वेगळ्या तरांनी हांगा उकती जाता.

१. यमकांतल्यान उकती जावपी नादमयता.

देखी :

१. बिलूबाय, बिलू**बाय**
कोणें खाली **साय?** (आदलोच संदर्भ ४)

२. एक आसलो **बेबो**
ताका दिसलो **खुबो** (*गोड, गोड गीतां-३ २*)

*३. पणसा घरे, रुचीक **बरे** (कुकुलीं कवनां* २६)

*४. एक आसलो **बुकलो***
*गोरो गोरो **पाकलो*** (आदलोच संदर्भ ४०)

२. नाद-अणकारी उतरांच्या आदारान उकती जावपी नादमयता.

सगळ्या भासांनी भोंवतणचे कांय आवाज उतरांच्या रुपान थीर जाल्ले आसतात. असल्या उतरांक नाद-अणकारी उतरां म्हणटात. निकटो नादूच कांय नाद-अणकारी

उतरांचो 'अर्थ' आसता. कोंकणी भास नाद-अणकारी उतरांचे नदरेन भोव गिरेस्त. मनोहररायांलीं कितलींशीं गितां असल्या उतरांच्या आदारान फुलतात.

देखीः

१. **घूम, घूम** घुमटा/ **घूम, घूम, घूम,**
ढूम, ढूम, धोलक्या/**ढूम, ढूम, ढूम,**
टूम, टूम तबल्या/ **टूम, टूम, टूम,**
छूम, छूम घुंगरा/ **छूम, छूम, छूम.** (*गोड, गोड गीतां-१ ६*)

२. ताळी वाजय, ताळी वाजय/ **टप, टप, टप,**
उखल पांय, उखल पांय/ **झप, झप, झप,**
नाच गो बाय, नाच गो बाय/ **छन, छन, छन,**
वाजय घांट, वाजय घांट/ **ढण, ढण, ढण.** (आदलोच संदर्भ ८)

३. बाबू, बाबू धांव रे/ **लुट्ट, लुट्ट, लुट्ट,**
बाबू, बाबू दूद पी/ **गुट्ट, गुट्ट, गुट्ट.**
बाबू, बाबू चोय रे/ **बिटी, बिटी, बिटी,**
बाबू, बाबू हांस रे/ **किटी, किटी, किटी.**
(आदलोच संदर्भ १५)

४. सुणो कसो भोंकता?/ - **भूक, भूक, भूक**
गाडी कशी धांवता?/ - **झूक, झूक , झूक**
बोकडी कशी रडटा?/ - **में, में, में**
बाबू कितें करता? - **पें, पें, पें** (*कुकुलीं कवनां* ३०)

५. **चिंव, चिंव** चिमणी/**चिंवचिंवता, चिंवचिंवता,**
गितार **टिंव, टिंव**/ **टिंवटिंवता, टिंवटिंवता.**
गुण, गुण भोंवरो/ **गुणगुणटा, गुणगुणटा,**
झण, झण वारें/ **झणझणटा, झणझणटा.**
(*गोड , गोड गीतां -२ २६*)

६. **कड, कड, कुडूम/ घड, घड, घुडूम.**
विजूबाय हांसता/ दर्या गाजता.
तड, तड, तुडूम/ घड घड घुडूम
विजूबाय नाचता/ संवसार हालता.
धड धड धुडूम/ घड घड घुडूम. (आदलोच संदर्भ २७)

३. वाक्याचो कर्तो आनी वाक्यांत येवपी थळाचें नांव, कर्तो आनी कर्म, कर्तो आनी क्रियापद हांचे हे नादमय संबंद पळेयात :

१. ची ची **चिमणो / चिंबलाचो,** चिंबलाचो
पी पी **पिट्टोळ / पिर्लाचो,** पिर्लाचो
का का **कावळो / काणकोणचो,** काणकोणचो
शी शी **शिर्लो / सुर्लाचो,** सुर्लाचो. (*कुकुलीं कवनां* २५)

२. **बोंबो** गेलो **बोंबोय**
आनी हाडले **बोंबील** चार... (*मनोहर गितां* २७)

३. **भागूबाय,** भागूबाय/ **भाकरी** भाजता काय?
....
साळूबाय, साळूबाय/ **सान्नां** करता काय?
(*गोड, गोड गीतां*-१९)

बाबूचें लग्न असलेच तरेच्या संबंदांनी भरलां -

४. बाबूच्या लग्नाक/ भुरगीं आयलीं
भुरगीं मुरगांवचीं.
बाबूच्या लग्नाक जाणटीं आयलीं
जाणटीं झारबागचीं
बाबूच्या लग्नाक चलयो आयल्यो
चलयो दिवचलच्यो
बाबूच्या लग्नाक बायलो आयल्यो
बायलो बोरयेच्यो
बाबूच्या लग्नाक कुकडां आयलीं
कुकडां कुडचडचीं

बाबूच्या लग्नाक माकडां आयलीं
माकडां मडकयचीं
बाबूच्या लग्नाक कावळे आयले
कावळे कवळेंचे
बाबूच्या लग्नाक पारवे आयले
पारवे परवरचे
बाबूच्या लग्नाक पाडकां आयलीं
पाडकां पाड्डेचीं
बाबूच्या लग्नाक बेबकां आयलीं
बेबकां बेतकेचीं
बाबूच्या लग्नाक रांदपी आयले
रांदपी रायतूरचे
बाबूच्या लग्नाक वाडपी आयले
वाडपी वाडयेचे
बाबूच्या लग्नाक गावपी आयले
गावपी गावणेचे
बाबूच्या लग्नाक नाचपी आयले
नाचपी नाचनोडचे (*बाबूचें लग्न,* हातबरप)

नादमयतेन उपाट भरिल्लीं मनोहररायांलीं गितां म्हळ्यार भाशेचे, उतरांचे, ओडलायणे खेळ; केन्ना केन्ना अर्थाक खुंटयाळ्याक लावन केल्ले. ह्या नादमय ब्रेळांनी अर्थाचेय खेळ आसात. देखीक, हीं उमाण्यां वरी गितां पळेयात :

१. सगलो गांव भोंवतां हांव
करीत काव, काव,
सांग रे म्हजें नांव बाबू
सांग रे म्हजें नांव. (*गोड, गोड गीतां-१* २४)

२. उडक्यो मारीत भोंवतां हांव
खातां आंबे, जांब,
शेंपडी म्हजी लांब, बाबू
नांव रे म्हजें सांग. (*गोड, गोड गीतां-२* ३४)

३. सुपा येदे कान
नाक म्हजें लांब
पांय म्हजे खांब.
नांव म्हजें सांग, बाबू
नांव म्हजें सांग. (*गोड, गोड गीतां*-३ ३१)

४. झाडार म्हजें घर आनी
बडी कशें आंग,
सांग रे म्हजें नांव, बाबू
म्हजें नांव सांग. (आदलोच संदर्भ ३६)

मनोहररायांलीं कांय गितां म्हळ्यार इल्ल्यो इल्ल्योश्यो काणयो. देखी :

१. एक आसली ऊय
तिका भेटली मूय
उयेन म्हळें :
''मुये मुये,
कित्याक चोयता भूंय?''
मुयेन म्हळें, ''उये बाये
शेणल्या म्हजी सूय.'' (आदलोच संदर्भ २०)

२. एक आसलो कावळो
खूब, खूब सवळो,
न्हावन, धुवन जेवतालो
देवा लागीं मागतालो :
''देवा, देवा मतींत धर
मात्सो म्हाका धवो कर
देवा सायबा पाव
काव, काव, काव.'' (आदलोच संदर्भ ३५)

केन्ना केन्ना, 'एक आसलो अमको' म्हूण मनोहररायांलें गीत काणयेच्या झेतान सुरू जाता, पूण हे काणयेंत कांयच घडना. फकत उतरां उतरांक मेळटात

आनी भास धोलूंक लागता, नाचूंक लागता. देखीक, हें गीत पळेयात-

एक आसलें कोप
ताका नासलो कान,
एक आसलो तांबयो
ताका नासली मान.
एक आसलें कदेल
ताका नासले हात,
एक आसली फाणी
तिका नासले दांत. (आदलोच संदर्भ ३८)

मनोहररायांलीं कांय गितां म्हळ्यार जाणट्यांले जिबेर चंवरिल्ली भुरग्यांली अपुर्बाय, तांची तोखणाय. ही अपुर्बाय, तोखणाय 'बाबू'चीच न्हय, 'बाय'चीय.[१]

देखीः

१. हुंदीरमामा, यो रे हांगा
बाबूक म्हज्या चोय
बाबू म्हजो भाकरी खाता
तुका दिता सोय. (*गोड, गोड गीतां-१ १६*)

२. *लाल, लाल आबोलें*
धवी दुदा-साय,
गोड, गोड साकर
तशें म्हजें बाय. (आदलोच संदर्भ १९)

३. काळे, कोंगरे केंस गो तुजे
मोगऱ्यांवरी दांत,
गोरे, गोरे पोले तुजे
गोरे, गोरे हात.
गोरी, गोरी मान तुजी
गोरे, गोरे पांय,
कितलें बरें बाय म्हजें
कितलें बरें बाय! (*गोड, गोड गीतां-२ ५*)

मनोहररायांलीं चडशीं गितां ल्हान ल्हान, कुकूऽलीं, माणुकुलीं. चार ते आठ

वळींचीं. "बाबूचें लग्न", *बेब्यांचें काजार*, "माजराचें काजार" (*मनोहर गितां* २२), "मामागेर पोरां बारा" (*मनोहर गितां* २९) बी कांय व्हडलीं गितां आनी *भांगराची कुराड* ही एक गीत-कथाय तांणी बरयल्या. सांगपाची गरज ना, ह्या ल्हान व्हड सगळ्या गितांची भास सादी सोंपी सरळ. एका लेगीत उतराची आडखळ येना असली. हिंदू, क्रिस्तांव - सगळ्या भुरग्यांक आपली दिसची, हे तरेची. ह्या गितांनी *लग्न* आसा तशें *काजार* आसा, *जात्रा* आसा तशें *फेस्त* आसा, *पळे* आसा तशें *चोय* आसा. *आवय* आसा तशी *मांय* आसा.

मनोहररायांलीं कांय गितां 'मस्तेपणान' सोंपतात.

देखी:

१. एक आसलो गोरिल्ला
तो गेलो बंगाला
आपल्या बारा पोरां खातीर
हाडले तेरा रसगुल्ला. (*कुकुलीं कवनां* ३२)

२. - बिलूबाय, बिलूबाय
खंय गो आशिल्लें?
- मामान तुज्या हाडलां मेमें
राखूंक बशिल्लें. (*गोड, गोड गीतां* - १ ७)

हेच भाशेन, "माजराचें काजार" गितांत व्हंकलेचे कुडींत हुंदीर पावता आनी काजार विसरून व्हंकल हुंदराचे फाटीक लागता. अशेंच, "बाबूचें लग्न" गितांत बाबूचें लग्नूच जायना. बाबूक लग्नाक आपोवपाची कोणाक चत्राय उरना, देखून. गितांचे हे 'मस्ते' अखेर भुरग्यांक हांसयतात.

नितळ निवळ आनंदान भरिल्लो असो हो गितांचो संवसार. ह्या गितांनी एक प्रार्थनाय आसा :

देवा सायबा पाव गा
देवा सायबा पाव,
आमी सगलीं भुरगीं
भैणी आनी भाव.
आमी मोगान मेळचीं
आमी मोगान खेळचीं,
आमच्या हांशान भरचो

सगलो आमी गांव.

देवा सायबा पाव गा

देवा सायबा पाव. (*गोड गोड गीतां* - २१८)

भुरग्यांच्या आनी जाणट्यांच्याय हांशान आनी मायेमोगान भरिल्लो सर्ग ‍निर्माण करपाचेंय काम मनोहररायांलीं गितां करतात.

हीं गितां म्हळ्यार निखट्या भुरग्यां साहित्याचीच न्हय तर पुराय कोंकणी ‍साहित्याची बुन्याद. सांगपाची गरज ना, कोंकणी साहित्याची ही बुन्याद घटमूट ‍तरी आसा. हिचेर केदेंय व्हडलें भवन उबें जावं येता.

टीप :

१. पूण फकत गोऱ्या गोऱ्या बायचीच... काळ्या/काळश्या/सांवळ्या - 'सावुल-गोऱ्या' बायची अपुर्बाय खंय...? - ही जाणवीक म्हाका प्रतिभा बापट हे म्हजे इश्टिणीन करून दिली.

७ आनी ८ ऑक्टोबर २००५ ह्या दिसांनी, पणजे, इन्स्टिटयूट मिनेझीस ब्रागांझाच्या सभाघरांत ‍साहित्य अकादेमी, दिल्ली, आनी गोवा कोंकणी अकादेमी हांच्या जोड-पालवान बाल साहित्याचेर ‍घडोवन हाडिल्ल्या परिसंवादांत वाचिल्लो पेपर.

(*जाग,* डिसें.'०५-जाने.'०६)

१०. राजकारणाची भास, भाशेचें राजकारण

सुटके उपरांतच्या गोंयांतल्यो राजकी घडणुको *शबै शबै भौजनसमाज* (१९८६) ह्या पुंडलीक नारायण नायकांच्या नाटकाचें pre-text. ह्या राजकी घडणुकां कडेन भाशीक नदरेन पळेत जाल्यार दिसता, १९६१ वर्साच्या डिसेंबर म्हयन्यांत गोंयांतली साडे चारशीं वर्सांची पोर्तुगेजांची राजवट सोंपली आनी गोंय राष्ट्रीय प्रवाहांत गेलें तेन्ना गोंयच्या राजकी जिवितांत एक नवी 'भास' रिगली. लोकशाय, जनता *(/जन्ता)*, भौजनसमाज, पक्ष, इलेक्शन/वेंचणूक, उमेदवार, कार्यकर्तो, पोस्टर *(/पोश्टर)*, बॅनर, मिटींग/सभा, प्रचार, जाहीरनामो, आमदार, मिनिस्टर *(/मिनिष्ठर)*/मंत्री, सेक्रेटरी *(/शेक्रेटरी)* राजिनामो, शिश्टमंडळ, घेराव, सत्कार, उद्घाटन, फायल, विकास *(/इकास)*, कल्याण, प्रगती *(/परगती)*, पत्रक, झिंदाबाद, मुर्दाबाद... ही भास गोंयकारांचे संवकळीची जावंक लागली. सत्तेच्या राजकारणांत हे भाशेचो 'कंडो हालोवप' भोव म्हत्वाचें जालें. *शबै शबै भौजनसमाज* नाटक म्हळ्यार, एके नदरेन, हे राजकारणाचे भाशेचो 'शिगमो'!

ह्या शिगम्यांत भाशीक संकेतांच्या (सोंपे भाशेंत, उतरांच्या) 'वयलेचाराच्या ्गा'च्योच - signifiersच्योच ('संकेतकां'च्योच) - घुडयो नाचतात. केतांच्या signifiedsक ('संकेतितां'क, सोंपे भाशेंत, अर्थांक) तातूंत व्हडलेंशें त्व ना.

हाची एक अतितायेची देख नाटकांतल्या *जाहीरनामो* आनी *राजिनामो* ह्या रांच्या घोळांत दिश्टी पडटा - वेंचणुकेचे प्रचार-सभे वेळार *जाहीरनामो* उतराचे वातेर भोल्याचे जिबेर *राजिनामो* येता (१०). मुखार भोलो वेंचून येवन मंत्री ाता आनी कोण तरी ताच्या राजिनाम्याची मागणी करता तेन्ना *राजिनामो* ळ्यार भोलो *जाहीरनामो* समजता आनी सेक्रेटरीक सांगता, ''मागणी केल्या ाल्यार तेंकां दिवन वडय. इलेक्शनाच्या वेळार खूब शापिल्ले आसा न्हू'' ४४). हाचे मातशे पयलीं, आपणाक आमील जाय, आमील मेळना जाल्यार ापूण ''जाहीरनामो पासून दिवपाक तयार आसां'' (आदलोच संदर्भ) अशें तो हणटा. हांगा ताच्या मनांत *राजिनामो* उतराचो अर्थ आशिल्लो जावंक जाय.

हेच भाशेन, भोल्याचे जिबेर *'महिला* मंडळ', *'मैला* मंडळ' जाता (५७), ानी कोण एकलो (देशाची) *राज्यघटना* म्हणचे सुवातेर (देशाचें) *राज्यघट्टण* हणटा (३४).

हो सगलो उतरांचो घोळ, होवूय एक संकेत - राजकारणांतल्या भाशेच्या ापराचो - गैर वापराचो. ह्या गैर वापराक लागून, एके तरेची 'निस्तेज' - मोनी, अर्थ नाशिल्ली' - भास आमच्या राजकी मळार घोळटा. हे भाशेंत उतरांचे signifiersच दोळ्यांत भरतात. तांचे signifieds सोदचे पडटात. केन्ना केन्ना, सोदल्यारूय ते मेळनात. देखून *भौजनसमाजाचो विकास (इकास)* (५१), *भौजनसमाजाचें कल्याण* (५४), *भौजनसमाजाचो उद्धार* (५७), बी उतरां कांय सांगनात' - तांकां 'अर्थ आसना'. इतलेंच न्हय, राजकारण्यांनी दिल्लीं उतरां, आश्वासनां 'खरीं' आसनात. तांणी दिल्ल्यो देणग्योय 'खऱ्यो' आसनात, आनी ें सगलें 'फटकिरेपण' चालंत राजकारणाचे भाशेच्या व्याकरणांत बसता.

राजकारणाचे भाशेची इतली ही अवनत कशी जाली? ती कित्याक लागून जाली? कोणें ती केली? ह्या सगल्या प्रस्नांच्यो जापो सोदपाचो यत्न आमी करतात तेन्ना भाशेचें राजकारण इल्लें इल्लें स्पश्ट जावपाक लागता. *शबै शबै भौजनसमाज* आमकां राजकी मळा वयली ही अवनत, हें 'निसंतान' धड्डडीत दाखयता.

निसंतान उतराचो भोव प्रभावी वापर ह्या नाटकांत बरोवप्यान केला.

सामान्यतायेन, 'तुजें निसंतान जावं' (म्हळ्यार, 'निर्वंश जावन तुजें सामकें पाड पडूं') सारकेले स्रापा वरी गाळींत येवपी हें उतर हांगा (स्रापाचो परिणाम म्हूण (?) उपजल्ले) परिस्थितीचें 'नांव' - वर्णन - जावन येता. समिक्षकांचे नदरेन हें राजकी 'प्रहसन' वा 'विडंबन'.[१] पूण नाटकांतल्या नाटकाचें निवेदन करपी नाटकांतलेंच पात्र ताका ''राजकी निसंतान'' म्हणटा (ह्या नाटकाचें पुराय नांवूच *शबै शबै भौजनसमाज : अेक राजकी निसंतान),* आनी नाटक खऱ्यांनीच आमका एका राजकी 'Waste Land'त घेवन वता. ह्या Waste Landत मनशां आसात पूण तांचेर पातयेवं नजऽ; उतरां आसात पूण तांचेर - तांच्या अर्थाचेर - भरवंसूं नजऽ... असल्या ह्या रेंवे सड्यार कितेंच किल्लुपाची आस्त ना, अशी अस्वस्थकाय नाटकाचो पड्डो पडटा तेन्ना पळोवप्याच्या/वाचप्याच्या काळजार फांकता.

आधुनीक नाटकाचीं लक्षणां स्पश्ट करता आसतना पुंडलीकबाब बरयतात, ''. . . नाटक रंगमाचयेर सोपता जाल्यार तें प्रेक्षकांच्या मनांत सुरू जावपाक जाय'' (*रंगपाट* ३३). *शबै शबै भौजनसमाज,* हे भाशेन, सोंपता थंय सावन परतें सुरू जाता!

जायते फावटीं, संवकळीक लागून आमचे संस्कृतायेचीं कितलींशीं आंगां - चाली-रिती, संकल्पना, मान्यतायो - आमकां सभावीक, 'सैमीक' दिसूंक लागतात. तांच्या 'इतिहासा'ची आमकां विसराय पडटा. हातूंतल्यान आर्विल्लीं मिथकां तयार जातात आनी दिसपट्टे जिणेंत आमी कितल्याश्या मिथकांचीं consumers जातात (अदीक म्हायती खातीर पळेयात बार्थ, *Mythologies). भोवजनसमाज* हेंवूय बी, हे तरेचें, आमच्या राजकी मळा वयलें एक मिथक.

नाटकाचे सुरवेक 'भौजनसमाज पक्षा'च्या अध्यक्षाक सभेंतलो एकलो सांगता, ''. . . हांगा भौजनसमाजाचो अेकलोय मनीस ना.'' दुसरो म्हणटा, ''हांगा आसात ते - बामण, वाणी, देवळी, शेट, चाड्डे, म्हाले, म्हार, चामार.'' हाचेर अध्यक्ष तांकां सांगता, ''हे सगळे म्हणजेच भौजन समाज.'' आनी मागीर सगल्यांक *भौजनसमाज* उतराचो अर्थ 'कळटा' (८). भोवजनसमाजाची संकल्पना हे भाशेन naturalize जाता, 'सभावीक' जाता. भोवजनसमाज पक्ष, भोवजनसमाज पक्षाचें सरकार वा मंत्री जें कितें करतात तें सगलें भोवजनसमाजा खातीर केल्ले वरी जाता, 'भौजनसमाज' 'भोलोसमाज' जाता (३९), आनी ह्या पक्षाक, पक्षाच्या सरकाराक वा मंत्र्याक विरोध करपी सगले भोवजनसमाजाचेच विरोधक

ञातात. देखून भोल्या आड मोर्चा घेवन आयिल्ल्यांक भोलो सांगता, "... तुमचो हेतू सुद्ध ना ... तुमी भौजनसमाज न्हूं. तुमी भौजनसमाज आशिल्ले जाल्यार भौजनसमाजाच्या प्रतिनिधीची असो मोर्चा हाडून लज काडचे नाशिल्ले" (६८). राजकारणाचो शिगमो सगलो भोवजनसमाजाच्या नांवान चलता पूण भोवजनसमाज कोण हें निमाणे मेरेन कोणाकूच 'सारकें खबर' आसना. भोवजनसमाजाच्या राजकारणांत तशें खबर आसपाचीय गरज आसना. मोर्चा घेवन आयिल्ल्यांक भोलो सांगता, "हो भौजनसमाज, भौजनसमाज म्हणटा तो कोण, हें जो म्हाका सांगतलो तेका हांव फूल थंय फुलाची पाकळी म्हूण १००१ दितलों" (६७). पूण 'भौजनसमाज कोण' हें विरोधी भोल्याक सांगनात, वा तांकां तें सांगूंक येना.

ह्या 'रासवळ अज्ञाना'क लागुनूच भोवजनसमाजाचें मिथक आमचे मानसीकतायेंत पाळांमुळां धरूंक पावता, आनी भोवजनसमाजाचें राजकारण करपी (खेळपी) राजकारण्यांचें फावता. तांकां भोवजनसमाजाच्या नांवान शबै घालूंक मेळटा. भोवजनसमाजा सारकेलीं मिथकां समाजांत मूळ धरतात तेन्नाच *शबै शबै भौजनसमाज* सारकेलीं "राजकी निसंतानां" तयार जावंक पावतात.

ह्या नाटकांतलें मुखेल पात्र, भोलो, शणै गोंयबाबांल्या *मोगाचें लग्न* (१९१३) नाटकांतल्या मुखेल पात्राची, बाबग्याची, याद जागयले बगर रावना. दोगूय 'भोवजनसमाजां'तले, आनी बरप-अक्षर शिकूंक नाशिल्ले. दोगांयच्या वांट्याक हे आदीं तांच्या जाणटेल्यांनी केन्ना करूंक नाशिल्लीं, परंपरेन 'वयल्या' समाजाचीं आशिल्लीं, कामां येतात. वेव्हार-चातुर्याच्या बळार आनी त्या 'कामाचे भाशे'चेर प्रभुत्व जोडून दोगूय जिविताच्या नाटकाचीं सवंगां सोबोवन व्हरतात.

वैजाक वैजकेचें निखटें गिन्यान आसून भागना, वायटकारांक वैजकेंतले लांब लांब शिळोक म्हणून दाखोवन सरसमान मनशांचेर ह्या गिन्यानाचो प्रभावूय घालूंक ताका येवंक जाय, दुसऱ्या उतरांनी, ताका वैजकेचो कंडोय बरो हालोवंक येवंक जाय हें बाबगो वेव्हारांतल्यान 'शिकला' (२१). गिन्यानाचे वाटेन वैजकेंत भितर सरपाक वाव नाशिल्ल्यान बाबगो 'कंडो हालोवन' ह्या संवसारांत घोळटा, आनी आपले हुशारकायेन 'वयल्या' समाजाचें प्रतिनिधित्व करपी घारुदाद, बोंबबाबाचेरूय आपणालो प्रभाव घालता - तांकां 'गुठलायता'.

भाशे विशींच्या मान्यतायांनी तर बाबगो पुरायेन 'वयल्या' समाजाच्या 'व्याकरणा'क धरून चलता. "आमी [वैजांनी] म्हणटात तें संवस्कुत्र नाजाल्यार म्हात्रभाशेनूच [मराठींत] उलौंक जाय. तितलेंय घडना जाल्यार ['हेंगाडी' कोकणींत]

उलैता आसतना मर्दींमर्दीं संवस्कुत्र उतरां अद्रूण घालूंक जायत (४९)'' हें भाशीक वेव्हाराचें व्याकरण बाबगो जाणा. ताकाच धरून तो चलता. दुसऱ्या उतरांनी, सत्तेच्या केंद्रा सरींच रावता.

घारुदाद बरपाक्षरी समाजांतलो आशिल्ल्यान ताका 'संवस्कुत्र' (संस्कृत) येवंक जाय असो बाबग्याचो समज. पूण ही भास ताका ''शास्त्राकूय येना'' म्हणपाचें कळटकच बाबगो संस्कृत, पोर्तुगेज आनी कोंकणी उतरां भरसावन आपणेंच घडयल्लो एक श्लोक म्हणून दाखोवन घारुदादाची 'परिक्षा' घेता. ''आवेलं कोकमिस्त्रितं तन्मध्ये ज्याग्रमेवच/कोमिदं सुर्बुसं एवं बाबगो भुरकायते।'' ह्या श्लोकांतल्या एकाय उतराचो अर्थ घारुदादाक लागना म्हणपाचें कळटकूच वैजकेचो कंडो हालोवंक बाबगो पुरायेन मेकळो जाता (४७-४९). ''भाशेचें कसलेंय खतखतावणें म्हज्या पानार वाड; हांव भितर बुचकळी मारून वैर सरतलोंच'' (४८-४९) हो बाबग्याचो विश्वास. ह्याच विश्वासाच्या बळग्यार सुब्रमणी फोंडें म्हालाचो 'आल्मिस्त्रादोर' जाला म्हूण कळना फुडें आपणाक 'रजिदोर' नेम म्हूण बाबगो ताका सांगूंक धजता. ''तुका रजिदोर? तुका फिंर्गी बरप येता व्हय?'' सुब्रमणी ताका अजापान विचारता, आनी बाबगो ताका जाप दिता, ''ना आयलें म्हणून? फिंर्गी बरप कित्याक जाय? तोंडांत एक सिगार धल्लें. हातांत एक रोत घेतलें. फाटल्यान एक शिपायक घेतलो. हाका दबकायलो. ताका दटायलो. कोणाक दंड केलो. जालें. म्हैनो जातकूच पागामेंत घेतलो. आनीक रजिदोराचें काम तें कसलें?'' (६७). ह्या कामाक जोड म्हूण गरजेचीं आशिल्लीं ''शीं शिंयोर, नांव शिंयोर, आर्र दियाब, फिजेदकांव, वशिमोर, मानकुराद, आबेर्दामेर्द'' सारकेलीं फिंर्गी (पोर्तुगेज) उतरांय आपणाक येतात म्हणपाचें तो सांगता (आदलोच संदर्भ).

बाबग्या बशेन भोलोय बी आपल्या 'धंद्या'चें व्याकरण शिकला. ताची भास तो फिशालकायेन वापरूंक जाणा.

भाशेच्या कसल्याय खतखतावण्यांत बुचकळी मारून वयर सरपाचो आत्मविश्वास आशिल्लो बाबगो, आनी ''पोटाच्या रक्षणाक कित्याचेंय भक्षण'' करपाचें ''शिक्षण'' आशिल्लो भोलो (५), दोगूय येसाचीं सपणां चडूंक जाणात. ह्या व्यक्तींचें येस म्हळ्यार, एके नदरेन, जे वेवस्थेंत ते येस जोडटात तिचें अपेस - तिचें 'निसंतान'!

नंदकुमार कामतींच्या मत्तान, *''शबै शबै भौजनसमाज* नाटकांत भ्रश्ट राजकारण, राजकारणी, स्वाभिमानशून्य समाजाचें चित्रण जालां. पूण 'why it

[so]'चो खंयच विचार ना'' (१२). *शबै शबै भौजनसमाजां*तली असमर्थता, ाबलता नंदकुमारबाबांक अस्वस्थ करता (५). ''जें चल्लां तें वायट म्हणून गसो घालपी, आवाज काडपी एकूय पात्र ह्या नाटकांत ना'' देखून हें ''भ्रश्टाचाराचें दात्तीकरण (glorification) करपी नाटक'' अशें तांकां दिसता, आनी ते रयतात, ''नाटकाचो शेवट पळयल्यार दिसता - 'हय, हें अशेंच चलपाचें, हाचेय ड़ें अशेंच चलतलें. ताका कांय उपाय ना.' '' (११).

म्हाका हें नाटक इतलें depressing दिसना. भोवजनसमाजाच्या नांवान ोवजनसमाजांतलेच भोवजनसमाजाक नाडटात हें भोवजनसमाजाक दुसरो - भायलो' - कोण सांगना. ताचे ताकाच हें कळटा, हें ह्या नाटकाचें खाशेलेपण. गलो भोवजनसमाज 'कुड्डेगाळीं'तल्या लोकां वरी 'कुड्डो' ना. ोवजनसमाजाकूय बरें/वायट, खरें/फट पारखूंक येता. देखून, भोवजनसमाजांतलेच शेकिल्ले तरणाटे भोवजनसमाजाचेच मुखार हें 'राजकी निसंतान' करून दाखयतात.[२] जिचे मुखार ह्या नाटकांतल्या नाटकाचो प्रयोग जाता ती शिक्षण नाशिल्ली 'नेणार' जाणटेली भोवजनसमाजाची प्रतिनिधी. (लोकवेदांतली, मुखेलपणान लोक-काणयांतली, जाणटेली चडशी गिन्यानान, वेव्हार चातुर्यान भरिल्ली आसता. हीच जाणटेली (*जाण* आशिल्ली) नवे वेवस्थेंत 'शेणटा' - 'नेणार' जाता.) राजकी मळा वयल्या 'निसंताना'चें हें सत भोवजनसमाजाकूच दिश्टी पडटा आनी भोवजनसमाजूच भोवजनसमाजाचें मिथक उसोवपाक - उकतें करपाक - मुखार सरता हें हांगा खऱ्यांनीच म्हत्वाचें. नाटकाचो खासा बरोवपीय ह्या भोवजनसमाजांतलोच तरणाटो हें आमच्यांनी कशें विसरूं येत?

हे नदरेन नाटकांतलो लोकवेद खूब कडेन नाटका पसून अलिप्त रावन भोवजनसमाज कसो 'पिसो ना' तें आमकां दाखयता.

ह्यो कांय देखी पळोवच्यो :

१. लोकशायेंत [लोकशायेन] दिलें रे व्हडलें एक सत
हांगा थेंव खंय थेंव नांव तेचें मत. (३)

२. इलेक्शन येयलें रे दारां दारां पावलें
मतदार संघां आतां अेक अेक बावलें. (४)

३. खाल्ल्या मिठाक जागतले काय पानां पुसतले
हेचें खावन तेका दिवन वयल्यान बासतले. (१५)

४. भौजन भौजन/शंख बरो वाजता
धोपराक बांदून सगळे/जनलोक फसता. (५६)

राजकी परिस्थितीची जाण आशिल्लो भोवजनसमाज ह्या लोकवेदांत झळकता. तोच ह्या नाटकाची आस्त - hope. भोल्या आड मोर्चा घेवन आयिल्लो मोर्चाचो मुखेली निमाणो पिशांतूर जाता. नाटकाचे हे अखेरेंतूय एक आस्त आसा. पिशांतूर जाल्ल्या मुखेल्याक भोल्याचो शेलको पयशे दिवन ओगी करतलो...? म्हाका दिसना. मुखेल्याची तकली 'जाग्यार आशिल्ली', देखून तो असो पिशांतूर जालो... हो मुखेली मुखार कितें करतलो...? हे सारकेले प्रस्न नाटक वाचले/पळेले उपरांत पडले बगर रावनात. आनी हांगाच, पुंडलीकबाब सांगतात तशें, नाटक परतें सुरू जाता. एका textतल्यान - पाठ्यांतल्यान - आनिकूय कितलींशीं texts - पाठ्यां - जल्मा येतात.

निमाणें सोंपयतना -

शबै शबै भौंजनसमाज नाटकाचेर आनिकूय खूब नदरांनी अभ्यास जावं येता.

विडंबना खातीर नाटकांत अतिशयोक्तीचो खूब प्रभावी वापर जाला. हाची बेस बरी देख पक्षाच्या ''साडेसत्तावीस कलमी जाहीरनाम्यां''त मेळटा (१०-१२). ह्यो कांय देखी पळोवच्यो-

१. ''आमची मायभास फक्त आठवेच वळेरेंत न्हय तर शक्य जाल्यार सोळावे वळेरेंत घालतले'' (१०).

२. ''भायल्या प्रदेशांतल्यान तांदूळ, गंव, नाल्ल, कांदे, बटाट, बुदवंत, विचारवंत, तत्वगिन्यानी, आलें, कोथंबिर, जायफळां हांची आयात करतले'' (१०-११).

३. ''कसता ताची जमीन, रावता ताचें घर, बसता ताची कदेल, सकाळीं हळशीक करता ताचो बांद, नागयता ताची बँक. आनी न्हिदता ताची बायल हें तत्व लागू करतले'' (११).

प्रचार सभेंतल्या भाशणांतूय ही अतिशयोक्ती येता. उलोवपी म्हणटा, ''तुमचें मत आमकांच पडूंक जाय. फक्त तुमचेंच न्हय तर तुमच्या बापायचें, आज्याचें, पणज्याचें तशेंच तुमच्या घरांतले बायलेचें, आवयचें, भयणीचें इतलेंच न्हय तर ल्हान ल्हान धा वर्सांच्या भुरग्याचें मत सुद्धां आमकांच पडपाक जाय'' (१९).

ही अतिशयोक्ती नाटकांतल्या संवादांत एके तरेची निरर्थकताय हाडटा आनी लोकशाय वेवस्थेच्या शेणिल्ल्या अर्थाची वाचप्याक/पळोवप्याक खर जाण करून दिता. वाचपी/पळोवपी हांसता, दुबाव ना. पूण वांगडाच परिस्थितीचेर येवजुंकूय लागता. ही ह्या नाटकाची खरेली तांक.

टिपो :

१. पळेयात : कामत १०; तडकोडकार ५२; कामत बांबोळकार ७. ह्या नाटकाच्या ''दोन उतरां''त बरोवपीय ताका ''राजकीय विडंबन नाटक'' म्हणटा.

२. तरणाटे शिकिल्ले म्हणपाक आधार आसा. नाटकाचे सुरवेकूच केशव - नाटकांतल्या नाटकाचो निवेदक - जाणटेलेक म्हणटा, मावशे, तुका कळपाचें ना, तूं नेणार (२). हाचे वयल्यान केशव आनी ताचे सांगाती शिकिल्ले आसतले असो अदमास लावं येता.

तॉमास स्टीवन्स कोंकणी केंद्र, आल्त पर्वरी, आनी अपुरबाय प्रकाशन, वळवय हांच्या जोड पालवान १७ फेब्रुवारी २००१ दिसा घडोवन हाडिल्ल्या 'पुंडलीक नायकाच्या नाट्य साहित्याचें अध्ययन' ह्या विशया वयल्या परिसंवादांत वाचिल्ल्या पेपराचें निवळायल्लें रूप. मूळ पेपर ह्याच माथाळ्या सयत एप्रील २००१ च्या 'सोद' नेमाळ्यांत उजवाडा आयिल्लो.

(जाग, मे २०११)

११. कोश साहित्य आनी भाशेचें सशक्तीकरण

"A language is a dialect with an army and a navy," जोशुआ फिशमन हांणी खंय तरी म्हळां. भासविज्ञाना वयल्या परिसंवादांनी उलोवपी खूब खेपे ह्या 'वचना'चो आधार घेवन आपणाले विचार मांडटात.

भास म्हळ्यार सैन्य आशिल्ली, राखणे वेवस्ता आशिल्ली बोली. दुसऱ्या उतरांनी, ठांयबसणेक लागिल्ली 'बोली' म्हळ्यारूच 'भास'. आनी, भाशेचें सैन्य, तिची राखणे वेवस्ता म्हळ्यार कितें? आमी सोद घेवंक वतात तेन्ना जाप मेळटा, तिचीं व्याकरणां, तिचे बरपाचे नेम, तरेकतरांचे कोश, स्पॅल चॅकर ... हें सगळें. भाशेचें साम्राज्य असल्या सगल्या गजालींचेर उबें आसता.

व्याकरणां आनी कोश भाशेक घटाय दितात, तिचें बस्तान बसयतात. दोनांय भितर खूब लागींचें नातें आसा. पाणिनि खंय म्हणटाले, ''वैयाकरणः प्रयोगशरणः'' - व्याकरणकार भाशीक प्रयोगाक, भाशीक वेव्हाराक, शरण वता. व्याकरणाचे

नेम भाशेच्या वेव्हारांतल्यानूच आयिल्ले आसतात. देखीक-

कोंकणींत नामाचें भोववचन कशें घडटा तें आमी सोदून काडूंक बसतात तेन्ना आमच्या लक्षांत येता, नामाचें भोववचन करतना पयलीं ताचें लिंग - नाम खंयच्या 'व्याकरणीक गटां'त पडटा तें - खबर आसप गरजेचें. उपरांत, हें नाम खंयच्या नादान सोंपता - व्यंजनान काय स्वरान, स्वरान आसल्यार खंयच्या स्वरान, ही गजाल - भोववचनाच्या घडपांत म्हत्वाची. (इंग्लीश नामाच्या भोववचनाच्या व्याकरणांत लिंगाक इल्लेंय म्हत्व ना. नाम कसले तरेच्या नादान सोंपता हाचे वयल्यानूच ताचें भोववचन थरता.) *माड, धाड* आनी *झाड* - तिनूय उतरां ड् व्यंजनान सोंपतात. पूण तिनांचींय भोववचनी रुपां वेगळीं. *माड* पुल्लिंगी उतर. भोववचनांत ताच्या (आनी व्यंजनान सोंपपी हेर पुल्लिंगी उतरांच्या) रुपांत कांय बदल जायना. एक *माड* तशे 'धा वा शंबर *माड*'. *धाड* स्त्रीलिंगी उतर. ताका भोववचनांत *-ई* कूस लागता. 'आयकर विभागाची *धाड* पडली' : 'आयकर विभागाच्यो *धाडी* पडल्यो'. झाड अलिंगी उतर. भोववचनांत ताका *-आं* कूस लागता. 'एक *झाड*' : 'दोन *झाडां*'. कोंकणी मनशाच्या भाशीक प्रयोगांत हे नेम आसात. व्याकरणकार ते फकत सोदून काडटा, आनी स्पश्ट उतरांनी कागदार मांडटा. व्याकरणांत हे तरेचीं फकत सामान्य विधानां येतात.

उतराचें लिंग अमकें म्हूण कशें वळखप? कोंकणी आवयभास आशिल्ल्यांक हे गजालीचो व्हडलोसो ताण येवचो ना. पूण कोंकणी भास शिकतल्या हेर भाशिकांक कोंकणी नामाचें लिंग कशें शिकोवप? आनी, दुसरे खंयचेय कोंकणी मोडींतलें वा खाशेले उतरावळींतलें खंयचेंय नवें उतर आमकां - कोंकणी भाशिकांकूच - पयलेच खेपे मेळटा तेन्ना ताचें लिंग कशें वळखप? देखीक, जूं, रीस, जगाल हे नांगराचे भाग. जूं उतर आमचे संवकळीचें. 'मानेर जूं दवरप' ह्या वाक्प्रचाराक लागून जावये. 'मानेर जूं दवर*लें*' - आमी जाणात. पूण रीस आनी जगाल ह्या उतरांचीं लिंगां कशीं वळखप? कोंकणी नामाचें लिंग खबर नासल्यार वाक्यांत ताचो वापर चुकूं येता...

नामाचें लिंग वळखुपाचे कांय 'क्लू' आसात. *आॅ* स्वरान सोंपपी नामां पुल्लिंगी आसतात तशीं *अँ* स्वरान सोंपपी अलिंगी आसतात. पूण हेर स्वरांनी वा व्यंजनान सोंपपी नामां विशीं निश्चीतपणान कांय सांगूं येना. (वयली देख पळोवची.) ह्या उतरांचीं लिंगां संवकळीन शिकप हो एकूच मार्ग आमचे मुखार उरता. आनी हांगा कोश आमकां आधार करता.

वयली, व्यंजनान सोंपपी नामाच्या भोववचनाची, देख परती घेवया. व्यंजनान

सोंपपी पुल्लिंगी नाम भोववचनांत तशेंच उरता. अलिंगी नामाक *-आं* कूस लागता. तशें, स्त्रीलिंगी नामाक *-ई* कूस लागता अशें आमच्यांनी म्हणूं येत व्हय? वेव्हारांत बारीकसाण घेतकच कळटा, असल्या कांय स्त्रीलिंगी नामांक *-ई* कूस लागता, तर कांय नामांक *-ओ* कूस लागता. *वात : वाती,* पूण *वाट : वाटो.* खंयच्या नामाक *-ई* कूस आनी खंयच्याक *-ओ*, कशें कळप? एककाळी व्याकरण हांगा कांय उलयना. कशें उलयतलें? हो वेव्हार नेमांत बांदूंक येना. देखून तें मोन्यांनी कोशा कडेन बोट दाखयता.

कोश कितलोसो व्याकरणीक भार उखलता. उतराचें लिंग खंयचें तें सांगता. ते भायर हेर व्याकरणीक म्हायतीय दिता. देखीक, कोंकणी सारकेले विकारी प्रकृतीचे भाशेंत नामाचो वाक्यांत वापर जाता तेन्ना ताचें 'सामान्यरूप' घडटा. *घोडो घोड्या-*, जाता, *माती मात्ये-* जाता, *ताट ताटा-* जाता... इंग्लीशी सारकेले भाशेची प्रकृती वेगळे तरेची. असल्या भासांनी नामांचीं सामान्यरुपां जायनात. कोंकणी सारकेले भाशेचे कोश नामाचें सामान्यरुपूय दिता.

कोशांत दिल्लो उतराचो अर्थूय वेव्हारांतल्यान समजून घेतिल्लो, सोदून काडिल्लो आसता. देखीक, अपुर्बाय आनी लक्तुबाय ह्या उतरांचो दुसरे भाशेंत वा कोंकणींतूच दुसऱ्या उतरांनी अर्थ सांगचो जाल्यार आमी कितें करतलीं? हीं उतरां आमी कशीं, केन्ना, खंय उपकरायतात ताचो थाव घेतलीं आनी उपरांतूच आमकां आकळिल्ल्यो ह्यो संकल्पना दुसऱ्या उतरांनी मांडटलीं.

आनीक एक देख - *चेर* म्हळ्यार कितें अशें आमकां, धरुया, मराठी मनशान विचारलें, आमी ताका कितें जाप दितलीं? चेर उतर पोर्तुगेजींतल्यान आयलां, cheiro उतरा वयल्यान; cheiro म्हळ्यार (बरो वा वायट) ''वास''. पूण कोंकणींत आमी हें उतर "perfume" ह्या 'मातश्या चुकीच्या' अर्थान वापरतात - अशें आमी म्हणटलीं व्हय? चेर पुर्तुगेज cheiro उतराचेंच कोंकणी रूप हें खरें. पूण कोंकणींत ताचो अर्थ perfume जाता. हो 'चूक अर्थ' न्हय. भायल्यान येवन कोंकणी जावन राविल्ल्या एका उतराचो हो *कोंकणी* अर्थ.

अर्था कडेन पळोवपाची कोशकाराची भुमिका सामान्यतायेन अशी 'प्रयोगाक शरण वचपी'च आसता.

बरपांचे नेम, व्याकरणां आनी कोश हीं साधनां भाशेक घटाय कशीं हाडटात ताची एक बऱ्यांतली बरी देख नोआ वॅब्स्टर (१७५८ - १८४३) हांच्या वावरांत पळोवंक मेळटा (तलगेरी). अमेरिकी इंग्लीशीच्या मळार ह्या मनशान पावल दवरुचे पयलीं इंग्लीशीची ही बोली ब्रिटीश प्रमाण इंग्लीशीच्या वागऱ्या

ाला, थोडी भोव उणेपणाचे भावनेन, जियेताली. १७८२ वर्सा वॅब्स्टर न्यू ॉर्काचे एके शाळेंत शिकयताले तेन्ना अमेरिकी शिक्षणांत अमेरिकी संस्कृतायेची ाल्ली उवेखणी पळोवन तांकां खूब वायट दिसलें. अमेरिकी संस्कृतायेच्या ळावणाचेर उबें आशिल्लें शिक्षण चालीक लावपाच्या वावराक माथें मारपाचें ांणी थारायलें. १७८३ वर्सा तांणी इंग्लीश उतरांचीं अमेरिकी स्पॅलिंगां मांडणेर ालपी *स्पॅलर* उजवाडा हाडलो. १७८७ वर्सा हो *स्पॅलर The Ameri-an Spelling Book* हें नांव घेवन उजवाडा आयलो. मुखार, पुस्तकाचे नेळ्या कव्हराचे बांदणेक लागून, लोक ताका 'Blue Backed Speller' ह्या नांवान वळखूंक लागले. एकोणिसाव्या आनी विसाव्या शतमानांत ह्या स्पॅलरा'च्यो कोट्यांनी प्रती खपल्यो. ताका लागून इंग्लीश उतराचें अमेरिकी स्पॅलींग आनी उच्चारण प्रमाण रूप जोडूंक पावलें. उपरांत १७८४ वर्सा वॅब्स्टरांचे इंग्लीश भाशेचें व्याकरण उजवाडा आयलें. मुखार १७८५ वर्सा वेंचीक अमेरिकी बरपांचें अमेरिकी शाळांनी लावपा खातीर एक Reader तांणी तयार केलें. वॅब्स्टरांच्या वावराचो कळस म्हळ्यार, १८२८ वर्सा उजवाडा आयिल्लो तांगेलो कोश - *American Dictionary of the English Language*. ह्या कोशा उपरांत अमेरिकी इंग्लीशीचे सगळे न्यूनगंड ना जाले, हे बोलयेक एक वेगळीच प्रतिश्ठा आयली आनी ती घसघशीत फुलूंक फळूंक लागली अशें मानतात (पळेयात Walker Read).

भाशेचें स्पॅलींग (तिचे बरपाचे नेम), व्याकरण आनी तिचे उतरांचे प्रयोग अडेच्या भायल्या नेमांचेर आधारून आसूंक फावनात, जिते जिवे घोळणुकेंतले भाशेचे बसकेचेर हें सगळें उबें आसूंक जाय ह्या तत्वाक पाळो दिवन वॅब्स्टरांचो 'स्पॅलर' तयार जाल्लो. तांणी रचिल्ल्या व्याकरण आनी कोशा फाटल्यानूय हेंच तत्व आशिल्लें. (''वैयाकरण: प्रयोगशरण:'' हेंच विसाव्या शतमानांतल्या भासविज्ञानिकांच्या आनी कोशकारांच्या वावराचें मार्गदर्शक तत्व आशिल्लें.)

आयज अमेरिकी इंग्लीश ज्या आत्मविस्वासान आपणालें वेगळें बिराड मांडून नव्या तंत्रगिन्यानाच्या आनी बाजाराच्या तत्वांच्या पालवान आपणालें साम्राज्य वाडयत आसा ताचें खूबशें स्रेय वॅब्स्टरांच्या वावराक वता.

आमच्या देशांत भारतीय भासां कडली नाळ तुटिल्लो, वा म्हणुया, खंयचेच भारतीय भाशे कडेन संबंद जोडूंक पावंक नाशिल्लो, आनी इंग्लीशीक लागीं गेल्लो एक वर्ग आसा. ह्या वर्गाच्या तोंडांतल्यान केन्ना केन्ना 'इंडियन इंग्लीशी'चें समर्थन आमकां आयकूंक मेळटा. अरुंधती रॉय सारकेली प्रतिभावंत लेखिका

आपणाल्या बरपांत इंडियन इंग्लीशीचो सर्जनशीळ वापर करता, आनी तिगेली कृती प्रतिश्ठेचें 'बूकर' इनाम जोडटा तेन्ना हो वर्ग सुखावता. पूण आयज इंडियन इंग्लीशीक इंग्लीश संवसारांत कितलीशी प्रतिश्ठा आसा? एका काळार गोंयचे मराठीक येवपी कोंकणी सुवाद मराठी साहित्यांतले 'प्रादेशीकतायें'त आगळी-वेगळी भर घालतालो, तशी 'इंडियन इंग्लीश' इंग्लीश भाशेच्या साहित्यांत भर घालता, इतलें खरें. पूण खंयचेय प्रतिश्ठेचे अंतरराष्ट्रीय सोद-पत्रिकेंत आमकां हे इंग्लीशींत सोद-निबंध बरोवंक मेळटा व्हय? तें सोडात. आमच्याच देशांत पीएच्डीचो प्रबंध हे इंग्लीशींतल्यान बरोवं येता व्हय? पीएच्डीचो प्रबंध कित्याक, धावे-बारावेच्या इंग्लीश पेपरांतलो निबंध इंडियन इंग्लीशीच्या नेमांक धरून बरयलो जाल्यार आमचेच, इंडियन इंग्लीश उलोवपीच, शिक्षक ताका बरे गूण दितले व्हय...?

हे इंग्लीशीची आमकां लक्तुबाय आशिल्ली जाल्यार *Common Errors by Indian Students* (Lima) सारकेलीं पुस्तकां उजवाडा येवचीं नाशिल्लीं. आमच्या इंग्लीश वापरांतलीं सगळीं खाशेलपणां, ह्या common errorsत मोडटात! आमींच तांकां 'errors' लेखतात. (*Common Errors...* सारकेलीं पुस्तकां आमचेच लोक बरयतात, इंग्लीश भाशेचे नीज उलोवपी बरयनात!) लीमांच्या पुस्तकांत दिल्ले गोंयकार भुरग्यांचे इंग्लीशींतले कांय 'common errors' पळेयात -

१. 'He *made* a speech' म्हणपाचें थंय 'he *gave* a speech म्हणप (३, 'ताणें भाशण *दिलें*'चो अणकार).

२. 'Krishna is *clicking* photographs' म्हणपाचें थंय 'Krishna is *removing* photographs' म्हणप (४, 'कृष्ण फोटे *काडटा*' चो अणकार).

३. *'Switch off* the light' म्हणपाचें थंय *'shut* the light' म्हणप (४, 'लायट *बंद कर*'चो अणकार).

४. 'We *watched* a play' म्हणपाचें थंय 'we *saw* a play' म्हणप (७, इंग्लीशींतले वरी कोंकणींत *see* आनी *watch* हातूंत भेद ना. कोंकणीत 'हांवें वाग पळेलो' म्हणूं येता, तशें 'हांवें नाटक पळेलें'य म्हणूं येता).

५. 'He is my cousin' म्हणपाचें थंय 'he is my cousin *brother*' म्हणप (८, कोंकणींत नात्याची उतरावळ सदां लिंग दाखयता. देखून लिंगा विशीं संदिग्धताय बाळगुपी *cousin* कोंकणी घेता तेन्ना ही

दिग्धताय ना करपी *brother* वा *sister*य वांगडा हाडटा).

६. 'Send this letter *to* my address' म्हणपाचें थंय 'send his letter *on* my address' म्हणप (१४, 'हें पत्र म्हज्या *पत्त्यार* ाड' चो अणकार).

७. 'We discussed the matter' म्हणपाचें थंय 'we discussed *on* the matter' म्हणप (१६, 'त्या विशया *चेर* आमी उलयलीं'चो णकार).

८. 'Reshma is angry *with* me' म्हणपाचें थंय 'Reshma s angry *on* me' म्हणप (१६, 'रेश्मा *म्हजेर* रागार'चो अणकार).

'इंडियन इंग्लीशीं'तले (हांगा, 'गोअन इंग्लीशीं'तले) असले 'errors' काडून ऊडयले जाल्यार तातूंत 'इंडियन' कितें उरतलें काय?

साहित्यांत 'इंडियन इंग्लीशी'चे सुवाळे, पूण शिक्षणांत 'सायबां'चे इंग्लीशीचो थातोमातो! हाका लागून आमच्या समाजांत इंग्लीश धड 'भायली'य न्हय, धड देशीय' न्हय हे तरेन जियेता. 'अमेरिकी इंग्लीशी'क मेळिल्लो तसो वॅब्स्टर इंडियन इंग्लीशी'क मेळूंक पावंक नाशिल्ल्यान 'इंडियन इंग्लीश' इंडियन समाजांतूय प्रतिश्ठा जोडूंक पावना.

कोशकार भाशेच्या प्रयोगाक धरून आपणालो कोश रचता खरो. पूण केन्ना केन्ना, दुसरे भाशेच्या प्रभावा खाला चिड्डून उरून आत्मविस्वास वगडावन बशिल्ले भाशेच्या प्रयोगाक कोशकार दिकाय दाखयता. मों. सॅबश्तियांव रुदोल्फ दाल्गाद हे तरेचे कोशकार.

सुमारा भायलें पोर्तुगेजीकरण जाल्ले भाशेचो कोश तयार करतना दाल्गाद भाशेच्या प्रयोगाक मार्ग दाखोवपी स्पश्ट धोरण आपणायतात. कोंकणी-पोर्तुगेज कोशाचे (१८९७) प्रस्तावनेंत ते सांगतात, जिबे वयले कोंकणींत धावो वांटो तरी उतरां पोर्तुगेजींतल्यान आयिल्लीं आसतात. हांची सगळ्यांचीच कोंकणीक गरज ना. केन्ना केन्ना तीं उलोवप्याचें कोंकणी विशींचें अज्ञान दाखयतात तर केन्ना असल्या उतरां खुस्तार प्रतिश्ठा जोडपाची तांची इत्सा दाखयतात. देखून सगळींच उतरां कोशांत दिल्यार भाशेचें विकृत चित्र तातूंत येवं येता. तेच भाशेन, पोर्तुगेजींतल्यान आयिल्लीं उतरां कोशांत घेतलींच नात जाल्यार कितलीशी वोळणुकेंतली उतरावळ कोशा भायर उरता (XVII). देखून कोश रचतना दाल्गाद मदली वाट आपणायतात. असलीं, उदेंते कडल्या एका परस अदीक मासांनी घोळपी, कोंकणीच्या सभावांत पुरायेन भरसून गेल्लीं आनी थळाव्या

पर्यायी उतरां परस अदीक घोळणुकेंत आशिल्लीं उतरांच ते कोशांत घेतात. तींय बी मोन्यांनी घेनात. ह्या उतरांची आमकां गरज ना अशें दिसता थंय "lusitanismo desnecessario" (गरजे भायलें पोर्तुगेजीकरण) असो शेरो मारून तांकां दुसरे पर्याय सुचयतात -*इजमोल* उतरा बदला *भिक्षा, भीक, धर्म* हीं उतरां वापरूं येतात, ते सांगतात. *इंफेर्न* म्हणचे सुवातेर *यमकंड, पाताळ* वा *नरक* म्हणूं येता. *साळ, पाठसाळ, विद्यासाळ, विद्यालय* आसतना आमकां *इस्कोल* कित्याक जाय? आनी, *भाव, बंधू, भावबंध* पुरोना? *इर्मांव* कित्याक वापरचें? *आज्ञा, हुकूम, फर्मान* बी उतरां आसतना *ओर्द* उतर कित्याक उपकारावचें? *काजार* उतराची गरज ना. *लग्न, वराड, विवाह, ववर* उतरां वापरूं येतात. *कांतार* कित्याक जाय? *गाणें, गायण, गाण* हीं उतरां नात? *कालोर* गरजे भायलें उतर. *उश्ण, उबाळ, ऊब, ताप, गरमी, धग* हीं उतरां आसात आमचे कडेन. आनी *गोस्त* कित्याक जाय? *रूच, स्वाद, सोय, आवड, खुशी* - कितलीं उतरां आसात पळेयात. *तेंप* कित्याक म्हणचें? *काळ, वगत, वेळ, समय* ना? *पाय* कित्याक जाय? *बाप, बापूय, पिता, ताता, दादा, आपा* नात? *पिकार करूंक* म्हणचे बदला *कूंस लावूंक, तोंचूक* म्हणचें...

कितलींशीं घोळणुकेंत नाशिल्लीं उतरां दाल्गाद आपणाल्या कोशांत दितात आनी तीं 'नवीं उतरां' (palavra nova) म्हणपाचेंय सांगतात. *उपग्रह, एकवचन, एकेश्वरवाद, ग्रंथप्रकाशक, जलचर, दीपस्तंभ, पदार्थशास्त्र, वर्तमान-भूत-भविष्य* (काळ) सारकेलीं, तेन्नाचे (क्रिस्तांव) कोंकणींत नवीं आशिल्लीं, उतरां आयज आमकां नवीं उरूंक नात. संस्कृत आवय कडल्यान आयिल्ली आमचे भाशेंतली ही संवकळीची अखील भारतीय उतरावळ.

दाल्गादांच्या कोशान सुचयल्ले सगलेच पर्याय कोंकणी भाशेन उखलून धरले अशें म्हणूंक मेळचेंना. पूण तरी, कोंकणीच्या निजाचो थाव घेवपाच्या आनी पोर्तुगेज भाशेंतल्यान येवपी उतरांचो हुंवार आडावपाच्या स्पश्ट धोरणाक लागून दाल्गाद आपणाल्या कोशां वरवीं बरपांतले कोंकणीचेर आकांताचो प्रभाव घालूंक पावले.

चडश्या भारतीय भासां वरी कोंकणीचोय कोशांचो इतिहास द्विभाशीक कोशांतल्यान सुरू जाता. हातुंतूय सुरवेच्या काळांत द्विभाशीक उतरावळी (वाक्प्रचार आनी वाक्यां सयत), उपरांत हेर व्याकरणीक म्हायती सयत येवपी कोश असो क्रम पळोवंक मेळटा.

पयलो वयलो कोंकणी कोश (कोंकणी-पोर्तुगेज उतरावळ) सतराव्या शेंकड्यांत

ोंयां - साश्टींत, रायतूरचे सेमिनारींत - येवरोपी जेजुईत मिशनरी पाद्रींनी रचलो. ो हातबरपाच्या रुपान आशिल्लो. १९७३ वर्सा हें *Vocabulario da Lingoa Canarina com versam Portugueza*च्या हातबरपाची फोटो उजवाडावणी पोर्तुगाल सरकाराच्या *Junta de Investigações do Ultramar* ह्या खात्यान प्रकाशीत केली. ताका प्रस्तावना बरयतल्याच्या मत्तान, चड करून ही उतरावळ पाद्री दियोग रिबेयरान (१५६०-१६३३) तयार केल्ली जावंक जाय. रॉकी मिरांदा सांगतात - दियोग रिबेयरांचे उतरावळीचीं तीन हातबरपां मेळटात; हांतलीं दोन लिज्बोआच्या दोन वेगळ्या वेगळ्या ग्रंथालयांनी आसात, आनी एक पणजेच्या केंद्रीय ग्रंथालयांत आसा (८३). फेलीस्यु कार्दोजांच्या मत्तान, पाद्री दियोग रिबेयरांनी आपणाली उतरावळ १६२६ वर्सा तयार केल्ली. वयली, छापून आयिल्ली उतरावळ १६७५च्या अदमासाक तयार जाल्ली, मिगेल द आल्मैदा वा आंतोन्यु साल्दान्य हांणी तयार केल्ली उतरावळ आसूं येता अशें ते मानतात (११६). श्रीपाद रघुनाथ देसाय म्हणटात, आर्विल्ल्या भारतीय भासांच्या इतिहासांतलो हो पयलो शब्दकोश (७).

ही उतरावळ रचतल्या विशीं आनी तिचे रचणुकेच्या काळा विशीं इल्लो दुबाव आसलो तरी एक खरें - हे उतरावळींत कोंकणी उतरांचें, वाक्प्रचारांचें बारीक निरिक्षण आसा. देखीक, *पडटा* हे नोंदी मुखार पोर्तुगेज 'cahir' अर्थ दिवन उपरांत *पायां पडटा, ताका आणी माका पडनां, बरें पडटा, माका तुजें कांय पडलें ना, मजें माका पडलां* (१०१, फाटली वेट) हे प्रयोगूय पोर्तुगेज अर्थां सयत दिल्ले मेळटात. सतराव्या शेंकड्यांतले पोर्तुगेज मिशनरी कोंकणी कशे शिकले आसतले ताची इल्लीशी सुलूस हे उतरावळींतल्यान मेळटा.

इतालियान जेजुईत पाद्री आंजेलो फ्रांसिस्क शावयेर माफेय (१८४४-१८९९) हांणी मंगळूरा तयार करून १८८३ वर्सा उजवाडा हाडिल्लो इंग्लीश-कोंकणी कोश हो कोंकणीचो पयलो वयलो छापिल्लो शब्दकोश. उपरांत रोखडोच दोन वर्सांनी (१८८५ वर्सा) तांचो कोंकणी-इंग्लीश कोश उजवाडा आयलो. माफेयांचे कोश मंगळूरच्या क्रिस्तांवांचे जिबेर घोळपी कोंकणीचेर आधारिल्ले आशिल्ले. मुखेलपणान येवरोपी मिशनरी पाद्रींक कोंकणी शिकूंक आधार करचे खातीर ते रचिल्ले (आल्मेद ८). १६८४ वर्सा गोंयच्या राज्यपालान फर्मान काडून धार्मीक आनी हेर मळांचेर कोंकणीच्या वापराचेर बंदी हाडले उपरांत गोंयांत कोंकणीच्या मळार मिशनरी वावुरपाचे बंद जाल्ले. दोनशीं वर्सांनी मंगळूरचे भुंयेर हे तरेच्या

वावरान परतेंय मूळ धरिल्लें आमकां पळोवंक मेळटा.

मंगळूरचे साहित्यीक कोंकणीक आकार दिवपांत पाद्री माफेयांचें खूब योगदान आसा. माफेयांच्या कोशा उपरांत धा वर्सांनी - १८९३ वर्सा - दाल्गादांचो कोंकणी-पोर्तुगेज कोश उजवाडा आयला. १९०५ त तांचो पोर्तुगेज-कोंकणी कोश भायर सरला.

जाणकारांच्या मत्तान, जे भाशेचें प्रमाणीकरण जावंक ना तिचे कोश आसनात, आसलेय जाल्यार द्विभाशीक कोश आसतात. एकभाशीक कोशां वयल्यान, ह्या कोशांच्या वापरा वयल्यानूच भाशेच्या विकासाच्या पांवड्याचो अदमास लावं येता. कांय म्हयन्यां फाटीं प्रमोद तलगेरी हे जर्मन भाशेचे आनी साहित्याचे जाणकार गोंय विद्यापीठाच्या कोंकणी विभागांत "भाशेच्या विकासांत कोशकाराची भुमिका" ह्या विशयाचेर उलयल्ले. तांणी सांगिल्लें, जर्मनींत मुळाव्या शाळांनी पाठ्यपुस्तकां वांगडा एक धाकटुलो एकभाशीक कोशूय दितात. उतराचो अर्थ कसो सोदचो आनी कोशाच्या आधारान ताचो वापर कसो करचो हाची भुरग्यांक मुळाव्या शाळांनीच संवय लायतात. भाशेच्या प्रमाण प्रयोगांची पसवणूय अशी मुळाव्या पांवड्या सावन जाता. तांणी मुखार म्हणिल्लें, आमच्या देशांत कांय प्रमाणांत इंग्लीश मुळाव्या शाळांनी अशी *Pocket Oxford Dictionary*च्या वापराची संस्कृताय आसा. पूण भारतीय भासांच्या मळार? 'राष्ट्रभाषा हिन्दी'च्या मळार? खंयच अशी शिस्त पळोवंक मेळना. तलगेरी पुण्याक रावतात. तांणी सांगलें, कितल्याश्या मराठी लेखकांक, पत्रकारांक आपणें हे विशीं विचारलां तेन्ना तांणी जाप दिल्या, "मराठी म्हजी आवयभास... हे भाशेंतल्यान बरयतना म्हाका कोश कित्याक लागतलो?"!

कोंकणीच्या पयल्या-वयल्या एकभाशीक कोशाचो पयलो खंड गोंय मुक्ती उपरांत सुमार दोन दसकांनी - १९८० वर्सा - उजवाडा आयलो. हो श्रीपादबाब देसायांनी रचिल्लो *कोंकणी शब्दकोश*. हेर भारतीय भासां मदीं कांय पयलेपणांचो मान जोडिल्ले कोंकणींत (आर्विल्ल्या भारतीय भासां मदीं पयली उतरावळ, पयलें व्याकरण, पयलें छापिल्लें पुस्तक सगलें कोंकणींत मेळटा) पयलो एकभाशीक कोश मात खूब वेळान आयला. भौशीक मळार जाल्ले कोंकणीचे उवेखणेचो अदमास आमच्यांनी हाचे वयल्यान लावं येता.

गोंय मुक्ती उपरांत कोंकणी चळवळ ऐन भारार आयली. कोंकणींत साहित्य निर्माण जावचें, साहित्य अकादेमीची कोंकणीक मान्यताय मेळची, शिक्षणांत कोंकणी पावची... अश्यो वेगळ्यो वेगळ्यो मोखी हे चळवळी मुखार आशिल्ल्यो.

त्याच वातावरणांत हो कोश तयार जाला. शणै गोंयबाबांले बरपावळींतलें भरींव उतरां दायज ह्या कोशांत पळोवंक मेळटा. तेच प्रमाण, ताणाचे परिस्थितींत कितें म्हजें, कितें म्हजें न्हय हें थारावपाचे मनस्थितींत नाशिल्ले एके गोंदळिल्ले भाशेची अवतिकायूय हो कोश दाखयता. ह्या कोशांत *उजवात* मेळटा तशी *अगरबत्ती* आनी *उदबत्ती* हींय उतरां मेळटात. *आल्लय* मेळटा तशें *अंगाई गीत* य मेळटा. *अंगिकार करप, अणकुचीदार, अंतकाल, अतिवृश्टी, अतिशय, अतोनात, अथपासून इतिपर्यंत, अदययावत, अमली पदार्थ, अरेरावी, अव्वल, आगत-स्वागत, आजूबाजू, उडाणटप्पू, उदरनिर्वाह, उदरपोषण, उन्हाळो, उहापोह करप* सारकेलीं कितलींशीं, सामान्यतायेन कोंकणी मनशाचे जिबेर मेळचिंनात असलीं, मराठी वासाचीं उतरां ह्या कोशांत मेळटात. तशीं *अकावंट, अकावंटंट, ॲक्टर, ॲक्टिंग, ॲक्ट्रेस, ॲक्शन कमिटी, ॲक्सिडंट , ॲड्जुटंट, ॲडमिनिस्ट्रेटर, अर्जंट, असिस्टंट, असेंब्ली, आर्किटेक्चर, आर्किटेक्ट, आर्ट, आर्टिफिशल, आर्टस्, आर्टिस्ट, आर्टिस्टीक, आर्मी, इकॉनॉमिकल, इकॉनॉमिक्स, इकॉनॉमिस्ट, इकॉनॉमी, इंटरव्ह्यू, इंटरव्हल, इनकम, इमिटेशन, एस्से...* सारकेलीं, सामान्यतायेन शिक्षीत कोंकणी मनशाचे जिबेर घोळपी पूण एकभाशीक कोंकणी मनशाचे जिबेर चडशीं मेळूंक कठीण असलीं, इंग्लीशींतल्यान आयिल्लीं, उतरांय हो कोश दिता. गोंय मुक्ती उपरांत कोंकणींत असो इंग्लीश उतरांचो हुंवार आयिल्लो, आनी तातूंत कितलींशीं आदलीं, पोर्तुगेजी कडल्यान घेतिल्लीं, उतरां व्हांवन गेल्लीं.[१] अमकें उतर गरजे भायलें, ते बदला अमकें वापरूं येत, हे सारकेले दाल्गाद मारतात तसले शेरेय श्रीपादबाब मारिनात. फकत कोंकणीची गोंदळिल्ली अवतिकाय दाखयतात...

ह्या कोशा उपरांत पंचवीस-एक वर्सांनी आतां दामोदर घाणेकार आनी सुरेश बोरकार हांणी रचिल्लो, प्रभाकर भिडेंच्या 'राजहंस वितरणा'न तयार करून घेतिल्लो, दोन हजारां वयर पानांचो, पन्नास हजारां वयर उतरां आशिल्लो गडगंज बरो, खंयचेय भाशेचें हड्डें अभिमानान फुलून येवचें हे तरेचो *कोंकणी अभ्यासकोश* एप्रील म्हयन्यांत उजवाडा येवपाचो आसा. कोंकणी मोग्यांचे, अभ्यासप्यांचे दोळे ह्या कोशा कडेन लागल्यात. कोंकणीच्या प्रमाणीकरणाक, तिच्या सशक्तीकरणाक ह्या कोशाचें म्हत्वाचें योगदान आसतलें, ह्या कोशाक लागून कोंकणीची 'राखणे वेवस्था' आनिकूय इल्ली घट जातली हातूंत म्हाका तरी इल्लोय दुबाव दिसना.

टीप :

१. इंग्लीशीन गोंयच्या शिक्षणीक आनी रासवळ मळार जोडिल्ले सुवातीक लागून कोंकणी-इंग्लीश, इंग्लीश-कोंकणी कोश कोंकणी मनशांची गरज जाले. गुरुनाथ केळेकार, मनोहरराय सरदेसाय, प्रभाकर भिडेंच्या 'राजहंस वितरणा'न फुडाकार घेतले उपरांत सुरेश बोरकार, प्रकाश थळी, दामोदर घाणेकार, मुकेश थळी हांणी अशे द्विभाशीक कोश तयार करून कांय प्रमाणांत ही गरज भागयली.

२ फेब्रुवारी २००९ दिसा 'छापिल्ले शब्दकोश आनी व्युत्पादक उतरां कोठयो' ह्या विशयाचेर भारतीय भाषा संस्थान, मैसूर आनी फादर आग्नेल कॉलेज, पिलार-गोंय, हांणी घडोवन हाडिल्ले कार्यसाळेंत केल्लें मुखेल उलोवप.

(*जाग*, मार्च २००९)

१२. तेजिश्ट समाज घडोवपाची तांक आशिल्ली आपजीण

सत्याच्या सोदाची कथा

गांधीजींची आत्मकथा हांवें तीन खेपे वाचल्या. सगल्यांत पयलीं, बारावेक आसतना, मराठींत; चार-पांच वर्सां फाटीं इंग्लीशींत; आनी कांय म्हयन्यां फाटीं, तिच्या कोंकणी अणकाराच्या लोकार्पण सुवाळ्यांत तिचेर उलोवंक सांगिल्लें तेन्ना, कोंकणींत.

तिनूय खेपे हांव सामकें विरगळून गेलां.

एक सरसमान भुरगो - भिडेस्त, लजकुऱ्या सभावाचो, चार-चौगां मुखार तोंड उकतें करपाक भियेवपी, बरयल्लें वाचून दाखयतना पसून गळसून वचपी, ...खंयच्याय किरकोळ मनशा वरी, बरी नोकरी मेळोवपाच्या हावेसान पदवी घेवन आपल्या कुटुंबा खातीर जियेवपाची इत्सा बाळगुपी मोहनदास करमचंद गांधी खंयच्यान खंय पावता! वांगडा पुराय देशाक - दादल्यांक, बायलांक, बरप-अक्षर शिकिल्ल्यांक, शिकूंक नाशिल्ल्यांक - आपले वांगडा व्हरता! पळोवंक गेल्यार केदें अजाप हें!

पूण ह्या कथनाक गांधीजीन *सत्याचे प्रयोग* हें नांव कित्याक दिलें? 'प्रयोग' कित्याक? म्हाका दर खेपे प्रस्न पडला.

ह्या प्रस्नाची हय-न्हयशी जाप गांधीजीच *आत्मकथेचे* प्रस्तावनेंत दितात. ते सांगतात, "तशी ही आत्मकथा न्हय. हांव फकत म्हज्या सत्याच्या प्रयोगांची कथा सांगूंक सोदतां. म्हज्या जिवितांत फकत असले प्रयोग भरल्यात. ह्या प्रयोगांची कथा म्हजे जिवीत-कथे पसून वेगळावंक येवपाची ना" (*आत्मकथें*तल्या ह्या आनी हेर अवतरणांचे अणकार लेखिकेचे).

ते मुखार म्हणटात-

"म्हाका करूंक जमलें तें सगळ्यांक जमपा सारकें अशेंच हांवें सदां मानलां. म्हजे सगले प्रयोग उकताडा वयले, बंद कुडींतले न्हय."

हीच भुमिका घेवन ते आपणालें जिवीत वाचप्यां मुखार उकतें करतात, आपणा विशीं कितेंच दाखय-लिपय करी नासतना.

'म्हाका करूंक जमलें तें तुमकांय जमूं येता' अशें विज्ञाननिश्ट विधान केलें म्हूण हे 'प्रयोग' जाले? प्रयोग मुद्दाम करतात. 'करून पळेतात'. हे नदरेन पळेल्यार गांधीजी जे भाशेन चल्ले ताका 'प्रयोग' म्हणूंक येवचेंना. गांधीजींचे चलणुकेक प्रयोगाक आसता तसो दुसरो पर्यायूच नाशिल्लो.

काकासाहेब कालेलकरांचें *बापूकी झाँकियाँ* म्हूण गांधीजींच्या उगडासांचें एक पुस्तक आसा. तातूंत गांधीजीं कडेन तांचे आत्मकथे संबंदान केल्ले चर्चेचो एक उगडास आसा. *नवजीवन* नेमाळ्यांत गांधीजींची आत्मकथा खिस्ती खिस्तींनी उजवाडा येताली तेन्ना एक खेपे काकासाहेबान गांधीजींक म्हळें :

तुमची आत्मकथा विश्वसाहित्यांत सुवात जोडटली हातूंत म्हाका इल्लोय दुबाव ना... पूण तातूंत जें आयलां ताचेर हांव समाधानी ना. तरणेपणांत मनशाक आपणाल्या जिविताचे आदर्श थारावचे पडटात तेन्ना ताच्या मनांत आकांताचें मंथन, झूज चलिल्लें आसता. ह्या काळार आयज एका आदर्शा कडेन ताचें मन ओडटा जाल्यार फाल्यां दुसरो, विरोधी,आदर्श ताका तितलोच ओडलायणो दिसूंक लागता. असले तरेचें मंथन हांव तुमचे आत्मकथेंत सोदतालों. पूण तसलें कितेंच तातूंत येवंक ना... (९३).

हाचेर गांधीजीन जाप दिली :

हांव एकमार्गी मनीस. तूं म्हणटा तसलें मंथन म्हज्या मनांत चलना. कसलीय परिस्थिती मुखार येवं, हांव म्हजे म्हाका एकूच प्रस्न विचारतां, हातूंत म्हजी लागणूक कितें? ती स्पश्ट जातकच हांव ते प्रमाण चलतां. ही म्हजी रीत (आदलोच

दर्भ).

*महाभारतां*त दुर्योधन खंय एके कडेन म्हणटाः

जानामि धर्मं नच मे प्रवृत्ति
जानाम्यधर्मं नच मे निवृत्ति
केनापि देवेन हृदि स्थितेन
यथा प्रवृत्तं तु तथा करोमि।

- धर्म (लागणूक) कितें, हांव जाणां. पूण ताका धरून चलपाक हांव उणो पडटां. अधर्म कितें, हेंवूय म्हाका खबर आसा. पूण तातूंतल्यान म्हाका भायर सरूंक येना. कितें करतलों, म्हजो अंतरात्मो म्हाका कर म्हूण सांगता तें हांव करतां.

"कळतं पण वळत नाही"!

गांधीजींच्या जिवितांत हे तरेचे चलणुकेची एकूय देख पळोवंक मेळचिना. तांच्या जिविताचो एक मुळावो नेम - कळटा जाल्यार वळुंकूच जाय! ह्या नेमान चलिल्ल्यानूच अशक्यांतली अशक्य गजाल तांचे खातीर सहज शक्य जाल्या, आनी तांचे प्रेरणेन सामान्यांतल्या सामान्य मनशांनी असामान्य कर्तुपां करून दाखयल्यांत.

गांधीजींची आत्मकथा खरेपणानशीं तांगेले सत्याचे साधनेची, सत्याच्या सोदाची कथा. तिचे प्रस्तावनेंत गांधीजी सांगतात, "म्हजो देव सत्य. ह्याच रुपान हांवें देवाक भजला आनी होच देव हांव जोडूंक सोदतां." आनीक एके कडेन ते म्हणटात, "हो संवसार नितीचेर उबो आसा आनी नीत सत्याचेर" (वांटो १, प्रकरण १०). *आत्मकथे*च्या निमाण्या वांट्याच्या निमाण्या प्रकरणांत ते बरयतात, "म्हजो अणभव सांगता, सत्यूच परमेश्वर. दुसरो आनी परमेश्वर ना."

गांधीजींचें जिवीत म्हळ्यार ह्या परमेश्वराचो - सत्याचो - तांणी घेतिल्लो सोद, आनी असत्या आड सत्याक सोबऽ सारक्या मार्गान तांणी मांडिल्लें झूज. सत्य वेगळ्या वेगळ्या रुपांनी तांगेल्या जिवितांत उकतें जाल्लें पळोवंक मेळटा. केन्ना तें व्रतनिष्ठा, कर्तव्यनिष्ठा जावन येता, केन्ना अन्यायाच्या प्रतिकारांतल्यान व्यक्त जाता, केन्ना हरिजनसेवेचें - प्रायश्चिताचें - रूप घेता, तर केन्ना साधनशुचितेचो आग्रो जाता... लाचारी, अन्याय, भंय, अस्पृश्यताय हीं सगळीं असत्याचीं रुपां. ह्या असत्या कडेन कशेंच जुळोवन घेना आसतना अखंड जागृतायेन सत्याच्या मार्गार चलत राविल्ल्यानूच मोहनदास करमचंद गांधी 'महात्मा गांधी' जावंक पावल्यात.

"हांव चल्लां त्या मार्गान कोणेंय चलूं येता, तुमीय चलचें" ही ह्या कथना फाटली प्रेरणा, आनी आत्मकथा बरोवपा फाटलो गांधीजींलो होच उद्देश (प्रस्तावना; वांटो ५, निमाणें प्रकरण).

गांधीजींचें सत्य - तांगेलो सत्यनारायण - सर्वव्यापी. ह्या देवाच्या दर्शनाक आंवडेवपी मनीस जिविताच्या खंयच्याच मळा पसून पयस रावचो ना, गांधीजी सांगतात आनी म्हणटात, म्हजे सत्यभक्तीनूच म्हाका राजकारणांत ओडून हाडला. धर्माक राजकारण लागना अशें म्हणटात तांकां धर्माचो अर्थूच कळूंक ना (वांटो ५, निमाणें प्रकरण).

'गांधीजींची अध्यात्म-साधना'

सत्या सरीं पावप कशें?

फकत अहिंसेच्या मार्गान, गांधीजी सांगतात, आनी आपणाक होलमल्लो अहिंसेचो अर्थ उकतो करतात - आपूण तसो पेलो ही अहिंसा... अहिंसा म्हळ्यार नमळाय; हे नमळाये परस अदीक नमळाय ना, ते बरयतात (आदलोच संदर्भ). "सत्याच्या सोदाचो आधार अहिंसा," आत्मकथेंत आनीक एके कडेन ते म्हणटात आनी सांगतात, "करणे आड झगडुचें, कर्त्या आड न्हय. कर्तो आनी आमी वेगळीं न्हय, एकाच पिशोलान पितारिल्लीं चित्रां आमी" (वांटो ४, प्रकरण ९).

सत्य गांधीजींलें साध्य जाल्यार अहिंसा ह्या पवित्र साध्या सरीं पावपाचें तितलेंच पवित्र आनी एकूच एक साधन.

दक्षीण आफ्रिकेंतल्या भारतीयांच्या आत्मसन्मानाक जाग हाडून तांच्या हकां खातीर जुलमी राजवटी आड सत्याग्रह करूंक तांकां मुखार काडटना, आनी उपरांत स्वराज्याचे चळवळीचें फुडारपण करतना गांधीजी सत्या इतलेच अहिंसेक घट धरून राविल्ले. अहिंसेक देश उणो पडटा म्हणपाचें जाणवल्लें तेन्नाय ऐन भारार आयिल्ली असहकाराची चळवळ तांणी अनमन नासतना फाटीं घेतिल्ली आनी सहकाऱ्यांचो राग ओडून घेतिल्लो, निंदा सोंशिल्ली (पळेयात वांटो ५, प्रकरण ३३).

गांधीजीकी अध्यात्म-साधना म्हूण काका कालेलकरांच्या दोन व्याख्यानांची एक ल्हानशी पटी आसा. तातूंत काकासाहेब म्हणटात, "गांधीजींचे अध्यात्म-साधनेची वळख मेळ्ळे उपरांतूच आमी तांच्या काळजांत भितर सरूंक पावतलीं" (२). कर्तव्यबुद्द, नितळ-निवळ सत्यनिष्ठा आनी अंतर्मूख मनाची जागरुताय ही अध्यात्मीक साधनेची बुन्याद, काकासाहेब सांगतात (३), आनी हीं तिनूय

त्यां गांधीजींक समजून घेवंक कशीं म्हत्वाचीं तें उकतें करून दाखयतात. ते सांगतात:

> गांधीजी कितेंय करताले ते पुरायेन विचार करून आनी श्रद्धेन करताले. कसलीच भुमिका वयले वयर घेवंक फावना; खोलायेंत देंवन, तिचें तत्वगिन्यान पुरायेन आपणावन निष्ठेनूच ती घेवंक जाय असो तांचो आग्रो आसतालो. हाकाच हांव गांधीजींची सगल्यांत व्हडली आध्यात्मीक साधना मानतां. कित्याक, ह्याच मार्गान ते भायर-भितर नितळ-निवळ आनी सत्यनिष्ठ उरूंक पाविल्ले. आनी हेच निष्ठेंत तांकां तांची मुखेल आध्यात्मीक साधना मेळ्ळी. तिका तांणी 'सत्याग्रह' हें नांव दिलें. सत्याग्रह म्हळ्यार आत्म्याचेर उपाट निष्ठा (१५, अणकारून).

गांधीजींचें जिवीत अखंड -'एक'- सुसंगत आशिल्लें. एकाच वांगडा केतल्याश्या मळांचेर ते वावर करताले. जिवितांतलें सगलें तांकां लागतालें. हाचें कारण, तांच्या जिविताक आशिल्ली आगळी-वेगळी आध्यात्मीक बसका.

सत्याग्रह, सर्वोदय, स्वदेशी, स्वराज्य हीं सगलीं गांधीजींचे जिवीतभर चलिल्ले अखंड अध्यात्म-साधनेचींच आंगां अशें काकासाहेब मानतात. ते सांगतात, योगविद्ये विशीं, गूढविद्ये विशीं गांधीजींच्या मनांत आदर आशिल्लो. पूण हे विद्येच्या नांवार चलपी पाखंड, कुड्डे विश्वास तांकां मात पसून आवडऽ नाशिल्ले. तिचे विशींची गुप्ततायूय तांकां रुचऽ नाशिल्ली (८-९).

गांधीजींची अध्यात्म-साधना उकती साधना आशिल्ली. हें उकतेपण तांगेले आपजिणेंत उतरा पावलाक अणभवूंक मेळटा. वयर म्हळां तशें, 'हांव चल्लां तसो तुज्यानूय चलूं येता' हो 'भावर्त' ही आपजीण वाचप्यांत जागयता. सत्याचेर निष्ठा आसली आनी अहिंसेचो मार्ग आपणायलो जाल्यार कोणायच्यान केदेंय व्हडलें दिव्य करून दाखोवं येता हो 'संदेश' ती दिता.

गांधीजींच्या जिविताक आशिल्ले आध्यात्मीक बसकेक लागून तांच्या विचारांत व्रतनिष्ठेक खूब म्हत्व आसा. हे विशीं आत्मकथेंत गांधीजी सांगतात, 'यत्न करून पळेतां, व्रत घेना...' हीं मनाची दुर्बळकाय दाखोवपी उतरां. मुखार सोरोप आयलो जाल्यार ताचे पसून पयस वचपाचो आमी फकत यत्नूच करून पळोवचीं नात. निश्चीतपणान पयस वतलीं. कित्याक, फकत यत्न करून पळेल्यार आमचो जीव वचूं येता हे विशीं आमच्या मनांत दुबाव ना... जे गजालीचो त्याग करपाचो आमी फकत 'यत्न करून पळेतात' तिच्या त्यागाचें म्हत्व आमकां पुरायेन पटूंक ना हेंच सिद्ध जाता (वांटो ३, प्रकरण ७).

सत्याचें व्रत घेतिल्ल्या राजा हरिश्चंद्रान भुरग्या मोहनदासाक आकांताची ओड लायिल्ली. हरिश्चंद्रा बशेन सत्यव्रती जातलों आनी सत्या खातीर कितेंय सोंसतलों असो निश्चय ताणें भुरगेपणांतूच केल्लो. गांधीजी सांगतात, राजा हरिश्चंद्र इतिहासांत खरेलोच जावन गेल्लो अशें म्हणूंक येना हें आज म्हाका कळटा. पूण म्हज्या संवसारांतलो हो एक हाडा-मांसाचो जितो-जिवो मनीस (वांटो १, प्रकरण २).

व्रतनिष्ठे वरी प्रायश्चितूय गांधी-विचारांत भोव म्हत्वाचें. ल्हानपणा सावन हेंय मूल्य गांधीजीन आपणाल्या जिवितांत केळयल्लें (पळेयात वांटो १, प्रकरण ८).

व्रतनिष्ठा आनी प्रायश्चीत, दोनांयचो सुमेळ गांधीजींच्या उपासाच्या 'अस्त्रां'त पळोवंक मेळटा. रासवळ मळार गांधीजीं वांगडा चलपी दिल्ल्या उतराक जागनात म्हणपाचें तांकां जाणवलां तेन्ना तांणी हें अस्त्र भायर काडलां, 'हालिल्ल्यां'क उतर पाळपाचें आत्मीक बळ मेळचें म्हूण. हाची बऱ्यांतली बरी एक देख भारतांतल्या तांगेल्या रासवळ जिविताच्या सुरवेच्या काळा वयल्या अहमदाबादाच्या गिरणी कामगारांच्या संपा वेळार पळोवंक मेळटा. (हाचो विस्तारान उल्लेख मुखार आयला.) स्वराज्या वांगडा देशाचे दोन कुडके जाल्यात, आनी हिंदू मुसलमान एकामेकां आड तिरस्कारान पेटून उठल्यात तेन्नाय गांधीजीन ह्या अस्त्राचो वापर करून हिंसेचो उजो पालयला. गांधीजींल्या ह्या 'अस्त्राक' रवीन्द्र केळेकार 'दिव्यास्त्र' म्हणटात (*एका विचाराची जिवीत-कथा* १८४).

अंतरात्म्याक जाग हाडपाची तांक आशिल्ल्या ह्या दिव्यास्त्राचें आयज आमी अवमुल्यन केलां. दबावतंत्र म्हूण ताचो वापर जावंक लागला.

गांधीजींच्या शिक्षणा विशींच्या विचारांक आनी प्रयोगांकूय आध्यात्मीक बसका आशिल्ली. भुरग्यांक फकत बुद्धीचें आनी कुडीचें शिक्षण दिलें म्हूण जायना, आत्म्याचें शिक्षण दिवपूय तितलेंच गरजेचें अशें ते मानताले. आत्म्याचें शिक्षण म्हळ्यार, चारित्र्य घडोवपाचें आनी आत्मज्ञान जोडूंक भुरग्याक तयार करपाचें शिक्षण; ह्या शिक्षणा बगर हेर सगळें गिन्यान फुकट, इतलेंच न्हय, तर तें भुरग्याच्या वायटाकूय पडूं येता अशें ते म्हणटाले. *आत्मकथें*त गांधीजी बरयतात, "आत्मज्ञान निमाण्या 'आश्रमां'त, सन्यासाश्रमांत, जाता असो आमचो समज. पूण सन्यासाश्रमांत पावऽसर जे आत्मज्ञानाची कसलीच तयारी करिनात तांकां ह्याय आश्रमांत आत्मज्ञान मेळना, फकत भुरगेपणाचें दुसरें रूप आशिल्लें म्हातारपण मेळटा, आनी धरणेक भार जावन ते जियेतात" (वांटो ४, प्रकरण ३४).

सत्य आनी अहिंसा पचोवन तयार जाल्ल्या गांधीजींच्या आगळ्या वेगळ्या यक्तित्वाचो प्रभाव तांच्या संपर्कांत आयिल्ल्या सगल्यांचेर पडटालो. काका ालेलकर, महादेवभाई देसाई सारकेले तरणाटे सांगाती तर गांधीजींकूच आपणालें ंतस्कर्ण, आपणालें कोशियेंस मानताले. *बापूकी झाँकियाँ* पुस्तकांत काकासाहेब क सुंदर उगडास सांगतात -

१९१५ वर्सा अहमदाबादाक 'सत्याग्रह आश्रमा'ची स्थापना जाल्ली. ाश्रमाच्या सुरवेच्या काळांतली खबर. अहमदाबादाचे गिरण कामगार दिसवडो ाडोवन मेळचो म्हूण आंदोलन करताले. गांधीजींचे सांगणेन तांणी संपार वचपाचो नेर्णय घेतिल्लो. गांधीजीन कामगारांक सांगिल्लें, संप सफळ जावंक जाय जाल्यार ार नेमांक पाळो दिवचो पडटलो - हिंसेचो मार्ग केन्नाच आपणावचे नात, ामार वचूंक सोदतल्या कामगार भावांचेर कसलीच आगळीक करचे नात, भिकेचेर जियेवचे नात, आनी, संप कितलोय काळ चलूं, थीर रावतले आनी ह्या काळांत पोटा खातीर दुसरें खंयचेंय काम सोदून काडटले - हें तुमी तुमचे भितर एकवटान थारावचें पडटलें. दिसवड्यांत ३५% वाड जायना ते मेरेन कामार वचचे नात असो कामगारांनी गांधीजीं मुखार सोपूत घेतिल्लो.

पयले दोन आठवडे संप नेटान चल्लो. कामगार दिसपट्टे सभा घेताले आनी ह्या सभांनी गांधीजी तांकां तांगेले प्रतिज्ञेचो उगडास करून दिताले. उपरांत इल्ले इल्ले करून कामगार 'हालूंक' लागले. सभांनी आदली उर्बा दिसना जाली. कांय जाण कामार रूजू जाले. उरिल्ले हांचे आड रागान पेटले. हे परिस्थितींत आपणाली लागणूक कितें, गांधीजी येवजूंक लागले. 'उपाशीं मरतले पूण सोपूत मोडचे नात' ही वृत्ती कामगारां भितर तयार जातली जाल्यार आपणेंच तांकां असली देख घालून दिवची पडटली अशें गांधीजींक दिसलें आनी तांणी कामगारांची सभा आपयली. ''तुमची हार म्हज्यान सोंसूंक जावचिना. म्हाका गवाय दवरून तुमी प्रतिज्ञा घेतल्या. म्हूण आतां हांव सोपूत घेतां, तुमची मागणी मान्य जायसर हांव अन्न उश्टावचोंना,'' आपणाल्या उलोवपांत तांणी सांगलें.

बापू उपास करतले हें आयकना फुडें महादेवभाई आनी काकासाहेब, दोगांयनी तांचे वांगडा उपास करपाचें थारायलें. 'बापू उपाशीं आसतना आमकां जेवण कशें चलतलें,' अशें येवजून.

आपुणूय बी उपास करतलों म्हणपाचें महादेवभाईन गांधीजींक सांगलें. गांधीजीन म्हळें, ''अशें चलचें ना!'' महादेवभाईय बदले नात. चर्चा करपाक वेळ नाशिल्लो. गांधीजीन कडक आवाजान म्हळें, ''महादेव, तुजो धर्म कितें, हांव जाणां. चल,

वचून जेवन यो. तूं जेवलो ना जाल्यार हांव तुजेर नदर लेगीत घालपाचोंना.''

इल्लेंशें तोंड घेवन महादेवभाई काकासाहेबां सरीं आयले. म्हणूंक लागले, ''बापू म्हजेर नदर घाली नासतना रावले जाल्यार हांव कसो म्हूण जगतलों?'' हाचेर काकासाहेबान तांकां सांगलें, ''बापूच आमचें अंतस्कर्ण. आमी जेवंक जाय अशें ते म्हणटात जाल्यार आमी जेवंक जाय. जेवनूच आमची परिक्षा दिवंक जाय'' (३३-३४).

केदो व्हडलो विश्वास हो!

गोपाळकृष्ण गोखले, रवीन्द्रनाथ ठाकूर सारकेलेय गांधीजीं कडेन उपाट आदरान पळेताले.

१९१२ वर्सा गोखले गांधीजींक दक्षीण आफ्रिकेक मेळूंक गेल्ले आनी थंयचें तांचें कार्य पळोवन खूब प्रभावीत जाल्ले. भारतांत परतले उपरांत त्याच वर्साच्या डिसेंबरांत मुंबयच्या 'टावन हॉलां'त तांणी एक उलोवप केल्लें. तातूंत ते गांधीजींच्या व्यक्तिमत्वाचेर आनी तांच्या वावराचेर भारावन गेल्ले वरी उलयल्ले. गोखले म्हणटात, ''गांधींचो जे तरेचो आध्यात्मीक प्रभाव म्हजेर पडला तसो आनीक दोगूच जाणांनी म्हाका प्रभावीत केला. एक, आमचे म्हालगडे दादाभाई नवरोजी हांणी, आनी दुसरे, म्हजे गुरू सर्गेस्त महादेव गोविंद रानडे हांणी. असल्या मनशां मुखार कसलीय उणाक करणी करपाक आमकां लज दिसतली. इतलेंच न्हय, उणाक विचार पसून आमचे मतींत रिगूंक कांचवेतले'' (१६, अणकारून).

१९१२ त गांधीजी फकत त्रेचाळीस वर्सांचे आशिल्ले, आनी गोखले तांचे परस सुमार साडे तीन वर्सांनी व्हड आशिल्ले.

असहकाराची चळवळ चलताली तेन्ना केन्ना तरी (१९२० च्या अदमासाक जावये) एका अमेरिकी नेमाळ्याच्या प्रतिनिधीन रवीन्द्रनाथांची मुलाखत घेतिल्ली. तातूंत ''गांधीजींच्या जैताचें खरेलें गुपीत कितें?'' ह्या प्रस्नाक रवीन्द्रनाथ जाप दितात, ''तांची कृतिशीळ आध्यात्मीक शक्त आनी अविरत त्याग.'' ते मुखार म्हणटात, ''संवसाराचो फुडार घडोवपाच्या वावरांत म्हत्वाचें योगदान दिवंक हो म्हामानव जल्मा आयला'' ("A Liberated Soul" ५२-५३, अणकारून).

''ह्या व्हड मनशाची संवसाराक अदीक बरी वळख जावपाची गरज आसा. तुमी संवसारभर नामना जोडल्या. तुमी हें काम कित्याक करिनात?'' अशें हो प्रतिनिधी विचारता तेन्ना रवीन्द्रनाथ ताका सांगतात, ''हे तेजिश्ट व्यक्तीचे तुळेन हांव कोणूच न्हय. आनी, खरेल्या व्हड मनशाक व्हड करचो पडना. संवसार

ाचें व्हडपण वळखूंक तयार जाता तेन्ना ह्या व्हडपणाक लागुनूच तो नांवाजतो
ाता. वेळ येतलो तेन्ना गांधींकूय संवसार वळखतलो, कित्याक, संवसाराक
ांची आनी तांच्या प्रेम, स्वतंत्रताय आनी भावपणाच्या संदेशाची गरज आसा''
(आदलोच संदर्भ).

*आत्मकथें*तल्यो कांय म्हत्वाच्यो नोंदी

१. गांधीजींच्या जिवितांतल्या आंतरीक आनी भायल्या बदलांचें प्रांजळ
तशेंच संयमान केल्लें कथन *आत्मकथें*त आयलां. एक देख :

दक्षीण आफ्रिके सावन गांधीजी दुसरे खेपे भारतांत परतल्ले आनी मुंबय रावन वकिलीचो वेवसाय करपाचें येवजिताले तेन्ना एका अमेरिकी एजंटा कडेन तांणी धा हजारांचो विमो घेतिल्लो. आपणाक कितेंय जालें जाल्यार बायल-भुरगीं उबंत पडचीं न्हय, व्हडल्या भावाचेर भार जावन तांकां जियेवचें पडचें न्हय, असो सरसमान मनशा वरी विचार करून तांणी हो विमो काडिल्लो. पूण मुंबय गांधीजी वकिली करुंकूच पावले नात. दक्षीण आफ्रिकेंतल्या भारतीयांचे चळवळींत वांटो घेवंक तांकां परत भारत सोडून वचचें पडलें. दक्षीण आफ्रिकेंत रासवळ जिवितांत पुरायेन घालून घेतलें तेन्ना करियर, जोड, बचत, विमो... हांचे विशीं ते खोलायेन येवजूंक लागले. देवाचेर म्हजो खऱ्यांनीच भावार्त आसा जाल्यार विमो कित्याक काडूंक जाय? हांव, म्हजीं बायल-भुरगीं देवाचीच निर्मणी. आमचो हुस्को काडपी देव आसतना विमो काडप, हाचो अर्थ, हांव देवाचेर अविश्वास दाखयतां असो जालोना? इतलेंच न्हय, विमो काडून हांव बायले-भुरग्यांक परावलंबीय करतां, गांधीजींक दिसूंक लागता. ते भायर, कितल्याश्या गरिबांच्या भुरग्या-बाळांचें कशें चलता? तीं खंय विमो काडटात? तांचे वरीच तुज्याय भुरग्या-बाळांचें चलतलें अशें तुवें कित्याक येवजुचें न्हय? हो विचार करून ते विम्याचे हप्ते भरपाचें बंद करतात. मुखार, 'कुटुंबा'चो तांचो अर्थूय रुंदावता आनी 'कुटुंबा खातीर जोडप', 'कुटुंबाक पोसप' ही लागणुकूय मिथ्या जाल्ले वरी सुट्टा. हे मुखार घरा पयशे धाडूंक मेळचेनात, कितेंय बचत जालीच जाल्यार ती समाजा खातिरूच वापरतलों म्हूण ते व्हडल्या भावाक चीट बरोवन कळयतात (वांटो ४, प्रकरणां ४, ५).

२. आमी आपणाले 'कुसळा'येदे दोश 'मुसळा'वरी लेखतात आनी दुसऱ्याचे 'मुसळा' येदे दोश 'कुसळा'वरी लेखतात तेन्नाच आपणाल्या आनी हेरांच्या दोशांचो सारको बरो अदमास आमकां मेळटा. सत्याग्रही जावंक सोदतल्यान तर ह्या नेमाक कडक पाळो दिवंक जाय, अशें गांधीजी *आत्मकथें*त बरयतात (वांटो

५, प्रकरण ३३). आपणाल्या आत्मकथनांतूय ते ह्याच नेमाक धरून चलिल्ले पळोवंक मेळटात. बापूय भायर पडला तेन्ना मोहनदास सोळा वर्सां पिरायेचो. रातचो न्हिदूंक वचचे पयलीं तो बापायचे पांय वळटालो. बापायन वच म्हणटकच, वा ताचो दोळो लागतकच उठून आपले कुडींत वतालो. तेन्नाच मोहनदासाचे बायलेक दीस गेल्ले. गांधीजी सांगतात, ''हांव बापायचे पांय वळटालों खरो, पूण म्हजें मन आसतालें न्हिदपाचे कुडी सरीं...'' बापूय भायर पडला त्या वेळारूय आपूण बायले म्हऱ्यांत आशिल्लों हें गांधीजीन आत्मकथेंत बरोवंक नाशिल्लें जाल्यार कोणाक कळटलें आशिल्लें? (वांटो १, प्रकरण ९). तशेंच, दक्षीण आफ्रिकेक डर्बनाक आसतना, 'म्हज्या घरांत असलें चलचें ना' म्हणपी घोवाक तितलेच तिडकीन 'तुजें घर तूंच घेवन बस, हांव चल्लीं' म्हणपी घरकान्नीक गांधीजी हाताक धरून भायर काडटात हीय घडणूक तांणी आत्मकथेंत बरोवंक नाशिल्ली जाल्यार कोणाक कळपाची? ह्या उगडासाचो माथाळो गांधीजीन ''एक पुण्यस्मरण आनी प्रायश्चीत'' असो दिला (वांटो ४, प्रकरण १०).

आत्मकथेंत असल्यो आनिकूय घडणुको आयल्यात.

३. सत्याग्रह हे संकल्पनेचो आनी उतराचोय जल्म दक्षीण आफ्रिकेंत जाल्लो. संकल्पना पयलीं जल्मा आयिल्ली, उतर मागीर मेळिल्लें. दक्षीण आफ्रिकेंत जी नवे तरेची चळवळ जाल्ली तिका कितें नांव दिवचें, गांधीजीय थारावंक पावंक नाशिल्ले. तिका 'passive resistence' ची चळवळ अशें सामान्यतायेन म्हणटाले. गुजरातींत लेगीत. एक दीस येवरोपेवां वांगडा जाल्ले चर्चेंतल्यान गांधीजींक ह्या उतराच्यो मर्यादा कळ्ळ्यो. Passive resistence दुबळ्याच्या हातांतलें शस्त्र अशें मानताले. ताच्या अर्थांत तिरस्कारूय आसपावतालो. इतलेंच न्हय, हे तरेचें resistence निमाणें हिंसेंतल्यानूय व्यक्त जावं येतालें. हें कळटकच भारतीयांनी आपणाले चळवळीक नवें नांव दिवंक जाय अशें गांधीजींक दिसलें. नांव तांकां येवजना जालें म्हूण भारतीयांचे चळवळीच्या मुखपत्रांत - *Indian Opinion*त - चळवळीक नांव सुचयतल्याक तांणी ल्हानशें इनाम दवरलें. मगनलाल गांधीन *सदाग्रह* (सत् + आग्रह) नांव सुचयलें. गांधीजींक तें मानवलें. आनी, उतराचो अर्थ अदीक स्पश्ट जावचो म्हूण तांणी *सदाग्रहा*चें *सत्याग्रह* केलें (वांटो ४, प्रकरण २६).

४. चरखो भारतांत पयलीं पसून आशिल्लो, गांधीजीन तो फकत लोकप्रिय केलो अशें जायते फावटीं आयकूंक येता.

चरखो भारतांत पयलीं सावन आशिल्लो, हें खरें. पूण अर्थीक शोशणाचेर

ञी आशिल्ले वसाहतवादी राजवटीक लागून तो वापरांतलो पुरायेन ना जाल्लो.

गांधीजी सांगतात, भारतांतले गरिबायेचेर उपाय म्हूण १९०८ वर्सा *हिंद स्वराज्यांत* हांवें चरख्याचो पुरस्कार केल्लो तेन्ना चरखो पळोवंक लेगीत नाशिल्लो. रतांतली गरिबाय ना करूंक जें तत्व आधार करतलें तेंच ताका स्वराज्यूय जोडून तलें हें हांवें गृहीत धरिल्लें. १९१५त, दक्षीण आफ्रिके सावन भारतांत परतले परांत साबरमतीचे तडीर 'सत्याग्रह आश्रमा'ची स्थापना जाली तेन्नाय बी हांवें रखो पळोवंक नाशिल्लो.

हे फाटभुंयेर, भारतीय मिलींनी तयार जावपी सुताचो हातमागार विणिल्लो पडो आश्रमांत वापरप अशें ठरता. उपरांत गांधीजींक दिसता, हे भाशेन भारतीय मेलीचे एजंट जावप समा न्हय. सुतूय हातान काडिल्लेंच आसूंक जाय. पूण सूत काडूंक शिकयतलो कोण? शिकोवपीय मेळना, चरखोय मेळना.

१९१७ वर्सा भडूचाक जाल्ले शिक्षणीक परिशदेचे अध्यक्ष म्हूण गेल्ले आसतना गांधीजींक गंगाबेन मजूमदार ही बायल-मनीस मेळटा. ती चरखो सोदून काडपाचें मनार घेता. आनी, गुजरातभर भोंवले उपरांत वडोदऱ्याच्या विजापूर गांवांत उपेग ना म्हूण माळ्यार उडयल्लो एक चरखो गंगाबेनीक मेळटा. सूत कांतूंक जाणा आशिल्लो मनिसूय मेळटा (वांटो ५, प्रकरणां ३९, ४०).

मुखार चरखो आश्रमांत पावता. मूळ यंत्रांत बदल जावन ल्हान, वांगडा घेवन भोवं येत असो, पेटी चरखो तयार जाता, स्वराज्याक आंवडेवपी जण एकल्या भारतीयाच्या हातांत तो पावता, आनी ''चरखा चला चला कर लेंगे स्वराज्य लेंगे!'' स्वराज्यगीत जाता.

५.गांधीजीन भारताच्या राजकी मळार पावल दवरलां ते मेरेन राष्ट्रीय पांवड्या वयल्या रासवळ जिवितांत इंग्लीशूच चलताली. थंय भारतीय भासांक, मुखेलपणान हिन्दुस्तानीक, सुवात जोडून दिवपी राजकी फुडाऱ्यां मदीं गांधीजीच म्हालगडे आसूंक जाय.

पयलें म्हाझूज चलतालें तेन्ना व्हायसरॉयान दिल्लींत युद्धपरिशद आपयल्ली. परिशदेक गांधीजींक आपयल्ले. तांकां उलोवंक सांगलें तेन्ना तांणी आपणाक हिंदुस्तानींत उलोवंक मेळचें म्हूण मागलें. हिंदुस्तानींत ते एकूच वाक्य उलयले. पूण उपरांत कितल्याश्या जाणांनी हिंदुस्तानींत उलयल्ले बद्दल तांचें अभिनंदन केल्लें व्हायसरॉयान आपयल्ले सभेंत हिंदुस्तानींत उलोवपाची ही पयलीच घडणूक म्हणपाचें कळटकच गांधीजी सांगतात, म्हजो राष्ट्राभिमान दुखवलो... भारतांत भारताच्या प्रस्नाचेर विचार करूंक भरिल्ले परिशदेंत भारतीय भाशेक मनाय आसप

ही कितली दुःखाची आनी लजेची गजाल! (वांटो ५, प्रकरण २७).

६. रासवळ संस्था कश्यो चलच्यो हे विशींचे गांधीजींचे विचार तांचे आत्मकथेंत आयल्यात.

गांधीजी सांगतात, कितल्योश्यो रासवळ संस्था चलयले उपरांत हांव एका निर्णयार पावलां - खंयचीच रासवळ संस्था कायम स्वरुपाच्या निधीचेर चलूंक फावना.

घोळणुकेंतले कोंकणींत सांगचें जाल्यार, गांधीजींच्या मत्तान, रासवळ संस्थेन केन्ना पोटलो करून दवरचो न्हय, ती हाता वयल्या पोटाची आसची.

पोटलो आसतकच केन्नाय तरी संस्थेचो नैतीक पांवडो सकल देंवले बगर रावना. रासवळ संस्था म्हळ्यार लोकांचे मान्यतायेन, लोकांच्या तेंक्यान उबी जाल्ली संस्था. लोकांचो तेंको नासतना असले संस्थेक अस्तित्वांत उरपाचो अधिकार आसना. कायम स्वरुपाच्या निधीचेर चलपी संस्थांक लोकांच्या मताची व्हडलीशी पर्वा आसना. इतलेंच न्हय, जायते फावटीं त्यो लोकांच्या मता आडूय करण्यो करतात... रासवळ संस्थेक सैमा बशेन जियेवंक येवंक जाय. एका एका दिसाच्या हिसपान. जे संस्थेक लोक तेंको दिवंक तयार आसनात तिका रासवळ संस्था म्हूण जियेवपाचो अधिकारूच ना.

गांधीजी मुखार सांगतात, हे विचार दक्षीण आफ्रिकेंतल्या सत्याग्रहाच्या काळार मूळ धरूंक पावले. हो सत्याग्रह स वर्सां वयर चल्लो. ताका लाखांनी रुपया लागले. पूण कायम निधी नासतना ही चळवळ चल्ली (वांटो ३, प्रकरण ४).

जयरामदास आनी स्वामी आनंद हे दोग सांगाती आत्मकथा बरय म्हूण फाटीक लागिल्ल्यान आपूण ती बरोवंक पावलां अशें गांधीजी सांगतात (प्रस्तावना; वांटो ४, प्रकरण ११) आपणाल्या सांगात्यांक थोडें भोव आश्वासन मेळचें होय एक हेत आत्मकथा बरोवपा फाटल्यान आशिल्लो अशेंय ते बरयतात, आनी हे आत्मकथेचें बरोवपूय बी एक सत्याचो प्रयोगूच अशें सांगतात. "ह्या कथनांत म्हाका याद आसा तें सगळेंच हांव सांगिना हाची म्हाका जाणविकाय आसा," गांधीजी बरयतात (वांटो ४, प्रकरण ११).

सत्याच्या ह्या साधकाकूय आपणाल्या आत्मकथनांत कितें सांगचें, कितें सांगचें न्हय हो प्रस्न पडटालो, हें म्हत्वाचें. हे संबंदान गांधीजी निर्णय कशे घेताले आसुये? हाची जापूय तांणी ह्याच प्रकरणाचे सुरवेक दिल्या.

ते सांगतात :

हांवें ही कथा बरोवंक घेतिल्ली तेन्ना म्हजे कडेन कसलीच येवजण नाशिल्ली. ईसपटी वा हेर कसल्या कागदपत्रांचोय आधार नासतना हांव हीं प्रकरणां बरयतां. रोवंक बसतां तेन्ना अंतर्यामी जे वाटेन म्हाका व्हरता ते वाटेन हांव वतां...

हांगा काकासाहेबान सांगिल्ल्या एका उगडासाचो मुजरत उल्लेख करीन देसता.

आत्मकथे विशीं गांधीजीं कडेन चर्चा करतना एक दीस काकासाहेबान तांकां म्हळें :

बापूजी, *आत्मकथेंत* तुमी खूब 'हिमूटपणां' केल्यांत. कितल्याश्या बऱ्या बऱ्या गजालींचेर कांय बरोवंक ना... खंय खंय तर तुमी मुद्दाम कांय गजालींचेर बरोवप टाळ्ळां असो दुबाव मारता. आपणा आड आशिल्ल्या गजालींचेर तुमी रुचीन बरयल्ले वरी दिसता. पूण हेरां विशीं अशें करूंक ना. देखीक, दक्षीण आफ्रिकेंत तुमगेर रावपी तुमचो एकलो इश्ट तुमी घरा नासतना थंय एके वेश्येक घेवन आयिल्लो हें तुमी सांगलां [वांटो २, प्रकरण २३]. पूण ह्या तुमच्या इश्टा विशीं थोडी म्हायती तुमी मुजरत दिवंक ना काय दिसता. तुमी हायस्कुलांत आशिल्ले तेन्ना ज्या मुसलमान इश्टाक लागून तुमी मांस खावंक लागिल्ले, चोरी केल्ली, तोच हो इश्ट हें तुमी बरोवंक ना.

हाचेर गांधीजी म्हणटात :

खरें तुजें. हांवें हें मुद्दाम बरोवंक ना. हांव 'आत्मकथा' बरयतालों. आत्मकथेंत हे गजालीचो उल्लेख गरजेचो न्हय. दुसरें, हो मनीस अजून संवसारांत आसा... दोनूय प्रसंग जोडिल्ले जाल्यार लोकांच्या मनांत ताचे विशीं तिरस्कार तयार जातलो आशिल्लो.

बापूजींच्या मनांत जण एकल्या खातीर कारुण्य आशिल्लें, काकासाहेब सांगतात (*बापूकी झाँकियाँ* ९४-९५).

आत्मकथेचे प्रस्तावनेंत गांधीजी म्हणटात, सत्याच्या साधकान नमळ आसूंक जाय. कितलो नमळ? पांया पोंदच्या धुल्ला परसूय नमळ!

नमळाय ह्या आत्मकथनांत पावला कणकणीं जाणवता. हें प्रथमपुरुशी निवेदन जाल्ल्यान तातूंत 'हांव' आसा. 'हांवपण' मात खंयच ना. एके तरेचें writing degree zero हें, style degree zeroत केल्लें. म्हुण्णूच जावये, ही आत्मकथा वाचप्यांकूय नमळ करता. विरगळावन उडयता.

एक आगळी-वेगळी आत्मकथा ही. संस्कार जावपाचे पिराये वयल्या जण

एकल्या तरणाट्यान/तरणाटेन वाचपा सारकी. एक All Time Best Seller पुस्तक हें! मूळ गुजराती *आत्मकथेचे* कोंकणी धरून पंदरा देशी, आनी सत्तावीस विदेशी, मेळून, बेचाळीस भासांनी अणकार जाल्यात. भारतांत तश्यो भारता भायर तिच्यो लाखांनी प्रती खपल्यात, खपत आसात. गोंय मेकळिकेच्या भांगरा उत्सवी वर्साच्या आदल्या दिसा तिच्या कोंकणी अणकाराचें लोकार्पण जालां. गुरुनाथबाब केळेकारांनी हो अणकार केला.

गुरुनाथबाब एक गांधीभक्त आनी कोंकणीचे एक नमळ सेवक. कोंकणीची गरज वळखून, तिका कितें जाय तें ज्युस्त त्या त्या वेळार तांणी दिलां. मेकळ्या गोंयांतलें पयलें कोंकणी नेमाळें - *नवें गोंय* - तांणी मुखार सरून काडिल्लें. खरेलें नवें गोंय घडोवपा खातीर खास भुरग्यां खातीर *नवें गोंय* आनी *मारुती* नेमाळीं काडिल्लीं. कोंकणी भुरग्यां खातीर संस्कार-साहित्य उजवाडा हाडिल्लें. पदयात्रा काडून तें नीट वाचप्यांच्या हातांत - भुरग्यां मेरेन - पावयल्लें. *सुनापरान्त* आयलें तेन्ना सामको गरजेन जाय आशिल्लो इंग्लीश-कोंकणी शब्दकोश तांणी तयार केल्लो. सगळें स्वयंप्रेरणेन!

गांधीजींची *आत्मकथा* हीय बी कोंकणीची एक गरजूच! तीय बी ज्युस्त गोंय मेकळिकेच्या भांगरा उत्सवी वर्सा कोंकणी मनशाच्या हातांत दिवपाचें फकत गुरुनाथबाबांकूच येवजुपाचें!

गुरुनाथबाब सदां म्हणटात, आमी भारतांत जल्मा आयले म्हूण भारतीय नागरीक जायनात. 'नागरीकत्व' आमी केळोवंक जाय. तांगेले 'मार्ग' (MARG : Movement of Amity Towards Roads in Goa) चळवळीक तांणी आयज नागरीकत्वाचे चळवळीचें रूप दिलां. गोंय मेकळिकेच्या भांगरा उत्सवी वर्सा जण एकल्या बरपाक्षरी तरणाट्याच्या हातांत गांधीजींची *आत्मकथा* पावोवपाचो हावेस तांणी बाळगिला. गोंयकारा भितर नागरीकत्व केळयतना सत्याचे साधनेची ही देख आसत जाल्यार गोंयचो फुडार उजळूच जातलो, हातूंत कोणाक दुबाव आसूं येत व्हय?

१८ डिसेंबर २०११ ह्या दिसा सत्याचे प्रयोग वा आत्मकथा पुस्तकाच्या लोकार्पण सुवाळ्या दिसा केल्लें उलोवप, उपरांत भर घालून बरोवन काडिल्लें.

(*जाग,* जानेवारी २००९)

१३. किराची काणी

एक आशिल्लो कीर. उडटालो गायतालो, मिरसांगो पेरां खातालो, पूण अभ्यास म्हणटात तो करी नाशिल्लो. चाली-रिती, कायदे-नेम, कित्याचीच ताका जाण नाशिल्ली.

राजाक दिसलें, कितें उपेग असल्या ह्या किराचो?

ताणें मंत्र्याक आपोवन सांगलें, ''ह्या किराच्या शिक्षणाची वेवस्था करात.''

किराच्या शिक्षणाचें काम मंत्र्यान राजाच्या भाच्याचेर सोंपयलें.

भाच्यान पंडितांक आपोवन हाडले.

पंडितांनी बसून खूब येवजिलें. भासाभास केली. कीर इतलो अशिक्षीत उरलो कसो, तांकां प्रस्न पडलो. निमाणे ते एका निर्णयार पावले - शेवण्यां-सुकण्यांचे घोंटेरूच मुळांत अर्दकुटे. ह्या काडयां-बडयांच्या घोटेरांक गिन्यानाची जडसाण कितली म्हूण पेलतली?! देखून, सगळ्यांत पयलीं एक घटमूट बरो पांदरो जाय.

पंडितांक दक्षिणा मेळ्ळी. ते खुशालभरीत जावन घरा

परतले.

भाच्यान शेटीक आपोवन हाडलो, आनी एक गडगंज बरो भांगराचो पांदरो करूंक लायलो.

शेटीन बऱ्यांतलो बरो पांदरो तयार केलो.

भांगराच्या पांदऱ्याची खबर सगळ्याक पातळ्ळी. खांची-कोनशांतल्यान लोक तो पळोवंक येवंक लागले. कोणें म्हणचें, ''कितें बाबा शिक्षण...!'' तर कोणें, ''असलो पांदरो केन्ना पळेलोच ना... भाग्यवंत हो कीर...!''

शेटीक भरपूर बिदागी मेळ्ळी. तो खोश्शी जावन घरा गेलो.

पंडीत अभ्यासक्रम आंखपाक बसले. ''पोथयो तयार करून घेवच्यो पडटल्यो,'' तांणी म्हळें.

पोथयो बरोवन काडटल्यांक आपोवन हाडले. पोरण्या पोथयांच्यो नकलो तयार जाल्यो. पोरण्या नकलांच्योय नव्यो नकलो तयार जाल्यो. पोथयांची दोंगरा येदी रास जाली. पळेतल्यान म्हणचें, ''आकांत आं शिक्षण...!''

पोथयो बरोवन काडटलेय बक्षीस घेवन तुश्ट जावन घरा गेले.

राजाचो भाचो जीव ओतून पांदरो सांबाळटालो. तो चक्क बरो उरचो म्हूण सान्न मारपी, पुसपी, धुवपी, घयरांव काडपी लोकांची एक फौजूच ताणें कामार नेमली. हे लोक सारके काम करतात काय ना तें पळोवपाक तांचे वयर आनीक कांय जाण नेमले. सगळ्यांक म्हयन्या म्हयन्याक पगार मेळूंक लागलो, आनी हो सगळो व्याप पळोवन लोक म्हणूंक लागले, ''हाका म्हणटात उदरगत!''

ह्या राज्यांतूय निंदक आशिल्लेच. हांतल्या एकल्यान म्हळें, ''सगळी अर्थ-अपुरबाय चल्ल्या ती पांदऱ्याचीच. पोपटाक कोण पळेता?!''

खबर राजाच्या कानार पावली. ताणें भाच्याक आपोवन हाडलो आनी विचारलें, ''हांव आयकतां तें खरें?''

भाच्यान म्हळें, ''म्हाराज, खरी खबर जाणा जावन घेवपाची आसल्यार शेटीक, पंडितांक, पोथयांच्यो नकलो करतल्यांक आपोवन हाडून विचारात. पांदरो निवळ करतल्यांकूय विचारात जाय जाल्यार... हे निंदक पडल्यात बेकार! तांच्या पोटाक कांय मेळना म्हूण ते अशे निंदा करतात.''

राजाक खरी परिस्थिती कितें ती कळ्ळी. भाच्याच्या गळ्यांत भांगराचो हार पडलो.

किराचें शिक्षण कशें चल्लां तें खासा आपणें एक दीस भेट दिवन पळोवचें अशें राजाक दिसलें. इश्टा-मित्रांक, मंत्र्यांक, चाकरांक घेवन एक दीस तो शाळेच्या

रवट्यार हाजीर जालो. राजा आयला तें पळोवन रोखडेच धोल, ताशे, घुमट, नेनाय, म्हादळीं, कासाळीं वाजूंक लागलीं. पंडीत मेकळ्या ताळ्यान शेंडयो ालयत मंत्रपाठ करूंक लागले. पोथयांच्यो नकलो करपी, पांदऱ्याची निवळकाय करपी, बापोलभाव, तिपोलभाव, मामेभाव, आतेभाव, मावशेभाव - सगळ्यांनी राजाचो जयजयकार केलो.

भाच्यान म्हळें, "म्हाराज, पळेलें?"

राजान म्हळें, "खऱ्यांनीच, अजाप म्हणपाचें!"

खोशी जावन राजा परतो हतयार चडूंक वतालो. इतल्यान, शाळे कुशीकच्या झिलींनी आंग चोरून लिपून बशिल्ल्या निंदकान म्हळें, "म्हाराज, किराक पळेलो?"

"हय मरे ! सामको विसरलों. किराक पळेलोच ना!" राजान म्हळें, आनी पंडितांक सांगलें, "किराक तुमी कितें शिकयतात, कशे शिकयतात तें हांव पळोवंक सोदतां. तुमी तयार केल्लो अभ्यासक्रम मातशे हाडून दाखयशात म्हाका?"

अभ्यासक्रम किरा परस कितल्याश्या पटींनी व्हड आशिल्लो. राजा खुशालभरीत जालो, आनी किराक पळोवंक गेलो.

लकलकीत, चकचकीत पांदऱ्यांत कीर बशिल्लो. पांदऱ्यांत उदक, पेर, भिकणां - कांय नाशिल्लें. फकत पोथयांचे राशींतलीं कांय पानां पिंजून लेखणेच्या तोंकान तीं किराच्या तोंडांत धोंगशिताले. कीर गायऽ नाशिल्लो, किळच्योय मारी नाशिल्लो.

हतयार चडटा आसतना राजान कान पिळपी सरदाराक उलो मारून आपोवन हाडलो, आनी सांगलें, "हे थंय झिलींनी निंदक बसला. वचून ताचो कान बरोऽ पीळ."

कीर दिशीं दिशीं सुशिक्षिता बशेन जीव नाशिल्लो कसो जावंक लागलो. ताच्या पालकांक ताच्या गिन्याना विशीं आस्त दिसूंक लागली. पूण तरी सभाव-दोशाक लागून किरान सकाळच्या उजवाडा कडेन पळोवचें आनी पांखाटे फडफडावचे. इतलेंच न्हय, केन्ना केन्ना आपणाले कट्टरे चोंचीन पांदऱ्याच्यो सळयो तोडपाचो यत्न करचो.

कोतवालान म्हळें, "आब्बा! इतली मस्ती!"

लोखण, भातो, तुतयो, घण, उजो घेवन शाळेंत दवड आयलो. लोखणाची सरपळी तयार जाली. किराचे पांखाटेय कापून उडयले.

राजाचे सोयरे गंभीर तोंडां करून म्हणूंक लागले, "ह्या राज्याच्या शेवण्यांक ना बोड... पडमूर खंयचे कडलीं!"

दवड बिदागी घेवन गेलो. कोतवालाचोय भोवमान जालो.

कीर मेलो.

कसो, केन्ना, कोणाक कळ्ळें ना.

निंदकान वावडी पातळायली - ''कीर मेलो!''

राजान भाच्याक आपोवन विचारलें, ''हांव आयकतां ती खबर खरी?''

भाच्यान म्हळें, ''म्हाराज, किराचें शिक्षण सोंपलें.''

राजान विचारलें, ''आतां तो उडयो मारता व्हय?''

''उडयो खंयच्यो!''

''आनी उडटा?''

''ना.''

''गायता?''

''ना.''

''खावंक पेरां, बियो मेळ्ळ्यो नात जाल्यार आड्डता?''

''ना.''

''किराक मातसो पळोवंक मेळत?''

कीर आयलो. वांगडा कोतवाल, शिपायक, घोडसुंवार...

राजान किराक दांबून पळेलो. ताणें कांयच आवाज केलो ना.

फकत ताच्या पोटांतल्या पोथयांच्या सुक्या पानांचो खस्स-खुस्स आवाज जालो.

ही काणी रवीन्द्रनाथांली, भुरग्यां खातीर बरयल्ली (''पोपटाची कहाणी'' ११-१५).

रवीन्द्रनाथ, ताचे परस दोन वर्सांनी व्हड आशिल्लो ताचो फुडलो भाव, आनी ह्या भावाचेच पिरायेचो एकलो भाचो, तिगूय वांगडा ल्हानाचे व्हड जाल्ले. घरांत भुरग्यांक शिकोवपाक एक मास्तर आसतालो. पूण शाळेंत वचपाची पिराय जातकच भुरगे शाळेंत वताले. भाव ('दादा') आनी भाचो ('सत्य' - सत्यप्रकाश) हांचें घरांतल्या मास्तरा म्हऱ्यांत बसून शिकप सुरू जालें तेन्ना रवीन्द्रनाथूय तांचे वांगडा मास्तरा सरीं वचून बसूंक लागलो. कांय तेंपान दादा आनी सत्य ओरिएंटल सेमिनरीचे शाळेंत वचूंक लागले. रवीन्द्रनाथ अजून ल्हान आशिल्लो म्हूण ताका घराच रावचें पडूंक लागलें. भुरग्यांनी घोड्या गाडयेंत बसून शाळेक वचचें आनी शाळेंतल्यान परतुचें. उपरांत शाळेचे वाटेर कितें कितें पळेलें, कितें घडलें तें सत्यान रवीन्द्रनाथाक तिखट मीठ लावन सांगचें. रवीन्द्रनाथ ते मेरेन घोड्या गाडयेंत

बसूंक लेगीत नाशिल्लो. 'म्हाकाय बी शाळेक वचूंक जाय' म्हूण ताणें जाणटेल्यां कडेन हट्ट धरलो. तीं बदनात शें पळेलें तेन्ना शाळेक वचपाची आपणाली लायकी सिद्‌ध करूंक (हीं रवीन्द्रनाथांलींच उतरां) तो व्हडल्या व्हडल्यान रडूंक लागलो. घरांतल्या मास्तराच्यान तें सोंसूंक जालेंना. ताणें रवीन्द्रनाथाच्या तोंडार एक फुलयलें आनी म्हळें, "आतां शाळेंत वचूंक जाय म्हूण इतलो रडटा, मागीर वचूंक नाका म्हूण हाच्याकूय चड रडटलो." हो उगडास सांगून रवीन्द्रनाथ बरयतात, "हाचे इतलें अर्थान भरिल्लें भविश्य-वाक्य हांवें म्हज्या पुराय जिवितांत आयकूंक ना."

ते मुखार सांगतात -

रडून, हट्ट करून, शाळेंत वचपाची पिराय जाल्ली नासतनाय ओरिएंटल सेमिनरीचे शाळेंत पावलों. थंय कितें शिकलों, याद जायना. पूण थंयची शिकोवपाची एक रीत याद जाता - पाठ करूंक सांगिल्लो अभ्यास भुरग्याक म्हणूंक येना जातकच ताका बांकार उबो दवरताले, दोनूय हात मुखार करूंक सांगताले आनी हातांच्या तळव्यांचेर वर्गांतल्या पाटयांचे दाळ दवरताले.

हे भाशेन हातांच्या मार्गांतल्यान अभ्यास मनांत, तकलेंत कसो पावता तें रवीन्द्रनाथाक केन्ना समजलेंना. शाळे वयलें, अभ्यासा वयलें ताचें लक्ष उडलें. ताणें शाळा सोडली. जाणटेल्यांनी ताका दुसरे शाळेंत घालो. हीय शाळा ताणें सोडली. अशे तरेन तीन शाळा सोडले उपरांत ताणें शाळेक वचऽ नासतना घराच बसून शिकप म्हूण थारायलें (पळेयात "शिक्षणाची सुरुवात" ४६-४९) .

मुखार रवीन्द्रनाथांक भुरगीं जालीं तेन्ना तांकांय तांणी शाळेंत घालीं नात. घरचे घराच मास्तर दवरून तांच्या शिक्षणाची तजवीज केली.

रुशींच्या आश्रमांचें, गुरुकुलांचें गिरेस्त आनी आगळें-वेगळें दायज आशिल्ल्या ह्या देशांतली शिक्षण-वेवस्था कशी आसची ते विशीं रवीन्द्रनाथांनी खोलायेन विचार केल्लो. भुरग्याचे चित्तवृत्तीक अडेचे शिस्तीच्या धाकांत बांदून दवरी नासतना सैमाच्या सान्निध्यांत, मेकळ्या वातावरणांत ताचें शिक्षण जावंक जाय; शिक्षण म्हळ्यार आत्मीक साधना, सत्य-साधना; ताचो फकत नोकरे-धंद्या कडेन न्हय, तर पुराय जिविता कडेन संबंद आसूंक जाय अशें ते मानताले.

आदर्श शाळा कशी आसची तें संवसाराक दाखयतलों म्हूण तांणी बोलपूर गांवांत 'शांतिनिकेतन' ही संस्था स्थापन केली. सुरवेक ही फकत भुरग्यां खातीर शाळा आशिल्ली. मुखार कांय वर्सांनी तिचेंच 'विश्वभारती' विश्वविद्यालय जालें.

भुरग्याक शिकोवप म्हळ्यार ताका बरपाक्षरी करप, पुस्तकी गिन्यान दिवप, इतलेंच न्हय. ताका मातयेंत हात घालून झाडां रोवंक येवंक जाय, तरेतरेचे खेळ खेळूंक येवंक जाय, सैमाचे सुंदरकायेचो आनंद घेवंक समजूंक जाय, ज्या समाजांत आपूण रावतां ताचे खातीर आपणेंय कितें तरी करूंक जाय ही जाणवीक ताका शिक्षणा वरवीं जावंक जाय... भुरग्यां भितर तरेकवार कला आसतात - चित्रकला, बरोवपाची कला, नाच, गावप... ह्या कलांचो शिक्षणांतल्यान विकास जावंक जाय - 'शांतिनिकेतन' संस्था काडपा फाटल्यान हो सगळो विचार आशिल्लो.

त्या वेळा वयल्या चालंत शिक्षणाक रवीन्द्रनाथ कित्याक विटिल्ले?

हें शिक्षण अडेचे शिस्तीच्या आनी शिक्षेच्या धाकांत चलतालें, तातूंत आनंदाक सुवातूच नासली म्हूण, एक. आनी दुसरें, ह्या शिक्षणाचो जिविता कडेन सुरमेळ नासलो. बंगाली भुरगीं फुडाराचे नोकरेचे आशेन शाळेच्या पांदऱ्यात बसून इंग्लीशींत घश्टे काडटालीं, इंग्लीशींतलें 'ज्ञान' पुंजायतालीं, आनी हाकाच समाज 'शिक्षण' लेखतालो...

रवीन्द्रनाथ बरयतात :

> आमच्या जिवीत-रुखाचीं मुळां आसतात ताच्याक कितलेशे मिटर पयस आमच्या शिक्षणाचो पावस पडटा. जें थोडें-भोव उदक आमचे मेरेन पावता तें आमच्या जिवितांत ओलसाण हाडूंक पावना. जें शिक्षण घेवन आमी जीण सारतात तें एका वेवसायाचे शिमे भितरूच आमकां उपेगी पडटा. ज्या पेटलांत आमी आमच्या ऑफिसाचे कपडे दवरतात तातुंतूच आमचे विद्येकूय बंद करून दवरतात. आमच्या पुराय जिविता कडेन हे विद्येचो कांय संबंद आसना. . . . [आयच्या आमच्या भुरग्यांचो] पुस्तकांचो संवसार एके कुशीक तर जियेवपाचो संवसार दुसरे कुशीक आसा. दोनां मदीं फकत व्याकरण-शब्दकोशाचो सांकव. देखून, एके वटेन येवरोपी तत्वज्ञान, विज्ञान आनी न्यायशास्त्राचो पंडीत आशिल्लो मनीस दुसरे वेटेन सगळ्या पाड्या संस्कारांक पोसवण दिवपी जिवीत जियेता; एके वटेन स्वाधीनतेच्या आदर्शाचो प्रचार करपी दुसरे वटेन अधीनतेच्या शेंकड्यांनी पासांनी आपणाक तसो दुसऱ्यांक बांदून दवरूंक वावुरता; एके वटेन भाव-भावनेचे गिरेस्तकायेन भरिल्ल्या साहित्याचें रसास्वादन करपी दुसरे वेटेन आपणाल्या जिविताक भाव-भावनेचे न्हय तर धनाचे गिरेस्तकायेचे तेंगशेर पावोवपाक आंवडेता, हाचें म्हाका कांयच अजाप दिसना. आमची विद्या आनी वेव्हार हांचे भितर फूट

पडल्या. तांचो मेळ बसना. ("शिक्षा में हेर-फेर" २७५-७६, अणकारून).

रवीन्द्रनाथांच्या शिक्षण-विचारांत भुरग्याचे सभावीक भाशेक खूब म्हत्व ाशिल्लें.

ते म्हणटात, बंगाली भुरगीं बंगालींतल्यान शिकिल्लीं जाल्यार *रामायण, हाभारत* वाचतलीं आशिल्लीं; कांयच शिकूंक नाशिल्लीं जाल्यार सैम-मायेच्या ांगाखांद्यार खेळून तुश्ट जातलीं आशिल्लीं. ज्या भुरग्यांक खेळपा खातीर हडलें आयस-पयस घर लेगीत उणें पडटा तांकां आयज आपणालें भुरगेपण खंय ारचें पडटा? विदेशी भाशेच्या व्याकरण-कोशाच्या सुक्या, सडसडीत अशीर ंवसारांत. आनंद नाशिल्ल्या ह्या संवसारांत भुरगें फकत पाठ करूंक, अनुकरण करूंक आनी हेरांची गुलामी करूंक शिकलें जाल्यार कसलें अजाप? (आदलोच ंदर्भ २७१-७२).

भारतीय विश्वविद्यालय कशें आसचें हाचेर १९३२ वर्सा केल्ल्या एका उलोवपांत रवीन्द्रनाथ येवरोपांत विश्वविद्यालयाच्या मळार आर्विल्ल्या काळार घडिल्ल्या दोन मुळाव्या बदलांचेर बोट दवरतात. ते सांगतात, आदल्या काळार येवरोपी विश्वविद्यालयांचेर धर्मशास्त्रांचो शेक चलतालो. आयज हो शेक सोंपला, आनी तीं विज्ञानाचे थीर आनी घटमूट बुन्यादीचेर उबीं आसात. दुसरो बदल भाशे विशींचो. एका काळार लातीन भासूच येवरोपांत शिक्षणाची भास आसली. हातूंत एक 'फायदो'य आसलो - येवरोपभरचे विद्यार्थी एके थीर, बदलना अशे भाशेंतल्यान शिक्षण जोडटाले. पूण हाका लागून एक नुकसानूय जातालें - विद्येचो उजवाड पांडित्याच्या वणटीं भायर भोव थोडो पावतालो. येवरोपाच्या वेगळ्या वेगळ्या देशांनी शिक्षणाचें माध्यम म्हूण आपणाल्यो घोळटिकेंतल्यो भासो आपणायल्यो तेन्ना शिक्षण सगळ्यां मेरेन पावलें ("विश्वविद्यालयों का रूप" ३१७-१८).

बंगालीक विश्वविद्यालयाच्या पांवड्यार पावोवपा खातीर केल्ल्या बुन्यादी वावरा बद्‌दल आशुतोष मुखर्जींची तोखणाय करतना रवीन्द्रनाथ बरयतात :

> इंग्लीश भाशेचो पांदरो इतले दीस आमच्या राज-दरवट्यार थीर, सुरक्षीत आशिल्लो. ताचें दार उकतें करून देशाचे चित्त-शक्ती खातीर घोंटेर बांदचो पडटलो म्हणपाचें आशुतोष सगळ्यांत पयलीं वळखले. . . . शिक्षणाची भास जावपाक बंगाली अजून पुरायेन योग्य ना, तिच्यांत तितली परिपक्वता ना, हें खरें; पूण हे अपरिपक्वतेचें कारण बंगाली

> भाशेचें दैन्य न्हय, तर तिचे सद्याचे परिस्थितीचें दैन्य हें आशुतोष जाणा आशिल्ले. स्रद्धेन आनी धिटायेन हे भाशेक शिक्षणाच्या आसनार व्हरून बसयली जाल्यार ती ह्या आसनाक योग्य जावंक पावतली. हें केन्नाच घडून येवचेंना अशें आमी मानूंक लागलीं जाल्यार मात आमचें विश्वविद्यालय सदां येवरोपी टबांतलो रोपो जावन उरतलें. टब कितलेंय सुंदर आनी मोलादीक आसूं, रोप्याक तें भारतीय मातये पसून पयसूच दवरतलें. असल्यांनी विश्वविद्यालया वरवीं देशाचो फकत सोस भागतलो, तातूंत ताचो प्राण मात आसचो ना (आदलोच संदर्भ ३२२-२३, अणकारून).

देशाचे चालंत शिक्षण-वेवस्थे विशीं हुस्को उकतायतना रवीन्द्रनाथ आनीक एके कडेन बरयतात :

> आमच्या देशांत एके वटेन सनातन शिक्षणाची व्हांवती थांबल्या, सरसमानां खातीर गिन्यानाचो दुकळ पडला, आनी दुसरे वेटेन आर्विल्ल्या युगाची विद्या दिश्टी पडूंक लागल्या. हे विद्येची व्हांवती देशाचे जनते मेरेन पाविल्ली पळोवंक मेळना. तिचें उदक वेगळ्या वेगळ्या सुवातांनी एकठांय जालां, फातराचीं कुंडां तयार जाल्यांत. पयस पयसुल्ल्यान हांगा येवन पंड्यांक दक्षिणा दिवची पडटा. कितल्याश्या नेमांक पाळो दिवचो पडटा. म्हादेवाचे जटेंतल्यान सकल देंवपी मंदाकिनी सरसमान लोकांक घाटा घाटाचेर मेळटा. कोणेंय येवचें आनी आपणाले बुडकुलेंत तिचो प्रसाद भरून घेवचो. पूण आमच्या देशांतली आर्विल्ली विद्या अशी न्हय. तिका फकत खाशेलें रूप आसा. सरसमान रुपूच ना. म्हुण्णूच इंग्लीश शिकून जांणी खाशेलेपण जोडलां तांकां सरसमानांच्या मना कडेन इल्लोय सुरमेळ सादूंक येना. आमच्या देशांतलो सगळ्यांत खर जातीभेद ह्या मळार पळोवंक मेळटा. हांगा पांवड्या पांवड्या मजगतीं आफूडभश्ट. ("शिक्षा का विस्तार" ३०४-०५, अणकारून)

शाळेंत भुरग्याक निखटें पुस्तकी शिक्षण मेळ्ळें म्हूण जायना, ताच्या पुराय व्यक्तिमत्वाचो विकास जावंक जाय - खेळप, पेंवप, सायकल चलोवप, चित्रां काडप, पदां म्हणप, भाशणां दिवप... ह्या गजालींकूय भुरग्याच्या शिक्षणांत तितलेंच म्हत्व आसा; शिक्षणांत भंयाक वा शिक्षेक थारो आसूंक फावना, भुरग्याचें व्यक्तिमत्व मेकळ्या वातावरणांत वाडूंक जाय; विचार करपाची, प्रस्न विचारपाची तांक ताचे भितर विकसीत जावंक जाय - हें सगळें आयज कोणाकूय सहज पट्टा.

पूण शिक्षणाच्या माध्यमाचो प्रस्न येता तेन्ना मात तरातरांचे युक्तिवाद मुखार येतात -

इंग्लीश आयज विदेशी भास खंय उरल्या? अरुंधती रॉय भारतीय इंग्लीशींत बरोवन 'बुकर' जोडिना...? कळंगूटचे वेळेर येवरोपेवांक खटर-खुटूर विकून पोट भरपी लामाण्यां पसून तांच्या धंद्याक जाय तितली इंग्लीश उलोवंक जाणात... खंय आसात तुमी!! आनी, रवीन्द्रनाथांचे विचार सत्तर अंयशीं वर्सां फाटले, 'चार्ली आनी केटी स्नोबॉलांनी खेळटना एकामेकां कडेन झगडलीं' ह्या वाक्याचो अर्थ बंगाली भुरग्यांच्या 'दोळ्यां मुखार' कसो येतलो काय म्हूण ते विचारतात (''शिक्षा में हेर-फेर'' २७०-७१). आयचीं आमचीं भुरगीं टिवी वांगडा ल्हानाचीं व्हड जातात. आमचे परस तांकां चड खबर आसता... रोपो टबांत रोवंक ना, ताचीं पाळां-मुळां मातयेंतूच आसात...

थोडे भितर -

We know what we are doing! माध्यमाचो विशय सोडून हेर कित्याचेरूय उलयात...

ना म्हळ्यार, आमच्या देशांतल्या इंग्लीश शिक्षणाची गंगा कांय प्रमाणांत आज घाटा घाटार झळकूंक लागल्या, आनी सरसमान भारतीय हे गंगेचो प्रसाद आपणाल्या बुडकुल्यांनी, तांबयांनी, चंबूंनी भरूंक धडपडूंक लागल्यात.

दुसरे वेटेन, 'alternative education'चीं नवीं कुंडांय देशांत तयार जाल्यांत, पंडे, दक्षिणा हांचे सयत. 'बरें' शिक्षण म्हळ्यार हे तरेचें alternative education - पर्यायी शिक्षण - अशें समिकरणूय तयार जालां.

कांय दिसां फाटीं अशे तरेचें शिक्षण दिवपी शाळे संबंदान एक उलोवप आयकूंक मेळ्ळें.

''हे शाळेंत चवथी मेरेन परिक्षा ना. होमवर्क बी कांय ना. सकाळचीं साडे आठ ते सांजचीं चार मेरेन भुरगीं शाळेंत आसतात. थंय तीं खेळटात, नाचतात, जेवतात खातात, पेवंक शिकतात, चित्रां काडटात, संगीत शिकतात, वाचूंक बरोवंकूय शिकतात. आमी पालकूय आपखोशयेन हे शाळेक कांय वरां दितात. आमचे आवडीचो विशय वेंचून काडून वर्गांत शिकयतात...''

पावर पॉयंटाचेर गांधी, रवीन्द्रनाथ, गिजुभाई बधेका, जे. कृष्णमूर्ति हांच्या बरपांतलीं अवतरणां दिवन सुंदर व्याख्यान जालें.

''कितली बरी शाळा! खंय आसा ही?'' हांवें विचारलें.

''पंजाबांत.''

''आनी, शिक्षणाचें माध्यम कितें?''

''इंग्लीश.''

''तुमी घरा खंयची भास उलयतात?''

''पंजाबी... हिन्दी...''

म्हज्यान ओगी रावंक जालेंना. म्हळें -

''हे शाळेंत भुरग्यांक 'पर्यावरण अभ्यास' हो विशय आसतलोच. ह्या पर्यावरणांत फकत सैमीक पर्यावरणा विशींच जाण करून दितात व्हय तुमी? तातूंत समाजीक, संस्कृतीक, पर्यावरण येना? आनी, ह्या पर्यावरणांत भास येना? पर्यावरणाच्या ह्या आंगाची तुमची शाळा उवेखणी करूंक शिकयता अशें म्हणचें पडलेंना? घरांत पंजाबी, रस्त्यार, बाजारांत पंजाबी, शाळेंत मात इंग्लीश... असल्यांनी तुमगेल्या भुरग्याच्या व्यक्तिमत्वाचे दोन वांटे जावचे नात? आपणाले सभावीक भाशेक तीं मनांतल्या मनांत उणीं लेखचीं नात?... आनी, तुमचीं हीं भुरगीं मुखार पंजाबी दिसाळीं, नेमाळीं वाचतलीं? एकामेकांक पंजाबींतल्यान चिटी बरयतलीं? पंजाबी साहित्य वाचतलीं? ...रवीन्द्रनाथ, गांधी, गिजुभाई - तिगांयच्या शिक्षण-विचारांत भोंवतणचे भाशेक खूब म्हत्व आसा. तुमी तांचे विचार सांगले. पूण तांच्या विचारांतलें तुमकां जाय तेंच वेंचून काडलें...''

आनिकूय विचारीन दिशिल्लें - ''हे शाळेची फी कितली?''

आमच्या देशांतलें चडशें Alternative Education म्हारगें, भरपूर फी दिवची पडटा, हे तरेचें. Elitist. हांवें पळेलां, असल्या संस्थांतल्या वातावरणांतल्यान भुरग्याक एके तरेचें 'वर्ग-शिक्षणू'य मेळटा. एकाच (वयल्या) वर्गाच्या भुरग्यां भितर तांगेलें घोळप जाता, आनी हातूंतल्यान आदिदास बूट, रिबॉक बॅग, टॉमी हिलफिगर टीशर्ट... हांचेंय ज्ञान भुरगीं सांगात्यां कडल्यान जोडटात... गांधीजींचो 'सेवाग्राम आश्रम', रवीन्द्रनाथांचें 'शांतिनिकेतन' हे तरेच्यो elitist संस्था नाशिल्ल्यो. (कृष्णमूर्तिंचें इंग्लीश Rishi Valley School मात elitist!)

आनिकूय कांय दुबाव -

ह्या Alternative Educationचो अर्थ ''आयज येवरोप-अमेरिकेंत मेळटा तसलें शिक्षण'' असो न्हय मूं? म्हळ्यार, एके तरेच्यो export म्हाल तयार करपी फॅक्टऱ्यो न्हय मूं ह्यो? ...आदल्या काळार भारतांत सवाय भितर कापसाचें पीक घेताले आनी मँचेस्टर यॉर्कशायरच्या मिलींनी कपडो तयार जातालो. आयज आमच्या देशांतले, येवरोप-अमेरिकेच्या मानान सवाय भितर शिकून

यार जाल्ले, outstanding विद्यार्थी अमेरिके सारकेल्या गिरेस्त देशांनी ाहज नोकऱ्यो मेळयतात वा तांगेल्या outsourcing च्या धोरणाचो लाव ोडटात. नव-वसणूकवाद न्हय मूं हो एके तरेचो? ... आयजूय बी आमगेल्या शिक्षणाच्या शेड्ड्याची धांव नोकरेचे वंये मेरेनूच मूं? आनी, आमच्या शिक्षणाची ोख येवरोप अमेरिकेची अलिबाबाची घोलूच जाल्यार थंय थळाव्या भासांचो केतें उपेग? बंद करून उडोवचे हे पसरे. एकूच इंग्लीश सुपर मार्केट चल्ल्यार ुरोना?

एक खंय गरीब मनीस आशिल्लो. शिंयां दिसां खातीर गरम कपडे शिवन घेवंक मेळचे म्हूण तो हाचे ताचे कडेन भीक मागून पयशे एकठांय करूंक लागतालो. फावो तितले पयशे एकठांय जातासर शिंयांचे दीस उलगताले. तेच भाशेन, उज्या दिसांनी घालपाच्या कपड्यां खातीर पयशे पुंजा जायसर उज्याचे दीस सरताले.

एक दीस देवाक ताची काकूळट दिसली. ताणें ताका प्रसन्न जावन सांगलें, ''एक वर माग.''

त्या मनशान म्हळें, ''शिंयां दिसांनी म्हाका गरम कपडे मेळचे आनी उज्या दिसांनी सादे सुती कपडे. म्हजे जिणेंतली एकूच ही विसंगती ना जावची... म्हजें जिवीत सार्थक जावचें. आनीक कांय नाका म्हाका.''

हीय रवीन्द्रनाथांली काणी.

ती सांगून ते म्हणटात, ''देवा, आमच्याय जिवितांतल्यो विसंगत्यो ना जावच्यो. आमकां भुके वांगडा अन्न मेळचें, शिंया वांगडा कपडे, भाव-भावने वांगडा भास, आनी शिक्षणा वांगडा जिवीत'' (''शिक्षा में हेर-फेर'' २७९).

ही प्रार्थना आयज काळाभायरी जाल्या अशें म्हणूं येत व्हय?

(जाग, ऑगस्ट २००९)

संदर्भ वळेरी

कोंकणी

आमोणकार, शांताराम. *उगडासांचे कोठये-कुडींत.* प्रियोळ-गोंय : जाग प्रकाशन, २००५.

आल्मेद, मॅथ्यू. ''भासविज्ञानी माफेय आनी कोंकणी भास.'' *सोद : Konkani Research Bulletin* ८ (२००५) : ३-२१.

कथा १८ जून १९४६ ची. मडगांव-गोंय : लोहिया स्टॅच्यू इन्स्टॉलेशन कमिटी, [२००८].

करमली, नागेश. ''अठरा जून.'' *जाग* २४.११ (१९८८) : कवर पान.

..., '''महामनाः स्यात...'चो संदेश दिवपी.'' *जाग* ३४. २(२००७): २२-२६.

..., ''इतिहास : उगडासांचो.'' *जाग* ३५. ८ (२००९): ४२.

..., ''पुनरुत्थान पर्वाच्या दिग्गजाक नमन!'' *जाग* ३७. १ (२०१०) : ९-१०.

कानोळकार, बाळकृष्णजी. ''१८ जून.'' *अपरांतक* १. ६ (२००४) : भायलें पान, भितल्ली वेट.

कामत, नंदकुमार. ''साहित्याचे नदरेंतल्यान पुंडलीक नायकाच्या नाटकांचे अध्ययन (*शबै शबै भौजनसमाज* नाटकाचेर भर घालून).'' *सोद : Konkani Research Bulletin* २ (२००१): ३-१३.

कामत बांबोळकार, श्रीधर, ''गोंयचें कोंकणी नाटक.'' *सुनापरान्त* [पणजी]

१० सप्टेंबर २००७.
कार्दोज, फेलीस्यु. ''कोंकणी शब्दकोश आनी व्याकरणां.'' *कोंकणी भास, साहित्य आनी संस्कृताय.* संपा. श्याम वेरेंकार आनी हेर. मडगांव-गोंय : कोंकणी भाशा मंडळ, २००३. १११-१२०.

कुंकळकार, ज्योती. *पाशाण कळी.* वळवय-गोंय : अपुरबाय प्रकाशन, १९९८.

कुलकर्णी, जयवंत, संपा. *वोवळ्यां* . १९३५. दुसरी फोटो उजवाडावणी. कारवार : सागरदीप प्रकाशन, १९९७ .

केळेकार, रवीन्द्र ''लोकभासांचें मीर्ग लागलें.'' संपादकीय. *मीर्ग* १.१ (१९५३) : १.

..., ''हे चांडाळ-चक्रांतल्यान भायर सरुंया.'' संपादकीय *मीर्ग* १.३ (१९५३) : १.

..., ''लिखाण.'' टिपण. *मीर्ग* १. ४ (१९५३) : ८.

..., ''इतिहासाचो सोद आनी बोध.'' *मीर्ग* २. ५ (१९५४) : ६.

..., ''देवा, तांकां क्षमा कर...'' *मीर्ग* २. ६ (१९५४) : २.

..., ''कोंकणी लेखक संघ.'' टिपण. *मीर्ग* २. १३ (१९५५) : ६.

..., ''कोंकणिचो प्रस्न आनी शणै गोंयबाब'' (मार्च १९५६). प्रस्तावना. ''वलिपत्तनाचो सोद.'' *समग्र शणै गोंयबाब* खंड २. संपा. शांताराम वालावलीकार. २८२-२९५.

..., *आमची भास कोंकणीच : दुबाव आनी जापो.* मडगांव-गोंय : कोंकणी भाशा मंडळ, १९६२.

..., *शाळेंत कोंकणी कित्याक.* मडगांव-गोंय : कोंकणी भाशा मंडळ, १९६२.

..., *कोंकणी भक्तांनो-.* अध्यक्षीय उलोवप. अखील भारतीय कोंकणी लेखक परिशद, दुसरें अधिवेशन. (पणजी १५-१६ नव्हेंबर १९६९). कोंकणी बरोवप्यांचो एकवट, १९६९.

..., *तुळशी.* प्रियोळ-गोंय : जाग प्रकाशन, १९७१.

..., *भौ-भाशीक भारतांत भाशेचें समाजशास्त्र.* मडगांव-गोंय : कोंकणी भाशा मंडळ, १९७४. वालावलीकार व्याख्यानमाला २.

..., ''हेंवूय काम कोंकणी भक्तांचें.'' संपादकीय. *जाग* १७. ९ (१९९०) : ४.

..., "उदयबाब." संपादकीय. *जाग* १७. १० (१९९१) : १-३.

..., "म्हालगड्यांची चूक." संपादकीय. *जाग* १८.६ (१९९१) : ६.

..., "प्रार्थना." संपादकीय. *जाग* १९. ६ (१९९२) : १-२.

..., "कोंकणीचें पंचशील." संपादकीय. *जाग* १९. ६ (१९९२) : २.

..., "I repeat." संपादकीय. *जाग* १९. ९ (१९९२) : ४

..., *एका विचाराची जिवीत कथा (महात्मा गांधींचें जिवीत)*. अण. माधवी सरदेसाय. प्रियोळ-गोंय : जाग प्रकाशन, १९९३.

..., "कोंकणीचें इंफ्रास्ट्रक्चर." संपादकीय. जाग २०. २ (१९९३) : ९.

..., "कोंकणी चळवळीचो आमी घात मारला." संपादकीय. जाग २०. ७ (१९९३) : ४-६.

..., "एक यक्ष-प्रस्न." संपादकीय. *जाग* २०. १२ (१९९४) : ७-८.

..., "चार दसकांची साहित्ययात्रा" (ऑक्टो. १९९७). *कषाय मधुर*. ले. केळेकार. २१८-२२६.

..., "अमेरिकेच्यान कितें घेवन आयलों?" (२०००). *आमोरेर (आप-उक्तावणेंचीं कांय बरपां)* ले. केळेकार. ४३-५२.

..., *घुसपल्लें जानवें.* प्रियोळ-गोंय : जाग प्रकाशन, २०००.

..., *पांथस्थ (उगडास गोंयच्या सुटके-झुजाचे)*. पणजी-गोंय : राजहंस वितरण, २०००.

..., *सर्जकाची आंतरकथा (साहित्यसेवेंत घडिल्ले दिश्टावे, होलमल्लीं सत्यां)*. प्रियोळ-गोंय : जाग प्रकाशन, २०००.

..., "कसलें साहित्य? कसले साहित्यकार?" *सर्जकाची आंतरकथा* १५८-६३.

..., "कित्या खातीर बरयतां?" *सर्जकाची आंतरकथा* ११-१४.

..., "पूर्ण वेळ बरोवपी." *सर्जकाची आंतरकथा* ४४-४९.

..., "फकत प्रेरणे खातीर." *सर्जकाची आंतरकथा* १३०-३३.

..., "फकत बरोवपी?" *सर्जकाची आंतरकथा* १-५.

..., "बरोवपाची प्रेरणा." *सर्जकाची आंतरकथा* ६-१०.

..., "बरोवप्याची साधना." *सर्जकाची आंतरकथा* १८-२१.

..., "बाकीबाब." *सर्जकाची आंतरकथा* १००-०६.

..., "परतून पु. ल." (सप्टें. २०००). *कषाय मधुर*. ले. केळेकार २६८-७४.

..., "पडमूर गोंयकार." *कोंकण टायम्स* दिवाळी २००२ : ३-४.
..., *आमोरेर.* प्रियोळ-गोंय : जाग प्रकाशन, २००३.
..., "संयुक्त गोंय जालेंना जाल्यार कोंकणी लोक शेणटलो!" संपादकीय. जाग ३०.४ (२००४) : १-३.
..., "एक भाग्यवंत द्रश्टो कोंकणी भक्त." प्रस्तावना. *उगडासांचे कोठये-कुडींत* ले. शांताराम आमोणकार. पांच-तेरा.
..., *आशिकुशीक.* मडगांव-गोंय : जाग प्रकाशन, २००७.
..., "फिरंग्यां आड लोहियांचो सत्याग्रह काय गोंयच्या फुडाऱ्यां आड?" संपादकीय. जाग ३३.७ (२००७) : ३.
..., *कषाय मधुर.* संपा. माधवी सरदेसाय. मडगांव-गोंय : जाग प्रकाशन, २०१०.
गांधी, मो. क. *सत्याचे प्रयोग वा आत्मकथा* . अण. गुरुनाथ शिवाजी केळेकार. अहमदाबाद : नवजीवन प्रकाशन मंदिर, २०१०.
गावडे, पांडुरंग काशिनाथ. "कांय यादी रवीन्द्रबाबांले मठयेंतल्यो." *जाग* ३७.३ (२०१०) : ८७-८८.
तडकोडकार, प्रियदर्शिनी. *पुंडलीक नारायण नायक : साहित्यसूची (वर्णनात्मक).* पणजी-गोंय : केदार प्रकाशन गृह, १९९९.
तलेगिरी, प्रमोद. "भाशेच्या विकासांत कोशकाराची भुमिका." गोंय विद्यापीठाच्या कोंकणी विभागांत केल्लें उलोवप, १८ जुलै २००८.
Dalgado, Sebastião Rodolfo. *Diccionario Komkaṇî -Portuguez - Philologico-Etymologico.* Mumbai : Typographia do "Indu-Prakash", 1893.
..., *Diccionario Portuguez-Komkaṇî.* Lisboa : Imprensa Nacional, 1905.
देसाय, श्रीपाद रघुनाथ. "इदुली वाटुली..." सुरवेचीं उतरां. *कोंकणी शब्दकोश* पयलो भाग. रचपी श्रीपाद रघुनाथ देसाय. पेडणे-गोंय : श्रीसीताराम प्रकाशन, १९८०. ७-२२.
नायक, पुंडलीक. *अच्छेव.* प्रियोळ-गोंय : जाग प्रकाशन, १९७१.
..., *शबै शबै भौजनसमाज : एक राजकी निसंतान.* वळवय-गोंय : अपुरबाय प्रकाशन, १९८६.
..., *रंगपाट.* वळवय-गोंय : अपुरबाय प्रकाशन, १९९२.

..., "प्रस्तावना." *समकालीन कोंकणी लघुकथा.* संपा. पुंडलीक नारायण नायक. नवी दिल्ली : नॅशनल बुक ट्रस्ट, इंडिया, १९९८. VII-XVI.

..., "रवीन्द्रबाबान रायटरांक फायटर केले!" *सुनापरान्त* [पणजी] २८ ऑगस्ट २०१०.

नायक, हेमा. "निर्बळा." *निर्बळा आनी मुक्ती.* ले. हेमा नायक. वळवय-गोंय : अपुरबाय प्रकाशन, १९९२. १-६९.

..., *भोगदंड* . वळवय-गोंय : अपुरबाय प्रकाशन, १९९७.

..., "म्हजो रवीन्द्रबाब : एक ज्ञानभांडार." *जाग* ३७.३ (२०१०) : ७५-८०.

पवार, राजय. "कोंकणी कवितेंत लोहिया." *जाग* ३५.८ (२००९) : १३-१६.

बयाभाव. *सड्यावेलीं फुलां.* मुंबय : गोमंतक छापखानो, १९४६.

बुडकुले, किरण. "दोन वाटचिऱ्यांच्या संदर्भांत कोंकणी कादंबरी." *साहित्य नियाळ : अंतरंग आनी कायारुपां.* ले. बुडकुले. काणकोण-गोंय : ॐ श्री दत्त पद्मजा प्रकाशन, १९८८. ५२-६८.

बोरकार, दिलीप. *श्रेयार्थी.* आगशी-गोंय : बिम्ब प्रकाशन, २००५.

बोरकार, बाकीबाब. *पांयजणां.* मुंबय : पोप्युलर बुक डेपो, १९६०.

..., *सासाय.* मडगांव-गोंय : कुळागर प्रकाशन, १९८०.

..., संपा. *कोंकणी काव्यसंग्रह.* नवी दिल्ली : साहित्य अकादेमी, १९८१.

मावजो, दामोदर. *कार्मेलीन.* प्रियोळ-गोंय : जाग प्रकाशन, १९८१.

म्हांबरो, अ.ना. *गोंयची अस्मिताय.* १९७८. दुसरी उजवाडावणी. प्रियोळ-गोंय : जाग प्रकाशन, १९९५.

वर्दे वालावलीकार, शांताराम, संपा. *समग्र शणै गोंयबाब.* खंड १ आनी २. *पणजी-गोंय : गोवा कोंकणी अकादेमी आनी इन्स्टिटयूट मिनेझिस ब्रागांझा,* २००३.

..., *समग्र शणै गोंयबाब.* खंड ३ आनी ४ *पणजी-गोंय : गोवा कोंकणी अकादेमी आनी इन्स्टिटयूट मिनेझिस ब्रागांझा,* २००६.

Vocabulario da Lingoa Canarina com versam Portugueza. Lisboa : Junta de Investigações do Ultramar, 1973.

शणै गोंयबाब. ''मोगाचें लग्न.'' १९१३. *समग्र शणै गोंयबाब* खंड ४. संपा. शांताराम वालावलीकार १-७०.
..., *गोमन्तोपनिषत् खंड १*. मुंबय : गोमन्तक छापखानो, १९२८.
..., *गोमन्तोपनिषत् खंड २* [''संवसारबुट्टी'']. मुंबय : गोमन्तक छापखानो, १९३३.
..., *पुण्यात्मो राम कामती : एक दुखेस्त इतिहासीक जीण*. मुंबय : गोमन्तक छापखानो, १९३९.
..., *''आबे फारीय.''* १९४१. *समग्र शणै गोंयबाब* खंड २. संपा. शांताराम वालावलीकार ४५९-५०८.
..., *येवकार अध्यक्षांलें उलोवप*. मुंबय : गोमंतक छापखानो, १९४५.
..., ''ऐन वेळार'' (१९४५). *येवकार अध्यक्षांलें उलोवप*. ले. शणै गोंयबाब. ९१-१४६; *समग्र शणै गोंयबाब* खंड १. संपा. शांताराम वालावलीकार १८३-२२३.
सरदेसाय, मनोहरराय. *गोंया तुज्या मोगाखातीर*. मुंबय : गोमंत भारती प्रकाशन, १९६१.
..., *बेब्यांचें काजार*. १९६४. दुसरी उजवाडावणी. पणजी-गोंय : बुकवर्म, २०१२.
..., *जायात जागे*. गोंय : गोमंत भारती प्रकाशन, १९६४.
..., *भांगराची कुराड* (गीत-कथा). प्रियोळ-गोंय : जाग प्रकाशन, १९७९.
..., ''होरावणी'' (१९७९). प्रस्तावना. *सासाय*. ले. बाकीबाब बोरकार. पांच-सत्तावीस.
..., ''मदले आमी''. *कोंकणी काव्यसंग्रह*. संपा. बाकीबाब बोरकार १५-१६.
..., *मनोहर गितां*. मडगांव-गोंय : संजीवनी प्रकाशन, १९८७.
..., *गोड, गोड गीतां* १, २ आनी ३. ३ वांटे. मडगांव-गोंय : सेठ पब्लिशर्स, १९९२.
..., *कुकुलीं कवनां*. मडगांव-गोंय: कोंकणी भाशा मंडळ, २०००.
..., *अठरा जून*. पणजी-गोंय : गोवा कोंकणी अकादेमी, २००७.
...., ''बाबूचें लग्न.'' हातबरप.
सैल, महाबळेश्वर. *काळी गंगा*. पणजी-गोंय : राजहंस वितरण, १९९६.
Souza, Eduardo Jose Bruno de (सौज, एदवार्द जुजे ब्रुन द)

Kristãv Ghorabo (Vortovta Svosthaycho Thovo) Mumbai : Empreza Mariana, 1911.

..., *क्रिस्तांव घराबो* (देवनागरी लिप्यंतर आनी सुधारिल्ली आवृत्ती). पणजी-गोंय : गोवा कोंकणी अकादेमी, २००९.

हळर्णकार, तानाजी. ''रवीन्द्र नांवाच्या एका विचाराची वळख.'' *जाग* ३८.१ (२०११) : १९-२५.

मराठी

कालेलकर, काकासाहेब ''गोमंतकीय सरस्वती भक्तांस'' (१९४५ गोमंतक मराठी साहित्य संमेलन, तिसरे अधिवेशन, मुंबई १९४५, अध्यक्षीय भाषण) *पुण्यभूमि गोमंतक.* ले. कालेलकर. ८-४४.

..., ''गोव्याचे भाग्य'' (१९४६). *पुण्यभूमि गोमंतक* ले. कालेलकर. ४५-५१.

..., ''किरिस्तांव बंधूंना'' *(१९४७). पुण्यभूमि गोमंतक.* ले. कालेलकर. ५९-६३.

..., ''गोव्याचें भाषाकारण'' *(१९४७). पुण्यभूमि गोमंतक.* ले. कालेलकर. ६४-६९.

..., ''गोव्याच्या आकांक्षा'' *(जून १९४७). पुण्यभूमि गोमंतक.* ले. कालेलकर. ५२-५६.

..., ''तीस वर्षांत कोंकणी विद्यापीठ'' (ऑगस्ट १९४७, कारवारचे श्री. शा. वि. कामत यांना पाठविलेल्या पत्रातून). *पुण्यभूमि गोमंतक.* ले. कालेलकर. ७५-७७.

..., ''हिंदु बांधवांना'' (सप्टेंबर १९४७). *पुण्यभूमि गोमंतक.* ले. कालेलकर.७८-८२.

..., ''कोंकणी भाषा आणि साहित्य'' (१९५२). *पुण्यभूमि गोमंतक.* ले. कालेलकर. १०२-१०६.

..., ''त्यांचा झेंडा खालीं पडता कामा नये'' (१९५५). *पुण्यभूमि गोमंतक.* ले. कालेलकर.११४-११७.

..., ''कोंकणी भक्तांनो'' (१९५७, सहावी कोंकणी परिषद, उद्‍घाटकाचे भाषण), *पुण्यभूमि गोमंतक.* ले. कालेलकर.११८-१३०.

..., *पुण्यभूमि गोमंतक (गोवाविषयक पश्नांचा परामर्श).* मुंबई : गोमंत

भारती प्रकाशन, १९५८.
..., "शंका समाधान" (१९५८). प्रश्नोत्तरे. *पुण्यभूमि गोमंतक.* ले. कालेलकर.१४७-१५४.
..., "सागरी प्रांत काय आहे?" परिशिष्ट 'क'. *पुण्यभूमि गोमंतक.* ले. कालेलकर.१६८-१७२.
केळेकर, रवीन्द्र. *ज्ञाननिधीच्या सान्निध्यांत : काकासाहेब कालेलकरांशीं सांस्कृतिक हितगुज.* मुंबई : वोरा ॲण्ड कंपनी पब्लिशर्स प्रा. लि., १९७०.
..., "नि:संशय मी एक पत्रकार आहे." 'स्वगत' सदर. *नवप्रभा* [पणजी] २३ नव्हेंबर १९९७.
..., *भाषिक संघर्षाचे समाजशास्त्र.* संपा. व अनु. अरुणा दुभाषी. पणजी-गोवा : राजहंस वितरण, २००८.
..., "कोंकणीचे राजकारण". *भाषिक संघर्षाचे समाजशास्त्र* ९२-१०१.
..., "मराठी चळवळीचा पायाच मुळी असत्याचा." *भाषिक संघर्षाचे समाजशास्त्र* १०८-१११.
..., "संघर्ष टाळण्याचा फसलेला एक प्रयत्न." परिशिष्ट. *भाषिक संघर्षाचे समाजशास्त्र* १४२-१७०.
..., "सहयोग अशक्य करून टाकला आहे मराठीने." *भाषिक संघर्षाचे समाजशास्त्र* ११२-११६.
ठाकूर, रवींद्रनाथ. "पोपटाची कहाणी." मजुमदार व रॉय ११-१५.
..., "शिक्षणाची सुरुवात." मजुमदार व रॉय ४६-४९.
मजुमदार, लीला व क्षितीश रॉय, संपा. (१९६५). *बाल-साहित्य : रवींद्रनाथ ठाकूर यांचे निवडक लेख व कविता.* अनु. सरोजिनी कमतनूरकर. नवी दिल्ली : साहित्य अकादेमी, २००८.
शणै गोंयबाब. "गोविंद नारायण शणै मड्गांवकार" (१९२२). *कांही मराठी लेख.* मुंबई : गोमंतक छापखानो, १९४५. १००-१३९.

हिंदी

कालेलकर, दत्तात्रेय बालकृष्ण [काका कालेलकर]. *बापूकी झाँकियाँ.* अहमदाबाद : नवजीवन प्रकाशन मन्दिर, १९४८.
..., *गांधीजीकी अध्यात्म-साधना.* नई दिल्ली : गांधी हिन्दुस्तानी साहित्य

सभा, १९५९.

केलेकर, रवीन्द्र. *काकासाहेब कालेलकर (गांधीयुगीन सांस्कृतिक नवचेतना के अग्रदूत)*. नई दिल्ली : प्रकाशन विभाग, १९९०. आधुनिक भारत के निर्माता.

..., "क्या हम देश बोन्साय लोगों का होने देंगे...?" *जाग* ३४. २ (२००७) : १४३-४४.

ठाकुर, रवीन्द्रनाथ, "शिक्षा में हेर-फेर" (१८९२). *रवीन्द्रनाथ के निबन्ध* २६९-८०.

..., "शिक्षा का मिलन" (१९२१). *रवीन्द्रनाथ के निबन्ध* २८१-९९.

..., "विश्वविद्यालयों का रूप" (१९३३). *रवीन्द्रनाथ के निबन्ध* ३१०-२५.

..., "शिक्षा का विस्तार" (१९३३). रवीन्द्रनाथ के *निबन्ध* ३००-०९.

..., *रवीन्द्रनाथ के निबन्ध (भाग १ : दार्शनिक, शैक्षणिक, सामाजिक और राजनैतिक निबन्ध)* (१९६४). अनु. विश्वनाथ नरवणे. दूसरा संस्करण. नई दिल्ली : साहित्य अकादेमी, १९७७.

English

Action in Goa by Rammanohar Lohia. Mumbai : August Publication House, 1947.

Barthes, Rolland. *Mythologies.* Selected and Trans. Annette Lavers. 1972. London : Paladin Books, 1989 Reprint.

..., *"Writers, Intellectuals, Teachers"* (1971). *Barthes : Selected Writings.* Ed. with Intro. Susan Sontag. Great Britain : Fontana Paperbacks, 1983. 378-403.

Beauvoir, Simonede. *The Second Sex.* Trans. and Ed. H.M. Parshley. 1953. London : New English Library, 1970.

Borkar, Suresh Jaiwant, trans. *Dalgado on Konkani (A Translation of Mgr. S. R. Dalgado's Introductions to his Dictionaries).* Margao-Goa : Asmitai Pratishthan, 2008.

Cunha, Tristao Braganza. "The Denationalization of Goans" (1944). *Goa's Freedom Struggle.* Mumbai : Dr. T. B. Cunha Memorial

Committee, 1961. 55-98.

Cunha Rivara, Joaquim Heliodoro da. "An Historical Essay on the Konkani Language" (1858). Trans. Theophilus Lobo. *The Printing Press in India : Its Begining and Early Development.* Ed. Anant Kakba Priolkar. Mumbai : Marathi Samshodhan Mandal, 1958. 141-236.

Gokhale, Gopal Krishna. "A Man among Men" (1912). Shukla 14-17.

Gomes, Olivinho J. F. "The Golden Era of Konkani Literature." *Old Konkani Language and Literature : The Portuguese Role.* Chandor-Goa : Konkani Sorospot Prakashan, 1999. 88-121.

Lima, Edward de. *Common Errors by Indian Students,* Porvorim-Goa : Vikram Publications, 2004.

Lohia, Rammanohar. "Action in Goa." *Action in Goa by Rammanohar Lohia.* 1-16.

..., "The 18th of June." Foreword. *गोंया तुज्या मोगाखातीर.* By मनोहरराय सरदेसाय. 5-6.

Menezes, J. "Gleanings from the Goan Struggle." *Action in Goa by Rammanohar Lohia* 28-30.

Miranda, Rocky V. "Kannada Influence on Old Konkani Lexicon." *Sod : Konkani Research Bulletin* 3 (2002) : 81-93.

Nayak, Shanti. "Goa's Struggle for Independence" (Nov. 1946). *Action in Goa by Rammanohar Lohia.* 36-46.

Sartre, Jean-Paul. Preface. *The Wretched of the Earth.* By Frantz Fanon. Trans. Constance Farrington. 1965. London : Penguin Books, 1990. 7-26.

Shukla, Chandrashanker, ed. *Gandhiji : As we Know him.* Mumbai : Vhora and Co. Pub. Ltd., 1945.

Tagore, Rabindranath. "A Liberated Soul." Shukla 52-54.

Veiga Coutinho, João da. *A Kind of Absence : Life in the Shadow of History.* Stamford : Yuganta Press, 1997.

Walker Read, Allen. "Noah Webster". The *Encyclopedia Americana* 2001ed. 561-62.

निर्देश वळेरी

ही निर्देश वळेरी तयार करतना अशोक केळकरांच्या *रुजुवात* (मुंबई : लोकवाङ्मय गृह, २००८) पुस्तकाचे 'निर्देशसूची'चो थोडो-भोव आधार घेतला.

निर्देशांची मांडावळ केळकरांनीच सुचयल्ले मराठी देवनागरी वर्णक्रमीक सुचोवण्यांक धरून आसा (पळेयात : "मराठी देवनागरी वर्णक्रमी." *वैखरी : भाषा आणि भाषाव्यवहार.* मुंबई : मॅजेस्टिक बुक स्टॉल, १९८३. २६२-६६).

व्यक्तींच्या (फकत आमचे मदीं नाशिल्ल्या व्यक्तींच्या) नामांचे, आनी साहित्यकृतींचे काळनिर्देशूय हे वळेरेंत दिल्यात. कांय व्यक्तीं विशीं मात ही म्हायती मेळूंक ना.

साहित्यकृतींचे निर्देश तांच्या कर्त्यांच्या नांवा खाला, सामान्यतायेन, सगल्यांत निमाणे कडेन, वर्णक्रमीक धरून दिल्यात, आनी कंसांत तांचे पयले उजवाडावणेचें वर्स दिलां. कर्त्याचो आनी कृतीचो एकाच पानार वा वांगडाच उल्लेख आयला तेन्ना फकत कर्त्याच्या नांवा मुखार पानाचो आंकडो दिला. संपादीत नेमाळ्यांचे निर्देश साहित्यकृतींच्या निर्देशां आदीं वर्णक्रमीक धरुनूच दिल्यात.

बरपांत भोव थोडे कडेन कांय नामांचे उडटे आनी अस्पश्ट उल्लेख आयल्यात. तांचो निर्देश वळेरेंत आसपाव करूंक ना. "गरजेचीं दोन उतरां" (सात ते णव)तल्या निर्देशांचोय हे वळेरेंत आसपाव ना.

अखील भारतीय कोंकणी परिशद (पळेयात कोंकणी परिशद)
अशोक (सम्राट अशोक) (ख्रिस्ता आदलें ३रें शतमान?) २८
आपटे दत्तोपंत (दत्तात्रेय विष्णु आपटे) (१८८१-१९४३) २२
आमोणकार, शांताराम (/शांतेबाब) (१९२३-२००८) ३७-४५.
आर्ट गॅलरी उबारपांत योगदान ४४
कला महाविद्यालय उबारपांत योगदान ४३
कोंकणी-मराठी वादाची वळख आनी निजाचे भाशेचो होलम ३८-३९
कोंकणीक वावुरपी जोडपाचो वावर ३९
गोमंतक मराठी साहित्य संमेलनांतली घडणूक २४, ४०-४१
चित्रकलेचें शिक्षण आनी चित्रकारां कडले संबंध ३९-४१
चित्रकलेच्या शिक्षणाक योगदान ४२-४३.
रवीन्द्र केळेकारांले 'दीक्षा-गुरू' ३९, ४८-४९.
आरा, के.एच्. (१९१३-८५) ४१
आर्कामोनी, इनाझियु (१६१५-८३) १
सगल्या वरुसाचे वांजेल (१६६७)
आर्य भाशे कूळ ६

आल्बुकेर्क, आफोंसु द (१४५३-१५१५) १३, ६८, ८२, ८४, ९०-९१.
आल्मैदा, आनाश्तास द (१९२९-७८) ९८, १००
आल्मैदा, मिगेल द (१६०७-८३) १, ७, १३७
वनवाळ्यांचो मळो (१६५८-५९) १,७
इंग्लीश (/इंग्लेज/इंग्रजी) भास ३१-३२, ३८-३९, ५८, ७४, ७९, १३२, १३८-३९, १४१, १५१, १५९-६५
अमेरिकी इंग्लीश आनी नोआ वॅबस्टर १३२-३३, १३५
इंग्लीश माध्यमांतलें शिक्षण :
रवीन्द्रनाथांची नदर १६०-६२
इंडियन इंग्लीशी कडेन जोडिल्ले मुद्दे १३३-३५, १६३-६४
काका कालेलकरांची भुमिका आनी नदर १८-२०
रवीन्द्र केळेकारांची भुमिका आनी नदर ५२, ५५-५७, १०१
इंफांत अँरीक (१३९४-१४६०) ६९
इंश्तितूत मिनेझीस ब्रागांझा ४४
इटालियन भास ९६
उ येराल्द ९१
उर्दू भास १९, ५८
'मुसलमानी' भास ३
ऋषि व्हॅली स्कूल १६४
ओरिएंटल सेमिनरी १५८-५९
कन्नड भास ३१-३२, ३४, ५८
कन्नड लिपी ५, ६०
होय निर्देश पळेयात : कानारी लिपी
कन्हैयालाल मुंशी (१८८७-१९७१) २१-२२
करमली, नागेश ९५
कानारी लिपी ६
होय निर्देश पळेयात : कन्नड लिपी
कानोळकार, बाळकृष्णजी ९५
कामत, नंदकुमार १२६-२७
कामत, शां. वि. ३१
कामाँयश [,लुईश द] (१५२४-८०) ८३
कारंथ, के. एस्. ९३
ॲस्पॅक्ट्स अव्ह अ सोश्यलिस्ट मायंड (२०००)
कारे, दामोदर अच्युत (१९०९-८५) २२
कार्दोज, फेलीस्यु (१९३२-२००९) १३७
कालिदास (५वें शतमान) २८
कालेलकर, काकासाहेब (दत्तात्रेय बाळकृष्ण कालेलकर) (१८८५-१९८१) १८-३६, ४७, ५४, ५७-५८, ६३, ६५
कोंकणी-मराठी संघर्शांतली भुमिका २३-२७, २९-३३
गोंयाक संयुक्त महाराष्ट्रांत आसपावन घेवपाचो यत्न ३५
गोमंतक मराठी साहित्य संमेलनांतली घडणूक २४-२५, ४०-४१
गांधींजीं विशींचीं निरिक्षणां आनी उगडास १४२, १४४-४५, १४७-४८, १५३
गोंया कडले संबंध २२-२३, २५, ३५
भारताच्या भाशीक प्रस्ना विशींची नदर आनी वावर १८-२२, ३३-३५
भाशावार प्रांतरचने विशीं ३३-३४
सागरी प्रांताचो विचार ३४
रवीन्द्र केळेकारांचे मार्गदर्शक ३२, ५०, ५४
शणै गोंयबाबांल्या वावराची पारखणी आनी पुरस्कार २९-३३, ३६ टी
समन्वयाचे साधक २३-२४, २६-२९
गांधीजीकी अध्यात्म-साधना (१९५९) १४४
पुण्यभूमि गोमंतक (१९५८) २३, २५
बापूकी झाँकियाँ (१९४८) १४२, १४७
कुंकळकार, ज्योती १०४
पाशाण कळी १०४, १०७-०९
कुन्या, ज्युझे जेर्सन दा (१८४४-१९००) ५, ६९

कुन्या, त्रिश्तांव ब्रागांझ (१८९१-१९६८) १०-१७, ७०
वसणूकवादाची विसकटावणी ११-१४, १६-१७
शणै गोंयबाबांले समांतर विसकटावणे कडेन तुळा १४-१७
''डीनॅशनलायझेशन अव्ह गोअन्स'' (१९४४) ११, १४, १६
कुलकर्णी, जयवंत १०३
वोवळां
कृष्ण ७८
कृष्णमूर्ति, जे. (१८९५-१९८६) १६३-६४
केणी, चंद्रकांत (१९३४-२००९) ३२
केतकर, श्रीधर व्यंकटेश (१८८४-१९३७) ६६
मराठी ज्ञानकोश (१९२०-२९)
केळेकार, गुरुनाथ शिवाजी १४० टी, १५४
'मार्ग' चळवळ १५४
नवें गोंय १५४
मारुती १५४
केळेकार, रवीन्द्र [राजाराम] (१९२५-१९१०) २३-२६, ३२, ३५, ४१, १०४
काका कालेलकरांचें मार्गदर्शन ३२, ५०
कोंकणी चळवळीक योगदान ४६-६७
कोंकणीचें पंचशील ५८-५९
कोंकणीचो लिपयेचो प्रस्न ५९-६०
चळवळीचे मार्गदर्शक ५७-६२
चळवळीच्या जैताचीं तांणी दिल्लीं कारणां ४६-४७
भाशीक नदर ५०-५७, १०१
गोमंत भारती ६५
जाग ६५
मीर्ग ५०-५३, ६५
गांधींजींच्या उपासाच्या 'अस्त्रा' विशीं १४६
जिवनसाधक साहित्यकार ६२-६७
तांची शैली आनी शैली विशींची नदर ६५
फायटर रायटर ६२
बरोवपा फाटल्यो प्रेरणा ६५-६६
साहित्यकारांच्यो तांणी सांगिल्ल्यो तरा ६३-६४
साहित्याचें, साहित्यकारांचें मुल्यांकन ६३
आमची भास कोंकणीच (१९६२) ६५
आशिकुशीक (२००७) ६५
ओथांबे (१९९९) ६५
तथागत (१९९८) ६५
तुळशी (१९७१) १०४-०६
तीन पावलां प्रज्ञावादाचीं (२००५) ६५
पांथस्थ (२०००) ९०
ब्रह्मांडांतलें तांडव (१९८०) ६५
भज गोविन्दम् (१९७३) ६५
भौ-भाशीक भारतांत भाशेचें समाजशास्त्र (१९७४) ४६, ५६
महाभारत् - एक अनुसर्जन (१९८५) ६५
वेळे वयल्यो घुलो (१९७१) ६५
शाळेंत कोंकणी कित्याक (१९६२) ६५
सांगाती (१९७७) ६५
लोहियां विशीं ९०-९३, ९६-९८, १००-०१
शणै गोंयबाबांल्या वावराचें मुल्यांकन ५१-५२
कोंकणी चळवळ १३८
काका कालेलकरांची भुमिका आनी योगदान २३-२७, २९-३३
रवीन्द्र केळेकारांची भुमिका आनी योगदान ४६-६७
शांताराम आमोणकारांचें योगदान २४, ४०-४१
कोंकणी परिशद ५७, ५९, ६२
कोंकणी भाशा मंडळ २१, ४०, ५७
कोंकणी भास १-९, १६-१८, २१-२७, २९-३५, ३८-४१, ४६-६७, ७४,

११३, ११५, १२६, १३१-३२, १३४-४१, १५२, १५४ 'आमची भास' ३
काका कालेलकरांची नदर २३-२४, २६-२७, २९-३५
कोंकणीचे लिपयेचो प्रस्न ५-६, ५९-६०
दाल्गादांची नदर ४-८, १३५-३६
रवीन्द्र केळेकारांची नदर ५०-५५
लोहियांचें निरिक्षण ९६
कोंकणी लेखक परिशद ५३
कोंकणी साहित्य
कोंकणी (लघु) कथा १०३
कोंकणी कोश साहित्य १३६-४०
कोंकणी नवलकाणी (/कादंबरी)
कोंकणी नवलकाणयेंतलो बायल-मनशेचो आवाज १०२-१०
दादलो/बायल लेखकांली कोंकणी नवलकाणी : तुळा १०७-१०
देवनागरींतली कोंकणी नवलकाणी १०३-०४
पयली कोंकणी नवलकाणी २
कोंकणी नवलिका १०३-०४
कोंकणी साहित्याचें 'भांगराळें यूग' आनी ताचे उवेखणेचो काळ २
कोंकणी साहित्यांत लोहियांच्या इतिहासीक योगदानाचे पडसाद ९०-१०१
येवरोपी मिशनरींचे योगदान १-२
हेय निर्देश पळेयात : एदवार्द जुजे ब्रुन द सौज; पुंडलीक नायक; मनोहरराय सरदेसाय; रवीन्द्र केळेकार
कोश साहित्य
कोंकणी कोश साहित्य : नियाळ, निरिक्षणां १३५-४०
कोश साहित्या वरवीं भाशेचें सशक्तीकरण १३०-४०
कोशांचें व्याकरणाक पुरक कार्य १३०-३२
कॉश्ता, सॉक्रतीश दा (१८९८-१९५९) ६९
खेर, बाळासाहेब (बाळ गंगाधर खेर) (१८८८-१९५७) २०
गांधी, इंदिरा (१९१७-१९८४) ४१
गांधी, केकू ४४
गांधी, मगनलाल (१८८३-१९२८) १५०
गांधी, मोहनदास करमचंद (गांधीजी/महात्मा गांधी) (१८६९-१९४८) १५, १९-२१, २३, २५, ५०-५१, ५७, ६५, ७३, १४१-१५४, १६३.
आनी गोंयची सुटके चळवळ २५, ९२, ९४, ९७-९८.
आनी भाशावार प्रांतरचनेचो विचार ३३
काका कालेलकरांचे उगडास आनी निरिक्षणां १४२, १४४-४५, १४७-४८, १५३
गोखले : गांधींजींच्या आध्यात्मीक प्रभावा विशीं १४८
चरख्याचो सोद १५०-५१
जिवितांतलीं मुल्यां १४४-४६
रवीन्द्रनाथांचे अभिप्राय आनी प्रतिक्रिया १४८-४९
रासवळ संस्था चलोवपा विशींचे विचार १५२
राष्ट्रभाशेची संकल्पना १९
शिक्षणा विशींचे विचार १४६
सत्याग्रह आश्रम १४७, १५१
'सत्याग्रहा'चो जल्म १५०
सेवाग्राम आश्रम १६४
हिंदुस्तानीचो रासवळ मळार पयलो वापर १५१-५२
इंडियन ओपीनियन १५०
नवजीवन १४२
हरिजन सेवक २१
सत्याचे प्रयोग वा आत्मकथा (२०११)
अध्यात्म साधनेची वळख घडोवपी बरप १४४-४९
कांय म्हत्वाच्यो नोंदी १४९-५३
सत्याच्या सोदाची कथा १४१-४४

हिंद स्वराज्य (१९०९-१०)
गायतोंडे, व्ही. एस्. (१९२४-२००१) ४१-४२, ४४
गुजराती भास ३-४, ३१, ३४, ४७
गोंय विद्यापीठ १३८
गोंयकाराची अस्मिताय (पळेयात वैगा कौतीन्यु : *अ कायंड अव्ह ॲबसन्स)*
गोंयची सुटके चळवळ
१८ जून १९४६ ची घडणूक (पळेयात गोंयचो इतिहास)
आनी गांधीजी २५, ९२,९४, ९७-९८
आनी नेहरू ९२, ९८
आनी लोहिया ९०-९३, ९६-९८
कोंकणी साहित्यांत हे चळवळीचे पडसाद (पळेयात लोहिया)
'जयहिन्दाची चळवळ' ९०-९१
गोंयचो इतिहास
१८ जून १९४६ ची घडणूक ९१-९२
गोंयच्या इतिहासांत लोहिया ९०-१०१
हेय निर्देश पळेयात : त्रिश्तांव ब्रागांझ कुन्या (''डीनॅशनलायझेशन अव्ह गोअन्स''); वैगा कौतीन्यु *(अ कायंड अव्ह ॲबसन्स).*
गोअन्स ऑर्गनायझेशन इन अमेरिका (GOA) ५४
गोखले, गोपाळकृष्ण (१८६६-१९१५) १४८
गोमंत भारती ६१
गोमन्तक छापखानो ४०
गोमंतक मराठी साहित्य संमेलन (तिसरें अधिवेशन) २३-२६, ३६ टी, ४०-४१
गोहीन ४४
गॉर्की [, मॅग्झिम] (१८६८-१९३६) ६४
ग्योटे [, योहान वोल्फगांग फॉन] (१७४९-१८३२) ६०
ग्रेग (/ग्रीक) भास ३,४
घाणेकार, दामोदर [केशव] १३९, १४० टी
कोंकणी अभ्यासकोश (२००९)१३९
चटर्जी, शरतचंद्र (१८७६-१९३८) १००
देवदास (१९१७)
चटर्जी, सुनीति कुमार (१८९०-१९७७) २१, ४७
चौधरी गोपबंधु २१
जयरामदास (१८९१-१९७९) १५२
जर्मन भास १३८
जे. जे. स्कूल अव्ह आर्ट ४०
जेजू (पळेयात येशू)
जोन्ज, विल्यम (१७४६-१७९४) ६
जोशी, वामनराव (वामन गोपाळ जोशी) (१८८१-१९५६) २०
ठाकूर, रवीन्द्रनाथ (१८६१-१९४१) ६३, १६३
गांधीजीं विशीं अभिप्राय आनी प्रतिक्रिया १४८-४९
विश्वभारती १५९
शांतिनिकेतन १५९-६०, १६४
शिक्षणा विशींचे विचार १५५-१६५
शिक्षणाच्या माध्यमा विशीं १६०-६२, १६५
''किराची काणी'' १५५-५८
तलगेरी प्रमोद १३८
तळवडकार, रघुनाथ ३८
तुळू भास ३४
तेलुगू भास ३१
तॉलस्तॉय, लेव (१८२८-१९१०) ६३
त्स्वायग, स्तॅफान (१८८१-१९४२) ६३
थळी, प्रकाश (१९४५-२०१०) १४० टी
थळी, मुकेश १४० टी
दाल्गाद, सॅबाश्तियांव रुदोल्फ (१८५५-१९२२) १-९, १३८
कोंकणी विशींची नदर ४-८, १३५-३६
कोंकणीचे लिपये विशीं ५-६, ९ टी४
कोशांतल्या उतरां फाटली भुमिका ६-८, १३५-३६
पोर्तुगेजींतल्यान आयिल्ल्या उतरां विशीं ७-८, १३५-३६
संस्कृत-कोंकणी नात्या विशीं ४, ६-८
देव, शंकरराव २०
देवनागरी लिपी (पळेयात नागरी लिपी)

देशपांडे, पु.ल. (पुरुषोत्तम लक्ष्मण
देशपांडे) (१९१९-२०००) ६३
देशीवाद ८७
देसाई, महादेवभाई (१८९२-१९४२)
१४७-४८
देसाय, श्रीपाद रघुनाथ (१९१७-२०००)
१३७-३९
कोंकणी शब्दकोश (१९८०-९०)
दॉस्तॉयवस्की [,फ्यॉदॉर] १८२१-
१८८१) ६४
नव-वसणूकवाद १६५
नवजीवन प्रकाशन संस्था २१
नवप्रभा ६५
नवरोजी, दादाभाई (१८२५-१९१७)
१४८
नागरी लिपी ५-६, १९-२१
काका कालेलकरांची नदर २०-२१
कोंकणीन आपणायल्ल्यो सुधारणा २१
दाल्गादांची नदर ५-६
लिपी सुधार समिती २१
हे लिपयेंतली कोंकणी नवलकाणी :
बायल-मनशेचो आवाज १०३-१०
नाद-अणकारी उतरां ११४-१५
नायक, काशीनाथ श्रीधर (/बयाभाव)
(१८९९-१९८३) २९, ४०, ९४
सड्यावेलीं फुलां (१९४६) ९४
नायक, पुंडलीक नारायण १०४, १२२,
१२४, १२८
अच्छेव (१९७७) १०४-०९
शबै शबै भौजनसमाज (१९८६)
१२२-२९
नाटकांत अतिशयोक्तीचो वापर
१२८-२९
नाटकांतली राजकारणाची भास
१२२-२६
नाटकांतलो लोकवेद १२७-२८
भोवजनसमाजाचें मिथक १२४-२५,
१२७
'भोलो' आनी 'बाबगो' : तुळा
१२५-२६
नायक, रामचंद्र शंकर (राणू नायक)
(१८९३-१९६०) ३८
चवथिचो चंद्र (१९३५)
नायक, हेमा १०४, १०८
"निर्बळा" (१९९२) १०४, १०८
भोगदंड (१९९७) १०४, १०७-१०
नेहरू, जवाहरलाल (१८८९-१९६४)
२२, ३४, ४७, ६९
आनी गोंयची सुटके चळवळ ९२, ९८
नॅशनल इन्स्टिट्यूट अव्ह डिझायन ४३
नॅशनल बुक ट्रस्ट १००
पंजाबी भास १६४
पटेल, वल्लभभाई (१८७५-१९५०)
२५
परशुराम ६८
पर्यायी शिक्षण १६३
पवार, राजय ९४
पाणिनि (ख्रिस्ता आदलें सवें शतमान)
१३०
पेद्रोझा, जुआंव द (१६१६-७२) १
देवाचीं येकांग्र बोळ्णीं (१६६०)
पेरेग्रीनु दा कॉश्ता, पी.ए. ६९
पै, दत्तात्रेय व्यंकटेश (१९०१-५३) २२,
२४
पै, लक्ष्मण ४३-४४
पोतदार, दत्तो वामन (१८९०-१९७१)
२०
पोर्तुगेज (/पुर्तुगेज) भास १, ३-४, ७-८,
२३, ३१-३२, ३८-३९, ५३, ७२,
७४-७५, ७७-७८, ८०, १३२,
१३५-३८
होय निर्देश पळेयात : फिरिंगी/फिंर्गी
भास
प्रियोळकार, अ.का. (अनंत काकबा
प्रियोळकार) (१८९५-१९७३) ३८,
६९, ७२
प्रेमचंद (धनपतराय श्रीवास्तव) (१८८०-
१९३६) २१-२२
प्रोग्रेसिव्ह आर्टिस्ट्स् ग्रूप ४१
फडके, ना. सी. (नारायण सीताराम फडके)

(१८९४-१९७८) ३७
फाटक हरिभाऊ २२
फादु ७९
फारसी भास १९
फारसी लिपी १९-२०
फिरिंगी/फिंर्गी भास/३, १२६
होय निर्देश पळेयात : पोर्तुगेज भास
फिशमन, जोशुआ १३०
फेर्नांदीस, ज्योकीं आंतोन (/ज्योआकीं आंतोनिय फेर्नान्दिस, (१८८९-१९७५) ८, ९ टी२
फॅनन, फ्रान्झ (१९२५-१९६१) ११, ८८
द रॅचड अव्ह द अर्थ ११
फोंसेक, ज्युझे निकोलांव दा ६९
बंगाली भास १६०-६२
बधेका, गिजुभाई (१८८५-१९३९) १६३-६४
बयाभाव (पळेयात काशीनाथ श्रीधर नायक)
बरदलै, गोपीनाथ (१८९०-१९५०) २१
बांदोडकार, भाऊसाहेब (दयानंद बाळकृष्ण बांदोडकार) (१९११-१९७३) ४३
बाख्तीन [,मिखायल] (१८९५-१९७५) ८८
बॅनर्जी, एस्. के. ४४
बोरकार, बाकीबाब (बाळकृष्ण भगवंत बोरकार) (१९१०-८४) ४०
आनी काकासाहेब कालेलकर २२, २५
आनी रवीन्द्र केळेकार ५४-५५, ६३
कवितेंत १८ जून १९४६ चे पडसाद ९३-९४
आमचा गोमंतक २५
दूधसागर (१९४७) २२
बोरकार, सुरेश [जयवंत] १३९,१४०टी
कोंकणी अभ्यासकोश (२००९) १३९
बोव्होआर, सिमॉन द (१९०८-८६) १०२
बोस, सुभाषचंद्र (१८९७-१९४५) ९२
भवभूति (सातवें शतमान) २८
भांगी, पांडुरंग (१९२३-२००९) ३९
भारतीय साहित्य परिषद २१-२२
भिडे, प्रभाकर १३९, १४०टी
राजहंस वितरण
मजूमदार, गंगाबेन १५१
मराठी भास ३-४, १८, २२-२७, २९-३२, ३४-३५, ३७-४०, ४८-४९, ५१-५९, ७४, ९३, १२६, १३२, १३४, १३८-३९, १४१
मराठी-कोंकणी वाद आनी संघर्श (पळेयात कोंकणी चळवळ)
मराठी साहित्य संमेलन ६३
मलकानी, नारायण (१८९०-१९७४) २१
महाभारत १४३, १६१
मांडो ७९
माडखोलकर, ग. त्र्यं. (गजानन त्र्यंबक माडखोलकर) (१८९९-१९७६) ३५
मानवतावाद ११
मानवीकरण ११३
माफेय, आंजेलो फ्रांसिस शावयेर (१८४४-९९) १३७-३८
मार्तीरिस, फ्रान्सिस जॉन ९ टी२, ४०
मावजो, दामोदर ६६, १०४
कार्मेलीन १०४-०७, १०९
मिनेझीस, ज्युलियांव (१९०९-८०) ९१-९२, ९६
मिरांद, फोर्तुनातु ९२
मिरांदा, रॉकी १३७
मुंशी प्रेमचंद (पळेयात प्रेमचंद)
मुंबय विद्यापीठ ४३
मुखर्जी आशुतोष (१८६४-१९२४) १६१-६२
म्हांबरो, अ.ना. (अरविंद नारायण म्हांबरो) ८८
गोंयची अस्मिताय
येशू (/जेजू) [ख्रिस्त] २७, ८०, ८३
रझा, सय्यद हैदर ४१
राजहंस वितरण (पळेयात प्रभाकर भिडे)
रानडे, महादेव गोविंद (१८४२-१९०१) १४८

रामायण १६१
राष्ट्रभाषा प्रचार समिति २१
राष्ट्रमत ६५
रिबेयर, दियोग (१५६०-१६३३) १३७
रोमी मिसाल ८
रोमी लिपी २-३, ५-६, ९, ६०, ६५
रॉय, अरुंधती १३३-१३४, १६३
रॉलां, रॉमां (१८६६-१९४४) ६३
ललित कला अकादेमी ४३-४४
लाड, काशीनाथ ४०
लातीन भास ३२, ७१
लोहिया, राममनोहर (१९१०-१९६७) ५७-५८
  १८ जून १९४६ ची घडणूक ९१-९२
  कोंकणी आनी इटालियन भासां विशींचें निरिक्षण ९६
  गोंयचे सुटके चळवळींत योगदान ९०-९३, ९६-९८
  ह्या योगदानाचे कोंकणी साहित्यांत पडसाद ९०-१०१
वसणूकवाद १०-१७
  ज्यां-पॉल सार्त्रांची भुमिका १०-११, १७
  त्रिशतांव ब्रागांझ कुन्यांची विसकटावणी ११-१४, १६-१७
  वसणूकवादाच्या संदर्भांत गोंयकाराचे अस्मितायेचो प्रस्न ६८-८९
  शणै गोंयबाबांली समांतर विसकटावणी १४-१७
वाल्मीकि २८
विनोबा (विनायक नरहर भावे) (१८९५-१९८२) ५४, ६५
  गीता प्रवचने ५४
विवेकानंद (नरेन्द्रनाथ दत्त) (१८६३-१९०२) ५१, ९८
वॅब्स्टर, नोआ (१७५८-१८४३) १३२-३३, १३५
  अमॅरिकन डिक्शनरी अव्ह द इंग्लिश लँग्वेज (१८२८) १३३
  दि अमेरिकन स्पॅलिंग बूक (१७८७) १३३
वैगा कौतीन्यु, ज्युआंव दा ६८
  अ कायंड अव्ह ॲबसन्स ६८-८९
वैद्य, दादा (रामचंद्र पांडुरंग वैद्य) (१९६१-१९३८) २२, ३८
  स्वयंसेवक ३८
व्हॉकाबुलारियु लिंग्वा कानारिना... १३७
शणै गोंयबाब (वामन रघुनाथ वर्दे वालावलीकार) (१८७७-१९४६) ८, ९टी२, १०-१७, ३८, ४६, ४८-५०, ६७, ७०, १०३
  गोंयकारांची अस्मितायशुन्यता, देशाभिमानशुन्यता, बंदेपण हांची विसकटावणी १४-१७
  तांच्या वावराची काका कालेलकरांनी केल्ली पारखणी आनी पुरस्कार २९-३३, ३६टी
  तांच्या वावराचें रवीन्द्र केळेकारांनी केल्लें मुल्यांकन ५१-५२
  कोंकणी भाशेचें जैत (१९३०) ४६, ४८
  गोमन्तोपनिषत् खंड १ (१९२८) १०३
  गोमन्तोपनिषत् खंड २ ("संवसारबुट्टी") (१९३३) १०३
  मोगाचें लग्न (१९१३) १२५
    'बाबगो' आनी 'भोलो': तुळा १२५-२६
  वलिपत्तनाचो सोद ५१
शहाजी [राजे] (१६ वें - १७ वें शतमान) ३२
शिवाजी (छत्रपती शिवाजी) (१६३०-१६८०) ३२
संस्कृत भास ३-८, २०, ३१-३२, १२६, १३६,१४०टी
  'संवस्कुत्र' भास १२५-२६
सरदेसाय, मनोहरराय (१९२५-२००६) ७०, १४०टी
  १८ जून आनी लोहियां वयल्यो कविता ९५-९६, ९८-१००
  बालगितां १११-१२१

बालगितांतली नादमयता ११४-११७
अठरा जून (२००७)
गोंया तुज्या मोगा खातीर (१९६१) ९६
*भांगराची कुराड (१९७९)*१२०
सरदेसाय, यशवंतराव २२
सरदेसाय, लक्ष्मणराव (१९०८-८६) २२, २५, ९३
ढासव्ळलेले बुरुज २२
सरदेसाय, वामन (१९२३-९४) ३९
सां फ्रांसिश्क शाव्हिएर (१५०६-५२) १३
सांता आना, आमादोर द १
फ्लॉस सांक्तोरुम (१६०७)
सा-कार्नैरु, मारियु द (१८९०-१९१६) ७०
सार्त्र, ज्यां-पॉल (१९०५-८०) १०-११, १७
सालाझार [आंतोनियु द ओलिव्हैरा] (१८८९-१९८०) ९१
साल्दाना, आंतोनियु द (१५९८-१६६३) १, १३७
सांक्तु आंतोनीचीं अचर्यां (१६५५) १
साल्दान्य, आंतोन्यु (पळेयात आंतोनियु द साल्दाना)
साल्दान्य, क्लावद ६९
साल्दान्य, गाब्रिएल ६९
साहित्य अकादेमी २२, ५७-५८, १०१, १३८
सुनापरान्त ६५, १५४
सेन, चित्तरंजन २१
सेवाग्राम आश्रम (पळेयात मोहनदास क. गांधी
सैल, महाबळेश्वर १०४
काळी गंगा (१९९६) १०४, १०६, १०९-१०
सोस्यूर, फेर्दिनां द (१८५७-१९१३) ८८
सौज, एदवार्द जुजे ब्रुन द (१८३६-१९०५) २, ४, ९ टी ४
उदेंतेचें साळ्क २, ९टी२
क्रिस्तांव घराबो (१९११) २-४
सौज, फ्रान्सीस न्यूटन (१९२४-२००२) ४१, ४४
सौज, बॅन्तु ग्रासियानु द ६९
स्टीफन्स, थॉमस (१५४९-१६१९) १, ९
ख्रिस्त पुराण (१६१६) ३, ७, ९ टी ३
दौत्रीना क्रिस्तां (१६२२) १
स्वामी आनंद १५२
स्वामी विवेकानंद (पळेयात विवेकानंद)
स्वामी विवेकानंद सोसायटी ४२
हरिश्चंद्र (राजा) १४६
हर्ष (हर्षवर्धन) (सर्वे-सातवें शतमान) २८
हिंदी भास ३९, ५२, ५६-५७, ७१, ७४
काका कालेलकरांची नदर आनी वावर १८-२१
राष्ट्रभाषा हिंदीची गांधीजींची व्याख्या १९
होय निर्देश पळेयात : हिंदुस्तानी भास
हिंदी साहित्य संमेलन २१
हिंदुस्तानी भास ३-४, १९, ५५, १५१
होय निर्देश पळेयात : हिंदी भास
हुसैन, मकबूल फिदा (१९१५-२०११) ४१

***

भास, साहित्य, अस्मिताय, शिक्षण, राजकारण, इतिहास, वसणूकवाद सारकेल्या विशयां कडेन जोडिल्ल्या, बरपांचें हें संकलन. ह्या बरपांनी मों. सेबाशितयांव रुदोल्फ दाल्गाद, एदवार्द जुजे ब्रुन द सौज, शणै गोंयबाब, काकासाहेब कालेलकर, शांताराम आमोणकार, रवीन्द्र केळेकार, ज्युआंव दा वैगा कौतीन्यु, मनोहरराय सरदेसाय, पुंडलीक नायक आसात, तशे ज्यां-पॉल सार्त्र, त्रिश्तांव ब्रागांझ कुन्या, महात्मा गांधी, राममनोहर लोहिया, रवीन्द्रनाथ ठाकूरूय आसात. हांकां सगळ्यांक एकठांय हाडपी म्हजी नदर, म्हजें इल्लेशें संशोधनूय आसा. हांतलीं चडशीं बरपां खंयच्या न्हय खंयच्या निमित्तान तयार जाल्यांत. मुजरत सांगूंक जाय, ह्या बरपांचे विशय सगले म्हज्या जिवाभावाचे. देखुनूच त्या त्या निमित्तान तांचेर अभ्यास करपाची संद हांवें घेतल्या, आनी हाकाच लागून हें 'मंथन' घडून येवंक पावलां.

जाग प्रकाशन

₹ : १५० रुपया